वामन सुभा प्रभू



मनोहर पर्रीकार

ऑफ द रेकॉर्ड

8431
VAM

मनोहर पर्रीकार

ऑफ द रेकॉर्ड

KONKANI BHAS ANI SANSKRITI PRATHISTAN (R) *
World Konkani Centre
Loka Prabhu Nagar,
Konkani Gaon,
Shakthinagar,
Mangaluru,
575 016.
8431

वामन सुभा प्रभू

Enjoy reading

Manohar Parrikar off The Record : by waman subha prabhu
(Political Memoir)

सगळे अधिकार: श्री वामन सुभा प्रभू
email : wamansubhaprabhu@gmail.com
पयली आवृत्ती: १ माय २०२१
कव्हर मांडावळ: संकेत लवंदे
छापपी: रुतू ऑफसेट, वळवय.
मोल: रु. २५०/-

प्रकाशक: श्री वामन सुभा प्रभू
१०३, रिसारा इलेगान्ट,
आदर्श सर्कलाकडेन,
करंजाळे–गोंय ४०३००२
फोन: ९८२३१९६३५९
email : wamansubhaprabhu@gmail.com

उगडास

ह्या पुस्तकाचो कोंकणींत अणकार चलतालो तेन्नाच म्हजे इश्ट, पत्रकारितेंतले सहकारी, शिक्षणतज्ज्ञ, गोंय विधानसभेचे आदले सभापती तशेंच आदले पंचायत आनी ग्रामीण उदरगत मंत्री प्राचार्य सुरेंद्र सिरसाट संसाराक अंतरले. प्रा. सिरसाटांची प्रस्तावना म्हज्या मूळ पुस्तकाक लाभिल्ली. ही कोंकणी आवृत्ती तांचे यादींक ओंपतां

बरोवप्याविशीं

- गोंयचे छापील आनी इलेट्रॉनीक खबरां माध्यमांतले पत्रकारितेचो ५१ परस चड वर्सांचो अणभव.
- गोमंतक दिसाळ्यांतल्यान उपसंपादक म्हूण पत्रकारितेची सुरवात.
- दै. केसरी (गोंय प्रतिनिधी), दै. लोकसत्ता (गोंय प्रतिनिधी), दै. पुढारी (निवासी संपादक) आनी दै. गोवादूत (संपादक) अशी दीर्घ भोंवडी.
- 'गोवा न्यूजलायन' हो गोंयचो पयलो खबरां चॅनेल सुरू करपाचें श्रेय.
- 'गोवा न्यूजलायन' ह्या गोंयच्या पयल्या खबरां चॅनेलाचे संस्थापक संपादक.
- गोवा जैन टीव्हीचे संपादक.
- झी - अल्फा टीव्हीचे गोंयचे प्रतिनिधी.
- कोल्हापुरांतल्या 'मराठीयन न्यूज चॅनेला'चे गोंय संपादक.
- पत्रकारितेंतलो प्रतिशठेचो गोविंद मंगेश लाड पुरस्कार,तशेंच हेर पुरस्कारांचे मानकरी.
- राजकी, समाजीक आनी खेळा विशीं खूप बरयलां.

प्रस्तावना

गोंयचे पत्रकारितेक मुक्ती उपरांतच्या पांच- स दसकांत तरेकवार तासा लाभलीं. माधव गडकरी, नारायण आठवले, द्वा. भ. कर्णीक अशा म्हान पत्रकारांच्या मार्गदर्शना खाला बरेच पत्रकार गोंयांत तयार जाले. गोमंतक दिसाळ्याचे आदले मुखेल उपसंपादक, गोवा न्यूजलायन हो गोंयचो पयलो खबरां चॅनेल सुरू करपी संस्थापक संपादक आनी गोवादूत दिसाळ्याचे आदले संपादक वामन प्रभू हे तांचे मदले एक येसस्वी पत्रकार. गोमंतक ते गोवादूत आनी गोवा न्यूजलायन ते मराठीयन न्यूज चॅनेलाचे संपादक अशे वाटेन गेल्ले तांचे पन्नासेक वर्सांचे पत्रकारितेचो हांवूय एक साक्षीदार. वामन प्रभू आयज लेगीत तरणाट्याच्या उमेदीन पत्रकारितेंत काम करतात ते पळोवन खोशी भोगता.

वामन प्रभूंचो पत्रकारितेंतलो प्रवास हांव ते गोमंतक दिसाळ्यांत आसतना सावन पळयत आयलां. छापील आनी इल्क्ट्रॉनीक अशा दोनूय माध्यमांतल्यान नदरेंत भर सारखें काम करतल्या पत्रकारांत म्हज्या ह्या इश्टाचो आसपाव जाता. पत्रकार म्हूण वावुरताना तांणी गोंयच्या समाजीक, सांस्कृतीक, राजकी आनी खेळांच्या मळार घसघशीत योगदान दिलां. पत्रकारितेंत ५० वर्सां वयर काळ घालून लेगीत तांचे मदीं तिगून आशिल्ले उमेदींचे दर्शन तांच्या 'मनोहर पर्रीकार-ऑफ द रेकॉर्ड'

ह्या पुस्तका वरवीं घडटा. गोयचे पूत, देशाचे आदले संरक्षण मंत्री आनी राज्याचे आदले मुख्यमंत्री स. मनोहर गोपाळकृष्ण प्रभू पर्रीकाराचेर तांणी बरयिल्ल्या पुस्तकाक म्हजी प्रस्तावना आसची म्हूण विनवणी करचे खातीर ते म्हज्या घरा- म्हापशां आयले आनी म्हज्या हातांत पुस्तकाची मूळ प्रत दिली तेन्ना तर तांचो उत्साह पळोवन म्हाकाय खोस भोगली.

स. मनोहर पर्रीकारा कडेन सत्तावीस वर्सां परस चड काळ इश्टागत आशिल्ले वामन प्रभू हांणी पर्रीकाराच्या तरेकवार तासां आशिल्ल्या व्यक्तीमत्वा विशींच्यो साबार यादी 'मनोहर पर्रीकार-ऑफ द रेकॉर्ड' ह्या पुस्तका वरवीं जिव्यो केल्यात. वामन प्रभू हांची म्हजे कडली वळख ताचे पयलींची, म्हणजे १९७२-७३ पसूनची. तांणी १९९४ वर्सा महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्ष आनी भाजपा ह्या दोनूय पक्षां मदीं युती घडची म्हूण यत्न केल्ले, तेन्ना सावन वामन प्रभूंची पर्रीकारा बराबरची इश्टागत म्हाकाय दिशिल्ली. हांव त्या काळांत म.गो. पक्षाचो अध्यक्ष आशिल्ल्यान युती खातीर तांणी म्हाका भरीक घाल्लो. म्हजे कडेन बरे संबध आशिल्ल्यानूच तांणी हो यत्न केल्लो. त्याच यत्नां विशीं बरयलां म्हूण आसत घडये, ह्या पुस्तका खातीर हांवेंच प्रस्तावना बरोवची अशें तांका दिसलां आसत. आमची दोगांयची पोरणी इश्टागत आशिल्ल्यान हांवें न्हयकार दिवपाचो वा फाटीं- फुडें येवपाचो प्रस्नूच नाशिल्लो. ह्या पुस्तकाचें विश्लेशण हांवें म्हाका पुटवता तेप्रमाण केलां आनी वाचतल्यांक तें पट्टलें अशें म्हाका दिसता.

'मनोहर पर्रीकार-ऑफ द रेकॉर्ड' ह्या पुस्तका वरवीं खेरीत अशी माहिती वाचतल्यां मुखार दवरपाचो बरोवप्याचो यत्न आसा आनी त्या यत्नांत ताका येस मेळ्ळां म्हणपाचें पुस्तक पुरायेन वाचकच जाणवता. हें स. मनोहर पर्रीकाराचें चरीत्र न्हय वा तांचे जिणेचेर राजकी आंगान बरयिल्लें पुस्तक न्हय. बरोवप्यान स. पर्रीकारा कडले आपले अडेच दसकांचे संबंध जिवे करतना वाचतल्यांक कितें तरीं वेगळें दिवपाचो यत्न केला म्हणपाचें पुस्तक वाचतकच मतींत येता. स. पर्रीकारा बराबर आशिल्ली बरोवप्याची २६-२७ वर्सांची वळख, तिचे वरवीं बरोवप्याक घडिल्लें पर्रीकारांचे सभावदर्शन आनी हेर गजाली सांगतना बरोवप्यान हातचें कांयच राखून दवरूंक ना. त्या काळांतले बरे- वायट अणभव

संदर्भा सयत मांडिल्ल्यान पुस्तक पुराय वाचले बगर सकयल दवरप कुस्तार जाता. मनोहर पर्रीकाराची जीण म्हळ्यार एक उकतें पुस्तक, अशें म्हणटाले; पूण वामन प्रभू हांच्या ह्या पुस्तकांत हाचे पयलीं उजवाडांत येवंक नाशिल्ली अशी बरीच माहिती आसा आनी ती फकत पर्रीकारा कडेन तांची घट इश्टागत आशिल्ल्यान पुस्तकांत आयल्या अशें म्हणू येता.

वामन प्रभू हांच्या यत्नांक लागून १९९४ वर्सा म.गो आनी भाजपा मदीं जाल्ले युती विशींची माहिती चडशा लोकांक आसची ना. तेन्ना हांव म.गो. पक्षाचो अध्यक्ष आशिल्लों तर धर्मा चोडणकार सचिव आशिल्ले. भाजपा कडेन युती करची अशें सगळ्यांकूच दिस नाशिल्लें तरीं कांय फुडाऱ्यांची तशी इत्सा आशिल्ली. हिंदू मतांचे विभाजन भाजपा आनी म.गो.मदीं जावन कॉंग्रेसीक ताचो लाव मेळचो न्ही ही तिचे फाटली भावना आशिल्ली. वामन प्रभू हे पर्रीकाराचे आनी म्हजेय इश्ट. त्याच संबंधांतल्यान तांचे कडल्यान युतीचो प्रस्ताव आयलो आनी तीन- चार बसका जाले उपरांत ताका मूर्त रूपूय आयलें. वामन प्रभू तेन्ना पुढारी दिसाळ्याचे गोंय प्रमूख आशिल्ले. युतीची प्रत्यक्ष घोशणा जाय मेरेन तांणी कसलीच प्रसिद्धी दिवंक नाशिल्ली आनी खवदळूय घालूंक नाशिल्लो. युती आपल्याक लागुनूच घडली म्हूण तांका श्रेय घेवपाक येतालें, पूण तांणी ते बाबतींत तोखणाय करपा सारखी परिपक्वताय दाखयल्ली. पत्रकार होय समाजाचो एक घटक आशिल्ल्यान ताणें समाजा खातीर आपले विवेक बुद्दी प्रमाण निर्णय घेवप चुकीचें न्हय अशें जें प्रभूंक दिसता तें पटपा सारखेंच. दिसाळीं हीं समाजाची गरज आसता आनी प्रभू हाणी तेच भावनेन युती खातीर यत्न केल्ले,अशें म्हणू येता.

१९९४ वर्साचे वेंचणुकेंत पणजे मतदारसंघांत स.मनोहर पर्रीकार आनी तांचे वावुरपी 'जिंकू किंवा मरू' अशी जिद्द दवरून लडले. तेन्ना सावन पर्रीकारा मदलो जोश आनी उमेद आम्मी लागींच्यान पळयत आयल्यात. पर्रीकाराच्या व्यक्तीमत्वाची तरेकवार तासां पळोवपाचें भाग्य वामन प्रभू हांच्या वांट्याक आयलें. तांचे विशींच्यो साबार यादी तांणी ह्या पुस्तकांतल्यान आमचे भेटेक हाडल्यात. स. मनोहर पर्रीकाराच्या भाजपाचे राजकी परिपक्वतायेचो अणभव म्हज्या अध्यक्षते खाला १९९९ वर्सा विधानसभा वेंचणुकेची तयारी करतल्या म.गो. पक्षाक आयलो. हे

वेंचणुकेंतूय भाजपा कडेन युती जातलीच अशें धरून म.गो पक्षान आपली रणनिती तयार केल्ली. युतीविशीं वाटाघाटी करचे खातीर म्हूण गोंयांत आयिल्ले प्रमोद महाजन आनी मनोहर पर्रीकारान आडमुठेपणा करीत भलत्योच मागण्यो मुखार हाडिल्ल्यान युती जावंक पावली ना. उमेदवारी अर्ज भरपाची मुदत सोंपपाक दोन- तीस दिस उरिल्ले आसतना महाजन- पर्रीकारान स्वतंत्रपणान वेंचणूक लढपाच्यो गजाली सुरू केल्यो. भाजपा कडेन युती जातलीच ह्या भरवशाचेर निर्धास्त आशिल्ल्या म.गो. पक्षाची तांणी आवतिकाय करून उडयली. म. गो. पक्षाक तेन्ना कांय मतदारसंघांत उमेदवारूय मेळप कुस्तार जाल्लें. खरें म्हळ्यार भाजपा असो घात मारूंक शकता म्हणपाचो अदमास ताचे पयलींच म्हळ्यार १९९६ वर्सा जाल्ले लोकसभा वेंचणुके वेळार म.गो. आनी शिवसेना ह्या युतींतल्या घटक पक्षांक येवपाक जाय आशिल्लो. हे वेंचणुकेंत युती जाल्ली आसतनाय उत्तर गोंय मतदार संघांतल्यान म.गो. पक्षाचे उमेदवार ॲड. रमाकांत खलप हांचे आड स्वता मनोहर पर्रीकार हाणीं वेंचणूक लडयली तर दक्षीण गोंय मतदारसंघांत म.गो. पक्षाच्या डॉ. काशीनाथ जल्मी हांचे आड डॉ. सुरेश आमोणकार उबे आशिल्ले. इतलें जावनूय भाजपाच्या राजकी हेतूची सुलूस म.गो.पक्षाक लागूंक नाशिल्ली, हें त्या पक्षाचें दुर्दैव. पक्षाच्या पतनाची सुरवात थंय सावनूच जाली, अशें म्हाका दिसता.

१९९८ वर्सा लुइझिन फालेरो हांच्या फुडारपणा खाला आशिल्लें गोंयचें सरकार कोसळपाक कारण ठरलो ख्रि.जॉन व्हाज आनी स. देऊ मांद्रेकार ह्या दोन आमदारांनी डॉ. विल्फ्रेड डिसोझा हांच्या गोवा राजीव कॉंग्रेस ह्या पक्षांत केल्लो प्रवेश. भाजपाच्या चार आमदारांचें फाटबळ मेळटलेंच, अशें धरून डॉ. डिसोझान सगळें जुळोवन हाडिल्लें, पूण भाजपान ऐन वेळार राज्यपालांक पत्र दिवन आमी नव्या सरकाराक पाठिंबो दिनात म्हूण कळयलें. ही रणनिती आंखपाक स. मनोहर पर्रीकारूच मुखार आसताले. वामन प्रभू हांणी अशे तरेच्या घडणुकांचो वेध घेतना तांच्या दोनूय बाजूंक बरे तरेन मुखार हाडलां. आपणें लागींच्यान पळयिल्लें स. पर्रीकाराचें राजकारण आनी पत्रकारितेंतली त्या २५-२६ वर्सांतली भोंवडी हांचो सोबीत सांगोड घालीत वामन प्रभून हें पुस्तक वाचनीय जातलें म्हणपाची जतनाय घेतल्या.

वामन प्रभूंची पत्रकारीता हांव १९७२-७३ वर्सा पसून लागींच्यान पळयत आयलां. मुखेल उपसंपादक, खेळां संपादक, मुखेल प्रतिनिधी, संपादक, अशी तांची भोंवडी. १९९४ वा १९९५ वर्सा जाल्ली एक घडणूक हांगा सांगपा सारखी. स. देऊ मांद्रेकार म.गो. पक्षांतल्यान फुटिल्ल्याची खबर वामन प्रभून म्हाका दिली तेन्ना हांवें तांका पिश्यांतूच काडिल्लें. स. मांद्रेकाराची म.गो. पक्ष आनी भाऊसायबां वयली निश्ठा सगळ्यांक खबर आशिल्ली. देखुनूच तांणी पक्ष सोडलो वा ते फुटिल्ल्याचे खबरेचेर विश्वास दवरप शक्यूच नाशिल्लें. मांद्रेकाराचे निश्ठे विशीं वामन प्रभूंक दोन उतरां नेटान सांगून हांवें फोन दवरलो पूण कांय वेळांत ती खबर खरी म्हणपाचें कळटकच हांवें तांका परतून फोन केलो आनी तांची माफी मागली. भाजपा, म.गो., कॉंग्रेस ह्या पक्षांतल्या फुडाऱ्यां कडेन तांची आतांय इश्टागत आसा. विजय मल्ल्या हांणी जनता पक्ष स्थापन केलो तेन्ना पणजेच्या कांपाल ट्रेड सेंटरांत पक्षाचें कार्यालय उगडलें. २००३-०४ वर्साची ती खबर आसतली. तेच इमारतींत गोवा न्यूजलायन चॅनेलाचें कार्यालय आशिल्लें. जनता पक्षाचो अध्यक्ष म्हूण थंय सावन काम करतना हांव वामन प्रभू आनी तांची टीम कशी वावुरता तेंय लागींच्यान पळयतालों. ते भाजपा आनी स. मनोहर पर्रीकारा वटेन आसतात आनी ताचो लाव भाजपाक जाता म्हणपाचेंय दिसतालें. घडये मनोहर पर्रीकाराचें उलोवप वा एकाद्रो मुद्दो मांडपाची रीत लोकांक आवडटाली, अशेंय आसूं येता. भाजपाच्या प्रवासांत गोवा न्यूजलायन चॅनेलाचें योगदानूय म्हत्वाचें आसा, अशें म्हाका दिसता. आपलो हो चॅनेल मनोहर पर्रीकार सत्तेंत आसतनाच बंद जालो अशें वामन प्रभू ह्या पुस्तकांत सांगतात, पूण ताचे फाटलीं कारणां मात सांगीनात.

स. मनोहर पर्रीकार हे आमच्या म्हापशाचे पूत. तांचे दोगूय पूत, उत्पल आनी अभिजात हांव प्राचार्य आशिल्ल्या ज्ञानप्रसारक मंडळाच्या कुशे उच्च माध्यमिक विद्यालयांत शास्त्र फांट्याचे विद्यार्थी, हें सांगतना म्हाका अभिमान दिसता. दोगूय बुद्दीन बापाय सारखेच हुशार आन तल्लख. उत्पलान तर गोंय शालांत आनी उच्च माध्यमिक मंडळाचे गुणवत्ता वळेरेंत बारावी विज्ञान फाट्यांत राज्यांत तेरावें स्थान मेळयलें आनी आमच्या उच्च माध्यमिक विद्यालयाचें नाव काडलें. आपली घरकान्न मेधा हांच्या मरणा उपरांत मनोहर पर्रीकारान आपल्या दोनूय

भुरग्यांक कशे तरेन वयर काडलें तें उत्पल आनी अभिजाताचें शिक्षणातलें येस दाखोवन दिता. राजकारणाच्या नावान समाजकारण करीत आनी आपल्याक सतत कामांत घुसपावन घेत घरकान्नीच्या वियोगाचें दुख्ख विसरपाचो कसो यत्न केलो तें पुराय गोंयांक खबर आसा. परीकाराचे जिणेंतल्यो बऱ्योच घडणुको लागींच्यान पळयिल्ल्या वामन प्रभून सोप्या आनी सुटसुटीत उतरांनी ताचो नियाळ घेतिल्ल्यान हें पुस्तक मन लावन वाचपा सारखें जालां. तातूंत तरेकवार संदर्भ आशिल्ल्यान अभ्यासकां खातीर तें दस्तऐवज जावं येता. तें वाचप्यांक मना सावन आडटलें, हे विशीं म्हज्या मनांत दुबाव ना. परीकाराक ते कितले लागीं आशिल्ले तें पुस्तकांत आसपावन घेतिल्ले फोटे सांगतात. म्हजो इश्ट, वामन प्रभूक ह्या पुस्तका बद्दल परबीं भेटयतना तांची उमेद अशीच सळसळत उरची आनी तांच्या हातांतल्यान खुपशी साहित्य निर्मिती जावची अशो शुभेत्सा हांव दितां.

– प्राचार्य सुरेंद्र सिरसाट

आदले सभापती, गोंय विधानसभा

आदले पंचायत आनी ग्रामीण उदरगत मंत्री, गोंय.

कोकणी आवृतीच्या निमतान...

देशाचे आदले संरक्षणमंत्री तशेंच गोंयचे आदले मुख्यमंत्री स.मनोहर पर्रीकार हांच्यो यादी आसपाविल्ल्या म्हज्या 'मनोहर पर्रीकर- ऑफ द रेकॉर्ड' ह्या मराठी पुस्तकाचो कोंकणी अणकार वाचप्यां मुखार दवरतना म्हाका खूब खोस भोगता. मराठी वाचप्यांनी म्हज्या पुस्तकाक उपाट प्रतिसाद दिलो, दोन-अडेज म्हयन्यां भितर ताची दुसरी आवृत्ती उजवाडावची पडली. हेंच ह्या पुस्तकाचें यश, अशें हांव मानतां. मार्च म्हयन्यांत 'मनोहर पर्रीकर- ऑफ द रेकॉर्ड'ची हिंदी आवृत्तीय उजवाडाक आयली आनी पुस्तक राष्ट्रीय पांवड्या वयल्या वाचप्यां मेरेन पावलें. हिंदींतल्यान पुस्तक वाचतल्यांकूय ते भोव आवडलें. पर्रीकाराचेर कोंकणींत कित्याक पुस्तक ना, असो प्रस्न करपी खूप जाण भेटले आनी तांची उमळशीक पुराय करचे खातीर हांवूय कामाक लागलों. पर्रीकारा वयलें हें हिंदी बराबर कोंकणींतलेंय पयलेंच पुस्तक आशिल्ल्याची खोशी म्हाका जाता. वाचपीय ताका उमेदीन येवकारतले, अशी आस्त हांव बाळगीतां.

माहिती प्रसाराच्या आयच्या युगांत पुस्तकां विकत घेवन वाचपी सभागे साप्प दुर्मिळ जाल्यात. अशेय परिस्थितींत म्हज्या मराठी पुस्तकाक आनी ताच्या हिंदी अणकाराक मेळिल्लें उपाट यश पळयतकच लोक

पुस्तकां विकत घेवन वाचीनात, अशें हांव म्हणचोना. गोंयचो फाकीवंत पूत, जाच्या असामान्य कर्तृत्वाक लागून राष्ट्रीय पांवड्या वयल्या तेंगशेच्या तीन- चार फुडाऱ्यां मदीं जांचो आसपाव जातालो त्या स. मनोहर पर्रीकार हांचे वयल्या मोगाक लागुनूच म्हज्या पुस्तकात वाचतल्यांनी वाखाणलां काय कितें, असोय प्रस्न म्हाका पडला. ह्या पुस्तकांत मनोहरबाबां विशींच्या म्हज्या यादींचो आसपाव हांवें केला आनी त्यो यादी वाचतल्यांक आवडल्यो, अशें हांव समजतां.

आपल्या अफाट कर्तृत्वान स. मनोहर पर्रीकारान मळबाची उंचाय हुपली. ते मागीर गोंयां पुरतेच मर्यादित उरले नात. देशाचे संरक्षणमंत्री म्हूण पर्रीकारान फकत दोन- सवायदोन वर्सां भितर केल्ल्या कामाची तर कोणाकडेनूच तुळा करपाक येवची ना. ह्या काळांत ते लखनौंतल्यान वेंचिल्ले राज्यसभा वांगडी आशिल्ले. चोंय वशींनी लोक तांका नावाजतालो. कोंकणी वाचतल्यांक हें व्यक्तीमत्व नवें न्हय; तांणीय पर्रीकारांचेर उपाट मोग केला. पर्रीकारांच्या यादींचो हो झेलो कोंकणी वाचप्यां मुखार पावोवपाचो शुद्ध हेतू हें पुस्तक उजवाडावपा फाटल्यान आसा आनी कोंकणी वाचपी ताका उमेदीन येवकारतले म्हणपाची खात्रीय म्हाका आसा.

पर्रीकाराची आनी म्हजी २७ वर्सांची इश्टागत. भार आयिल्ले वरी काम करीत सगळ्यांक सांगातान घेवन वचपाची तांची कळाशी पळोवन नकळटांच हांव तांचो समर्थक जालों. तांच्या निमाण्या खिणा मेरेन हो मोग तसोच जिवो तट्टीत आशिल्लो. पर्रीकारांची साबार रुपां हांवें लागींच्यान पळयल्यांत आनी अणभवल्यांत. ह्या मनशान आपले कारकिर्दीत आपल्या राज्या खातीर आनी देशा खातीर वावर करताना आपले बुद्धीच्या बळार त्या कार्याक वेगळेच उंचायेचेर व्हरत आपले अफाट प्रज्ञेन समेस्तांक दिपकायलें. पंतप्रधानपदाचे फुडले उमेदवार म्हूण कांय जाण तांचे कडेन पळयताले; हाचे वयल्यान तांच्या वावराची मोलावणी करूं येता. सामान्य मनशाक तांच्या वावराचो अभिमान दिसतालों, हातुंतूच सगळें आयलें.

पर्रीकार खरे कशे आशिल्ले हें पुराय देशाक तांच्या मरणा उपरांतूच कळ्ळें, अशें म्हाका दिसता. तांच्या असामान्य कार्याचो आनी कर्तृत्वाचो जो भौमान सेगीत तीन दीस राष्ट्रीय प्रसार माध्यमांनी केलो, तांच्यो

यादी जे तरेन उजळावन उडयल्यो; तिची अपेक्षा गोंयकारांकूय नाशिल्ली. एक सादो कार्यकर्तो म्हूण पर्रीकारान आपली राजकी जीण सारली. राजकारणी म्हूण साबार पांवड्यार तांणी आपल्या कर्तृत्वाची म्होर उठयली. आयकत रावपा सारखें वक्तृत्व आनी शिस्तीचो आग्रो धरपी सभाव. बारीक सारीक लोकांकूय तांचेविशीं मोग आसपाचें कारण म्हळ्यार सगळ्यांक सांगातान आनी विश्वासांत घेवन मुखार वचपाची तांची कार्यशैली. व्हड फुडारी जातलो जाल्यार मनूय व्हड आसपाक जाय. तेंच तत्वगिज्ञान वेंगायत पर्रीकार जियेले.

पर्रीकारांचे राजकी जिणेचे दोन वांटे हांव करतां आनी ह्या पुस्तकांतूय वाचतल्याक तें स्पश्टपणान जाणवतलें. २०१२ वर्सा उपरांतचे मनोहर पर्रीकार ते पयलींच्या पर्रीकारा परस खूब वेगळे आशिल्ले, अशेंच हांव आयजूय मानतां. पयलींच्या पर्रीकाराक लागच्यान पळयतल्यांक तांचें हें दुसरें रूप निखालस मानवूंक नाशिल्लें. राजकारणांत रावन कोण सगळ्याच लोकांक सदांकाळ खोशी दवरूंक शकना; हो सिद्धांत पर्रीकाराक लायलो तरींय २०१२ वर्सा उपरांतचे पर्रीकार एके वेगळेच वळेरेंत वचून बसतात. त्या बदलाचो परामर्सूय हांवें ह्या पुस्तकांत घेतला. जीवापाड सांबाळिल्ल्या आपल्या तत्वांक सोडून भरकटत गेल्ले पर्रीकार म्हज्या सांगातान तांच्या आनीकूय बरें मागत्यांक दिसले. तांच्या राजकारणाची वा समाजकारणाची तुस्त करतल्यांक हो बदल घडटना पळोवन खूप त्रास जाले.

एक सामान्य वावुरप्या पसून देशाच्या संरक्षणमंत्र्या मेरेनचो हो अजापाचो प्रवास लागींच्यान पळोवपी हांव एक साक्षीदार. जें म्हाका दिसलें, हांवें जें अणभवलें, जें म्हाका मानवलें तें उतरां वरवीं तुमचे मुखार दवरतां

स. मनोहर पर्रीकाराचेर कोंकणींतल्या बरयिल्लें हें पयलेंच पुस्तक. कोंकणींत बरोबन वाचतल्यां मुखार दवरपाचें आव्हान पेलतना मनांत बरीच धाकधूक आसा. कोंकणींतल्यान बरोवपाची संद म्हाका व्हडलीशी मेळ्ळीच ना. कोंकणी प्रिंट मिडियांत काम करपाचीय संद लाभली ना. कोंकणी इलेक्ट्रॉनिक मिडियांत १२-१३ वर्सां केल्लो वावरूच हांगा आधाराक आयला. म्हज्या पुस्तकाच्या मराठी आनी हिंदी आवृत्त्यांक

वाचतल्यांनी जे तरेन उखलून धरलें तसोच येवकार ह्या कोंकणी अणकाराकूय मेळटलो, हाची खात्री आसपा फाटलें तेंच तर कारण!

मनोहर पर्रिकार-ऑफ द रेकॉर्ड' या कोंकणी पुस्तकाच्या प्रकाशना खातीर खूब जाणांचो पालव मेळ्ळो देखुनूच उण्या काळांत हें पुस्तक हांव वाचतल्यां मेरेन पावोवंक शकलों. सगळ्यांचे काळजा सावन उपकार.

देव बरें करूं!

– वामन सुभा प्रभू

लेखानुक्रम

नांदी, पर्रीकार पर्वाची	१७
तिसरी शक्त उदेली	२४
आगळें रसायन	३२
म. गो. चो चंवर गळ्ळो	३९
संद आयली दारांत	४७
क्रिकेट आनी राजकी तडजोड	५४
गोध्रा कनेक्शन	६१
पर्रीकाराची हॅट्ट्रीक	६९
गोंय विकासाचे दिशेन	७७
कालगती	८४
अती आत्मविश्वास नडलो	९२
गणितां चुकलीं, चुकत रावलीं	९९
आमदारांचो क्लास	१०७
दिनार तारकाराचें आव्हान	११३
कसवटेचे दीस	१२०
भांगराळे दीस	१२७
बाबुशा कडेन फिक्सींग?	१३३
चुरचुऱ्यांची एक्झीट	१४२
शेणिल्ले पर्रीकार	१४९
दिल्लीचें आपोवणें	१५५
वडाची सावळी	१६३
लस्काराचें रीण फारीक केलें	१७०
परत जाले मुख्यमंत्री	१७७
वेगळेंच सरकार	१८५
नशिबाचो खेळ	१९२
सादो मनीस	२००
विकासपुरुश	२१०
साम्य–दोन मनशांतलें	२१८

नांदी, पर्रीकार पर्वाची

वर्स १९९२. पुढारी ह्या दिसाळ्याचो गोवा ब्युरो चिफ म्हूण हांव काम पळयतालों. पणजे, मेरी इमॅक्युलेट इंगर्जे लागीं आशिल्ल्या जॉन पॉल बिल्डिंगेंत ह्या दिसाळ्यांचे ल्हानशें कार्यालय तेन्ना आशिल्लें. तीन वर्सां उपरांत तें सांतिनेजांत एमेराल्ड टॉवर्सांत स्वताच्या जागेंत व्हेलें. आयजूय तेच जागेंतल्यान काम चलता. ते पयलीं पत्रकारितेंत दोन दसकांचो काळ सारिल्ल्यान गोंयच्या राजकीय पटा वयल्या चडशा मनशां कडेन म्हजो परिचय आशिल्लो. १९९१चे लोकसभा वेंचणुकेंत २६ हजारां परस चड मतां घेवपी भारतीय जनता पक्षाचे उमेदवार मनोहर पर्रीकार हांचे कडेनूय बरी वळख

जाल्ली. म्हाका याद जाता तेप्रमाण ९२तूच केन्ना तरीं पणजेच्या कुंडयकार नगरा लागीं एके ल्हानशे इमारतींत प्रदेश भाजपाचें कार्यालय आशिल्लें आनी थंयच पयले फावट हांव पर्रीकाराक मेळिल्लों. पयले माळयेर आशिल्ल्या ह्या सान कार्यालयांतल्यानूच तेन्ना भाजपचें संघटन कार्य चलतालें. अध्यक्ष आशिल्लो श्रीपाद नायक आणि मनोहर पर्रीकार सचिव. पणजी आनी गोयांत पक्षाचें संघटन कार्य सगळ्याक पावोवपाचो सोपूत कसो घेवन नायक, पर्रीकार आनी तांचे हेर सांगाती जीव तोडून काम करताले. तांची मोख आशिल्ली १९९४ जावपी गोंय विधानसभेची वेंचणूक. पुढारी दिसाळ्या खातीर काम करतना मनोहर पर्रीकाराक मेळपाचो योग ते उपरांत सतत आयलो. आमची दोगांयची नाळ बरी जुळ्ळी आनी मुखार आमी एकामेकाचे बरे इश्ट जाले. पर्रीकाराची काम करपाची रीत ओडलायणी आशिल्ली. एक निश्चित अशी मोख दवरून परीर्कार आनी ताचे सांगाती भार आयिल्ले वरी पक्षाचें कार्य मुखार व्हरताले. मनोहर पर्रीकार आनी श्रीपाद नायक म्हळ्यार राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघान भाजपक दिल्ली मोलदीक भेटूच. पक्षा खातीर वावुरतल्या कार्यकर्त्यां मदीं पर्रीकार वेगळेच दिसताले.

बरोच मर्यादित आटाप आसतना आनी संघटनेचे बळगें आदाराक नासतनाय भाजप गोंयचे विधानसभेचे तयारेक नेटान लागिल्लो. चार वर्सां आदीं जाल्ले १९८९चे वेंचणुकेंत खर अपेस पदरांत पडुन लेगीत पक्षान जिद्दीन आपलें कार्य चालू दवरिल्लें. तेन्ना सत्तेचेर आशिल्ली कॉंग्रेस वा विरोधी पक्ष आशिल्ल्या महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षाच्या खिसगणटेंतूय भाजप खंयच नाशिल्लो, हेंवूय तितलेंच खरें, महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षाकडें संघटनेचे बळगें तशें नाशिल्लेंच. मात निष्ठावंत अशा वावुरप्यांचे भिरें वेंचणुकेंत आपल्या पक्षाच्या उमेदवाराक वेंचून हाडचे खातील जिवाचें रान करतालें. १९९४ चे वेंचणुकेंत महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षा कडेन युती करपाचें भाजपान थारायिल्लें आनी मनोहर पर्रीकाराची नदर पणजे मतदारसंघाचेर थिराविल्ली. मात ह्या विशयाचेर केन्ना उकतेपणी भासभास जाल्ली म्हजे तरी यादींत ना. १९९४ वर्स सोंपतनाची एक घडणूक; पर्रीकार पणजेंतल्यान वेंचणुक लडोवपाची तयारी करता म्हूण हांव जाणा

आशिल्लों. पूण तांका पणजेंतल्यान फाटबळ मेळूंक लागलां म्हणपाचें म्हाका तेन्ना कळ्ळें. जालें अशें, हांव कार्यालयांत काम करता आसतना धा- बारा वावुरपी म्हाका मेळूंक आयले. तांचे मदल्या चौग- पांच जाणांक तरीं हांव बेस बरो वळखतालों. अशोक नायक, रघुनंदन सामंत अशीं कांय नावां याद जातात. ते कित्याक आयल्यात तें कळना फुडें मात हांव मातसो सादुर जालों. पणजे मनोहर पर्रीकाराकूच तिकीट मेळपाक जाय असो ह्या वावुरप्यांचो आग्रो आशिल्लो. उमेदवारी कोणाक दिवपाची हें शेवटाक सुभाष वेलिंगकारूच थारावपाचो आशिल्लो. पूण ते परिस्थितींत तो पर्रीकाराकूच मुखार हाडटलो म्हणपाची खात्री नाशिल्ली. हांवे वेलिंगकार सरां कडेन उतर घालें जाल्यार पर्रीकाराक उमेदवारी मेळप सोपें जातलें असो पिशेपणाचो समज करून घेवन ते म्हजे कडेन आयिल्ले. सुभाष वेलिंगकारा कडेन पत्रकार म्हूण म्हजी वळख आशिल्ली, पूण पर्रीकाराक लागून हांवें तांचे कडेन उतर घालचें आनी तांणी तें मान्य करचें, इतली ती दाटूय नाशिल्ली. वेलिंगकारा कडेन मागीर उलयतां, अशें सांगून हांवे वेळ मारून व्हरपाचो यत्न केलो, पूण ते आयकुपाचे मनस्थितींत नाशिल्ले. ते आग्रोच करतात म्हूण मागीर हांव फोनाचेर वेलिंगकार सरां कडेन उलयलों. तेन्ना पर्रीकार आनी म्हजे संबंध नावा पुरतेच आशिल्ले. ते घडणुके उपरांत मात आमी खूप लागीं आयले. पर्रीकाराक विधानसभे खातीर पणजेंतल्यान उमेदवारी मेळिल्ली जाल्यार म्हाकाय खोस भोगपाची. तितली आमची इश्टागत आशिल्लीय बी. पूण आमची ही वळख उकती करी नासतना हांवें पर्रीकाराकूच कित्याक असो प्रश्न त्या वावुरप्यांक विचारलो. पर्रीकाराचेर तांचो उपाट विश्वास आशिल्लो. भाजपा खातीर पणजेचो कोट जिखपाची तांक फकत पर्रीकारा मदींच आसा, असो विश्वास तांका दिसतालो. १९९१चो लेकसभा वेंचणुकेंत पर्रीकाराक मेळिल्ल्या २६ हजार मतांची देख दीत तांणी आपलें म्हणणें म्हाका पटोवपाचो यत्न केलो. पर्रीकाराचें नांव पणजी मतदारसंघा खातीर विचारांत आशिल्ल्याची म्हाकाय जाणविकाय आशिल्ली. म्हजी तांचे कडेन गाठभेट जाल्ली तेन्नाय तशी सुलूस म्हाका लागिल्ली. पूण पणजेंतल्या म्हालगड्यांक आनी चड करून सारस्वत समाजांतल्या तरणाट्यांक ते मानवतले काय

कितें असो दुबावूय दिसतालो. पणजेचे उमेदवारी खातीर परतून माधव धोंड आनी हेर कांय सारस्वतांच्या नावाचो विचार चलतालो. पूण म्हाका मेळपाक आयिल्ल्या त्या वावुरप्यांच्यो भावना सुभाष वेलिंगकारा कडेन पावोवपाचें काम म्हाका करचें कशें दिसलें. तांचें म्हणणें हांवें वेलिंगकारा कडेन पावयलें, पूण जेन्ना ताणें म्हाका स्वताक कितें दिसता असो प्रश्न केलो तेन्ना मात हांव मातसो गोंदळ्ळो. रोखडोच भानार येवन, म्हाकाय तशेंच दिसता अशें म्हणून हांवे पर्रीकाराक तेंकोच दिलो. हांवे आपल्यो भावना वेलिंगकार सरा मेरेन पावयल्यो म्हूण म्हाका मेळपाक आयिल्ले वावुरपी खुशालभरीत जाले. उपरांत कांय जाणांनी म्हजी भेट प्रमोद महाजन आनी गोपीनाथ मुंडे हांचे कडेन घडोवन हाडली. पणजे पर्रीकाराक उमेदवारी दिली जाल्यार लोकांचें फाटबळ मेळटलें काय कितें, हें तांका जाणून घेवपाचें आशिल्लें. हांवें पर्रीकारांचे नांव कित्याक मुखार केलें हाची जाप आयजूय म्हाका दिवपाक जावची ना. पूण पर्रीकाराकडेन लागींच्यान संबंध आयिल्ल्यान आनी ते मजगतीं तांच्या व्यक्तीमत्वांची कांय तासां म्हाका होलमल्ल्यान हांवें म्हजो तेंको ताका दिलो आसपाक जाय. ते घडणुके उपरांत मात हांव आनी पर्रीकार खुब लागीं आयले. ते मेळिल्ले फावट महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षा कडले युतीच्या विशयाचेर आमी उलयताले. १९८९चे वेंचणकेंत मगो आनी भाजप हांचे मदीं हिंदू मतां वाटून गेलीं आनी ताचो लाव कॉंग्रेसीक कसो जालो, हे पर्रीकार आकडेमोड करीत सांगताले आनी तें खरेंच आशिल्लें. युती जाली जाल्यार मगो आनी भाजपाक राजकीय लाव जातलो म्हणपाचें म्हाकाय पट्टालें. १९८९चे वेंचणुकेंत म.गो. पक्षाचे उणेच चार पांच उमेदवार ४००-५०० मतांच्या फरकान हारिल्ले, देखून हे फावट युती जावंकूच जाय अशें पर्रीकाराचें म्हणणें आशिल्लें. पूण गाडी वावभर लेगीत मुखार वचनाशिल्ली. ते पयलींचे वेंचणुकेंत भाजपा खातीर दोन जागे लेगीत सोडचे नात म्हणपी मगोपच्या फुडाऱ्यांक युती खातीर तयार करपाची गरज आशिल्ली. मगो पक्षांतले मोहन आमशेकार आनी कांय जाणांक युती जावंक जाय अशें दिसतालें. पूण फुडारी मातशे आपल्याच वाद्याचे आशिल्ले. तेन्ना सुरेंद्र सिरसाट हे मगोपचे अध्यक्ष आशिल्ले आनी धर्मा चोडणकार सचिव. हांव पत्रकार म्हूण गोमंतक दिसाळ्यांत

काम करतालों तेन्ना सावन सुरेंद्र सिरसाट हे म्हजे इश्ट. देखूनच हांवें मुखार सरून सिरसाटा कडेन उलोवचें, अशें पर्रीकाराक दिसतालें. दोनूय पक्षांनी लागीं येवचें अशें आता म्हाकाय दिसूंक लागलें. तसो राजकारणा कडेन म्हजें देणें घेणें केन्नाच नाशिल्लें. दयानंद नार्वेकार हांचे कडेन मात १९७८ पसून म्हजो दाट संबंध आयिल्लो. हणदोणें मतदारसंघात आमचे वसणुकेचो आसपाव जातालो आनी दोन- तीन फावटीं तांच्या सांगातान हांव तांचे बराबर वसणुकेंत भोविल्लों तशेंच तांचे प्रचार सभेचे वेदीचेरूय चडिल्लों. आता मनोहर पर्रीकारा कडेनूय तशीच इश्टागत जाल्ली. दिसपाक लागलें, आपणें युती खातीर यत्न कित्याक करचे न्हय? सुरेंद्र सिरसाटांचो अदमास घेतना ते युतीच्या विरोधांत नात म्हणपाचे कळ्ळें आनी म्हजी उमेद वाडली. खरें म्हळ्यार पत्रकार ह्या नात्यान जें घडटा तेंच तटस्थपणान वाचप्यां मेरेन पावोवप हें म्हजें कर्तव्य. ते सोडून हांव युती खातीर कित्याक वावुरतां हें म्हाकाय कळ नाशिल्लें. पूण पत्रकार हो समाजाचोच एक घटक आसता आनी समाजाचें बरे जांवचें म्हूण ताणें आपले विवेक बुद्दीचे साणीर घासून कांय पावलां उखल्ल्यार तातूंत वायट तें कितें अशें म्हजे पत्रकारितेंतले गुरू माधवराव गडकरी म्हणटाले. हांव युती खातीर यत्न करूंक लागलों आनी मदेस्तीची गाडी बरीच मुखार गेली. मगोपचे रमाकांत खलप हांकाय हांव बेस बरो वळखतालों, पूण तांचे कडेन हक्कान वचून कितेंय सांगचें, इतली दाटी नाशिल्ली. सुरेंद्र सिरसाट हांची गजाल मात खेरीत आशिल्ली. गोमंतक दिसाळ्याचे म्हापशाचे खबरांकार म्हूण ते काम पळयताले, तेन्ना सावन आमची वळख. एकामेकांक आरे- तुरे करपा इतली ती दाट आशिल्ली. सिरसाटाक युतीचें म्हत्व होलमल्लें. निमाणे कडेन दोनूय पक्षांक एकामेका सामकार हाडचे खातीर म्हाकाच फुडाकार घेवचो पडलो आनी तांचे मजगतींच्यो सुरवेच्यो तीन- चार बसकाय म्हज्याच पर्वरेच्या घरनिर्माण वसणुकेंत आशिल्ल्या घरा जाल्यो. मगो कडल्यान सुरेंद्र सिरसाट आनी मोहन आमशेकार तर भाजपा कडल्यान मनोहर पर्रीकार आनी श्रीपाद नायक येताले. रातीं इकरा वरांचेर बी ह्यो बसका सुरू जाताल्यो. पर्रीकार, श्रीपाद नायक आपल्यो गाडयो पैस उब्यो करून चलत आमच्या घरा कडेन येताले. कोणाक खबर लागची न्हय हो

ताचे फाटलो हेत. तांतुतली एक बसका चार ऑक्टोबराक म्हणजे श्रीपाद नायक हांच्या वाढदिसाक जाल्ली म्हणपाची याद म्हाका आसा. परबीं भेटयत आमी तांका लाडू भरयिल्ल्याचीय याद जाता. शमी आनी प्रवेश ही म्हजीं भुरगीं तेन्ना १३-१४ वर्सांची आसूयेत. पर्रीकार, श्रीपाद नायक, सिरसाट हे तांचे खातीर 'अंकल' आशिल्ले.

भाजपा खातीर फकत पाच जागे सोडपाच्या प्रस्तावा पसून वाटाघाटींक सुरुवात जाली. ८९ ते ९४ ह्या पांच वर्सांच्या काळात भाजपान संघटनकार्यांत मारिल्ल्या उड्डाणाची कल्पना मगोक आशिल्ली. देखून भासाभास सोपी जाल्ली. पाचां वयल्यान सात जाग्यांचेर पावलें आनी साष्टींतल्या पांच- स जाग्यांक जोडीत भाजपाक वट्ट तेरा जागे दिवपाक मगोचे फुडारी राजी जाले. युती जाहीर करपा खातीरची निमणी बसका तेन्ना सुरेंद्र सिरसाट हांच्या म्हापशेंच्या पोरण्या घरांत जाल्ल्याचीय याद जाता. फातोडे मेरेन बी बसका चल्ली आनी अडेजांक बरीच भासाभास केले उपरांत युतीचेर मान्यतायेची म्होर लागली. महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षाक तेन्ना सांताक्रुझ, सांत आंद्रे, मुरगांव, नावेली, कुकळ्ळी धरून पाच- स जाग्यांचेर वेंचणूक लढोवपाची इत्सा नाशिल्ली. ते सगळे मतदारसंघ भाजपाच्या मूळ पाच जाग्यांक जोडले. राज्यांत सगळे कडेन आपलीं पाळांमुळां पावोवपाचे नदरेन भाजपाचें काम तर केन्ना सावन चालीक लागिल्लें. पूण पणजी, मडगांव, शिरोडा, मडकंय आनी वाळपय ह्या पांच जाग्यांचेर तांणी भर दिल्ली. मगोकूय त्या मतदारसंघांत आपलें बळगें कितलें आसा म्हणपाचो अदमास आशिल्ल्यान त्या पक्षाच्या फुडाऱ्यांनी व्हडली आडमेळीं हाडलीं नात. फातोडेर तीन- साडेतीनांच्या सुमाराक म्हाका घरा कोणें हाडून सोडलें हाची आज याद जायना, ते श्रीपाद नायक, मोहन आमशेकारूच आसुंयेत. युती जाल्ल्यान आपल्या पक्षाची गोंय विधानसभेंत वचपाची वाट मेकळी जाली अशें तेन्ना मनोहर पर्रीकार वा श्रीपाद नायकाक दिसप सभावीक आशिल्लें. पर्रीकारा खातीर पणजी आनी श्रीपाद नायका खातीर मडकंय मतदारसंघांतली उमेदवारी तेन्ना निश्चित जाल्ली. भाजपा कडेन युतीखातीर जी उलोवणीं चलतालीं तांचे पसून मगोचे फुडारी रमाकांत खलप मातशे पयसूच आशिल्लें. युतीची घोशणा जाली तेन्ना खलप मुंबयंत शिवसेनेचे मुखेली बाळासायब ठाकरे हांचे कडेन युती खातीर वाटाघाटी करपांत गुल्ल आशिल्ले. उपरांत ताणीं बाळासायबांची एक

जंगी सभाय म्हापशां घडोवन हाडिल्ली. आता अडेज दसकां जालीं ते खबरेच; म्हाका याद आसा तेप्रमाण गोंयांत आयिल्ले बाळासायब सिदाद दी गोवा हॉटेलांत राबित्याक आशिल्ले. भाजपा कडेन मगोची युती जाल्ल्याची खबर मेळना फुडें तांणी रमाकांत खलपाचेर बरीच तापय काडली. ताका लागून मागीर शिवसेनेकूय युतींत आसपावन घेवपाचो निर्णय घेतलो. भाजपा आनी मगो पक्षाक ते खातीर एक- एक जागो सोडचो पडलो. मगो पक्षान आपल्या वांट्याक आयिल्लो साळगांव मतदारसंघ दिलो तर भाजपाक आपल्या वांट्याच्या कुडचडे मतदारसंघाचेर तुळशीपत्र दवरचें पडलें आनी हो वाद सोंपलो. भाजपा आनी मगो पक्षामदीं युती घडोवन हाडली म्हूण जाल्लें समाधान खूप व्हड आशिल्लें, पूण तेविशीं खंयच तोंड उगडपाचो प्रश्नूच उपरास नाशिल्लो. युतीची घोशणा प्रसार माध्यमांकडेन जाय म्हणसर तिचे विशींची खबरूय हांवें दिवंक ना. देखून आयज हे घडणुकेक २५-२६ जातनूय हांवे केल्ल्या यत्नां विशीं खूप कमी लोकांक खबर आसा. युती जाल्ल्यान पर्रीकार, श्रीपाद नायक भोव खोशी जाल्ले. भाजपांत उमेदीचें उत्साहाचें ल्हार पातळिल्लें. मनोहर पर्रीकाराच्यो पणजेच्या वारयो वाडल्यो. पांच- स मतदारसंघ जिखपाचे आनी हेर कडेन लोकसंपर्क वाडयत आपलें संघटनकार्य मुखार व्हरपाची मोख तांणी दवरिल्ली. मगो- भाजपाचे हे युतीक लागून कॉंग्रेसीचो आवरो उडूंक नाशिल्लो जाल्यारूच अजाप म्हणपाचें. मगो पक्षाकडेन युती करून भाजपान खऱ्या अर्थान गोंय पर्वाक आरंभ केलो, अशें म्हणू येता.

१९८९चे वेंचणुके उपरांत महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षान चर्चील आलेमांव, लुईस प्रॉत बार्बोज अशा मनशां कडेन सोयरीक जोडून सरकार घडोवप मगोच्या कांय आमदारांक आवडूंक नाशिल्लें. मोहन आमशेकार, राणू प्रभू देसाय हे तांतुतले दोन आमदार. कॉंग्रेसीक सतत आमदार दिवपी मगो परस भाजपा हो अखिल भारतीय पावंड्या वयलो पक्ष परवडलो, अशें आतां कार्यकर्त्यांकूय दिसूंक लागिल्लें. भाजपा कडेन युती करचीच अशें सगळेच सांगूंक लागिल्ले. पणजेचे आदले आमदार बाबन नायक आयज आमचे मजगतीं नात, तांकांय युती जावची अशेंच दिसतालें. ल्हव ल्हव तशी भासाभास सुरूय जाल्ली, पूण तिका जाय ती दिशाच मेळनाशिल्ली. निमाणे कडेन वेंचणुकेक देड म्हयनो आसतना युतीचेर म्होर लागली.

●●●

तिसरी शक्त उदेली

१९८९चे वेंचणुकेंत स्वताच्या नाड्यार १६ मतदारसंघांतल्यान वेंचणूक लडोवपी भारतीय जनता पक्षाचे झोळयेंत कांयच पडूंक नाशिल्लें. ते वेंचणुकेंत मनोहर पर्रीकार पणजे आनी हेर मतदारसंघांत कितले वावुरल्यात, हें म्हाका खबर ना. पणजे भाजपाचो उमेदवार आशिल्लो माधव धोंड. ताका थोडींच मतां वेंचणुकेंत मेळून ताची अनामत लेगीत जप्त जाल्ली. भाजप तेन्ना कोणाचेच खिसगणटेंत नाशिल्लो. ताचे उपरांत दोन वर्सांनी जाल्ले लोकसभा वेंचणुकेंत हें चित्र बरेंच बदललें. १९९४ची विधानसभा वेंचणूक देखनूच भारतीय जनता पक्ष आनी खासा मनोहर पर्रीकाराचे प्रतिश्ठेची वेंचणूक जाल्ली. १९८९ वर्सा जाल्ले वेंचणुके

परस पक्षाचे मतदारसंघ चारांनी उणे जाल्ले आसले तरी हे खेपे तांची मगो पक्षाकडेन युती जाल्ल्यान मतां फुटपाचो भंय नाशिल्लो. सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हळ्यार मनोहर पर्रीकार या झुजारी व्यक्तीमत्वाची वळख गोंयांक जावंक लागिल्ली. १९९१चे लोकसभा वेंचणुकेंत उत्तर गोयांतल्यान भाजप उमेदवार म्हूण झुजतना पर्रीकारान मेळयिल्ल्या २६ हजारां परस चड मतांनी कार्यकर्त्यांक हत्तीचें बळ आयिल्लें. ८९ची विधानसभा वेंचणूक कुमारजुवें मतदारसंघांतल्यान भाजपच्या तिकिटाचेर लडोवपी श्रीपाद नायक हे भाजपचे प्रदेशाध्यक्ष आशिल्ले. ते वेचणुकेंत मगो पक्षाचो उमेदवार म्हूण वेंचून आयिल्ले आनी उपरांत कॉंग्रेसींत गेल्ले रवी नायक हांचे आड भाजपान श्रीपाद नायकाक मडकंय मतदारसंघातल्यान वेंचणुकेंत देवयलो. रवी नायका कडल्यान हो मतदारसंघ झोंबून घेवप भोव कठीण म्हणपाचें मगो पक्षाक खबर आशिल्लें, देखुनूच तांणी तो भाजपाक दिल्लो. भाजपाचे प्रदेश सचीव आशिल्ल्या मनोहर पर्रीकाराची ही पयलीच विधानसभा वेंचणूक आशिल्ली. तीय ते आपलो गांव म्हापशांतल्यान न्हय तर पणजे सावन लडटाले. मगो पक्षाकडेन युती जाल्ल्यान आमचें बळगें वाडलां अशें पर्रीकार सांगताले आनी आपलो पक्ष विधानसभेंत पावतलोच म्हणपाची खात्रीय दिताले. पणजे मतदारसंघांत कॉंग्रेसचें बळगें बरेंच आशिल्ल्यान मगो पक्षान हो मतदारसंघ भाजपाक दिवन उडयिल्लो. युती विशींच्यो वाटाघाटी चलताल्यो तेन्नाय पणजेचेर मगोन चड नेट लावंक नाशिल्लो. वाटाघाटी वेळा वयलो एक साक्षीदार आशिल्ल्यान म्हाका ताची कल्पना आशिल्ली. मतदारसंघ मेळ्ळो तरी पणजेंतल्यान उमेदवारी मेळप पर्रीकारा खातीर सोपें नाशिल्लें. माधव धोंड आनी हेर कितलेशेच ज्येष्ट फुडारी पणजेंत आशिल्ले आनी तांचेय यत्न चलताले. देखुनूच मनोहर पर्रीकाराचे बरे मागते चार पांच म्हयन्यां सावन तांकाच उमेदवारी मेळची म्हूण कामाक लागिल्ले. १९८९चे वेंचणुकेंत फकत २६९ मतां घेवपी माधव धोंड हांचो दावो समजूपा सारखो आशिल्लो आनी म्हापशां सावन आयिल्ल्या पर्रीकाराक उमेदवारी दिवप हें साबार जाणांक पटनाशिल्लें. अखेरेक राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाचे सुभाष वेलिंगकार हेच उमेदवारी कोणाक दिवप हे थारावपाचे आशिल्ले. पूण तो निर्णय घेतना तांचेंय मन दोन कडेन जावपा सारखी परिस्थिती आशिल्ली. कार्यकर्ते बऱ्याच जाणांचीं नावां मुखार करताले. तातूंत पर्रीकाराचें नाव तळाक आसतालें. प्रदीप तळावलीकार, डॉ. भाटकुळी, डॉ. अजय वैद्य, सुनील

नायक हांचीं नावां मुखार येवपाक लागिल्लीं. आता माधव धोंडाचें नांव खुबूच फाटीं पडिल्लें. मनोहर पर्रीकाराची धडाडी आनी प्रभाव पाडपी व्यक्तिमत्वाची माहिती संघ आनी भाजपाच्या राष्ट्रीय फुडाऱ्यां मेरेन पाविल्ली. भाजपा संघटनेच्या विस्तारा खातीर श्रीपाद नायकान केल्ल्या कश्टांचीय जाणविकाय संघ परिवाराक आशिल्ली. मनोहर पर्रीकार आनी श्रीपाद नायकाक विधानसभेंत धाडचें आनी उमेदवारी खातीर तांच्याच नावाचो विचार जावचो, अशी स्पश्ट सूचोवणी वयर सावन आयली आनी पणजे मतदारसंघांतल्यान पर्रीकाराचें नांव निश्चित जालें. पणजेतल्या साबार भाजपा वावुरप्यांक हाचें अजाप जालें. आपली उमेदवारी थारल्याच अशे तरेन मनोहर पर्रीकार आदीं सावनूच लोकांक मेळपाक लागिल्ले. भाजपाच्या पणजी मंडलांतले काय जाण तांच्या सांगातान वावुरतना दिसताले. मात पर्रीकाराकूच तिकिट दितले म्हणपाचें जाहीर जालें आनी हें शिवधनुश्य तांका पेलतलें काय म्हणपाची चर्चा रंगपाक लागली. कॉंग्रेसी खातीर हो 'केक वॉक' थारतलो अशेंय कांय जाण सांगपाक लागले. महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षान भाजपा कडेन युती केल्ली खरी, पूण मनोहर पर्रीकाराक उमेदवारी दिवप साबार जाणट्यां वावुरप्यांक मान्य नाशिल्लें. तांतुलतेच एक अवधूत आंगले. ते कोणाचेंच आयकुपाचे मनस्थितींत नाशिल्ले. तांणी आपली अपक्ष उमेदवारीय भरिल्ली. आंगले वेचणुकेंत देंवले जाल्यार मनोहर पर्रीकारांची धडगत नाशिल्ली. आंगलेन आपली उमेदवारी फाटीं घेवची म्हूण प्रा. रत्नाकर लेले, सुभाष वेलिंगकार आनी श्रीमती शशिकला काकोडकार हांणी निमाणे कडेन लायिल्लो नेट फळादीक जालो. उमेदवारी अर्ज फाटी घेवपाची मुदत सोंपपाक फकत अर्द वर आसतना आंगले हाणीं तिगूय जाणांचे विनवणेचो मान राखून आपलो अर्ज फाटीं घेतलो. मनोहर पर्रीकारा खातीर तोच मास्टर स्ट्रोक थारलो. पर्रीकाराच्या फाटल्यान घटमूट उबे राविल्ल्या वावुरप्यांक नवें बळगें मेळ्ळें. आपणें उमेदवारी अर्ज भरिल्ल्यान तेन्ना पर्रीकाराच्या वावुरप्यांचो जो गोंदळ जाल्लो ताचे विशीं आंगले आयजूय खूप उलयतात. कोणाकूच सांगी नासतना अर्द वर पयलीं वचून आपणें अर्ज कसो फाटीं घेतलो, ताच्यो यादी ते जिव्यो करतात.

अशे परिस्थितींत पर्रीकार हांणी 'आतां न्ही तर केन्नाच न्ही' अशें म्हणून नेट लायलो आनी कितेंय करून पणजेचो कोट जिखतलोंच म्हूण पायांक गिरगिरें लायिल्ले वरी ते मतदारसंघांत भोंवपाक लागले.

तेन्नाचो णव- धा हजारांचो तो मतदारसंघ तांणी अक्षरक्षः पिंजून काडलो. हांवें हें सगळें स्वताच्या दोळ्यांनी पळयलां. कॉंग्रेसीच्या या अभेद्य गडांत झुंजतना आनी जैताची निखालस आस्त नासतना फकत अतूळ जिद्द आनी आत्मविश्वास हांच्या नाड्यार आपूण जैत हातासतलों म्हणपाची खात्री पर्रीकाराक दिसताली आनी तांचे सांगातान भोंवपी वावुरप्यांचें दळ ताच्या या आत्मविश्वासाक बळगें दितालें. आयज ते घटणेक २६ वर्सां जावनूय तांचे खातीर रातीचों दीस करून तांचें जैत जावचें म्हूण कसलीच कसर दवरी नासतना झुंजपी वावपुरप्यांचीं मुखामळां दोळ्यां सामकार येतात. तातूंत रत्नाकर लेले मुखार आसताले. सावळी कशी तांचे सांगातान राविल्ले अॅड. संजय उसगांवकार, अॅड. विलास थळी, अशोक नायक, उदय नायक, रघुनंदन सामंत, मळ्यांतले नागेश गोसावी, दीपक म्हापशेंकार, संदीप कुंडयकार, संदेश साधले हांचीं नावां घेवचींच पडटलीं. मोहन राव, गंगाधर उसगांवकार, प्रितम राणे, विरेश नाडकर्णी, बाबू केणी, डॉ. श्याम भांडारी, सुभाष साळकार, शशीकांत सरमळकार, प्रसाद तांबा, राजू सुकेरकार, प्रशांत केणी, नरेंद्र गावस्कार, सलील सावकार हांणीय हेरांच्या सांगातान पर्रीकारा खातीर खस्ती काडल्यो. ती वेंचणूक नाशिल्ली तर मंतरिल्लें झुंजूच आशिल्लें अशें अॅड. संजय उसगांवकार आयजूय सांगतात. पर्रीकारा खातीर खूब जाणांनी जीवापाड यत्न केले म्हूण तांका जैत मेळ्ळें अशें अशोक नायक हांचें म्हणणें. म्हजो लागींचो सोयरो केशव प्रभू हो पणजेचो कॉंग्रेसीचो उमेदवार आशिल्लो. कॉंग्रेसीक सदांच जी मतां मेळत आयिल्लीं, त्या पारंपरिक मतांचो हिशोब केलो जाल्यार केशव प्रभू जैतवंत जातलो, अशेंच दिसतालें. मात कॉंग्रेसीची उमेदवारी न्हयकारिल्ल्यान सुरेंद्र फुर्तादो हांणी केल्ली बंडखोरी तशेंच इराज्म सिकेर ह्या म्हालगड्याची उमेदवारी पर्रीकाराच्या लावाची थारपाची शक्यताय न्हयकारूंक येनासली. सुरेंद्र फुर्तादाक पणजेतल्या कॉंग्रेसीचें तिकीट दिवपाचें पयलीं सावन थारिल्लें. पूण पणजेच्या सारस्वतांचीं मतां फुटचीं न्हय म्हूण निमाण्या खिणाक तांचें तिकीट कापलें आनी एदुआर्द फालेरोच्या आशिर्वादान तिकीट केशव प्रभूक मेळ्ळें. सारस्वत मतां विखुरचीं न्हय म्हूण केल्लो हो यत्न फळादिक जालो ना. सुरेंद्र फुर्तादाचें बंड आनी इराज्मू सिकेरीच्या उमेदवारीक लागून कॉंग्रेसीचीं समीकरणां मातये भरवण जालीं. पर्रीकारान आपल्या वैयक्तिक प्रतिमेच्या नाड्यार विरोधकांचीं हक्काचीं अशीं कितलीशींच

मतां खेचून हाडलीं, हेंवूय हांगा सांगपाक जाय. 'जीखतलों वा सोंपतलों' अशी जिद्द दवरून पर्रीकाराक हे वेंचणुकेंत झूंजतना हांवें लागींच्यान पळयलो. मनोहर पर्रीकार ह्या व्यक्तीमत्वाचीं साबार तासां हे वेंचणुकेच्या निमतान उजळ जावन आमच्या मुखार आयलीं. प्रतिकूल परिस्थिती आसतनाय जैत हातासपी मनोहर पर्रीकारान ते उपरांत केन्नाच फाटीं वळून पळोवंक ना. फुडल्या काळांत तांणी घेतिल्ली झेंप इतिहासीक म्हणपा सारखी.

महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्ष आनी भाजपा मदले युतीक भोवमत मेळटलेंच, अशें धरून सगळें मुखार वचपाक लागिल्लें. पणजे, महालक्ष्मी देवळाच्या म्हाद्वारा मुखार आशिल्ल्या रस्त्यार भाजपान फाटल्या दोन दसकांत वेंचणुकेच्यो साबार बसका घेतल्या आसत; पूण १९९४ वर्सा मनोहर पर्रीकार आनी भाजपाच्या हेर उमेदवारांच्या प्रचारा खातीर त्या थळाचेर जाल्ली अटल बिहारी वाजपेयी हांची जाहीर सभा आनी मतदारांनी गर्दी करून तिका दिल्लो खडेगांठ प्रतिसाद २६ वर्सां उपरांतूय म्हज्या दोळयां सामकार जितो जिवो जावन उबो रावता. महालक्ष्मी देवळाच्या मुखार रस्त्यारूच जाल्ली ही पयलीच प्रचार सभा,अशें ॲड. संजय उसगांवकार सांगतात. ही सभा जैतवंत जाली आनी पर्रीकार तशेंच तांच्या वावुरप्यांची उमेद वाडली. युती जाहीर जातकच प्रमोद महाजन हांचीय सभा जाली. किरिट सोमय्या, अतुल शहा हांणीय प्रचारांत वांटो घेतिल्ल्याची याद जाता. वेंचणुके आदींच मनोहर पर्रीकार पणजेकारांचे भाई जाल्ले आनी आपल्या ह्या भाई खातीर देऊळवाडो, सांतीनेज वाठारांतल्यो बायलो लेगीत प्रचार करपाक घरांतल्यान भायर आयिल्ल्याचें चित्र म्हज्या यादींत आयजूय ताजें आसा. देउळवाड्या वयलो देवानंद माईणकार आनी मळयांतलो अशोक पाटील हेतूय सुरवेक सावन पर्रीकाराच्या सांगातान आशिल्ले. सुषमाताई वेंलींगकार हांणीय घराघरांत भोवन बायलांक पर्रीकाराचो प्रचार करचे खातीर भायर काडलें म्हणपाची याद अशोक नायक जिवी करतात. सुरवेक जाल्ल्या वावुरप्यांच्या बसकांतल्यान 'कोण हो मनोहर पर्रीकार?' 'कित्याक आमी ताचे खातीर वावुरचें?' अशे प्रश्नूय कांय जाणांनी विचारलो. पूण पर्रीकारांन तेविशींचो डूख मनांत धरी नासतना मुखार आयिल्ल्या दरेकल्याक जिखून आपलो केलो. हे फावट तुमी म्हजे खातीर वावरात, फुडले फावट तुमी आपूण जावन म्हजे खातीर वावुरतले

आनी जैतवंत करतले हाची हमी हांव तुमकां दितां, अशें पर्रीकार आत्मविश्वासान लोकांक सांगताले. संघाच्या वावुरप्यांनी तर खंयचेय परिस्थितींत पर्रीकाराक जैतवंत करलेच असो निर्धार केल्लो. ते वेळार भाजपाच्या वरिष्ट फुडाऱ्यांनी पर्रीकार आनी पक्षाच्या हेर उमेदवारांक जिखून हाडचे खातीर लायिल्लो प्रचाराचो धडाको गोंयां खातीर नवोच आशिल्लो. प्रमोद महाजन, गोपीनाथ मुंडे हांचे कडेन प्रचाराचीं सुत्रां आशिल्ली. कॉंग्रेस मातसो फाटीं पडला म्हणपाचीं चिन्नां दिसपाक लागिल्लीं. आतां सगळ्यांचें लक्ष पणजे मनोहर पर्रीकाराच्या राजकी फुडाराचेर थिराविल्लें. पणजे सावन काणकोणा मेरेन सगळ्यांच्यांत तोंडात पर्रीकाराचे नांव आशिल्लें. वेंचणुकेचे निकाल जाहीर जाले आनी पर्रीकाराच्या जैताच्या रुपान भाजपाचो गोंयांतलो सूर्य उदेलो. फकत हजार- बाराशें मतांचें हें जैत खरें, पूण परिस्थिती कडेन झुंजत जे जिद्दीन पर्रीकार आनी तांच्या वावुरप्यांनी तें हाताशिल्लें तिका मुक्त गोंयच्या विधीमंडळ इतिहासांत तरी तोड नासतली. दिल्ली सावन आपल्या पक्षाच्या उमेदवारांच्या प्रचारा खातीर गोंयांत येवन गेल्ल्या भाजपाच्या वरिष्ठ फुडाऱ्यांचें आनी संघाचेंय लक्ष वेंचणुकेच्या निकालाचेर आशिल्लें. मनोहर पर्रीकारान तांकां निराश करूंक नाशिल्लें. भाजपाक गोंयांत बळगें मेळटलें जाल्यार पर्रीकार आनी श्रीपाद नायक हांका कितेंय करून वेंचून हाडुंकूच जाय, असो स्पश्ट आदेश वयल्यान आयिल्लो आनी संघ तशेंच भाजपा कार्यकर्त्यांनी या दोगां बराबर मडगाव आनी वाळपय मतदारसंघांतल्यान जैत हातासून अपेक्षे परस इल्लें चडूच पदरांत घेतिल्लें. मडकंय मतदारसंघांतल्यान श्रीपाद नायक हांणी रवी नायकांचेर मेळयिल्लें जैत उणे प्रतीचें नाशिल्लें. पूण मनोहर पर्रीकाराचें जैत त्या काळांत खूप कितें सांगून गेलें. कॉंग्रेसी भितरलो वाद आनी बंडखोरी मनोहर पर्रीकाराच्या पथ्यार पडली खरी, पूण पर्रीकाराक भितरल्यान विरोध जावंक ना असो ताचो अर्थ कोणेंय काडलो जाल्यार तो चुकीचो थारतलो. पर्रीकाराक तिकीट दिलां म्हूण माधव धोंड आनी तांचे साबार सांगाती ते वेळार निराश जाल्ले. पर्रीकाराच्या प्रचारांत ते खंयच नाशिल्ले. दत्ता खोलकारूय तेन्ना मेरेर बसून राविल्ल्याची याद जाता. इतलेंच न्हय तर वेंचणुकेक फकत तीन दीस आसतना पणजे वाठारांत खूप कडेन पर्रीकाराच्या विरोधांत पत्रकां वाटिल्ल्यान निर्माण जाल्ल्या मोडाची याद आयजूय साबार जाणांक आसतली. तुमचो लाडको

आमदार वेचून आयलो जाल्यार ताका मेळपाक म्हापशां वचचें पडटलें, एकाद्रोच दिस तो पणजेंत येतलो. ताचे भेटी खातीर तुमकां घडये बेळगांवां वचचें पडत. करासवाड्या वयले फॅक्टरींत वचून ताची भेट घेवची पडटली अशें सांगपी पत्रकां वाटून कांय जाणांनी पर्रीकाराचे वांटेत काटे पेरपाचो यत्न केलो. पूण ते ह्या यत्नांक पुरून उरले आनी पणजेकारांचें भगय फळफळ्ळें. माधव धोंड हो जैत हातासपी उमेदवार नाशिल्लो. पणजेतली पक्षाची संघटन बांदून काडपूय तांका जमूंक नाशिल्लें. देखुनूच पणजे खातीर पर्रीकाराचें नांव मुखार आयलें आनी तांच्या जैतान एका परजळीत इतिहासाचीं आद्याक्षरां नियतीन बरयलीं.
१६ नोव्हेंब्र १९९४ दिसा जाल्ले विधानसभा वेंचणुकेंत मनोहर पर्रीकार हांच्या सांगातान चार आमदारांक जैतवंत करीत भाजपान विधानसभा सभाघरांत पावल दवरलें खरें, पूण युतीक फकत सोळाच जाग्यांचेर जैत मेळिल्ल्यान पर्रीकाराक विरोधी वांगड्यां खातीर आशिल्ल्या कदेलांचेर बसून आपले कारकिर्दीचो आरंभ करचो पडलो. २५ जाग्यांचेर झुंजिल्ल्या महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षाक अपेक्षित यश मेळ्ळें ना; त्या पक्षाचे फकत बारा वांगडी जिखून आयले. युनायटेड गोवन्स डेमोक्रेटीक पक्ष आनी अपक्षांक प्रत्येकीं तीन- तीन जागे मेळिल्ले आनी तांच्या पालवान कॉंग्रेसीक सरकार घडोवप शक्य जाल्लें. फ्रान्सिस्क सार्दिन आनी रमाकांत खलप हांका हे वेंचणुकेंत हार खावची पडली. कॉंग्रेस आनी महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षा उपरांतची तिसरी शक्त म्हूण भाजपा आता गोंयांत मुखार आयिल्लो. रमाकांत खलपान सरकार घडोवपा खातीर लुईस प्रॉत बार्बोज, चर्चील आलेमावा कडेन जोडिल्ली इश्टागत पक्षाक भुजली, अशेंच ते वेळार जायत्या जाणांचें मत जाल्लें.

मनोहर पर्रीकार गावान म्हापशेंचे. देखून जायत्या जाणांनी तांचे उमेदवारीक विरोध केल्लो. पणजेंत उमेदवार नात काय किंतें, असो प्रश्नूय वावुरपी विचारताले. तांका उतर दिसतना पर्रीकारान फाटीं- फुडें पळय नासतना 'हांव पणजेंच शिफ्ट जातलों!' अशी जाप दिली. ते तेन्ना आनी ताचे उपरांत केन्नाच पणजेंत शिफ्ट जाले नात. सुरवेक तांणी सुभाष वेलिंगकार हांच्या घरचो पत्तो दिल्लो आनी मागीर फार्मसी म्हाविद्यालया मुखार आशिल्ल्या उदय नायकाच्या घराचो नामो ते दिताले. तेय मुखार वचून तांणी 'महालक्ष्मी-आल्तिनो' असोय नामो

देवन आपलें नांव मतदार वळेरेंत घाल्लें. पणजेचो आमदार पणजेंतूच आसचो, पणजेकारांकूय तो आपलोच दिसचो हेखातीर मुखेल वावुरप्यांनीय जाय ते यत्न केले आनी चवथीच्या दिसांनी हे वावुरपी पर्रीकाराक घेवन शंबरेक घरांनी भोवले तेन्ना मात पणजेकारांक ते आपले कशे दिसपाक लागले. पर्रीकाराविशींचें लोकांचे मत बदलपाक लागलें. ते उपरांत चवथीच्या निमतान वावुरप्यांच्या घरा वचप वर्सलीचेंच जावन गेलें. फाकीवंत पॉप गायिका हेमा सरदेसाय हांच्या बापायन म्हळ्यार स. काशिनाथ सरदेसायान सुरवातीच्या काळांत आपल्याक लोकां मजगतीं व्हरून खूब मजत केल्ली म्हणपाची याद पर्रीकारान राजभवनात जाल्ल्या मुक्तीदीस सुवाळ्यांत काडिल्ली. तो तांचो निमाणो मुक्तीदीस सुवाळो. हेमा तर तांच्या फाटल्यान सदांच उबें रावलें

पणजेचे नामनेचे सिमेंट वेपारी अरूण नारायणदास हांचे पर्रीकार घराब्या कडेन पयलीं सावन लागींचे संबंध आशिल्ले. पर्रीकाराचो बापूय गोपाळकृष्ण पर्रीकार हांचे कडेन आशिल्ल्या संबंधांक लागून पणजे मनोहर पर्रीकाराचें बस्तान बसचें म्हूण नारायणदास घराब्यान दिल्लें फाटबळ आनी केल्लो वावरूय खूप मोलाचो. पयले वेंचणुके सावन २०१७तलें वेंचणुके मेरेन पर्रीकाराच्या उमेदवारी अर्जाचेर सूचक म्हूण पयली सय आसताली ती अरुण नारायणदासाची. हाचे वेल्यान तांचें मदलें नातें स्पश्ट जाता. २०१७ मेरेन तातूंत खंड पडूंक नाशिल्लो अशें सांगपी अरुण नारायणदासाक ते फाटल्यान कसली उमळशीक आशिल्ली. तें मात सांगूंक जमना. उपरांत सि्दधार्थ कुंकळकार दोन फावटीं पणजेचो भाजपाचो आमदार म्हूण वेंचून आयले. पूण दोनूय फावट उममेदवारी अर्ज भरतना अरुण नारायणदास खंयच दिसले नात. संघाची गोंयांतली पयली शाखाय आपल्याच यत्नांक लागून सुरू जाल्ल्याची याद अरूण नारायणदास काडटात.

●●●

आगळें रसायन

परींकाराचें पयलें वयलें जैत मनयतना पणजेकार तांका तकलेचेर घेवन नाचले. १९९४ वर्सा परींकारान हाताशिल्लें तें इतिहासीक जैत आयज लेगीत खूब लोकांचे यादींत आसा. प्रत्येकाक तें आपलेंच जैत कशें दिसतालें. आपल्याच घरांतलो मनीस जैतवंत जाल्ले वरी सगळे पणजेकार परींकार भाईच्या जैताच्या सुवाळ्यांत वांटेकार जाल्ले. वावुरपी, इश्ट-मित्र, बरें मागते अशा सगळ्यांच्याच कश्टांक आयिल्लें तें फळ! पणजेंत भारतीय जनता पक्षाचो उमेदवार वेंचून येवप हो कॉंग्रेस पक्षा खातीर अपशकून कसो. ताचे पयलीं जे. बी. गोन्साल्वीस हांणी पणजेचेर कॉंग्रेसीचो बावटो दोन फावटीं

बयिल्लो. आतां पणजे भायल्यान आयिल्ल्या एका उमेदवारान
जधानी जिखप कॉंग्रेसीक कशेंच पुटव नाशिल्लें. गोंय संघप्रदेश
ासतना १९७२ वर्सा जाल्ले विधानसभा वेंचणुकेंत म.गो. पक्षान हांगा
ेत मेळयिल्लें. हालींच संवसाराक अंतरिल्ले बाबन नायक तेन्ना
ेतवंत जाल्ले. ते उपरांत मात त्या पक्षाची डाळ पणजेंत कशीच शिजूंक
ाशिल्ली. हे फाटभूंयेचेर भाजपान थंय घडयिल्लो इतिहास दोळे
देपकावपी आशिल्लो. वावुरप्यांची खोशी भरून व्हांवताली. एके वटेन
ाजपा जैताचो सुवाळो मनयतालो तर दुसरे वटेन हॉटेल मांडवीक तेंकून
ाशिल्ल्या प्रदेश कॉंग्रेसच्या कार्यालयांत तणावाचें वातावरण
ातळिल्लें. केशव प्रभू जिखून येवपाची खात्री आसतनाय जाल्लो पराभव
ावुरप्यांच्या जीवाक लागिल्लो. अपेस कित्याक आयलें म्हूण विचार
चलतना सगळेच बंडखोर उमेदवार सुरेंद्र फुर्तादाचेर तुटून पडटाले.
प्रकरण केन्नाय लटाफटीचेर येवं येता, अशीच परिस्थिती आशिल्ली.
म्हाका याद जाता ते प्रमाण केशव प्रभूचो धाकलो भाव कल्पक खुबूच
चाळवल्लो. तो परत परत सुरेंद्र फुर्तादाच्या आंगार धावून वतालो. तो
सुरेंद्राचेर हात उखलपा इतली परिस्थिती तापिल्ली. केशव प्रभू बाराशे
मतांनी हारिल्लो आनी तितलींच मतां सुरेंद्र फुर्तादाक मेळिल्लीं. पणजेचो
प्रतिशठेचो मतदारसंघ कॉंग्रेसीक वगडावचो पडलो. तो परत मेळोवपाक
त्या पक्षाक २२-२३ वर्सां वाट पळोवची पडली. मनोहर पर्रीकाराच्या
मरणा उपरांतूच त्या पक्षान पणजेंत परतून जैत जोडलें. १९९४चो पराभव
कॉंग्रेसीक हुलपायतालो. मुखा वयले कांय दीस कॉंग्रेस कार्यालयांतलें
वातावण तापिल्लेंच आसतालें. सुरेंद्र फुर्तादान बंडखोरी करूंक
नाशिल्ली आनी केशव प्रभू आड मनोहर पर्रीकार अशेंच सरळ झुंज
जाल्लें जाल्यार कितें निकाल लागपाचो हें १९९४ वर्सा आशिल्ले
परिस्थितीक नियाळून सांगतलो जाल्यार पर्रीकार हरतलो आशिल्लो,
अशीच जाप येतली. आपूण हारलो आसलो तरी भाजपान तीनकडें
मेळयिल्ल्या जैताचेर पर्रीकाराक समाधानी रावचें पडटलें आशिल्लें आनी
तांचो विधानसभेंतलो प्रवेश बरोच लांबणेर पडटलो आशिल्लो. वावुरपी
निराश जावन घरा वतले आशिल्ले. मात आयज अडेच दसकां उपरांत
ह्या 'जर-तर'च्या प्रश्नांची जाप दिवप दिसता तितलें सोपें न्हय, हेंवूय

खरें. सुरेंद्र फुर्तादाच्या बंडखोरीक लागून मनोहर पर्रीकार नावाचें नकेत्र गोंयच्या राजकारणाच्या मळबांत उदेलें. थोड्याच काळांत पर्रीकारान गोंयच्या राजकारणांत आपली खाशेली सुवात निर्माण तर केलीच, पूण भाऊसायब बांदोडकारा उपरांतचो, तांचे इतलोंच खडेगाठ फुडारी म्हूण नाव आनी कीर्तूय जोडली. देशाच्या संरक्षणमंत्री पदामेरेन झेंप घेत तांणी आपलें कर्तृत्व सिद्ध केलें. गोंयकारांनीय पर्रीकाराचेर उपाट मोग केलो. बंडखोरी ही वायट प्रवृत्ती हें खरेंच, पूण सुरेंद्र फुर्तादाच्या बंडखोरीक लागून गोंयांक पर्रीकार मेळ्ळो, हेंय मान्य करपाक जाय. मनोहर पर्रीकारा सारखे फुडारी मेळटा आसत तर बंडखोरी परती परती जावची अशेंय धाडसान म्हणू येता.

मडगांव मतदारसंघांतल्यान कॉंग्रेसीच्या तिकिटाचेर हारिल्ले दिगंबर कामत हांका हे फावट भाजपाची उमेदवारी मेळटली अशें कोणाकूच दिसूंक नाशिल्लें. पूण,नशिबाचें दान तांचे वटेन पडलें आनी ते भाजपाचे उमेदवार जाले. खरें म्हळ्यार सुहास कामत, ॲड. जगदीश प्रभूदेसाय, आणि डॉ. जगन्नाथ (देश) प्रभूदेसाय हांच्या नावांचीच चर्चा चलताली. देश प्रभूदेसाय मडगांव आनी हेर कांय मतदारसंघांत भाजपाचे समन्वयक म्हूण काम करताले. संघटना बांदावळींतलों तांचो वांटो भोव मोलादीक आशिल्लो. मनोहर पर्रीकार, श्रीपाद नायक, संजीव देसाय ह्या फुडाऱ्यांमदीं तेय आसताले. आमची तेन्ना सावन इश्टागत. सगळ्यांत पयलीं नांव मुखार आयलें सुहास कामतीचें. तांच्याच फुडारपणा खाला भाजपाचें दक्षीण गोंयांतलें काम चलतालें. पूण कामत हांका वेंचणूक लडोवपाची इत्सा नाशिल्ली. मागीर ॲड जगदीश प्रभूदेसाय आनी डॉ. देश प्रभूदेसाय हांची नांवां मुखार आयलीं. इतले मजगतीं संघाचे प्रभूदादा हांणी दिगंबर कामतीचे नांव मुखार काडीत तांकांच जिखपाची चड संद आसा अशी पुस्त जोडली. नामनेचे उद्योजक मोहनदास नायक हांचो भाजपाक व्हड आदार तेन्ना मेळटालो. तांणीय दिगंबर कामतीच्या नांवाक तेको दितकच मनोहर पर्रीकार, श्रीपाद नायकाक तांच्या उतराक मान दिवचो पडलो. मडगावच्या भाजप मंडल बसकेंत मात दिगंबर कामतीच्या नांवाक आक्षेप घेतिल्लो. ॲड. जगदीश प्रभूदेसाय वा डॉ. देश प्रभूदेसाय हांचे मदल्या एकल्याक उमेदवारी दिवची, असो वावुरप्यांचा

आग्रो आशिल्लो. उमेदवार थारावपाक पर्रीकार आनी श्रीपाद नायक तेन्ना दिल्ली वचून अटल बिहारी वाजपेयी, लालकृष्ण अडवाणी, प्रमोद महाजन हांका मेळिल्ले तेन्ना तांणीय मडगांवा खातीर दिगंबर कामत हांचेच नाव सुचयिल्लें. ते मजगतीं भाजपच्या मडगाव मंडलान प्रमोद महाजन हांका फॅक्सा वरवीं बसकेंत घेतिल्लो निर्णय कळयलो. दिगंबर कामत काय देश प्रभूदेसाय हाचेर दिल्लींत चर्चा जाली. कॉंग्रेसींतल्यान आयिल्ल्या खंयच्याच मनशाक तिकीट दिवची न्हय अशें अडवाणी-वजपेयी हांचें मत आशिल्लें. पूण 'विनेबिलिटी'च्या निकशाचेर दिगंबर कामत हेच मुखार आसात अशें सांगून पर्रीकार- श्रीपाद हांणी तांकांच उमेदवारी दिवची असो आग्रो धरलो आनी दिगंबर कामतीक भाजपाची उमेदवारी मेळ्ळी. पक्षश्रेश्ठींकडल्यान आयिल्लो आदेश प्रमाण मानीत मागीर भाजप मंडलाच्या साबार वावुरप्यांनी दिगंबर कामती खातीर काम केलें आनी कॉंग्रेसीचे उमेदवार राजू नायकाचें आव्हान पोकें जालें. युनायटेड गोवन्स पक्षान आपलो उमेदवार हांगा उबो केल्लो. दोग जाणांनी अपक्ष उमेदवारी भरिल्ली. तांका लागून दिगंबर कामतीचें काम सोंपें जालें. दिगंबर कामत भाजपांत आयले खरे, पूण पक्षाच्या मुळावे समिती कडेन तांचें सूर केन्नाच जुळ्ळे नात.

विधानसभा वेंचणुकेंत भाजपात अपेक्षित आशिल्लें यश मेळ्ळें आनी पर्रीकारांसयत पक्षाचे चार आमदार विधानसभेंत पावले. बळगें कमी पडिल्ल्यान सरकार घडोवपाची संद युतीक मेळ्ळी ना पूण लोकांचे लक्ष सदांच आपल्याचेर रावतलें हाची जतनाय घेत विरोधी पक्षाचे वांगडी म्हूण पर्रीकारान जें काम केलें ताका तोड ना. आमच्या सारकिल्या पत्रकारांक सदांच राजकीय खावड हाडून दितना आपले बुद्दीच्या बळार तांणी विधानसभेच्या कामकाजाचेर आपलें नांव कोरलें. विरोधी पक्षाचे फुडारी, म.गो पक्षाचे डॉ.काशिनाथ जल्मी आनी मनोहर पर्रीकार हांची जोडी अशे तरेन जुळ्ळी की कॉंग्रेसची फुडाऱ्यांक सपनांतूय दोगांयची तोंडां दिसून तांचो आवरो उडपाक लागलो. हे मजगतीं म्हजी पर्रीकारा बराबरची इश्टागत दाट जायत गेली. आमदारकी फकत मिरोवपा खातीर नासता तर लोकप्रतिनिधीक लोकांचीं कामां करचे खातीर मेळिल्ली ती संद आसता, हें तांणी आपल्या कामा वरवीं दाखोवन दिलें. आमदाराक

मेळपाक म्हापशां वचचें पडटलें, सप्तकांतल्यान एकूच दिस आमदार मेळटलो, अशी कांय जाणांनी उकतायिल्ली भिरांत पयस करतना ते पणजेकारांचे भाई जाले आनी दरेकल्याच्या घरा मेरेन पावले. वेंचणुकेंतल्या जैता उपरांत लोकांच्या घरांनी वचून तांचे उपकार मानतना तांणी त्या लोकांच्या काळजांत केन्ना सुवात मेळयली, तें कळ्ळेंच ना. वेंचणुके वेळार पर्रीकारा विशीं जांच्या मनांत गैरसमज आशिल्ले अशा ख्रिस्तांव मतदारांकूय तांका मेळ्ळे उपरांत हें आगळेंच रसायन आसा म्हणपाचें होलमूंक लागलें. तांतुतले कितलेशेच जाण निमाणे मेरेन तांच्या संपर्कांत आशिल्ले. जाय त्या जाणांची नांवा हांगा सांगू येत. पणजे, कुंडयकार नगरा लागीं आशिल्ल्या भाजपा कार्यालयांत तशेंच १८ जून रस्त्यार पद्मावती बिल्डिंगेंतल्या श्रीपाद नायकांच्या कार्यालयांत ते लोकांक मेळटाले. ते उपरांतच्या काळांत दिल्ली वेळ पाळप आनी पर्रीकाराक मेळप कुस्तार जायत गेलें, पूण पर्रीकारान मात आपल्या मनशांक केन्ना निराश करूंक ना. आमकां, म्हळयार पत्रकारांक एकाद्री खास खबर दिवची आसत तर पर्रीकार पद्मावती टॉवर्सांत आशिल्ल्या श्रीपाद नायकाच्या कार्यालयांत आपोवन घेताले. काम करपाची वेगळीच शैली आपणायत तांणी राजकारण हे मिरोवपाचें न्हय तर लोकसेवेचें साधन कशें जावं येता हें आमकां आनी लोकांकूय दाखोवन दिलें. राजकारण्यांकडेन पळोवपाची लोकांची नदर बदलपाक लागिल्ली आसतनाच पर्रीकारान आपूण हेरां परस खुबूच वेगळो आसा म्हणपाचें लोकांक पटोवन दिलें आनी तांचो लोकसंपर्क पणजेची मेर-शीम हुपून गोंयभर पातळ्ळो. हेर मतदारसंघांतल्यान तांका भाई म्हणटल्या निश्ठावंत वावुरप्यांची संख्या वाडपाक लागली. ज्येश्ठ आशिल्ल्यान श्रीपाद नायका कडेन भाजप विधीमंडळ पक्षाचें मुखेलपण आसलें तरीं विधानसभेतली अश्टतासांची कामगिरी, विधीमंडळ कामकाजांतली बारीकसाण नियाळपाची तांक,मुख्यमंत्री वा हेर मंत्र्यांक शिंगांर घेवपाक लागता तें धाडस आशिल्ल्या पर्रीकारान थोड्याच काळा भितर आपलें वेगळेंपण गोंयच्या मना-काळजाचेर ठसयलें. त्या वेळार विधानसभेच्या कामकाजाचें थेट प्रक्षेपण जायनाशिल्लें. पूण दुसऱ्या दिसा वाचकांचे भेटीक येतल्या दिसाळ्यांतल्यान आपणे आदल्या दिसा

मांडिल्ले मुद्दे वेवस्थीत छापून येतले म्हणपाची जतनाय घेत ते विधानसभेंत उलयताले आनी मंत्र्यांक नाका - पुरो करताले. वर्सभरांतूच पर्रीकारांचें नांव लोकांच्या तोंडार खेळपाक लागलें. 'कोण हो पर्रीकार?' अशें विचारतल्यांक तांणी आपलें विधानसभेंतलें काम आनी लोकां मजगतीं वचून जोडिल्लो विश्वास हांचे वरवीं चोख जाप दिली. तेन्ना पणजेंतल्या पोरण्या सचिवालयांत विधानसभा भरताली. विरोधी पक्षाचे वटेन शेवटाक भाजपा आमदारांची बसपाची वेवस्था केल्ली. तांचीं कदेलां पत्रकारांच्या बसकेक तेंकुनूच आशिल्ल्यान बरेच फावट थंय सावनूच उलोवप जातालें. प्रस्न- जापेचें वर येतकच आपूण खंयच्या मंत्र्याक कसले प्रश्न विचारून अडचणींत हाडटलों, हाची माहितीय पर्रीकार आडवळणान दिताले. विरोधी वांगडी म्हूण सत्ताधिशांक भेकणावचे पयलीं पत्रकारांकय विश्वासांत घेवपाची कला तांणी हाताशिल्ली. सभापती पदा खातीर जाल्ले वेंचणुकेंत सत्तेचेर आशिल्ल्या पक्षाचेर मात करीत म.गो. चे उमेदवार, प्रा, सुरेंद्र सिरसाट हांका वेंचून हाडपाचो विरोधकांचो डाव जैतवंत जावपा कडेन पाविल्लो आनी ताचे फाटल्यान मनोहर पर्रीकाराचीय कल्पकता आशिल्ली. मात सरकार पक्षान सभापतीपदा खातीर उकतें मतदान घेवचें अशें म्हणून कशी तरी आपली सुटका करून घेतली आनी तोमाझीन कार्दोझ सभापती जालो. ते उपरांत मनोहर पर्रीकाराची खरी तांक गोंयांक कळ्ळी ती तांणी वीजमंत्री माविन गुदिनोचेर बॉम्ब घालतकच! कसलीच भीड - मुर्वत धरी नासतना मंत्र्याचेर अशे तरेन घुरी घालपाचें धाडस तेन्ना कोणा कडेच नासलें. तशें केल्यार ताचे परिणाम भोगपाची तयारी दवरची पडटाली. मनोहर पर्रीकार खेरीत प्रकृतीचो मनीस म्हणपाचें गोंयांक ह्या प्रकरणान पटोवन दिलें. कांय उद्देगांक कोट्यांनी रुपयांची सवलत कायद्या भायर दिल्ल्याचें हें प्रकरण मनोहर पर्रीकारान नेटान लावन धरलें आनी तेवरवीं माविन गुदिनो सयत ताच्या कॉंग्रेस पक्षाकूय अडचणींत हाडलें. गोंयकार मतदाराच्या मनांतल्यान कॉंग्रेस देंवपाक कारण जाल्लें हें पयलें प्रकरण. माविन गुदिनाक तर तें खुपूच भुजलें. तातूंत प्रतापसिंग राणे हांचोच हात आशिल्लो असो आरोप माविन आयजूय करता. पर्रीकारान उपरांतच्या काळांत ह्याच माविन गुदिनोचें राजकी पुनर्वसनूय केलें

आनी माविनाक भाजपांत आपोवन घेतना ताचें समर्थन करपाचीय वेळ पर्रीकाराचेर आयली. पूण अशा तरेच्या कामांतूय पर्रीकार फिशाल आशिल्ले. ही फिशालकाय तांणी आनीकूय साबार प्रकरणांत दाखोवन दिल्या. एक खरें, भायर- भितर करतल्यांक मात तांणी आपले सावळेक लेगीत रावंक दिवंक ना. हेर मंत्री- आमदार- फुडारी आनी मनोहर पर्रीकार हांचे मदलो सगळ्यांत व्हडलो फरक तो होच. तोच लोकांक मानवलो आनी ताकाच लागून फुडलों बरोंच तेंप पणजेच्या आनी गोंयच्या राजकारणांत तांचें उतर हेंच निमणें उतर थारलें.

●●●

म.गो.चो चंवर गळ्ळो

विधानसभेंत पावले उपरांत मनोहर पर्रीकाराच्या व्यक्तीमत्वांचीं साबार तासां उजळूंक लागलीं. आमी पत्रकार ह्या नात्यान तीं लागीं सावन पळयताले. एक फिशाल आनी तत्वनिश्ट राजकारणी गोंयांत तयार जातना सगळ्यांकूच दिसतालो. तत्वांच्यो गजाली राजकारणांतल्या एकाद्र्या मनशान सांगच्यो आनी आमी त्यो आयकुच्यो, अशें पयलेंच फावट जातालें. विधानसभेंत पावना फुडें पयल्याच वर्सा पर्रीकाराना सभाघराच्या वट्ट कामकाजाचेर आपली म्हार उठली म्हणपाची जतनाय घेतली. भाजपच्या विधीमंडळ पक्षाचे फुडारपण आशिल्लें श्रीपाद नायका कडेन. पूण सरकाराचेर

भाजपाच्या चार आमदारांचें चेंपण आसतलें आनी हे आमदार सरकाराक आपलेंच खरें करूक दिवचे नात म्हणपाची जतनाय घेतली ती पर्रीकारानूच. विधानसभेंत भाजपाचे चार आमदार पावले तेन्ना पक्षाचे वरिश्ट फुडारी प्रमोद महाजन हांणी उक्तायिल्ली प्रतिक्रिया म्हाका आतांय याद जाता. चौग जाण वेंचून आयले न्ही, कॉंग्रेसीची तिरडी उखलपाक चौग जाण खूब जाले, अशें तांणी विनोदान म्हणिल्लें. ह्या चारूय जाणांनी कॉंग्रेस सरकाराची गची धरतना भाजपाचें मुळावण गोंयांत घटमूट केलें म्हणपाची गवाय इतिहास दितलो. पयल्या वर्सा हेंच घडलें, खासा श्रीपाद नायक आनी दिगंबर कामतूय पर्रीकारा कडल्यान बरेंच शिकले.

व्हडल्या काळजाचो मनीस म्हूण आता पर्रीकारान आपली वळख घडयली. १९९६ वर्स आसतलें. आतां मनोहर पर्रीकार, श्रीपाद नायक म्हाका खुप लागीं आयिल्ले. घराआपयल्यार पर्रीकार वेळांत वेळ काडून आमगेर येताले. तांच्यातल्या मनीसपणाचो अणभव तेन्नाच म्हाका आयलो. आपल्या मनशाक बऱ्या काजा खातीर आदार दिवपाचो आसत तर ते खंयच्याय पांवड्यार वतात म्हणपाचें हांवें अणभवलें. आयज ते घडणुकेक अडेच दसकां जालीं तरीं तो प्रसंग घडलो तसोच म्हज्या दोळ्यां सामकार उबो रावता. पर्वरे घरनिर्माण वसणुकेंतल्या ज्या घरांत आमी रावताले, त्या घरा विशीं उपराशिल्ल्या न्यायालयीन वादांत मनोहर पर्रीकार आनी श्रीपाद नायक हांणी दिल्ल्या आदारा विंशीं सांगना जाल्यार हें पुस्तक पुराय जावचें ना. कुटुंबीक कारणांक लागून आसूये वा तेन्नाचे परिस्थितीक लागून, तें संकश्ट आमचे मुखर उबें राविल्लें. घराचेर आयिल्ले न्यायालयाचे डिक्रेक स्थगिती मेळिल्ली खरी, पूण न्यायालयांत सुरक्षा हमी म्हूण ७५ हजार भरपाची गरज आशिल्ली आनी इतलो पयसो उबो करप आमच्या आवाक्या भायलें जाल्लें. ते वेळार आमचें कुटुंब आताचे वरी थिरावंक नाशिल्लें आनी इतल्या पयशांची वेवस्था करची कशी, हेंवूय सुचनाशिल्लें. त्या वेळात मनोहर पर्रीकार हेच म्हजे लागींचे अशे इश्ट. सामकोच नाइलाज जावन हांवें इश्ट न्हय तर धाकलो भाव ह्या नात्यान पर्रीकाराक आमचेर आयिल्ल्या संकश्टाची कल्पना दिली. ते पयलीं पर्रीकारा कडेन केन्नाच मजती

खातीर हात पसरावपाची वेळ म्हजेर येऊंक नाशिल्ली आनी अशे तरेन मागपूय म्हाका आवड नाशिल्लें. पूण ती वेळूच खेरीत आशिल्ली. सामकोच नाइलाज जाल्ल्यान तांचे मुखार हांवे म्हजें मन उकतें केलें. अजाप म्हळ्यार चड खोल चवकशी करी नासताना, कसलोच प्रश्न विचारी नासतना आनी फाटीं- फुडें पळय नासतना तांणीं म्हाका थाकाय दिली. तेन्ना जाल्ले उपाट खोशयेचो अणभव हांवें ताचे उपरांत क्वचित घेतला आसत. हुसको करपाची गरज ना अशें सांगून तांणी म्हाका धीर तर दिलोच, पूण श्रीपाद नायकाच्या कानार ही खबर घालून आमकां बेगोबेग न्यायालयांत वचून काम पुराय करपाचें आसा अशें सांगून बँकेतल्या आपल्या कायम ठेवींचीं कागदां हाडचे खातीर ते म्हापशां गेले. श्रीपाद नायक हांची घरकान्न विजया म्हळ्यार सगळ्यांची वयनी. तिचे सयत श्रीपाद नायक आपले ठेवींचीं कागदां घेवन कोर्टांत पावले. तांणी पर्रीकारा सयत आमचे हमीदार म्हूण सय केली आनी एका व्हडल्या संकश्टांतल्यान आमकां भायर काडलें. घरचे लोक करचे नात इतलें आपलेंपण तेन्ना मनोहर पर्रीकार,श्रीपाद नायक आनी विजया वयनीन आमचे खातीर केलें. आमच्या दुर्दैवान विजया वयनी आयज आमचे मजगतीं नात. आमच्या मदल्यान हालींच तांका काळांन झोंबून व्हेलें. पर्रीकाराचें हें वेगळेंपण मनांत रिगलें. आयज ते घडणुकेक अडेच दसकां जातलीं. अशेंय घडूंक शकता असो प्रश्न आयज कोणाकूय पडलो जाल्यार ताचें अजाप जावचें ना. सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हळ्यार ह्या दोगांयनी ते गजालीविशीं केन्ना उणें उतर काडलें ना आनी म्हजेर आपणें उपकार केल्ल्याचे भावनेनूय ते केन्नाच वागले नात. पर्रीकारा परस हांव चार वर्सांनी व्हडलो आसलों तरीं आमी दोगूय एकामेका कडेन आरे- तुरे करीतूच उलयताले आनी निमाणें मेरेन तांतूंत फरक पडूंक नाशिल्लो. ते 'सीएम' जातकच तांका फावो तो मान दिवप सभावीक आशिल्लें. घराचें प्रकरण मिटले उपरांत मनोहर पर्रीकार आनी श्रापीद नायकान आनीक एक फावट न्यायालयांत मारली आनी आपलीं मूळ प्रमाणपत्रां परत घेवपाचे सोपस्कार केले. दोगांयनी म्हजेर केल्ले उपकार आयजूय म्हाका स्मरतात. श्रीपाद नायक हांचे कडेनूय म्हजी इश्टागत जाली. आयजूय ती तितलीच घट आसा. मगो-भाजपा युतीचीं उलोवणी

करचे खातीर आमगेर ते दोन- तीन फावटीं आयिल्ल्यान घसट वाडिल्ली. पूण हे घडणुकेक लागून ते आनीकूय लागीं आयले. हे वटेन पर्रीकाराचो सडेतोड, बिनधास्त सभाव आनी सगळ्यांची आस्थेन चवकशी करपाचे सवंयेक लागून तांच्या इश्टांची संख्या वाडूंक लागिल्ली. जायते फावट हांव पर्रीकारा बराबर डिनर घेवपाक शेर-ए-पंजाब क्लासीक वा गोंयचीन हॉटेलांत वतालों. शेर-ए-पंजाबांतलें चिकन-६५ आनी गोंयचीनांतलो हॉटपॉट रायस तशेंच थाय करी तांच्या खुपूच घोस्ताची. जेन्ना आमी थंय वताले तेन्ना ते तीच डिश हाडपाक सांगताले. आमचे इश्टागतीची कल्पना आतां भाजपांतल्या लोकांकूय आयिल्ली. बरेच फावटीं खाशेल्यो खबरो मेळटाल्यो. रायबंदराची गोंय वैजकी म्हाविद्‌यालयाची इमारत गोंय व्यवस्थापन संस्थेक फकत एक रुपया घेवन लिजार दिवपाचो सरकारी निर्णय आनी हेर कांय मुद्द्यां वेल्यान वातावरण तापोवपाचें काम पुढारी दिसाळ्यान केल्लें. ह्या विशया वेल्यान तेन्नाचे आरोग्यमंत्री डॉ. विल्फ्रेड डिसोझा हांका शिंगार घेवपाची संद मनोहर पर्रीकाराक मेळिल्ली. १९९५ वर्स सोंपतना, नातालांच्या बोवाळांतूच पुढारीचें कार्यालय जॉन पॉल इमारतींतल्यान सांतीनेजाक, स्टेट बँकेच्या मुखार आशिल्ल्या एमेराल्ड टॉवर्सांत स्वताचे मालकेच्या जाग्यांत व्हेलें. ते निमतान घडोवन हाडिल्ल्या येवकार सुवाळ्याक मुख्यमंत्री प्रतापसिंग राणे, केंद्रीय कायदोमंत्री रमाकांत खलप, डॉ. विल्फ्रेड डिसोझा, मनोहर पर्रीकार, पणजेचे महापौर रमेश सिलिमखान मुजरत आयिल्ले. फुडलें वर्स सत्ता हातात आसुनूय कॉंग्रेसीक खुबूच वायट गेलें. राणें सरकारातले दयानंद नार्वेकार, सोमनाथ जुवारकार, मावीन गुदिनो ह्या मंत्र्यांक मनोहर पर्रीकार आनी विरोधी पक्ष फुडारी डॉ. काशिनाथ जल्मी हांणी उजरावन काडीत वातावरण धवळून काडलें आनी राणें सरकार गडगडपाची प्रक्रिया सुरू जाली. सरकाराक अडचणींत हाडपाची एक्कूय संद पर्रीकार आनी डॉ. जल्मीन सोडूंक नाशिल्ली. वीजमंत्री माविन गुदिनो आनी सहकारमंत्री सोमनाथ जुवारकारा आड तयार जाल्ल्या वातावरणाचो आनी केंद्रात सरकार बदलिल्ल्याचो लाव घेत डॉ. विल्फ्रेड डिसोझान प्रतापसिंग राणेंच्या सरकारा आड बंड करून आपलें सरकार घडोवचे खातीर मगोप आनी भाजपाच्या आमदारांचो तेंको घेतलो.

मनोहर पर्रीकाराच्या रणनितींचें हें जैत आशिल्लें. केंद्रांत आशिल्ल्या अटल बिहारी वाजपेयी सरकाराचें अभय गोंय सरकाराक मेळोवन दिवपाची जापसालदारकी पर्रीकारान घेतिल्ली. पूण ह्या नव्या सरकाराचो फुडारूय पर्रीकाराक खबर आशिल्लो. तांचे कडल्यान तेन्ना जी माहिती मेळटाली तिचे वेल्यान साबार गजाली आमचे मतींत येताल्यो. डॉ. डिसोझा आनी दयानंद नार्वेकार एकठांय कशे येवंक शकतात असो प्रश्न पडटालो आनी डॉ. डिसोझान मगोप- भाजपाच्या भरवंशाचेर सरकार घडोवपूय गोंयकारांच्या मनाक पटनाशिल्लें. पूण मगोप आनी भाजपाच्या आदारान वर्सभर सरकार चलोवप आनी मागीर आपल्याच फुडारपणा खाला वेंचणूक घेवन मनाजोगतें करप असो डॉ. डिसोझाचो बेत आशिल्लो. पूण मनोहर पर्रीकार खेरितूच बेत रचतालो. शेवटात जालेंय तशेंच. डॉ. डिसोझांचे सरकार गडगडलें आनी लुइझिन फालेरो हांणी संद सादली. ह्या सगळ्या राजकीय गोंदळांत मनोहर पर्रीकार सत्तारूढ पक्षांतल्या वांगड्यां मदले संबंध इबाडचे आनी विधानसभेच्यो वेंचणुको बेगोबेग जावच्यो म्हूण आपले कळाशेच्या बळार फांशे घालताले. अपेक्षे परसूय बेगीन मेळिल्ल्या यशाच्यो कुरवो तांच्या मुखामळार दिसताल्यो. लुइझिन फालेरो मुख्यमंत्री जाल्ले आनी उपमुख्यमंत्रीपद दयानंद नार्वेकाराक मेळिल्लें. सरकारा वयलें विश्वासमत २०आड १९ मतांनी पास जाल्लें आसलें तरी सरकार आपटुपाचे बेत पर्रीकाराच्या तकलेंत शिजपाक लागिल्ले. कांय म्हयन्या उपरांत फालेरो सरकारूय कोसळ्ळें. डॉ. विल्फ्रेड डिसोझान भाजपाच्या आदारान परतून एक फावट सरकार घडोवपाचो दावो केलो, पूण तांका आपल्या पक्षाचो तेंको आसचो ना अशें पर्रीकारान सांगतकच अपेक्षित आशिल्लें तेंच घडलें आनी गोंयांत राष्ट्रपती राजवट जालू जाली. गोंयांत नवी झेंप घेवपक मनोहर पर्रीकार आनी ताचो भारतीय जनता पक्ष सज्ज जालो. तेन्ना सावन भाजपाच्या यशाचो आलेख सदांच वाडत रावलो आनी तांचे श्रेय मनोहर पर्रीकाराकूच वता, हें आयजूय कोणूच न्हयकारपाक शकचो ना. साडेचार वर्सांत चार सरकारां आयलीं आनी विरगळ्ळीं. सत्ते खातीर साबार कॉंग्रेसमनानी केल्ल्यो कायलोळ्यो समेस्त गोंयकारांनी उकत्या दोळ्यांनी पळयल्यो. ते फुडले वेंचणुकेंत

कॉंग्रेस शितिदार आयली, पूण एकामेकाचे पांय ओडपाची त्या पक्षाच्या फुडाऱ्यांची संवय मनोहर पर्रीकार आनी ताच्या पक्षाचे मोखीक पसवण दिताली. तेन्नाच्या राजकारणाची फोडणिशी करपाचो ह्या पुस्तकाचो हेतू ना, हें खरें. पूण तरींय आसतना आपल्या पक्षाक ते राजकीय परिस्थितीचो लाव कसो मेळटलो, पक्ष संघटना कशी घटमूट जातली हे खातीर पर्रीकारान केल्ले यत्न आनी कॉंग्रेसतींतल्यो कायलोळ्यो तांच्या पथ्यार कशो पडल्यो हें वाचतल्यांक कळचें देखूनूच त्या काळांतल्या राजकी घडणुकांची नोंद घेवप गरजेचें थारता.

गोंयांत राष्ट्रपती राजवट हाडटकच चार म्हयन्यां भितर विधानसभे खातीर वेंचणुक जाली. ह्या चार म्हयन्यांच्या काळांत मनोहर पर्रीकार, श्रीपाद नायक आनी तांच्या हेर वांगड्यांनी पक्षाची संघटना आनी वावर चडश्या मतदारसंघांत शिस्तींत पावयत वेंचणुकेची पुराय तयारी केल्ली. केंद्रांतले अटल बिहारी वाजपेयी हांच्या फुडारपणा खाला स्थापन जाल्लें सरकार तेरा म्हयने जावन कोसळिल्ल्यान त्या पक्षाच्या केंद्रीय फुडाऱ्यांकूय गोंयचे वेंचणुकेंत लक्ष घालपाक वेळ मेळ्ळो आनी पर्रीकारान तर पक्षाचें काम घराघरांत पावोवपाची जतनाय घेतली. वाजपेयींचे सरकार फकत एका मतान पडिल्ल्यान पक्षाक लोकांची सहानुभूती मेळटली म्हणपाची खात्री थळाव्या फुडाऱ्यांक आशिल्ली. पर्रीकार, श्रीपाद नायक, दिगंबर कामत हांच्या विधानसभेंतल्या कामाक लागून लोकांच्यो अपेक्षाय वाडिल्ल्यो. पणजे मतदारसंघांत तर पर्रीकाराक बळगें दिवचे खातीर वावुरप्यांची फौज तयार जाल्ली. विवेक नायक, नीना नायक, ज्योती मसुरकार, शुभदा धोंड, नेहा खंवटे, गौतमी, गौरी आनी हेरांचो ह्या वावुरप्यांत आसपाव आशिल्लो. पर्रीकारा बराबर म्हजी इश्टागत आशिल्ल्यान ह्या वावुरप्यांचीय वळख जाली आनी ती आयज लेगीत घटमूट आसा. पणजे मतदारसंघांत अशा निश्ठावंत आनी निसुवार्थी वावुरप्यांचें भक्कम फाटबळ आशिल्ल्यान कॉंग्रेसीक पर्रीकारा आड आव्हान दिवप जमलेंच ना. पणजेकारांक फावो असोच डॅशींग, आक्रमक, राजपाटणाच्या आनी थंयच्या लोकांच्या प्रश्नांची पुरायेन जाणविकाय आशिल्लो प्रतिनिधी मेळिल्लो आनीक ताका दुसरी संद दिवपाचो निश्चय तांणी केल्लो म्हणपाचें स्पश्ट दिसतालें. क्रिस्तांव घराब्यांमेरेन वचून पर्रीकारांन तांचो विश्वास जोडिल्लो. कॉंग्रेसीन हे फावटींय आदलेच उमेदवार केशव प्रभूक तिकीट दिली तर जांच्या बंडाक

ागून फाटले वेंचणुकेंत पर्रीकाराची वाट निश्कंटक जाल्ली ते सुरेंद्र
ुर्तीद आता डॉ. विल्फ्रेड डिसोझा हांच्या गोवा राजीव कॉंग्रेस ह्या
व्या पक्षाचे उमेदवार आशिल्ले. पर्रीकाराक आव्हान दितलो जाल्यार
ताक एक अशें झूंज जावप गरजेचें आशिल्लें. पूण तांचे आड तर वट्ट
ाठ जाण उबे राविल्ले. मतां फुटून ताचो लाव पर्रीकाराक मेळटलो
्हणपाचें तेन्नाच स्पष्ट जालें. तातूंत आदले आमदार जे. बी.
ोन्साल्वीस हाणींय आपली अपक्ष उमेदवारी जाहीर केल्ल्यान
र्रीकाराक पणजी सोडून हेर मतदारसंघांत भोवपाक मेळ्ळें. हे फावटूय
ांच्या सांगातान अॅड. संजय उसगांवकार, विरेश नाडकर्णी, अशोक
ायक अशे खडेगाठ वावुरपी आशिल्ले. तांच्या कश्टांक यश आयलें
आनी पन्नास प्रतीशें परस चड मतां घेवन पर्रीकार जैतवंत जाले.

म.गो. पक्षा कडेन हे फावट युती जावंक पावली ना, दोनूय कडले फुडारी चड जागे जाय म्हूण हट्ट धरून बसले. आमकां उणेंच वीस जागे जाय, अशें भाजपाचें म्हणणें. मात रमाकांत खलप, सुदिन ढवळीकार हांणी तें भायरायलें. रमाकांत खलपाक ही युती जावची न्हय अशेंच दिसतालें. १९९४चे विधानसभा वेंचणुकेंत भाजपाच्या फुडाऱ्यांनीच आपणाक उडयलो असो समज ताणीं करून घेतिल्लो. आनीकूय कांय कारणां आशिल्लीं. म.गो. च्या हटवादीपणाक जाप दितना भाजपान हे फावट वट्ट ३९ जाग्यांचेर आपले उमेदवार उबे केले. पक्षाच्या फुडाराचो विचार करून भाजपाची तयारी चलताली. निमाणे कडेन युती नाशिल्ल्याचो खर धपको बसलो तो म.गो. पक्षाक. ९९चे वेंचणुकेंत भाजपान दिल्ल्या या धपक्यांतल्यान म.गो. पक्षाच केन्नाच सावरूंक ना. तांच्या फुडाऱ्यांकूय उपरांत आपणें व्हड चूक केल्या म्हणपाचें होलमलें. युती जाल्ली जाल्यार उण्याच २४-२५ जाग्यांचेर युतीचे उमेदवार जैतवंत जातले आसले आनी घडये गोंयचें राजकारण वेगळेच दिशेन गेल्लें आयजूय पळोवंक मेळटलें आसलें. पूण दोगांय पक्षांनी वेगळ्यो वाटो धरल्यो आनी सुरेंद्र सिरसाट, शशिकला काकोडकार, शिवदास वेरेंकार हांच्या सारख्या फुडाऱ्यांक भाजपाक मेळिल्ल्या चडावत मतांचो धपको बसलो. भाजपाकूय श्रीपाद नायक, नरहरी हळदणकार हांका वगडावचें पडलें. काणकोण, फातोर्डा, वास्को, मुरगाव, वाळपय, कुमारजुवें, म्हापसा, पेडणे, धारगळ, साळगांव ह्या मतदारसंघांत म.गो. पक्ष आनी भाजपांत मतांची वांटणी जाल्ल्यान

तिचो लाव कॉंग्रेसीच्या उमेदवारांक मेळ्ळो. प्रमोद महाजन, गोपीनाथ मुंडे ह्या भाजपाच्या वरिश्ट फुडाऱ्यांनी युती खातीर उखलिल्लीं पावलां अपेशी थारलीं. तसेच परिस्थितींत भाजपाचे धा आमदार वेंचून आयले तर म.गो. पक्षाक वट्ट चार जाग्यांचेर समाधान मानचें पडलें. भोवमत मेळूंक नासलें तरी भाजपाक मेळिल्ल्या मतांची बेरीज करून समाधानी जाल्ले मनोहर पर्रीकार आयजूय म्हज्या दोळ्यां मुखार येतात. फुडाराचेर नदर दवरून योग्य असो निर्णय घेवपांत म.गो. पक्षाक आयिल्लें अपेस आयज लेगीत त्या पक्षाची फाट सोडीना. हे वेंचणुकेच्या निमतान मनोहर पर्रीकारान खऱ्या अर्थान आपल्या पक्षात गोंयच्या तळा- गाळा मेरेन पावयलो. भाजपाच्या केंद्रीय फुडाऱ्यांनी गोंयांत हुमल्या वरी संचार करीत पक्षाक राज्यांत घटसाण दिली. प्रमोद महाजन, गोपीनाथ मुंडे, व्यंकय्या नायडू, सुषमा स्वराज हांणी पेडण्या सावन काणकोणा मेरेन प्रचाराचो धुल्लो काडून कॉंग्रेसीक लिपोवन उडयलें. पूण शेंवटाक म.गो. पक्ष आनी भाजपा मदल्या मतांचे वाटणेन कॉंग्रेसीक तारलें.

●●●

...ंद आयली दारांत

म. गो. पक्ष आनी भाजपांत हिंदू मतांची वांटणी जाल्ल्यान १९९९चे वेंचणुकेंत भोवमत हातासून सरकार घडोवपाचें मनोहर पर्रीकारांचे सपन साकार जावंक शकलें ना. ताची खंत मनोहर पर्रीकार आनी भाजपा इतलीच गोयकारांकूय दिसताली. मनोहर पर्रीकार तेविशीं आपल्या लागींच्या मनशां कडेन उलोवन दाखयताले. पूण पर्रीकाराक चड वेळ वाट पळोवची पडली ना. भोवमत आसतनाय आपल्या आमदारांचेर विश्वास दवरी नासतना हेर पक्षांचे आमदार फोडून आपल्याक घटसाण दिवपा खातीर मुख्यमंत्री लुईझीन फालेरो हांणी खेळिल्ली चाल तांकां आनी कॉंग्रेसीकूय भुजली. रमाकांत

खलप आनी प्रकाश वेळीप कॉंग्रेसींत गेले आनी म.गो. पक्षा कडेन दोनूच आमदार उरले. मनोहर पर्रीकार जिची आतुरतायेन वाट पळयताले ती संद आता आपूण जावन तांचे कडेन आयली. फ्रान्सीस सार्दीन हांच्या फुडारपणा खाला कॉंग्रेसीतल्या धा आमदारांक फाटबळाचें उतर दीत तांणी पक्षा पसून वेगळें जावपाक लायलें. गोवा राजीव कॉंग्रेसीचे फ्रान्सीस डिसोझाय ते आदीं कॉंग्रेसींत आयिल्ले. आपणें सरकार घडोवंक नासलें तरी नव्या सरकारांत भाजपाचे तीन आमदार आसतले म्हणपाची जतनाय मनोहर पर्रीकारान घेतिल्ली. आपूण मात मंत्रीपद घेनासतना कुशीक रावले. ही चाल वळखुपाक फ्रान्सीस सार्दीन उणो पडलो. पर्रीकारांक मंत्रीमंडळा भायर दवरप ही सार्दीनाची घोडचूक आशिल्ल्याचें उपरांत सिद्ध जालें. दिगंबर कामत, प्रकाश फडते आनी डॉ, सुरेश आमोणकार अशे भाजपाचे तीग जाण मंत्रीमंडळान आशिल्ल्यान सार्दीन हुस्क्या विरयत रावले. ह्या सरकाराच्या कारभाराचेर लागींच्यान नदर दवरून राविल्ल्या पर्रीकाराची तो खेळ चड तेंप मुखार व्हरपाची इत्सा नाशिल्ली. सार्दीन परदेशांत गेल्ल्याची संद सादून पर्रीकारान कॉंग्रेसी सयत हेर पक्षांकडेन इश्टागत करीत आनी तांची मोडतोड, तोडफोड करीत शेवटाक आपलें सरकार घडयलेंच. मुख्यमंत्रीपद हातासपाचे दिशेन चलिल्ल्यो तांच्यो हालचाली आमी पत्रकार लागींच्यान पळयताले. सगळ्यांच्यो नदरो पर्रीकाराचेरूच थिराविल्ल्यो. आपलो धाक सगळ्यांक दिसतलो म्हणपाची जतनाय तांणी घेतिल्ली. पयलीं लुईझीन फालेरो हांचे सरकार उडोवचे खातीर तांणी वापरिल्ली चाणक्य नीत आनी मागीर वेगळोच न्याय लावन, ताचे उपरांत फ्रान्सीस सार्दीन हांच्या हातांत नाल्ल दीत आपणेंच हाताशिल्लें मुख्यमंत्रीपद... अशेंय घडूं येत म्हणपाचो अदमास लेगीत कोणाक नाशिल्लो. पूण एक मोख धरून तिची जिद्दीन फाटपुरवण करपी फुडाऱ्याच्या हातांत आता राज्याचें मुख्यमंत्रीपद आयिल्लें. नियती तांच्या वांगडाक आशिल्लीं अशें मात हांव म्हणचों ना. कांय म्हयन्यां आदींच नियतीन पर्रीकारांची घरकान्न मेधाक आपोवणें धाडिल्लें. आपलो घरकार राज्याचो मुख्यमंत्री जाल्लो पळोवपाचें मेधाबायच्या नशिबांत नाशिल्लें. १३ मे २००० ह्या दिसा मेधा वयनी गेली तेन्ना पर्रीकाराक पाचारपाक अख्खें गोंय म्हापशां लोटलें. मेधा वयनीचे निमणें दर्शन घेवन पर्रीकाराक मेळून हांव म्हजी बायल

लास हिचे सयत भायर आयलों तेन्ना जोत्यांच्या ढिगांत तिका तिचें प्पल मेळूंक नाशिल्ल्याची म्हाका याद जाता. पायांत चप्पल घाली ासतनाच ती अनवाणीच गाडये मेरेन आयिल्ली. त्या वेळावयलें र्रीकाराचें दुखेस्त मुखामळ, उत्पल आनी अभिजात हांची दीनमुद्रा ायजूय नदरे मुखार येता. अभिजात तेन्ना १०-११ वर्सांचो आसूये. मेधा यनीक कॅन्सरान व्हेली. उपरांत मनोहर पर्रीकाराकूय आपणें राजकारण ानी समाजकारणाक लागून केल्लें दुर्लक्ष तिका भुजलें अशें सांगून ापल्याकूच दोश दितना हांवें पळयलां. मेधा- मनोहराचो प्रेमविवाह ाशिल्लो. एकदोन फावट मनोहराल्या घरा गेल्ले कडेन मेधा वयनी कडेन धांवती भेट जाल्ली. पर्रीकारा सांगातान मेधा वयनी एकाद्र्या कार्यक्रमात दिशिल्ल्याच्यो घडणुको साप्प उण्यो. मेधाच्या दुयेंसा कडेन आपणें दुर्लक्ष केल्ल्याची खंत उकतायतना पर्रीकाराक हांवे साबार फावटीं आयकलां. निमाणे कडेन तिचेर ज्या हॉस्पिटलांत उपचार चलताले थंयचें ऑक्सीजन सोपिल्ल्यान परिस्थिती आनीकूय इबाडली, अशेंय ते सांगताले. आपूण जर भाजपाच्या विधीमंडळ पक्षाचो फुडारी नाशिल्लों तर त्या हॉस्पिटला आड केश घालपाचों, अशेंय तांणी एक फावट आपलें दुख्ख हलकें करतना सांगिल्ल्याची याद जाता. मेधा वयनी गेले उपरांत मात तांणी दीस आनी रात राजकारण- समाजकारणा खातीर ओंपली. रातीं उसरां मेरेन काम करीत पर्रीकार आपलें दुख्ख विसरपाचो यत्न करताले. आपल्यो वेदना आपल्या सांगात्यांक दिसच्यो न्हय हे खातीर तांचो यत्न आसतालो. मेधा वयनीच्या वियोगान ते खचून गेल्ले. तिचे कडेन जाल्ले इश्टागतीच्यो आनी हेर खबरो ते सांगताले. मेधा नाशिल्ल्याचें दुख्ख पचोवपा खातीर सुरवातीच्या काळांत वीस वीस वरां काम करतना आपूण खूपशें शिकलों . दुख्ख विसरचे खातीर कामाचो दोंगर माथ्यार घेवप होच आपले मुखा वयलो पर्याय; प्रशासनाक जाल्लो कॅन्सर कसो निस्तारूंक येतलो हाचोच विचार करीत आपूण दीस- रात काम करतां, अशें ते सांगताले. उत्पल आनी अभिजाताक आवयची उणीव जाणवची न्हय ही लेगीत आपली जापसालदारकी अशेंय ते मानताले. मुख्यमंत्री आसतनाय ते अभिजाताक अभ्यासांत मजत करताले, ताका भायर भोंवडावन हाडटाले. मेधा वयनी नाशिल्ल्याचें दुख्ख जिवें आसतनाच फ्रान्सीस सार्दीनाचें सरकार गडगडलें आनी

मुख्यमंत्री जावपाची संद पर्रीकारा कडेन आयली. सार्दिनाच्या पक्षांत फूट घालपाचें काम खासा पर्रीकारानूच केल्लें. मेधा वयनीच्या मरणाक लागून गोयांत पातळिल्लें सहानुभूतीचें ल्हार अजुनूय तिगून आशिल्लें. पर्रीकार मुख्यमंत्री जाता म्हूण भाजपांत उमेदीचें व्हार पातळपूय सभाविकूच आशिल्लें. आयज मेधाताई आसूंक जाय आशिल्ली, अशेंच दरेकल्या वावुरप्याक दिसतालें. भारतीय जनता पक्षाच्या पयल्या वयल्या सरकाराक गोंयांन भोव खोशयेन येवकार दिलो. गोवन पिपल्स पार्टेंतले चौग जाण तर रमाकांत खलप आनी प्रकाश वेळीप कॉंग्रेसींतल्यान भाजपांत आयिल्ले. रवी नायक, शेख हसन हरुण, बाबू आजगांवकार आनी संजय बांदेकार हे कॉंग्रेसीचे चार आमदारूय भाजपाचे जाल्ले. म्हयन्या आदीं केंद्रात अटल बिहारी वाजपेयी हांच्या फुडारपणा खाला भाजपाचें सरकार सत्तेचेर आयिल्लें. वारें खंयचे दिशेन व्हावता तें पळोवन गोंयच्या राजकारण्यांनी आपलें सूप धरिल्लें. केंद्रात आनी फाटोफाट राज्यांत आपलें सरकार येवप ही गोंयांतल्या भाजपा खातीर व्हडा खोशयेची गजाल आशिल्ली.

शुन्यांतल्यान सुरवात करीत मनोहर पर्रीकार, श्रीपाद नायक आनी हेर फुडाऱ्यांनी भाजपाक सत्ते मेरेन व्हरून सोडिल्लें. पूण सरकार थीर दवरतना पर्रीकाराकूय कुस्तार वता म्हणपाचें आता दिसपाक लागलें. नगर पालिका वेंचणुको देड- दोन म्हयन्यांचेर आयिल्ल्यो आनी त्यो जिखपाचें आव्हान भाजपा मुखार आशिल्लें. मजगतीं फोंड्या पालिका वेंचणुके खातीर रवी नायकान आपलो वेगळो पंगड देंवयलो. पणजे नगर पालिकेची वेंचणूक पक्षीय पांवड्यार लडोवपाक पर्रीकार आनी भाजपाचे हेर फुडारीय राजी नाशिल्ले. पूण पक्षीय पांवड्यार वेंचणुक जाली ना तर पक्षांत गटा- तटांचें राजकारण शिजतलें आनी लोकां मेरेन वेगळेंच चित्र वतलें अशें ॲड. संजय उसगांवकार आनी हेर मुखेल वावुरप्यांनी दिलो आनी पर्रीकाराचोय नाइलाज जालो. पणजेंत ॲड उसगांवकार तर ताळगावांत सुभाष साळकार हांचे कडेन वेंचणुकेंची सुत्रां पक्षान दिल्लीं. वेंचणुकेच्या जाहीरनाम्याचेर आपलो फोटो लेगीत आसचो न्हय म्हूण वट्ट वेंचणूक प्रक्रिये पसून पयस राविल्ले मनोहर पर्रीकार म्हजे यादींत आसात. भाजपाच्या पणजी मंडलाचें फुडारपण तेन्ना अशोक नायक ह्या नितळ चारित्र्याच्या, प्रामाणीक, निसुवार्थी आनी सगळ्यांक

ांगातान घेवन वचपी वावुरप्या कडेन आशिल्लें. वैदेही नायक, नीना नायक हे फावटींयमुखार आशिल्ल्यो. मनोहर पर्रीकार मुख्यमंत्री आशिल्ल्यान पेट्रिशिया पिंटो, रुथ फुर्तादो हांणीय भाजपाक तेंको दिलो, ड्वूंय त्या पक्षाक बरें पडलें. निमाणे कडेन पॅनल फॉर पणजी ह्या गंगडाक आवा- शिवा करून भोवमत मेळ्ळें आनी महापौर म्हूण अशोक नायक बिनविरोध वेंचून आयले. दोन- तीन म्हयन्यां भितर राज्याचो मुख्यमंत्री आनी पणजेचो महापौर भाजपाचो जाल्ल्यान त्या पक्षाच्या वावुरप्यांत पातळिल्लें उपाट खोशयेचें ल्हार आमी पळयताले. मुख्यमंत्री म्हूण पर्रीकारान वट्ट प्रशासनाक वेगळीच गती दिवपाचें मनार घेतिल्लें. आयएएस आनी हेर वरिश्ट अधिकाऱ्यांनी धास्ती घेवची अशे तरेची पर्रीकाराची शिस्त आशिल्ली. सरकारी रोख्यांची विक्री केल्यार एक कोटी रुपयांचो फायदो कसो जावं येता हेविशींची बुद्द दिवपाक पर्रीकारा कडेन गेल्ल्या एक सनदी अधिकाऱ्याक पर्रीकारान सगळ्यांत पयलीं धपको दिलो. कॉंग्रेसीचें सरकार आसतना अफाट माया जोडिल्ल्या ह्या अधिकाऱ्याचेर स्वेच्छेन राजीनामो दिवपाची वेळ आयली. हे घडणुकेक लागून प्रशासनात वचपाक जाय तो संदेश गेलो आनी शिस्त आयली. आयआयटीयन पर्रीकाराच्या मंत्रीमंडळांत आपुणूय एक आयआयटीयन आसा अशें रमाकांत खलप सांगताले. इरिगेशन आनी आयटी हीं खातीं तांचे कडेन आशिल्ल्यान आपुणूय आयआयटीयन म्हणपाचो सोद तांका लागिल्लो. सत्ता मेळटा म्हूण सगळे एकठांय आयिल्ले आसले तरी तांचे भितर समन्वय मात निखालस नाशिल्लो. मूळ भाजपाचे आशिल्लें मंत्री पर्रीकाराच्या मता भायर नासताले, पूण जें चलतालें ताचेर मात पर्रीकार खोशी नासले. केंद्रांत भाजपाचें सरकार आशिल्ल्यान गोंयांत सरकाराक अपशकून करपाचें धाडस कोणाच्याच आंगांत नाशिल्लें, पूण पर्रीकार अस्वस्थ आशिल्लें. शें प्रतिशें भाजपाचें सरकार सत्तेचेर हाडपाची ताकतीक तांका जाल्ली. पर्रीकारांचें फुडारपण इल्ल्याशा यशान संतुश्ट जावपी नाशिल्लें. तांचे नदरेंतल्यान कांयच सुटनाशिल्लें. सरकारांत आशिल्ल्यांची कुंडली आपले पद्दतीन तयार करून तांणी ह्या वांगड्यां विशींची आपलीं मतांय थारायिल्लीं. रवी नायक, जुझे फिलिप डिसोझा, बाबू आजगांवकार, रमाकांत खलप हांचे विशीं पर्रीकाराक खात्री दिस नाशिल्ली. मेरे वयलें भोवमत आशिल्ल्यान खंयच्याय खिणाक

आपलें सरकार पडूंक शकता म्हणपाचेंय तांका जाणवूंक लागिल्लें आपलो घात करपाची संद हेरांक मेळची न्हय म्हूण संद येतकच वर्मांचे घाव घालपाचें तांणी थारायलें आनी २००२च्या फेब्रुवारी म्हयन्यांत तांक तशी संदूय मेळ्ळी. कांय म्हत्वाचीं कामा आसात म्हूण मंत्रीमंडळाचे बसकेचें निमित्त करून तांणी मंत्र्यांक दोना पावला इंटरनॅशनल सेंटरांत येवपाक सांगलें. एखाद- दुसऱ्या मंत्र्याक पर्रीकारान बसका घेवपा फाटल खरो हेत सांगला आसू येत. उद्देग आनी कला संस्कृती खात्याचे मंत्री रामराव देसाय हांचे कडेन ते उलयिल्ले आनी वीज मंत्री दिगंबर कामत हांकांय कितें चल्लां ताची थोडी भोव कल्पना आशिल्ली. पूण हेर खंयच्याच मंत्र्यांक बसका कित्याक लागून आपयल्या हेविशीं कांयच खबर नाशिल्ली. बसका सुरू जातकच पर्रीकारान फाटीं- फुडें करी नासतना मूळ मुद्द्याकूच हात घालो आनी बेगोबेग वेंचणूक घेतल्यार कशी, असो प्रश्न वांगड्यांक विचारलो. आता विशय इतिवृत्ताचेर धडकल्लो. पर्रीकाराचो हेतू सफळ जाल्लो. आमी परत सांजे वेळार मेळुया आनी हे विशयाचेर भासाभास करुया अशें म्हणून पर्रीकारान इंटर नॅशनल सेंटर सोडलें आनी ते तडक राजभवनाचेर राज्यपालांक मेळपाक गेले. अवघ्याच कांय वरां भितर विधानसभेचें विसर्जन जालां म्हणपाची खबर गोंयांत पातळ्ळी. एकाद्री गजाल करपाचीच अशें मनोहर पर्रीकाराच्या मनान घेतले उपरांत ते स्वताय ते गजालीक आडावंक शकनासले, हेंच हे घडणुकेन परतून एक फावट दाखोवन दिलें. मनोहर पर्रीकारान केल्ली शिफारस राज्यपाल मोहम्मद फाजल हांणी बेगोबेग मानून घेतली आनी विधानसभा विसर्जीत केली. विसर्जनाची शिफारस मंत्रीमंडळाची काय खासा मनोहर पर्रीकाराची हो वाद ते उपरांत बरेच दीस चलतालो, पूण ताचें कोणाकूच पडून वचूंक नाशिल्लें. विसर्जना उपरांत कार्यकारी मुख्यमंत्री म्हूण पर्रीकारा कडेनूच सुत्रां आयिल्ल्यान काम बरेंच सोंपें जाल्लें. आपल्याक मेळिल्ल्या देड- दोन वर्सांतूच पर्रीकारान आपली फिशालकाय आनी कर्तृत्व गोंयकारांक दाखोवन दिल्ले. पंचायत वा नगरपालिकेची वेंचणूक लेगीत जिखिल्ली नासतना आनी मंत्रीपदाचो कुस्कुटाचो लेगीत अणभव नासतना बद्द मुख्यमंत्री पदाचेर वचून बशिल्ल्या पर्रीकारा मदीं आता उपाट आत्मविश्वास निर्माण जाल्लो. विधानसभेंत एका परस एक अशे अणभवी म्हारथी

आसून लेगीत पर्रीकारान तांचीच खेळी खेळून तांचेर मात केल्ली. आपणे मंत्रीमंडळांतल्या वांगड्यांक विश्वासांत घेवनूच तांचे संमतीन विसर्जनाचो निर्णय घेतला अशें पर्रीकार लोकांक बेधडक सांगताले आनि तांचो हो बेधडक सभाव लोकांकूय मानवतालो. विधानसभेंत पांय दवकून पर्रीकाराक आठ वर्सां जाल्लीं आनी ताचें एक नवेंच रुपडें गोंयकारां सामकार आयिल्लें.

●●●

क्रिकेट आनी राजकी तडजोड

गोंय राज्याची विधानसभा मनोहर पर्रीकार सरकारान केल्ले शिफारशीक लागून २७ फेब्रेर २००२ दिसा विसर्जीत जाली. विसर्जनाक लागून विरोधी पक्षांतले वांगडी खुबूच खुबिल्ले. पर्रीकाराच्या मंत्रीमंडळांतले कांय वांगडी आनी सरकार पक्षातल्या कांय आमदारांकूनय हो निर्णय मानवूंक नाशिल्लो. पूण पर्रीकाराक तांच्या विरोधाची भ्रांत नाशिल्ली. फुडाराची येवजण तांणी तयार केल्ली आनी वेळ वगडाय नासतना ते तशेंच तांचो पक्ष कामाकूय लागिल्ले. विधानसभा विसर्जनाच्या जुस्त तेरा दीस आदीं गोंयांतले पत्रकारितेच्या मळार एक म्हत्वाची घडणूक घडली. गोंयच्या पयल्या केबल खबरां चॅनेलाची सुरवात त्या दिसा जाली. आमच्याच

गोवा न्यूजलायन' ह्या खबरां चॅनेलाचें उक्तावण खासा मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकारान केलें. पर्रीकाराच्या मंत्रीमंडळांतले माहिती मंत्री आनी म्हजो गांव-भाव संजय बांदेकारूय ह्या सुवाळ्याक हाजीर रावपाचे आशिल्लें, राज्यांतलो पयलोच खबरां चॅनेल सुरू जाता आसतना राज्याच्या माहिती आणि प्रसिद्धी खात्याचो मंत्री ह्या नात्यान तांणी हाजीर रावप गरजेचेंय आशिल्लें. संजय बांदेकार हाका हावें गांव-भाव म्हूण पाचारलां आसलें तरी आमची दाट इश्टागत सगळेच जाणा जावन आशिल्ले. एक काणकोणकार खबरां चॅनेल सुरू करता म्हणपाची उमेद बांदेकाराकूय जाल्ली आनी ते उक्तावण सुवाळ्याक येतले हाची आमकांय खात्री आशिल्ली. भायर राजकी वातावरण खर जाल्लें, पूण कुसकीं कारणां दीत सुवाळो चुकोवंक मेळचो ना म्हणपाची ताकीद हांवे बांदेकाराक इश्टागतीच्या नात्यान दिल्ली. पर्रीकार आनी बांदेकारा मदीं धुसफूस सुरू जाल्ल्याची खबर म्हाकाय आशिल्ली. पूण तिका लागून बांदेकार उक्तावण सुवाळोय चुकयतले, अशें मात हांवें चिंतूंक नाशिल्लें. पूण तांच्या मनांत मात वेगळेंच आशिल्लें जावं ये. पर्रीकार दिल्ल्या वेळार खंयच्याय सुवाळ्याक पावतले, अशी कोणाचीच अपेक्षा नासताली. पणजेच्या मांडवी हॉटेलांत दवरिल्ल्या ह्या सुवाळ्याकूय ते वर भराचो कळाव करुनूच आयले. पूण संजय बांदेकार येवंक नाशिल्ले. तांचेर फोना वयल्यानूय संपर्क जायनाशिल्लो. मुख्यमंत्री पर्रीकारानूय बांदेकार नाशिल्ल्याचें मनार घेतलां कशें दिसनाशिल्लें. येरादारी मंत्री पांडुरंग राऊत आमचे इश्ट म्हूण सुवाळ्याक आयिल्ले. निमाण्या खिणाक तांकाच माचयेर आपयलें आनी 'गोवा न्यूजलायन' खबरां चॅनेलाचो उक्तावणाचो सुवाळो मुखार व्हेलो. म्हयनो भर प्रयोग म्हूण हो चॅनेल केबल नेटवर्का वरवीं गोंयभर व्हेले उपरांतूच आमी ताची अधिकृत सुरवात केल्ली. मंत्रीमंडळाच्या वांगड्यां मदीं खर मतभेद आसले तरी तांका लागून तेरा- चौदा दिसां भितर विधानसभा विसर्जन जावपा सारखी परिस्थिती नाशिल्ली. संजय बांदेकार कित्याक येवंक नात तेंय आमकां मागीर कळ्ळें. दक्षीण गोंयांतलो काणकोण हो तांचो मतदारसंघ. १९९४चे वेंचणुकेंत ते जैतवंत जाल्ले आसले तरी १९९९ वर्सा जिखून येतना तांका आवा- शिवा जाल्लें. भाजपाचो विजय पै खोत हांचेर तांणी मेळयिल्लें जैत अवघ्याच मतांचें आशिल्लें. फुडले फावट पर्रीकार आपल्याक उमेदवारी दिवचे बदला ती पै खोताक दितलो असो दुबाव

बांदेकाराक दिसतालो. पै खोताची मनोहर पर्रीकारा कडली इश्टागत ताका अस्वस्थ करताली. विजय पै खोतान बांदेकाराचें जल्म गांव आशिल्ल्या आगोंदाच्या मैदानाचेर एक कार्यावळ घडोवन हाडिल्ली आनी मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकार त्या कार्यावळीक हाजीर रावपाचे आशिल्ले. पर्रीकारान ते कार्यावळीत येंवचें न्हय, असो बांदेकाराचो आग्रो आशिल्लो. पर्रीकारान बांदेकाराक समजावपाचो खूप यत्न केलो, पूण पर्रीकारूच न्हय तर मंत्रीमंडळातलो खंयचोच वांगडी कार्यावळींत वांटेकार जावचो न्हय, असो हट्टूच बांदेकारान धरलो. ताका तशें आश्वासनूच मुख्यमंत्र्या कडल्यान जाय आशिल्लें. ते भायर काणकोणची तिकीट आपल्याकूच दितले म्हणपाचेंय आश्वासन ते मागूंक लागले. पूण तांका कसलेंच आश्वासन मेळ्ळें ना. मनोहर पर्रीकार स्वता ते कार्यावळी खातीर आयले नात, पूण आपलो एक मंत्री रामराव देसायाक तांणी आगोंदा धाडून दिलो. पिकार जाल्ल्या संजय बांदेकारान ते कार्यावळींत विघ्न हाडपाचो यत्न केलो आनी ताका लागून मनोहर पर्रीकारा पसून आनीकूय पयस गेले. बांदेकारा सयत उणेच तीन-चार वांगडी पक्षांतल्यान फुटून वेगळे जावपाच्या विचारांत आसात म्हणपाची सुलूस लागतकच पर्रीकारान वेळ वगडाय नासतना मंत्रीमंडळाची बसका आपयली आनी विधानसभा बरखास्ती खातीर गरजेचे अशे सगळे सोपस्कार पुराय करून घेत २७ फेब्रेराक विधानसभा बरखास्तूय केली. सांगपा सारखी गजाल म्हळ्यार ते दिसा राजकी मंचारूय सामसूम आशिल्ली. राजकी बॉम्ब पडटलो अशेंय कोणेंय धरूंक नाशिल्लें. जांबावलेचो श्री दामोदर हो आमचो कूळदेव. घरकान्नीन आग्रो केल्यान आमी दोगांय जांबावले देवाचे भेटेक वचूंक भायर सरिल्लीं. मडगावां पावता म्हणसर राजकी भूंयकांप जाला म्हणपाचें कानार पडलें. आता करतलो कितें? तसोच घरकान्नीक घेवन जांबावले गेलों जाल्यार मोठी राजकी घडणूक चुकपाचो संभव आशिल्लो. ते वेळार हांव झी अल्फा टिव्ही खातीर गोंयचें काम पळयतालों. पर्रीकारा कडेन फोनार उलयलों तेन्ना कितें तरी घडटा म्हणपाची कल्पना आयली आनी हांवें पणजे परतुपाचें थारायलें. पूण घरकान्नीक तर देवाक मेळूंक वचपाचेंच आशिल्लें. मागीर चड कळाव करीनासतना हांवें मडगांवांत रावतल्या एका लागींच्या सोयऱ्या कडेन गाडयेच्यो चावयो दिल्यो आनी बस धरून हांव पणजे आयलों. वाटेंत बशिंतल्यानूच झी टिव्ही खातीर 'फोनो' दिलो आनी म्हजें पत्रकाराचें कर्तव्य पुराय केलें. व्हॉट्स ॲप वा

शल मिडियाचो तो काळ न्हय. बशींतले चडशे प्रवासी हांव किते ायतां तें कान सुपा येदे करून आयकताले. मागीर तातल्या साबार णांनी घडणुके विशीं जाणून घेतलें.

वा न्यूजलायन ह्या म्हज्या कोंकणी खबरांच्या चॅनेलाक सुरवेक वन राजकी घडामोडींची ताजी तद्दतील खावड मेळटाली आनी तिकाच गून राज्यांतल्या चॅनेलाक बरो प्रतिसाद मेळपाक लागिल्लो. ३२ वसां ट मिडियांत आनी मराठी पत्रकारितेंत काम केले उपरांत कोकणी बरां चॅनेल सुरू करप हें तशें धाडसाचेंच आशिल्लें. पूण ताच्या टल्यान कारणांय तशींच आशिल्लीं. २००० वर्सा मनोहर पर्रीकार पयल वट सत्तेर आयिल्ले तेन्ना इलेक्ट्रॉनिक पत्रकारिता गोंयांत वखदा रतीय नाशिल्ली. आडवाद फकत दूरदर्शनच्या सुनील नायकाचो. ाजपाचें सरकार सत्तेर येतकच मात एशियन न्यूज इंटरनॅशनल एएनआय) हे खबरां संस्थेंक प्रतनिधी आसप गरजेचें दिसूंक लागलें. हजें चली, शमी हेंच ते संस्थे खातीर गोंयांतल्यान काम करतालें. एनआयचो कॅमेरा हातात आशिल्ल्यान शमीक मुख्यमंत्री आनी हेर त्र्यांचे कार्यावळींत सदांच वचचें पडटालें. हांवूय पुढारीच्या ापसालदारकेंतल्यान सुटावो जावन झी अल्फा खातीर काम करूंक ागिल्लों. देवदास मटाळे हो तेन्ना अल्फा टिव्हीच्या खबरां विभागाचो ुखेली आशिल्लो. एएनआय आनी झी अल्फाक लागून आमी २००१ ावन मुख्यमंत्री पर्रीकाराक बरींच लागींची जाल्लीं. एक दूरदर्शन सोडलें ाल्यार हेर कोणें ह्या मळार पावलूय घालूंक नाशिल्लें. कॅमेरो सगळ्यां ातीर नवोच आशिल्लो. नवे- पोरणे, सगळेच आमदार कॅमेऱ्या मुखार लोवपाक अनमनताले. पोरण्या सचिवालयाच्या दरवट्याचेरूच आमी सून रावतालीं. आमदारां पसून मंत्र्यां मेरेन कोणाकूच मुखार येवन लोपवाचें नासतालें. गोंयकारां खातीर हो नवोच प्रकार आशिल्लो. ल्हव ल्हव कॅमेऱ्याक 'फेस' करपाची सवंय सगळ्यांक लागली आनी आमचें ाम सोंपें जालें. २००१ वर्सा पर्वरेचे विधानसभा संकूल बांदून पुराय जालें ानी तें आमचे खातीर सदांच उकतें आसतालें.

ी अल्फा टीव्हीचेर गोंय चडांत चड दिसचें म्हूण म्हजे यत्न चलताले ानी ते खातीर वेळ पडल्यार बरेच कश्ट घेवन हांव खबरो धाडून देतालों. आयज माहिती तंत्रगिज्ञान मळार जाल्ल्या वावराक लागून हें

सगळें सोंपें कशें दिसता. पूण तेन्ना बातमी रेकॉर्ड जाल्ली कॅसेट मुंबय धाडचे खातीर कार्गो विमान सोंदूंक विमानतळार धावचें पडटालें. इतलें करुनूय धाडिल्ली खबर झी अल्फाचेर दिसतली म्हणपाचो भरवंसो नातलालो. थंयचे लोक मुखेल वार्तालापांत गोंयांक व्हडलीशी सुवात दिनात म्हणपाचें लक्षांत येतकच हांव पर्याय सोदपाक लागलों आनी तो रोखडोच मेळ्ळोय बी. एएनआय खातीर गोंयची प्रतिनिधी आशिल्ली म्हजी धूव शमी तशेंच चलो प्रवेश हांचे कडेन गोंयांत कोकणी खबरां चॅनेल सुरू करपा विशीं उलयलों आनी ते दिशेन तयरेक लागलों. केबल नेटवर्क आशिल्ल्यां कडेन चर्चा केली आनी प्रयोग म्हूण सांजे वेळार कोंकणी खबरांपत्र दिवपाक लागलों. त्या खबरांपत्राक बरो प्रतिसाद मेळटा अशें दिसतकच 'गोवा न्यूजलायन' हो चॅनेलूच सुरू केलो. तो सुरू जाले उपरांत कांय दिसांनी राजकी वातावरणूय तापलें. मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकारान विधानसभा विसर्जीत केली आनी लोंकाक जाय त्यो खबरो घरांत बशिल्ले कडेन कानार पडपाक लागल्यो. 'गोवा न्यूजलायन' घराघरांत पावलो. मागीर ताचे विशीं वावड्योय उठल्यो. मनोहर पर्रीकारानूच हो चॅनेल सुरू केला म्हणपाचीय एक वावडी आशिल्ली. आपलो राजकी बेत मुखार व्हरपाक ताणींच येवजणे प्रमाण हो चॅनेल सुरू केला अशें कॉंग्रेसीचे वावुरपी लोकांक सांगपाक लागले. वस्तुस्थिती मात तशी नाशिल्ली. 'गोवा न्यूजलायन' सुरू करचे पयलीं पर्रीकारांकडेन हांव एका उतरान लेगीत उलोवंक नाशिल्लों. एक प्रयोग म्हूण हांव केबल नेटवर्काचेर खबरांपत्र दितां, इतलेंच तांका खबर आशिल्लें. उक्तावणाचें निमंत्रण तांका दिवन गेल्ले कडेन उक्तावणा खातीर व्हॅलेंटायन डे म्हळ्यार १४ फेब्रेर होच दीस कित्याक, अशेंय तांणी म्हाका विचारिल्ल्याची याद आसा. उक्तावण सुवाळ्याचें निमंत्रण दितनाच कोंकणी चॅनेलाक सरकारी आदाराचीय अपेक्षा आसा म्हणपाचें हांवें तांकां नमळायेन सांगिल्लें. राजकी घडामोडी गतीमान जाल्ल्या काळांत आनी विधानसभा वेंचणुको लागीं पाविल्ल्यो आसतना चॅनेल सुरू करपाचो लाव मात जालो. मनोहर पर्रीकाराचें वागरेंच गोंयकारांचेर पडिल्लें. लोकांच्यो तांचे विशींच्यो अपेक्षाय वाडिल्ल्यो. वेंचणुके आदीचों राजकी शिगमो लोकां मेरेन पावोवपाक आमी यशस्वी जाल्ले. प्रचारा मजगतीं फुडाऱ्यांनी एकामेकांचेर केल्ले आरोप- प्रत्यारोप टीव्ही वरवीं

त्यक्ष पळोवंक मेळटाले. 'गोवा न्यूजलायन' अशे तरेन लोकप्रिय जालो. मनोहर पर्रीकारा सयत भाजपाचे हेर फुडारी तशेंच कॉंग्रेस फुडाऱ्यांकूय आमच्या चॅनेलाची दखल घेवचीच पडली. फातोड्ड्या नेहरू स्टेडियमाचेर जाल्ले भारत आड ऑस्ट्रेलिया मॅचीं वेळार जाल्ले 'तिकेट गेटी'ची चवकशी करचे खातीर नेमिल्ल्या पेंडसे आयोगाचें कामकाजूय आमी लोकां मेरेन पावयलें. जीसीएंतलो भ्रश्टाचार हुमटून उडोवचे खातीर मनोहर पर्रीकारान पेंडसे आयोग नेमिल्लो आनी उपरांत ह्या आयोगान देल्लो अहवालूय मानून घेतिल्लो. अहवालाच्या आदारान पावलां उखलपाचो तांचो निर्धार पळोवन लोकांकूय थाकाय मेळिल्ली. गोंय क्रिकेट संघटणेंत कोट्यांनी रुपयांचो भ्रश्टाचार जाल्लो. आंतरराश्ट्रीय मॅचींतलें तिकेट गेट प्रकरण तर देशभर गाजलें. पूण आयज दोन दसकां लोटलीं तरीं तिकेट गेटीचोय निकाल लागूंक ना आनी पेंडसे आयोगाचो अहवालूय तसोच धूळ खायत पडून आसा. पैशाचोय अपहार करूंक दिवचो ना, अशें घसघशीत उतर लोकांक दीत सत्तेचेर आयिल्ल्या मनोहर पर्रीकाराकूय सत्ता राखचे खातीर तडजोडी करच्यो पडल्यो आनी ताका लागून गोंय क्रिकेट संघटनेंतलो भ्रश्टाचार आळाबंदाक आयलोच ना. पर्रीकार कांयच करपाक शकले नात. राजकी तडजोड करतना तांणीं जीसीएंतल्या भ्रश्टाचा कडेन आडनदर केली हें सत न्हयकारूंक जावचें ना. अडचणींत हाडपा सारखो प्रस्न कोणेंय विचारलो जाल्यार ताका तिरपी जाप दीत प्रस्न विचारल्याकूच घुंवडावपाची कला पर्रीकाराक बेस बरी जमताली. तांच्या दोळ्यां देखत जीसीएंत कोट्यांनी रुपयांचो भ्रश्टाचार चलतालो, पूण मनांत आसुनूय ते कांयच करूंक शकले नात. त्या घाळपणाचें मोल आयजूय गोंय क्रिकेटच्या मळार चुकतें करीत आसा. गुन्यांवकारांक ख्यास्त मेळची म्हूण मनोहर पर्रीकार पावलां मारतले म्हणपाची आस्त गोंयकारांक आशिल्ली. पूण तांकाय तडजोडी करीत 'क्रिकेट' खेळचें पडलें. तशें घडूंक नाशिल्लें जाल्यार गोंयच्या क्रिकेटीचें रूप आयज घडये खूब बरें आसपाचें.

'गोवा न्यूजलायन' सुरू केल्ल्या काळांतल्यो मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकारांच्या कांय खबरी हांगा सांगच्योच पडटल्यो. तुमचे खातीर म्हाका सदांच खाड करचें पडटा अशी तांची कागाळ आसताली. मुख्यमंत्री आशिल्ल्यान ते सदांच चॅनेला वरवी लोकांक दिसताले. आपणें सदांच

खाड केलें तर लोकां मेरेन बरे तरेन पावतलों, अशें तांका सभाविकप
दिसतालें. मनोहर पर्रीकाराच्या 'पॉवर नॅप' ची खबरूय अशीच सुर
म्हापसा रेसिडन्सींतले एके कार्यावळीक ते आनी तांचे हेर कांय
हाजीर रावपाचे आशिल्ले. ती कार्यावळ कव्हर करपाक हांवूय
गेल्लों. म्हाका पळोवन तांणी आपल्या ड्रायव्हराक आपोवन हाडलो अ
आपली गाडी पर्वरी व्हरून दवरपाक सांगलें. लोक पळयत आसतनाच
म्हजे गाडयेंत येवन बसले. तांका आपल्या खोर्लेच्या घरा वच
आशिल्लें. घरा पावतकच हांव 'पॉवर नॅप घेवन धा मिण्टांनी परत
अशें म्हाका सांगून ते भितर गेल्ले हांवें पळयलें. आता उणेंच अर्द
तरीं थंय बसपाचें चुकूंक ना, असो विचार करून हांव मुखार आशि
दिसाळें वाचीत थंयच बसलों. पूण अजाप म्हळ्यार १२-१३ मिण्टां भि
ते आसा तशे तयार जावन भायर आयले. हांव तांचे कडेन पळय
उरलों. 'पॉवर नॅप' घेतले बगर तरतरी येना, अशें ते म्हाका सांगता
ह्या 'पॉवर नॅप'चें कुवाडें म्हाकाय पडिल्लें. ते उपरांत केन्ना तरीं
इडियट्स' ह्या सिनेमांत प्राचार्य जाल्ले बोमन इराणीं 'पॉवर नॅप' घेत
हांवें पळयले आनी पर्रीकाराच्या 'पॉवर नॅप' ची याद जिवी जाली.

गोध्रा कनेक्शन

गोंयचे विधानसभेंत आपले उणेंच २१ आमदार आसचे आनी वेंचणुकेंत इतले आमदार जिखून हाडपाची आपली तांक आसा असो आत्मविश्वास आशिल्ल्यान मनोहर पर्रीकार हांणी २७ फेब्रुवारी २००२ ह्या दिसा एकतर्फी म्हणपा सारखो निर्णय घेत विधानसभा विसर्जीत केली. हें विसर्जन बरेंच वादग्रस्त थारलें; मंत्रीमंडळांतले उण्याच पांच वांगड्यांक विसर्जन मान्य नाशिल्लें. पूण एकदां मनान थारायलें म्हणटकच खासा पर्रीकारूय स्वताक आडावंक शकनाशिल्ले. आतांय तशेंच जाल्लें. विधानसभा बरखास्त जाल्ल्या दिसाच सांजे गोध्रा हत्याकांडाची खबर सगळ्याक पावली आनी आपणें घेतिल्लो निर्णय योग्य

आशिल्लो काय ना, असो विचार करपाची वेळ पर्रीकाराचेर आयली
गोध्रा हत्याकांडांन चित्रूच बदलून उडयिल्लें. गोध्रा रेल्वे स्थानकालाग
'साबरमती एक्सप्रेस' हे रेल्वे गाडयेचे बोगीक उजो लायिल्ल्यान ५
कारसेवक जळून सोंपले आनी गुजरातेंत सुडाचो सांवार सुरू जालो
गाडयेक उजो लावपी कोण आनी ख्यास्त कोणाक दिवची हाचो विचा
लेगीत करपाची गरज दंगल पेटयतल्यांक दिसनाशिल्ली. हजारां परस
चड निरपराध मनशांक हे दंगलींत जीव वगडावचो पडलो. फुडल्या कांय
दिसांनी हे धार्मिक दंगलीचे प्रतिध्वनी सगळ्याक उठले. हिंदुत्वाचो
मुद्दोय वरकुलाचेर आयलो. दंगलीक आयचे प्रधानमंत्री आनी तेन्नाचे
गुजरातेचे मुख्यमंत्री नरेंद्र मोदी हेच जापसालदार आशिल्ल्याचो आरोप
विरोधकांनी केलो. दंगली आडावपाचें आपलें काम सोडून मोदी तेन्न
कितें करताले, असो प्रस्न विरोधक विचारपाक लागले. तेन्नाचे
प्रधानमंत्री अटल बिहारी वाजपेयी हांणीय मोदींक राजधर्माची याद
जाहीरपणान करून दिली. मोदींच्या आड कसलेच पुरावे नाशिल्ले.
तेन्नाचे घरमंत्री लालकृष्ण अडवाणी हाणींय मोदींची फाटराखण करीत
तांचेर कसलेंच बगलांट येवचें न्हय म्हूण जतनाय घेतली. तरींय
आसतना दंगलींत हजारां परस चड लोकांक आयिल्ल्या मरणाचो विशय
घेवन कॉंग्रेस आनी हेर कांय पक्षांनी भारतीय जनता पक्षाक घुसपावपांत
कसलीच कसर सोडूंक नाशिल्ली. देशभर भाजपाच्या आड वातावरण
तयार जाल्लें आनी वाजपेयींच्या फुडारपणा खाला केंद्रात घडयिल्ल्या
सरकाराकूय ताचो हुलोप बसपाक लागलो. गोंय विधानसभा वेंचणुकेची
तयारी करतल्या आनी भोवमताक झोंबून हाडपाची मोख दवरिल्ल्या
मनोहर पर्रीकाराच्या आनी तांच्या पक्षाच्या येवजणेक वेरो वचूंक
लागिल्ल्यो. मात तशेच परिस्थितींत पर्रीकारान आपलो नेट उणो जावंक
दिवंक ना. 'गोवा न्यूजलायन' खबरां चॅनेला खातीर खबरो मेळयतना
तेन्नाच परिस्थितीक लागून मनोहर पर्रीकाराक आमी चड वेळ आनी
म्हत्व दिताले. तांणी एकट्यानूच त्या काळांत फुडारपणाची
जापसालदारकी आपल्या भुजांर घेतिल्ली. गोध्राची घडणूक पक्षाक
म्हारग पडटली अशें चित्र आसतनाय तांणी भारतीय जनता पक्षाच्या
राष्ट्रीय कार्यकारिणीची तीन दिसांची बसका गोंयांत घेवन राज्यांतलें
वातावरण भाजपामय करून उडयलें. ते पर्रीकार स्टायलींतलें खाशेलें

ायोजन आशिल्लें. भाजपाचे एकूण एक वरिश्ट फुडारी हे बसकेक तले आनी ताचो लाव मे म्हयन्यांत जावपी वेंचणुकेंत मेळटलो, अशें र्रीकाराचें गणीत आशिल्लें. असलीं गणितां मांडपाक आपल्याक कोण्ण ागना म्हणपाचेंय तांणी ते आदीं दोन- चार वर्सांच्या राजकारणा वरवीं खोवन दिल्लें. पणजेच्या मॅरियोट हॉटेलांत जाल्ले हे बसकेच्यो खबरो ळोवप हें म्हज्या 'गोवा न्युजलायन' ह्या खबरां चॅनेला खातीर एक ाव्हानूच आशिल्लें. राश्ट्रीय खबरां चॅनेलांचे गर्देंत उबो रावन आमच्या ॅनेलान त्या वेळार गोंय नदरे मुखार दवरून खबरो एकठांय केल्यो. ामेस्त गोंयकारांत घरांत बसून ही बसका पळोवंक मेळ्ळी आनी खबरो ांचो मायभाशेंतल्यान आयकूंक मेळ्ळयो. मनोहर पर्रीकाराच्या पंगडान ाष्ट्रीय चॅनेलांक लागून आमचेर अन्याय जावचो न्ही म्हूण जतनाय ातली आनी आमी कांय फुडाऱ्यांच्यो मुलाखती घेवन तांकां गोंयकारां ुखार व्हेलें. प्रमोद महाजन, सुषमा स्वराज, व्यंकय्या नायडू, गोपीनाथ ुंडे, नितीन गडकरी अशा साबार फुडाऱ्यांनी त्या वेळार पर्रीकाराच्या हत्वाकांक्षेक फुलयत वातावरण भाजपा खातीर लावाचें थारचें म्हूण त्न केले. राष्ट्रीय कार्यकारिणीचे बसतकेंत सभाविकपणान गोध्रा परांतचे परिस्थितीचेर चिंतन जालें. गुजरातेचे मुख्यमंत्री नरेंद्र मोदी ांणीय आपलें म्हणणें मुखार दवरतना परिस्थिती वेगळेच दिशेन वचची हय म्हूण जतनाय घेतली. गोंय आनी गुजरात म्हळ्यार मनोहर र्रीकार आनी नरेंद्र मोदी एकामेकाक लागीं येवपाची प्रक्रिया तशी २००१ र्साच सुरू जाल्ली. कारण जालें गुजरातेंतल्या भूंयकापाचें. मनोहर र्रीकार मुख्यमंत्री जाले उपरांत २००१ वर्सा गुजरातेंत भिरांकूळ भूंयकांप ावन गावांचीं गावां ना नपयत जाल्लीं. हजारांनी लोकांक मरण ायलें. कोसळून पडिल्लीं गावां उबीं करपा खातीर कितलेशेच हात ुखार आयले आनी तांतूतलो एक मनोहर पर्रीकाराचोय आशिल्लो. ोहाड जिल्ल्यांतलें उध्वस्त जाल्लें देवगड हें गांव गोंय सरकारान पोसकें ेवन ताचें पुनर्वस करपाचें थारायलें. गावांतलीं ९५ प्रतिशें घरां मातये रवण जाल्लीं. राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाची पालवी आशिल्ल्या 'सेवा ारती'न थंयच्या १९ गावांच्या पुनर्वसनाचें काम हातांत घेतिल्लें आनी ांचे भितर गोंयच्या पालवान उबें राविल्ल्या देवगडाचोय आसपाव ाशिल्लो. गोंयान ते खातीर तीन- साडेतीन कोटी रुपया एकठांय केल्ले

आनी तांतूत गोंय सरकारचो साठ- सत्तर लाख रुपयांचो वांटो आशिल्लो. त्याच वर्सा, म्हळ्यार २००२ वर्सा मनोहर पर्रीकार दुसरे फावट मुख्यमंत्री जाल्ले आनी पुनर्वसन केल्ल्या गावाचें उक्तावण तांचे हाजेरेंत जाल्लें. ते वेळार गोवा न्यूजलायनाचोय कॅमेरो थंय आशिल्लो. चॅनेलाचे वतीन शमी प्रभू, गोमंतक टायम्साची तेन्नाची प्रतिनिधी ज्योती धोंड आनी गोंयांतल्यान गेल्ले कांय पत्रकार हे घडणुकेचे साक्षीदार. मनोहर पर्रीकार अशा कार्या खातीर मुखार सरता म्हणपाचें ते उपरांतूय साबार फावटीं दिसलें. तांच्या ह्या कर्तृत्वाची नोंद गुजरातचे तेन्नाचे मुख्यमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी घेवप सभावीक आशिल्लें.

भाजपाचे तीन दिसांचे राष्ट्रीय कार्यकारिणी बसके उपरांत वेंचणुको दोळ्यां मुखार दवरून भाजपान पणजे कांपालाचेर घडोवन हाडिल्ल्या महासभेंत गोंयकारांनी घेतिल्लो वांटो आमी स्वताच्या दोळ्यांनी पळयलो. मनोहर पर्रीकार हांच्या व्यक्तीमत्वाच्या आनीक कांय अज्ञात तासांचे दर्शन आमकां ते वेळार खुबूच लागींच्यान जालें. मात ते सभेंत प्रधानमंत्री अटल बिहारी वाजपेयी हांणी काडिल्ल्या कांय उतरांक लागून पर्रीकाराक तेन्ना नासलो तरी मागीर आमचे मुखार उलयतना कपलार हात मारून घेवचो पडलो. कट्टर हिंदुत्ववादीय ते परिस्थितींत काडचो ना, अशीं उतरां अटल बिहारी वाजपेयीन उच्चारलीं आनी राष्ट्रीय कार्यकारिणीचे बसके वरवीं गोंयच्या भाजपान जें कितें जोडिल्लें तें व्हगडावपाची वेळ आयली. कांपालार जाल्ले हे सभेंत गोध्रातल्या घडणुकांचो अप्रत्यक्ष संदर्भ दिवन वाजपेयीन म्हळें, 'धर्मनिरपेक्षतायेचे धडे आमकां कोणेंच शिकोवपाची गरज ना!' तांच्या ह्या उतरांत आक्षेप घेवपा सारखें कांयच नाशिल्लें. मात ताचे उपरांतचीं तांची उतरां धर्मिक एकचाराची देख दिवपी गोंयकारांक उस्तऱ्यां गेलीं. अटल बिहारी वाजपेयी अशे उलयले तरी कितें? तर, तांणी म्हळें, 'मुसलमान आनी ख्रिस्तांव हांगा येवचे पयलींय भारत धर्मनिरपेक्ष आशिल्लो. इस्लामाचीं दोन तोंडां आसात; एक तोंड शांत तर दुसरें कट्टरपंथी आनी आकांतवादी. हांगा शांततायेन रावपाची इत्सा तांका ना!' प्रधानमंत्री निमाणे कडेन जें उलयले, ताचे फाटल्यान तसो कांय हेतू नासतयबी, पूण तांचे वरवी प्रखर हिंदुत्वाचोच संदेश लोकां मेरेन गेलो. खूब जाणांच्या काळजाक हो बाण लागलो. गोंयांत त्या उतरांचेर चर्चा जावप सभावीक आशिल्लें.

मनोहर पर्रीकाराक साठ वर्सां पुराय जाल्लीं तेन्ना पणजेंत घडोवन हाडिल्ल्या सुवाळ्यांत तेन्नाचे गृहमंत्री राजनाथ सिंग आनी केंद्रीय रस्तो येरादारी मंत्री नितीन गडकरी हांचे हस्तुकीं तांचो भौमान जालो.

संरक्षण मंत्री आसतना भारतान केल्ल्या नावीक चाचणे वेळार एके युद्ध नौकेचेर तेन्नाचे मुख्यमंत्री लक्ष्मीकांत पार्सेकार हांचे वांगडा मनोहर पर्रीकार.

संरक्षण मंत्री म्हूण दिल्लीक वचूंक भायर सरले तेन्ना मनोहर पर्रीकार हांका शुभेत्सा दितना बरोवपी.

फोटे : अरविंद टेंगसे

२०११ वर्सा गोंयचे मुख्यमंत्री म्हूण तिसरे फावटीं सोपूत घेतले उपरांत कांपाल मैदानाचेर लोकां कडल्यान शुभेत्सा घेतना मनोहर पर्रीकार.

भाजपाची राष्ट्रीय कार्यकरिणी बसका जाले उपरांत पणजेंत घडोवन हाडिल्ल्या वावुरप्यांचे सभेंत नरेंद्र मोदी, राजनाथ सिंग, अरूण जेटली, श्रीपाद नायक हांच्या सांगातान मनोहर पर्रीकार.

फोटे : राजतीलक नायक

मेरशेचे महासभेंत लोकां मुखार उलयतना मनोहर पर्रीकार.

मांडवी न्हंये वयलो तिसरो पूल- अटल सेतू- हें मनोहर पर्रीकाराचें सपन. दुयेंत आसतनाय ते कामाचेर देखरेख दवरूंक आयिल्ले.

फोटो : समीर नार्वेकार

भाजपाक गोंयांत सत्ते मेरेन व्हरपाक कश्ट काडिल्ले दोन फुडारी - मनोहर पर्रीकार आनी श्रीपाद नायक.



संरक्षण मंत्री म्हूण लस्कराचे एके कार्यावळींत मानवंदना स्वीकारतना.

ाजपाची राष्ट्रीय कार्यकारिणीची बसका गोंयांत घेवचे फाटल्यान जो ाशेलो असो हेतू मनोहर पर्रीकाराच्या मनांत आशिल्लो, तो पळयल्यार शे तरेचें वक्तव्य प्रधानमंत्र्यांकडून येऊंक नाशिल्लें जाल्यार बरें ावपाचें. पूण ते उलयले आनी उमेदी बराबर हुसकोय वाडलो. आपली क वेगळी वळख गोंयांत तयार करपाच्या यत्नांक भाजपा लागिल्लो. ंदू बराबर मुस्लीम आनी ख्रिस्तांवांक सांगाताक घेवन मनोहर र्रीकाराचें फुडारपण मुखार वचपाच्या यत्नांत आशिल्लें. ज्युस्त न्नाच हें सगळें घडलें. गोध्राचें हत्त्याकांड, उपरांत जाल्ल्यो धर्मिक ्गली आनी प्रधानमंत्र्यांच्या त्या उद्गारांचो मेळ घालपी साबार जाणांक ाजपांत फुडार ना म्हणपाचो साक्षात्कार जावंक लागलो. पयलो धपको देलो रवी नायकान. आपल्या फोंडेच्या मतदारसंघांतल्या मुसलमान नतांचेर तांचो दोळो आशिल्लो. तीं मतां कॉंग्रेसी वटेन वचपाचे भिरातीन ांणी भाजपा सोडलो. मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकार आनी भाजपान मांडिल्लें आनीक एक गणीत अशे तरेन चुकलें. भाजपा सरकारातलें भोवजन समाजाचें मुखामळ म्हूण रवी नायका कडेन पळयताले आनी ते आशिल्ले जाल्यार भाजपाक बरोच लावूय जावपाचो. पक्ष सत्तेचेर आयिल्लो तर रवी नायक उपमुख्यमंत्री जावपाचे आनी तशीच हमी दिवन पक्षांत ते स्थीर जावंक लागिल्ले. पूण आतां भाजपाचें कांयच धड ना म्हणपाचो साक्षात्कार तांका जाल्लो अशें म्हणचे परस तांचो तसो समज करून दिल्लो.भाजपाचो 'रवी' उदेवचे पयलीं अस्तमलो आनी पक्षा मुखार एक व्हड संकश्ट उबें रावलें. फोंड्यां रवी नायका मुखार नेटान उबो रावन झुजपी उमेदवाराचो सोद सुरू जालो. वेळ साप्प उणो आशिल्लो. निमाणें कडेन केंद्रांत अटल बिहारी वाजपेयींच्या मंत्रीमंडळांत राज्यमंत्री आशिल्ल्या श्रीपाद नायकाचें नांव मुखार आयलें. श्रीपाद नायक हांचे बगर दुसरो पर्यायूय दिस नाशिल्लो. मनोहर पर्रीकारान केंद्रीय फुडाऱ्यां कडेन भासाभास करून फोंड्या रवी नायकाच्या आड श्रीपाद नायकाक उबो करीत रवीच्या मुखार खर आव्हान उबें करपाक मात्तूय कळाव लायलो ना.

श्रीपाद नायक भाजपाचे शिस्तबद्द फुडारी आसले तरी तांची विधानसभा वेंचणुकेंत देंवपाची तयारी नाशिल्ली. म्हका याद जाता ते प्रमाण पणजेच्या मांडवी हॉटेलांत प्रमोद महाजन बी श्रीपाद नायका कडेन

उलयताले. निर्णय बेगोबेग घेवपाची गरज आशिल्ली. फोंडें मतदारसंघा रवी नायका आड लढचे खातीर तयारेक जाय आशिल्लो वेळ मेळू नाशिल्ल्यान श्रीपाद नायक अनमनताले. पूण महाजन, पर्रीकार हांप तांकां ते खातीर तयार केलें. पक्षादेश मानून श्रीपादान केंद्री मंत्रीमंडळांतल्यान राजीनामो दिलो आनी श्रीपादभाऊक फोंड्यांतल्या जैतवंत करचे खातीर कश्टूपाक भाजपा वावुरपी सज्ज जाले. श्रीपा नायक म्हळ्यार भाजपा वावुरप्यांचे भाऊ. तांचे उमेदवारीक लागू वावुरप्यां मदीं चैतन्य उदेलें. तांचे उमेदवारीक लागून भोवजन समाजाच मतां पुरायेन कॉंग्रेसी कडेन वचपाची प्रक्रिया आडावतली म्हणपाची खात्र भाजपा फुडाऱ्यांक आशिल्ली. श्रीपाद नायकाच्या रुपान भोवजन समाजांतलो खडेगाठ फुडारी लोकां मुखार हाडपाचो लाव हे मतदारसंघांतूय जातलो अशें फुडाऱ्यांक दिसतालें. वेंचणुकेचो प्रचार करताना रवी नायकाचो पराभव करून ताका बुद्द शिकोवप हीच भाजप खातीर मोख आशिल्ली आनी पक्षान तो आपले प्रतिश्ठेचो विशय केलो भंडारी समाजाच्या ह्या दोन बळिश्ट फुडाऱ्यां मदल्या झुजा कडेन भाजपाच्या केंद्रीय फुडाऱ्यांचेंय लक्ष आशिल्लें. कॉंग्रेसींत विरोधी पक्ष फुडारी आसतना भाजपांत उडी मारपी रवी नायकान थंय उपमुख्यमंत्री आसतनाच परत कॉंग्रेसीचे माचयेर चडून एक चक्र पुराय केल्लें. श्रीपाद नायका सारखो खडेगाठ उमेदवार रवी नायका आड उबो करपा फाटलो आनीकूय एक हेतू आशिल्लो. श्रीपादा आड झुजतल्या रवी नायकाक आपलो मतदारसंघ सोडून हेर कडेन प्रचार करप कुस्तार जालें. कॉंग्रेस आनी राष्ट्रवादी कॉंग्रेसीन गोध्रा हत्त्याकांड आनी गुजरातेंतल्या धर्मिक दंगलीचो मुद्दो मुखार हाडीत भाजपा आड विखारी प्रचार करतना कसलीच कसर सोडली ना. हे वेंचणुकेंत भाजपाचो एकूच ख्रिस्तांव आमदार वेंचून आयलो आनी उण्याच तीन- चार मतदारसंघांचेर उदक सोडपाची वेळ पक्षाचेर आयली. कॉंग्रेस पक्ष सोडून जांणी १९९९ वर्सा मनोहर पर्रीकाराक सरकार घडोवपांक बळगें दिल्लें ते मुरगांव मतदारसंघांतले भाजपाचे मुस्लिम उमेदवार शेख हसन हरुण जैतवंत जातले म्हणपाची खात्री आशिल्ली. पूण तांकाय पराभवाचो धपको बसलो. मनोहर पर्रीकाराकूय तांची हार अपेक्षीत नाशिल्ली. शेख सहजतायेन वेंचून येवंक जाय आशिल्लो, अशेंच ते सदांच म्हणटाले.

ांताक्रुझ मतदारसंघांत भाजपाचे अनिल होबळे फकत ४० मतांनी रले. सुरवेक होबळेच जैतवंत जाल्यात म्हूण जाहीर केल्लें. पूण परतून तां मेजलीं आनी व्हिक्टोरिया फेर्नांदीश जैतवंत थारल्यो. होबळे ारपा फाटलें कारणूय तेंच आशिल्लें. ते वेंचणुकेंत भाजपाची मगो पक्षा ्डेन युती जावंक नाशिल्ली, खासा मनोहर पर्रीकाराकूच ती युती ाल्ली नाका आशिल्ली. पर्रीकाराक आनी भाजपाकूय आपल्या जैता ेशीं उपाट आत्मविश्वास आशिल्लो. कॉंग्रेस आनी राष्ट्रवादी कॉंग्रेस या दोनूय पक्षांचे बऱ्याच मतदारसंघांत नाव लेगीत नाशिल्लें, तरींय ाजपाक थंय अपेक्षे सारखें जैत मेळूंक नाशिल्लें. तीन मतदारसंघांत तर क्षाचे उमेदवार फकत चार- पाचशीं मतांनी जिखून आयिल्ले. कळंगूट नतदारसंघांतले उमेदवार सुरेश परुळेकार आपली हार जावपा फाटल्यान ेंच कारण आसा म्हूण सांगताले आनी हळदोण्यांत दयानंद नार्वेकार रत जैतवंत जालो तोय त्याच कारणाक लागून. उल्हास अस्नोडकार रतून विधानसभेंत पावंक शकले नात. हे वेंचणुकेची सुत्रा तशीं भाजपाच्याच हातांत आशिल्लीं. ३९ मतदारसंघांत पक्षान आपले उमेदवार उबे केल्ले आनी तातुंतले २२-२३ तरी जैतवंत जातले म्हणपाची खात्री पर्रीकाराक दिसताली. कॉंग्रेस आनी राष्ट्रवादी कॉंग्रेसींत युती जावंक नाशिल्ल्यान तेंय भाजपाच्या पथ्यार पडटलें, अशेंच दिसतालें. धर्मनिरपेक्ष मतांची वाटणी जातली असो अदमास आशिल्लो आनी त्याच नाड्यार भाजपान गणितां मांडिल्लीं. डॉ. विल्फ्रेड डिसोझा हांचो हात धरून राष्ट्रवादीन गोंयांत पयलेच फावट पावल दवरिल्लें आनी कॉंग्रेसीक खर नखलामी केल्ली. काणकोणची कॉंग्रेसीची उमेदवारी परतून एक फावट संजय बांदेकाराक मेळ्ळी खरी, पूण भाजपाचे विजय पै खोत हांणी जैत खेचून हाडलें. विधानसभा विसर्जीत जावचे पयलीं भाजपाचे मंत्री आशिल्ले रमाकांत खलप हांणी मांद्रे मतदार संघांतल्यानूचउमेदवारी जाय म्हूण धरिल्लो हट्ट तांका म्हारग पडलो. खलप भाजपा सोडून कॉंग्रेसींत गेले आनी त्या पक्षाचे उमेदवार जाले. पूण संगीता परब हांणी केल्ली बंडखोरी तांका भुजली आनी भाजपाचे लक्ष्मीकांत पार्सेकार जैतवंत जाले. विधानसभा विसर्जीत करपाचो भाजपाचो निर्णय कसो आंगलट आयलो, हाची विस्कटावणी तेन्नाच्या एका भाजपा आमदारानूच केल्ली. विसर्जना आदीं भाजपाच्या

विधीमंडळ पक्षांत आशिल्ल्या संजय बांदेकार आनी जुझे फिलि डिसोझा हांकाच पक्षान दुसरे फावट तिकीट दिवंक नाशिल्लें, म्हण्टक सरकार उडोवपाचो भंय कोणा पसून आशिल्लो, असो प्रस्न उपरासत रमाकांत खलपांक मांद्रें सोडून जाय थंय उममेदवारी दिवपाची भाजपाच तयारी आशिल्ली. पेडणे, म्हापशें, शिवोली हांचे मदलो जाय त मतदारसंघ वेंचपाची मेकळिक खलपांक दिल्ली. पूण खलप मांद्रेंच जा म्हूण हट्टाक पेटिल्ल्यान भाजपाचोय नाइलाज जालो. हे फाटभूंये विधानसभा विसर्जनाची ताकतिक केली अशें खूब जाणांक आयजू दिसता. पूण गोध्रा हत्याकांड आनी उपरांत गुजरातेंत जाल्ल्यो दंगली तशेंच पणजेचे महासभेंत प्रधानमंत्री अटल बिहारी वाजपेयीं काडील्ल्या उतरांनी नखलामी करूंक नाशिल्ली जाल्यार विधानसभ विसर्जनाचो मनोहर पर्रीकार हांचो निर्णय चुकलो, अशें म्हणपाची सं कोणाकूच मेळची नाशिल्ली. तेय परिस्थितींत भाजपाक सतरा जा मेळिल्ले आनी ताचें श्रेय मनोहर पर्रीकाराच्या झुजारी वृत्तीक दिवपा जाय. वेंचणुकेच्या निकालाक लागून आयिल्ली निराशा पर्रीकारा लिपोवन दवरूंक नाशिल्ली, पूण सतरा जाणांचे मजतीन आपूण सरका घडोवपाक शकतां म्हणपाच्या आत्मविश्वासान ते कामाक लागले. तांक जैतूय मेळ्ळें. केंद्रांत भाजपाच्या फुडारपणा खाला सरकार आशिल्ल्याचं लावूय तांका जालो.

●●●

र्रीकाराची हॅटट्रीक

विधानसभा निसर्जीत करपाचो पर्रीकाराचो निर्णय धाडसी आशिल्लो. वेंचणुकेंत २१ जागे मेळयतलोंच अशो निश्चय करून तांणी हो म्हत्वाकांक्षी निर्णय घेतिल्लो. पणजेंत आपूण सहजातायेन वेंचून येतलों, अशें ताकां दिसतालें. पयले फावट वेंचणूक लढयतना, 'तुमी म्हाका हे फावटीं वेंचून हाडात, फुडले फावट तुमीच म्हाका फाटीं सरूंक दिवचे नात,' अशी हमी पर्रीकाराना आपल्या मतदारांक दिल्ली. दुसरी वेंचणुकूय तांका बरीच सोपी गेल्ली. ताचें कारण म्हळ्यार तांची विधानसभेंतली कामगिरी, पक्ष संघटणेची तांणी केल्ली बांदावळ आनी लोकां कडेन जुळिल्ली नाळ. विरोधकां मदीं एकी नाशिल्ल्यानूय तांचें काम सोपें जाल्लें. निसुवार्थी

आनी प्रचाराक लागून कसलेय कश्ट घेवपाची तयारी आशिल्ल्या वावुरप्यांच्या दळांन तांका ५० प्रतिशें परस चड मतां फाटले फावटीं दिल्लीं. हे फावटीं तर वेंचणुकेक वचपाचो निर्णय खासा तांचोच आशिल्लो. पूण जर एका आड एक अशें झूज जालें तर तिसरे फावट वेंचून येत जैताची हॅटट्रीक पर्रीकाराक जमतली काय कितें, असो दुभाव आशिल्लोच. उपाट आत्मविश्वास, चौवीसूय वरां काम करपाची तयारी, वावुरप्यां सयत लोकां मेरेन मध्यान राती लेगीत वचून तांच्यो अडचणी पैस करपाची जिद्द तांका पणजेंतल्यान जैत मेळोवन दितली, अशी खात्री वावुरप्याकूय दिसताली. हे फावट तांचे आड पणजेचे आदले नगराध्यक्ष रमेश सिलिमखान उबे आशिल्ले आनी तांका मळा वाठारांतल्यान बरोच तेंकोय मेळटालो. पूण पणजेचो नगराध्यक्ष म्हूण सिलिमखान हांणी खाशेलें अशें कांयच करूंक नाशिल्ल्यान तें पर्रीकाराच्या पथ्यार पडूं येतालें. सुरेंद्र फुर्तादो हांणी सदांचे वरी बंडखोरी करूंक नाशिल्ल्यान मतांची वांटणी जावपाचीय शक्यता उरूंक नाशिल्ली. पूण हे फावटीं फकत वावुरपीच न्हय तर पणजेचे साबार मुखेल नागरिकूय पर्रीकाराच्या फाटल्यान उबे रावले. पयले फावट मुख्यमंत्री जाल्ले तेन्ना पर्रीकारान आमच्या हुसक्यांक- कागाळींक आयकून घेवंक ना तशेंच कामाच्या नेटार आमचे कडेन दुर्लक्ष केलें अशी खंत मनांत दवरून नाराज जावन बशिल्ल्या एका पंगडाक समजावन तांची नाराजी पयस करचे खातीर पर्रीकार आनी तांच्या मुखेल वावुरप्यांक बरेच कश्ट घेवचे पडले. मतदारसंघाचे मुखेली तशेंचे पर्रीकाराचे वेंचणूक एजंट म्हूण वावुरपी ॲड. संजय उसगांवकार आसूं वा राजू सुकेरकार, निना नायक आसूं, साबार वावुरप्यांनी वेंचणुकेंत पर्रीकाराच्या जैता खातीर जीवाचें रान केलें. 'गांवा न्यूजलायन' आपलो कॅमेरो घेवन हे मजगतीं गोंयभर भोंवतालो आनी आमकां लोकांच्या मनांतलें कळटालें. वेंचणुकेंच्या प्रचारांत कॉंग्रेस भाजपा परस बरोच फाटीं उरता म्हणपाचो अणभव आमकां तेन्ना सावनूच येवंक लागलो. हे वेंचणुकेंत भाजपान प्रचाराक लायिल्लो नेट अजापांत उडावपा सारखो आशिल्लो. गोध्रा हत्याकांड, गुजरातेंतल्यो दंगली आनी प्रधानमंत्री वाजपेयी हांच्या वादग्रस्त विधानाची फाटभूंय वेंचणुकेक आशिल्ली. म. गो. पक्षाकडेन युती जावंक नाशिल्ली. रवी नायका सारखो भोवजन समाजाचो फुडारीय पयस

ल्लो. अशे परिस्थितींत पणजेचो कोट राखून दवरपाचें खर आव्हान ाजपा मुखार आशिल्लें. भाजपा विशीं मतदारात आशिल्ली थोडी- भोव हानुभूती, पर्रीकार परत सत्तेचेर येवपाची आस्त, हे विशीं चिंतुनूच र्रीकाराक परतून वेंचून हाडप काय सिलिमखानाक मतां दिवप हें णजेकारांक थारावपाचें आशिल्लें. म्हाका याद जाता, वेंचणुके आदी णजेंतल्या समार ७० नागरिकांक एकठांय हाडोवन तांची पर्रीकारा ›डेन भासाभास घडोवन हाडपाचो ॲड संजय उसगावकाराचो यत्न ›ळादिक जावंक लागिल्लो. ह्या पंगडाक आपणें 'एसजीपी' म्हळ्यार ›पेशल प्रोपोगांडा ग्रूप अशें नाव दिल्ल्याची याद ते आयजूय काडटात. ›या नागरिकांनी पर्रीकाराक उकतेंपणी तेंको दिल्लो. तेविशींची खबर ›सार माध्यमांक लेगीत नाशिल्ली. तेन्ना पर्रीकारा खातीर वावुरतल्या ›नशांची नावांच घेवचीं जालीं तर मोहन उर्फ लाला राव, ॲड.उल्हास ›ायकार, डॉ. गोविंद कामत, अशोक शेट्ये, अरूण नारायणदास, गंगाधर ›सगांवकार, सुभाष कामत, बाबू केणी, अरूण निगळ्ये, प्रशांत केणी, ›ाणीक थळी अशीं कितलींशींच नावां डोळ्यां मुखार येतात. फाटले दोन ›ावटीं पर्रीकारा आड वेंचणूक लढयिल्ले केशव प्रभू हे फावटीं पर्रीकारा खातीर वावुरतना दिसताले. १९९९ वर्सा पर्रीकारा सांगातान आसूं येता, ›ा ताचे पयलीं; ते भाजपांत आयिल्ले. मात रवी नायक भाजपांतल्यान भायर सरलो तेन्ना केशव प्रभून तांका सांगात दिवंक नाशिल्लो. १९९९चे वेंचणुकेंत केशव प्रभूक कॉंग्रेसीची तिकीट रवी नायकाक लागुनूच मेळिल्ली.

कॉंग्रेसीचे उमेदवार रमेश सिलिमखान हांचें बळ व्हडलें ना म्हणपाचें सुरवेक सावनूच स्पश्ट जावंक लागलें. वावुरप्यांची तांक तांचे फाटल्यान नाशिल्ली आनी प्रचारा विशीं सांगपाचें जाल्यार लोकांक ओडून हाडपी खडेगाठ उलोवपीय तांचे कडेन नाशिल्लो. पर्रीकाराच्या जैता बाबतींत कसलीच कसर दवरचे नात म्हूण तांचे वावुरपी पेटून उठिल्ले. फाटल्या दोन वेंचणुकांचे तुळेन हे फावटीं बायलोय व्हडा संख्येन पर्रीकाराच्या प्रचारा खातीर धावन आयिल्ल्यो. वेंचणूक सोंपून मतमेजणेचो दीस उदेलो तेन्ना पर्रीकार २२-२३ जाग्यांच्या हिशोबा सकयल येवपाक कशेच तयार नाशिल्ले. पणजे आपूण सहजतायेन जैतवंत तर जातलोंच, पूण तेच बराबर हेर २१ मतदारसंघ पक्षाच्या बोल्सांत आसात अशें ते

मतदारसंघांच्या नावा सयत सांगताले. मतांचीं गणितां अशीं सहजताये
आयकतल्याच्या तोंडार मारपाची तांची सवंय आमकां- पत्रकारांक न
नाशिल्ली. पूण पणजी मतदारसंघातले मत मेजणेची पयली फेरी सोंपल
तेन्ना रमेश सिलिमखानाक मेळिल्ली ७०० मतांची आघाडी मात साबा
मुखेल वावुरप्यांचो आवरो उडोवन गेली. स्वता मनोहर पर्रीकारूय बरे
गडबडून गेल्ले. ती फेरी मळा वाठारांतल्या मतांची आशिल्ल्या
सिलिमखानाकूच तीं मतां मेळपाची असो अर्थ लायत मागीर वावुरप्यान
आपलेंच समाधान करून घेतलें. मात पणजेचे दादा वैद्य रस्तो
आत्माराम बोरकार रस्तो, देऊळवाडो हे पर्रीकाराचे कोट सदांचे वरी
अभेद्य रावले आनी ल्हव ल्हव पर्रीकाराचें जैत नदरेंत येवपाक लागलें
ल्हव ल्हव रमेश सिलिमखान फाटीं पडत गेले आनी १३३० मतां चडाव
घेवन पर्रीकारान जैताची हॅटट्रीक केली. मतांचे टक्केवारी विशीं सांग
जाल्यार पर्रीकाराक हे फावटीं ५४ टक्के मतां मेळिल्लीं. पूण आदल्य
दोन जैतां परस हें जैत खूब कुस्तार आशिल्लें म्हणपाचें पर्रीकारानू
मागीर मान्य केलें. तांणी ते उपरांत आनीक तीन फावटी
पणजेंतल्यानूच वेंचणुको लढयल्यो आनी त्यो हे वेंचणुके परस सोंप्य
आशिल्ल्यो, अशेंच म्हाका दिसता. हें जैत पणजेंतल्या दरेका वावुरप्याचे
आशिल्लें, आपल्या मोगाळ भाई खातीर तांणी दीस- रात खपून तें
हाताशिल्लें. विरोधकांनी तर त्या जैताचें श्रेय आमकांय दीत आमच्य
'गोवा न्यूजलायन' चॅनेलाचेर राग काडलो. मनोहर पर्रीकाराची आमी
सदांच फाटराखण केली म्हूण तांच्या मतांची संख्या वाडली, असो शीण
कॉंग्रेसीचे थळावे फुडारी काडटाले. पूण दोश आमच्या चॅनेलाचो
नाशिल्लोच. भाजपाकडे सगळे खडेगाठ उलोवपी. प्रमोद महाजन,
व्यंकय्या नायडू, सुषमा स्वराज, गोपीनाथ मुंडे हांचे सयत भाजपाच्या
हेर फुडाऱ्यांक उलयतना आयकुपाक जी लोकांची गर्दी लोट्टाली तिचें
पडबींब आमच्या खबरां मजगतीं दिसप सभावीक आशिल्लें. ताचो
जापवाचो आशिल्लो तो परिणाम जालो, हातूंत दुभाव ना, पूण कॉंग्रेसी
कडेन अशे तुल्यबळ फुडारी खंय आशिल्ले? रमेश चेन्नीथला, रणदीप
सुर्जेवाला, अशोक गेहलोत हांच्या सभांक लोक आपोवन लेगीत येनासले.
गोंयभर तीच रड. पूण भाजपाक सतरा जागे मेळपाक आमीच कारणीभूत
अशें पेरगांव मात विरोधकांनी घालें. कांय जाणांनी,तर 'गोवा

ूजलायन'चें नामकरण 'पर्रीकार न्यूजलायन' आनी 'बिजेपी ूजलायन' अशें करून उडयलें. काँग्रेसीचो आमचे वेलो हो राग फुडलीं च- स वर्सां तिगलो. निर्विवाद भोवमत मेळोवपाची आस्त बाळगून ाशिल्ल्या पर्रीकार आनी तांच्या पक्षाची मात गोंयच्या मतदारान ाराशा केली. पक्षाचे फकत सतरा उमेदवार जिखून आयले. नाईलाजान ानी फकत केंद्रीय फुडाऱ्यांनी आदेश दिला म्हूण मंत्रीपदाचो राजीनामो वन फोंड्यांतल्यान वेंचणूकेंत देंविल्ले श्रीपाद नायक सगळे यत्न रून लेगीत १३०० मतांनी हारले. तांका परतून दिल्ली वचचें पडलें. ते चून आयिल्ले जाल्यार घडये गोंयच्या राजकारणाचो फुडार वेगळेच दशेन गेल्लो पळोवंक मेळटलो आशिल्लो, अशें जायत्या जाणांक दसतालें. पूण श्रीपाद नायकाक दिल्लीचेरूच संतुश्ट रावचें पडलें. शेख सन हरूण (मुरगाव), उल्हास अस्नोडकार(पर्वरी), अनील होबळे सांताक्रुझ), विश्वनाथ प्रभू (शिरोडें) हे खात्रेचे उमेदवार हारिल्ल्यान ोवमत मेळप कुस्तार जालें. ताळगांव मतदारसंघांतल्यान बाबुश ॉन्सेराताक मेळिल्लें जैत तर सगळ्यांकूच अजाप करपी थारलें. ोमनाथ जुवारकारा खातीर बाबुशान विधानसभेची दारां सासणाचीं बंद करून उडयलीं. कॉग्रेसीन एक शेर्त जागो वगडायलो. पूण परिस्थिती अनुकूल नासतनाय तांणी बरी कामगिरी केल्ली. मगो पक्षाचे सुदिन ढवळीकार आनी पांडुरंग मडकंयकार असे दोन उमेदवार वेंचून आयले. युनायटेड गोवन्स डेमोक्रेटिक पक्षान तीन जागे हातासून कॉग्रेसीचें खर लुकसाण केल्लें. वेळ्ळी मतदारसंघांतल्यान अपक्ष म्हूण वेंचून आयिल्ले फिलिप नेरी रॉड्रिक्स हे मात सरकार घडोवपाचे प्रक्रियेंत म्हत्वाचे थारले. युगोडेपा (३), राष्ट्रवादी (१) आनी एक अपक्षाच्या आदारान सरकार घडोवपा बगर पर्याय नाशिल्लो. हांगांय मनोहर पर्रीकाराची फिशालकाय विरोधकांचेर मात करपी थारली. बाबुश मॉन्सेराताक फितोवन मगो आनी अपक्ष फिलिप नेरीच्या आदारान भाजपाचें सरकार सत्तेचेर आयलें आनी मनोहर पर्रीकार परतून एक फावटीं मुख्यमंत्री जाले. मांद्र्यां रमाकांत खलपाची हार कॉग्रेसीच्या काळजाक घाय करून गेली. केंद्रात हे फावटींय अटल बिहारी वाजपेयींच्या फुडारपणा खाली राष्ट्रीय लोकशाय आघाडेचें सरकार आशिल्ल्याचो लाव पर्रीकाराक जालो आनी ते सहजतायेन सरकार घडोवंक शकले. रवी नायकाचे गणीत चुकिल्ल्यान

ताका विरोधी बांकार बसचें पडलें. सरकार घडयतकच पर्रीकार न
नेटान कामाकूय लागले. आदीं केल्ल्यो चुको परतून करचो ना म्हण
तांणी थारायिल्लें. मंत्रीमंडळांतल्या आसपावा पसून खात्यांचें अ
गाडयांचे लेगीत वाटप तांणी बारीकसाणेंन नियाळ्ळें. कॉंग्रेसी
काळांत अशें केन्नाच पळोवंक नाशिल्लें. मंत्रीमंडळांत आसपाव जात
मंत्र्यान सचिवालयांत धांवत वचप आनी बऱ्यांतलें बरें कॅबीन आडा
हीच परंपरा जाल्ली. हे फावटीं मात पर्रीकारान तशें कांयच जावचें
म्हणपाची जतनाय घेतिल्ली.

'गोवा न्यूजलायन' चॅनेला खातीर सरकारी जायराती मेळच्यो म्ह
आमचे यत्न चलिल्ले. मुख्यमंत्र्यांकडें उलोवन मागीर तसो प्रस्ताव
आमी माहिती खात्या कडेन धाडून दिल्लो. पूण अशे तरेन न्य
चॅनेलाक जायरात दिवप समा जावचें ना, अशें तेन्नाच्या माहि
संचाकलांचे मत जालें आनी पांच- स म्हयने प्रस्ताव थंयच कुसलो.

डिसेंबराक गोंय मुक्तीदीस सुवाळ्याच्या निमतान कांपाल प
मैदानाचेर गेल्ल्या मनोहर पर्रीकाराक ल्हान भुरग्यांक मेळचेंशें दिस
आनी त्या भुरग्यांनीय तांका रेवाडो घालून तांची स्वाक्षरी मेळोव
खातीर तीं झुटूंक लागलीं. तें चित्र पळयतल्यांच्या दोळयां मुख
आयजूय तो खीण जिवो जावन येतलो. 'गोवा न्यूजलायन'च्या कॅमेऱ्या
तो खीण पुराय गोंयांत पावयलो. त्या सुवाळ्यांत अजाण भुरग
कडल्यान मेळिल्लो मोगूय पर्रीकाराक खूप सांगून गेलो. तेन्नाच
परिस्थिती आयचे वरी नाशिल्ली. राजकारणांतल्या खूप कमी फुडाऱ्यां
लोक वळखताले. खबरां पत्रां हेंच वळख करून दिवपी एकमेव माध्यम
घरांघरांत पाविल्ले 'गोवा न्यूजलायन' हें दुसरें माध्यम. ताकाच लागू
पर्रीकार ल्हान भुरग्यां मेरेन पाविल्ले. हीं भुरगीं तांचे कडेन 'सेलेब्रिटी
म्हूण पळयतालीं आनी तांचो 'ऑटोग्राफ' मागतालीं. आपले
लोकप्रियते फाटल्यान 'गोवा न्यूजलायन' आसा म्हणपाचें पर्रीकाराव
समजुपाक कळाव लागलो ना. घडये ताकाच लागून आसत, सरकारी
जायरातीं खातीर आमी जो प्रस्ताव दिल्लो, ताचेर विचार सुरू जालो
पर्रीकारान स्वता त्या प्रस्तावांत लक्ष घालें आनी आमकां कळावा विरयत
जायराती मेळच्यो म्हूण यत्न केले. परिस्थिती मना सारखी नाशिल्ली
तरीय हांव, म्हजी धूव शमो आनी पूत प्रवेश अशीं तिगांच जाण

ालाचो भार उखलतालीं. पर्रीकाराचे नजरेंतल्यान तेंवूय सुटूंक ाशेल्लें. 'गोवा न्यूजलायन'च्या उत्कावण सुवाळ्या उपरांत साहित्यिक, ादक उदय भेंब्रे हांणी सुनापरांत दिसाळ्यांतल्यान आमच्या कार्याचो रव करीत सरकारान 'गोवा न्यूजलायन' चॅनेलाक आदार दिवचो म्हूण ागिल्लें. त्याच आदाराचेर सरकारा कडेन दिल्लो आमचो प्रस्ताव ख्रेरेक मान्य जालो. सरकारी येवजण्यांची माहिती भौसां मेरेन पावची ण माहिती खातें आमकां दर म्हयन्यांक चाळीस हजारांची जायरात वपाक लागलें. पूण तोय पालव खूब जाणांक उस्तऱ्यां गेलो. आमकां ल्तले पयशे मेळटात हें तशें कोणाकूच खबर नाशिल्लें. ताका लागून रकार आमकां म्हयन्यांक दोन लाख रुपया दिता म्हणपाच्यो वावड्यो तळ्ळयो. कांय जाण बॉब मारपाक लागले तर काय जाणांनी यत सोदी ासतना मुख्यमंत्री पर्रीकाराचेर बाण मारपाक सुरवात केली. सरकार यशे वाटीत सुटला अशे तरेच्यो वावड्यो वाऱ्यार सोडून दितना ोंकणीतल्या पयल्या खबरां चॅनेलाक घटमूट करप ही सरकाराची ागणूक अशें मात कोणाक दिसूंक नाशिल्लें. मुख्यमंत्री पर्रीकारानूय या वावड्यांक भीक घालूंक नाशिल्ली. आमकां मेळपी जायराती चालूच ल्ल्यो. एका दिसाळ्यांत तेविशी चुकीची खबर उजवाडाक आयली तेन्ना ात हांवें 'गोवा न्युजलायन' खबरा चॅनेलाक सरकार म्हयन्याक केतल्या पयशांच्यो जायराती दितात तेविशींची जाप धाडून दिली आनी न्याच जाणांचो गैरसमज पयस जालो. मनोहर पर्रीकाराक गरजे परस ाड प्रसिद्धी दितात होच विरोधकांचो 'गोवा न्यूजलायन'चेर आक्षेप आशिल्लो. सद्दां सांजेवेळार साडेसात वरांचेर आमचें वार्तापत्र पेडणे सावन काणकोणा मेरेन व्हडा कश्टांनी केबल नेटवर्का वरवीं भौसां मेरेन पावतालें. मुख्यमंत्री अशिल्ल्यान पर्रीकाराक इल्ली चड सुवात खबरांनी मेळटाली, हें खरे मानलें तरी कॉंग्रेस आनी हेर विरोधी पक्षांचेर आमचे कडल्यान अन्याय जाता म्हणपाचो आरोप मात मान्य करपा सारखो नाशिल्लोच. मनोहर पर्रीकार आपल्या मनांतलें दोन मिण्टां भितर सांगून आयकुप्यांच्या काळजा मेरेन पावताले, तें मात हेर कोणाकूच जमनाशिल्लें. ताकाच लागून बाकीच्यांच्या पोटांत दुखतालें, हेंच सत! पर्रीकार नावाचो फुडारी लोकांत मेळून लोकांचो जाल्लो. जितेंद्र देशप्रभू हे म्हजे बरे इश्ट. तेवूय तेन्ना 'गोवा न्युजलायन' न्ही तर 'पर्रीकार

न्यूजलायन' अशेंच पाचारताले. कांय जाणांक तर हो चॅनेल पर्रीकाराचो आशिल्ल्याचोय साक्षात्कार जाल्लो. दुसरे वटेन गोवा न्यूजलायना गोंयच्या आयकुप्यांनी उखलून धरिल्लो आनी म्हजे पत्रकारितेत कारकीर्दीतलो भांगराळो काळूच म्हणू येता.

मुख्यमंत्री आसतना मनोहर पर्रीकारान आपलो वाढदीस लोकांमदीं वच् केन्ना मनयल्याची याद म्हाका जायना. १३ डिसेंबर हो तांचो वाढदी पूण त्या दिसा ते सोदून लेगीत मेळप कुस्तार जातालें. तांचो मोबायल बंद आसतालो. पूण आमकां तांचे लिपपाचे कांय जागे कळिल्ले आ थंय वचून आमी तांका परबीं भेटयतालीं. केन्ना ते फॅक्टरी अ बॉयलर्सच्या कार्यालयांत वचून फायलींत तकली मुंगरून बशिल मेळटाले तर केन्ना ईडीसी इमारतींत आशिल्ल्या साधन सुविधा विका महामंडळाच्या कार्यालयांत फायली तपासताना दिसताले. शिक्ष खात्याच्या कार्यालयांतूय तांका कामांत घुस्पल्लें हांवें पळयल मुख्यमंत्र्यांच्या बंगल्या फाटल्यान आशिल्ल्या गेस्ट हावजांतूय मेळटाले. आपली गाडी आपूण आशिल्ल्या वाठारांत दिसची न म्हणपाची जतनाय घेत ते ड्रायव्हराक फावो ती सुचोवणीय करताल एका वाडदिसाक तर ते पर्वरेच्या विधानसभा संकुलातूच पूण कोणाच्या कल्पनेंत लेगीत आसचें ना अशा एका कॅबिनांत बसून काम करतन पळयिल्ल्याची याद म्हाका आसा. पर्रीकाराचे आनी म्हजे लागींचे संबं आशिल्ल्याचें तांच्या कार्यालयांतल्या चडशा जाणांक खबर आशिल आनी ताका लागून तांका मेळपाक म्हाका व्हडलीशी अडच येनाशिल्ली. ह्याच काळांत तांणी भौसां खातीर वेगवेगळ्यो येवजण चालीक लायल्यो आनी विकासाची मोख आशिल्ले प्रकल्पूय हातां घेतले. समाजातल्या दुबळ्या घटकां खातीर तांणी दयानंद निराध येवजण, समाजीक सुरक्षा येवजण हाडली. सभावीकपणान तांचे विशीं लोकां मदलो मोग दिशीं माशीं वाडतूच गेलो.

●●●

ोंय विकासाचे दिशेन

दुसरे फावटीं गोंयचो मुख्यमंत्री जाले उपरांत मनोहर पर्रीकाराची पयल्या दोन वर्सांची कारकीर्द गोंयां खातीर भांगराळीच म्हणपा सारखी आशिल्ली. गोंयचे पयले मुख्यमंत्री भाऊसायब बांदोडकाराचो वावर हांवे सामको लागींच्यान न्ही तरींय बरे तरेन नियाळ्ळा. भाऊसायबान निमाणो श्वास घेवचे तीन- साडेतीन वरां पयलीं ते पणजेच्या जिमखान्याचेर टेबल टेनीस सर्तीच्या इनामां वांटपाच्या सुवाळ्याक आयिल्ले आनी पत्रकार म्हूण हांवूय थंय गेल्लों. १९७३ वर्साचो तो १२ ऑगस्टाचो दीस. दुसरे दीस 'गोमंतक'दिसाळ्यांत पयल्या पानाचेर 'भाऊसाहेबांच्या सहवासातील शेवटचे

क्षण' ह्या माथाळ्या खाला हांवें दिल्ली खबर आयजूय म्हजे यादींत आसा. विधानसभेंतूय तांका हांवें पळयिल्लें, तांका उलयतना आयकल्लें शिक्षणाच्या मळार आयज गोंय मुखार आसपाचें कारण म्हळ्यार भाऊसायबान घाल्लें घटमूट मुळावण. ताचीं फळां आयज आमच्या वांट्याक आयल्यांत. बांदोडकारा प्रमाण पर्रीकारानूय गोंयच्या पुराय विकासाची मोख दोळ्यां मुखार दवरून राजकारणा बरोबर समाजकारणूय तितल्याच किंवाट्यान केलें. बांदोडकाराक लागून शिक्षणाचो प्रसार गोंयभर जालो हें मान्य करपाकूच जाय. शिक्षणाक पर्याय ना म्हणपाचें तांणी पारखिल्लें. मनोहर पर्रीकारानूय आपली फुडार पारखुपांची तांक वापरून गोंयच्या विकासाचो एक नवो अध्याय सुरू केलो आनी राज्याक खंयचे खंय पावयत गोंयचो विकास पुरूश म्हूण नामना जोडली. ताकाच लागून ह्या दोन म्हान फुडाऱ्यां मदीं तुळा करपाचो मोह मनाक जाता. गोंयांत मुळाव्यो साधन सुविधा उबारपाचो आनी आयज जे कितलेशेच विकास प्रकल्प उबे जाल्ले दिसतात, तांचें मुळावण घालपाचो वावर पर्रीकाराचोच. दुर्बळ लोंका खातीर आसूं वा बायलां खातीर, सगळ्यां भौसांक आदार मेळचो म्हूण तांणी ज्यो येवजण्यो चालीक लायल्यो, तांका राज्यांत तरी तोड ना. तेच बराबर साबार तरांच्या विकास प्रकल्पांची माळूच तांणी सुरू केली. आपल्या सगळ्याच मंत्री आनी आमदारांक तांणी ते खातीर कामाक लायिल्लें हांवें पळयलां. तांच्या समाजीक येवजण्यांक तर लोकांनी उखलून तकलेर घेतिल्लें. २००४ वर्सा तांणी सुरू केल्ले मुख्यमंत्री रोजगार येवजणेकूय उपाट प्रतिसाद मेळ्ळो आनी कितलेशेच आपलो फुडार घडोवंक शकले. गोंय अर्थिक उदरगत म्हामंडळा वतीन ही येजवण सुरू जाल्ली तेन्ना डिलीमा हे त्या म्हामंडळाचे अध्यक्ष आशिल्ले आनी तांणी व्हडा कश्टांनी ती येवजण तयार केल्ली. आपलो वेवसाय सुरू करपाची इत्सा आशिल्ल्याक चार लाख रुपया हे येवजणे वरवीं मेळटाले. हे येवजणेचो लाव घेवपी गुरूनाथ वेळगेंकार हो एक उद्देजक. ताणें सांत इनेज वाठारांत ब्युटी पार्लर सुरू केल्लें आनी ताच्या उक्तावणाक २००४ वर्सा खासा पर्रीकारूच आयिल्ले. गोवा न्यूजलायनान हे येवजणेक लोकां मेरेन पावोवपाक आदार दिल्ल्यान कितल्याश्याच जाणांक तिचे विशीं कळ्ळें आनी लावूय घेवप सोपें जालें. गुरुनाथ वेळगेंकाराक तर आपल्या

सायांत बरेंच यश मेळ्ळें आनी तांणी उपरांत करंजाळ्यां दुसरो व्हडलो लेर सुरू केलो. पर्रीकारां विशींचो तांचो मोग आणि माया पर्रीकाराच्या माण्या खिणा मेरेन कशी जिवी तट्टीत उरली तेंय आमी पळयलां.

नोहर पर्रीकाराचें कर्तृत्व पळोवन केंद्र सरकारान देशाचो आंतरराष्ट्रीय त्रपट महोत्सव गोंयांन घडोवन हाडपाची जापसालदारकी पर्रीकाराक ली. १६-१७ वर्सां पयलीं गोंयचो चित्रपट संस्कृताये कडेन व्हडलोसो बंध नाशिल्लोच. पूण तेन्नाच्यो माहिती आणि प्रसारण मंत्री सुषमा वराज हांचो तांच्या मनोहर भाईंचेर व्हड विश्वास. ताकाच लागून हो तिश्ठेचो आंतरराष्ट्रीय दबाजो घडोवन हाडपाची जापसालदारकी तांणी र्रीकाराक दिल्ली. फकत एक वर्साच्या काळांत आंतरराष्ट्रीय पांवड्या यल्यो सुविधा गोंयांत निर्माण करप हें सोंपें काम नाशिल्लें. पूण ाव्हानां हड्ड्यार पेलपाची सवंय जाल्ल्या पर्रीकारान एकदां 'हय' म्हटले परांत फाटीं पळय नासतना कामाक नेटान सुरुवात केली. आयज णजे ज्या जाग्यार आयनॉक्स थेटर आसा, थंय पयलीं गोंय वैजकी हाविद्यालयाचे फिजियोथेरपी विभाग आशिल्लो. ताच्या आयल्यान डीं दवरपाची सुवात आशिल्ली. ह्यो इमारती पाडून तांच्या जाग्यार ल्टीप्लेक्स आनी दबाज्या खातीर लागपी हेर सुविधा उबारपाचो निर्णय र्रीकार सरकारान घेतलो आनी एकूच आकांत उसळ्ळो. विरोध करपा ातीर कितलेशेच जाण मुखार आयले. पूण पर्रीकार मात्तूय बदले नात. र्सा भितर आपूण सगळ्यो साधन सुविधा उबारून दितलों म्हणपाचें तर तांणी केंद्र सरकाराक दिल्लें.

ोंयान ते आदीं 'मल्टीप्लेक्स' हो प्रकार पळोवंक नाशिल्लो. ताका लागून र्रीकाराच्या मल्टीप्लेक्साच्या कामा कडेन समेस्त गोंयकारांचें लक्ष ागिल्लें. पर्रीकार सद्दां रातींचो काम कशें चल्लां तें पळोवपाक वताले ानी इंजीनियरांक, कामगारांक सुचोवण्योय करताले. काम खंय मेरेन ावलां आनी कितें करपाचें आसा हेविशींची माहिती आमकां- पत्रकारांक दितना तांका पुरो जालां म्हणपाचें हांवें केन्नाच पळयलें ना. वेळ डल्यार हातांत टेप घेवन माप घेतना आनी प्रकल्पाची लांबी- रुंदी वस्थीत आसा काय ना हाची तपासणी करतना आपूण मुख्यमंत्री म्हणपाचोय विसर तांचे मदल्या इंजिनियराक पडटालो. हे विशीं बाबू णी एक याद आयजूय सांगतात. इफ्फीचें काम जोरांत चलतालें तेन्ना

कॉग्रेसीचें आशिल्ल्यान केंद्रान इफ्फी हेर कडेन व्हरपाचो विचार बदललो. अशे तरेन इफ्फी सासणा खातीर गोंयांत आयलो.

एप्रिल- मे मजगतीं जाल्ले लोकसभेचे वेंचणुकेंत उत्तर गोंयांतल्यान अपेक्षे प्रमाण मनोहर पर्रीकार जैतवंत जाले तर दक्षीण गोंय मतदार संघांत कॉग्रेसींत कांय दिसां पयलीं आयिल्ल्या चर्चील आलेमावान भाजपाच्या रमाकांत आंगले हांचेर जैत मेळयलें. रमाकांत आंगले जिखतलो अशें कोणाकूच दिसूंक नाशिल्लें. हे फावटीं कॉग्रेस आनी राश्ट्रवादी कॉग्रेस ह्या पक्षांत युती जाल्ली आनी ती चर्चिलाच्या पथ्यार पडली. दोनूय विरोधी पक्षां मदीं कशीच युती जावची ना, मतां वांटून वतलीं आनी ताचो लाव भाजपाक मेळटलो अशें पर्रीकाराचें गणीत आशिल्लें. आपले सदांचे पद्दतीन ते आपलें म्हणणेंच खरें म्हणपाचें पटोवन दिताले. तांचे कडेन वाद घालप वा आपले वेगळें म्हणणें मांडप निरर्थक आसतालें. हांगाय पर्रीकाराचो अदमास साप्प चुकलो आनी कॉग्रेस- राश्ट्रवादीन युती जाहीर केली. तिचो जावपाचो तोच परिणाम जालो. युतीक लागून चर्चिलाचें जैत सोपें जालें. उत्तर गोंयांत मात कॉग्रेसीचे उमेदवार डॉ. विली डिसोझा श्रीपाद नायकाक टक्कर दिवूंक शकले नात.

मनोहर पर्रीकाराची मुख्यमंत्रीपदाची दुसरी कारकीर्द फकत अडेच वर्सांनी सोपिल्ल्याचें वायट सगळ्यांकूच दिसतालें. इफ्फी यशस्वी जावचे खातीर तांणी घेतिल्ले कश्ट सगळ्यांक खबर आशिल्ले. उदरगतींचीं नवीं कवडां राज्या मुखार उकतीं जावंक लागिल्लीं आसतना पर्रीकाराचेर विरोधी पक्षांत बसपाची वेळ आयिल्ली. काम करपात मात ते वाघा वरीच आशिल्ले. तांचे काम करपाचे पद्दती विशीं बरेंच सांगपा सारखें आसा. अठरा ते वीस वरां काम करपाची सवंय तांणी आपल्याक लावन घेतिल्ली. मन लावन एकाग्रतेन काम करप तांका मानवतालें आनी त्या कामांत कोणेंय आडमेळें हाडलें जाल्यार तांची तिडक कपलाक पावताली. अधिकारी लेगीत तांका भियेवनूच चार पावलां फाटीं रावताले. अधिकाऱ्यांक उजरावन काडटना आशिकुशीक कोण आसात म्हणपाची पर्वाय ते करी नाशिल्ले. सादेसुदे चुकी खातीर अधिकाऱ्याक सोलून काडटना आमी तांकां पळयलां. असोच एक प्रसंग याद उरपा फाटलें कारण म्हळ्यार तो अधिकारी आयजूय सरकारी सेवेंत आसा. एकदां

पर्रीकार आल्तिनो वयल्या सरकारी गेस्ट हावजांत फायली तपासपांत गुल्ल जाल्ले. मुखारूच हांव बशिल्लों. काम करतनाय फुडें बशिल्ल्या कडेन उलोवपाची कला तांका जमताली. इतल्यान हो अधिकारी पर्रीकारान आपयला म्हूण थंय आयलो. आपणें सांगातान आनीक एका मनशाक हाडला अशें सांगून ताणें त्या मनशाक भिरत आपोवपाची परवानगी पर्रीकारा कडेन मागली मात, पर्रीकाराचें पित्त खवळ्ळें. आपणें तुका एकल्याकूच मेळूंक यो म्हूण सांगिल्लें आसतना दुसऱ्या मनशाक घेवन कित्याक आयला, अशें तर तांणी त्या अधिकाऱ्याक खडसावन विचारलेंच, पूण तेच बराबर 'धू म्हण सांगल्यार धुवचें रे. सकयल कितें लांबता तें पळोवचें न्हय!' अशें म्हणून ताची हजेरीय घेतली. तो अधिकारी म्हाकाय वळखतालो. तो सामकोच धवो पडलो आनी निरशेल्ल्या तोंडान परतलो. आयजूय हो अधिकारी दिसतकच म्हाका त्या प्रसंगाची याद जाता. तोय ती घडणूक केन्नाच विसरूंक शकचो ना. अधिकाऱ्यांचेर शेक गाजयत आपलें काम करप पर्रीकारा वरी कोणाकूच केन्ना साधलें ना.

●●●

कालगती

भारताच्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाक गोंयांत हक्काचें घर मेळोवन दिवपी मनोहर पर्रीकाराक इफ्फी उपरांत देड म्हयन्या भितर मुख्यमंत्री पदा वयल्यान देंवचें पडलें. ही गोंया खातील बरी गजाल नाशिल्ली. समेस्त गोंयकारांक ताचें वायट दिसलें. केंद्रातली एनडीएची सत्ता सोंपून सत्तेचेर आयिल्ल्या कॉंग्रेस पक्षान गोंयांत राज्यपाल म्हूण आयिल्ल्या एस. सी.जमीर हांचे कडेन पर्रीकाराक सत्ते भायरो करपाचो एजेंडाच दिवन धाडिल्लो म्हणपाचें लिपून उरूंक नाशिल्लें. म्हयन्या भितर ज्यो राजकी घडामोडी जाल्यो त्योय तेविशींची गवाय दिताल्यो. मनोहर पर्रीकाराक सरकारा भितर चलिल्ल्या घडणुकांचो अदमास

नाशिल्लो, अशेंय म्हणूंक येवचें ना. पूण तांका सदांचे वरी अती आत्मविश्वास नडलो. भाजपांत आयिल्ले बाबूश मॉन्सेरात, पांडुरंग मडकंयकार, मिकी पाशेको आनी इजिदोर फेर्नांडीसाक आपले आमदारकेचो राजीनामो दिवचो पडलो. महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षानूय उदेत्या सूर्या मुखार घालून घेत पर्रीकाराचो सांगात सोडलो. कारण जाल्लें बाबूश मॉन्सेरात हांचे कडलें नगर नियोजन खातें काडून घेवपाचो मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकाराचो निर्णय. बाबूश मॉन्सेरात खंयच्या थराक वचूं येता, हाचो अदमास साबार जाणांक आशिल्लो. पूण मनोहर पर्रीकारान आपूण जें कितें करता ताचो खर परिणाम जावं येता, हाचो विचारूय करूंक नाशिल्लो आनी सदांचे वरी कोणाकूच सांगुकूय नाशिल्लें. जो इजिदोर फेर्नांडीस फकत बाबूश मॉन्सेरातान सांगलां म्हूण कॉंग्रेसीचो राजीनामो दिवन भाजपांत आयिल्लो तो तीच करणी परत करूंक शकता म्हणपाचो अदमास पर्रीकाराक आयलो ना, हेंय खरें. पांडुरंग मडकंयकार, मिकी पाशेको हेय मॉन्सेराताच्या उतरा भायर वचपी न्हय. बाबूश मॉन्सेराता कडल्यान नगर नियोजन खातें काडून घेवपाचें व्हड मोल पर्रीकाराक चुकतें करचें पडलें आनी आपणें चूक केली म्हणपाचें ते उपरांत अप्रत्यक्ष पणान मान्यूय करताले. फाजील म्हणपा सारखो आत्मविश्वास, एकदां थारायतकूच पावल कशेंच फाटीं घेवचो ना म्हणपाचो हट्ट हे पर्रीकाराचे दुर्गूण आमच्याय परिचयाचे जाल्ले. बाबूश मॉन्सेराताक मेळपाक ताळगावांत गेल्ले मनोहर पर्रीकार आनी रामराव देसायाक बाबूशाच्या लोकांनी दिल्ली हीण वागणूक, होय गोंयभर चर्चेचो विशय जाल्लो. तेन्ना थंयच एक तियात्र चलतालें आनी पर्रीकाराक थंय बसोवन बाबूशाची तोंड फुटसर तुस्त करपी कातारां आयकुपाची सक्ती केल्ली. म्हजे इश्ट आनी पर्रीकार मंत्रीमंडळांतले मंत्री रामराव देसायान त्यो यादी जिव्यो करीत कितें घडलें तें आमकां सांगलें. बाबूश मॉन्सेराताचो 'इगो' दुखविल्लो. नगर नियोजन खातें तांचे कडेनूच उरलें जाल्यार ते गोंय विकून उडयतले म्हणपाची चर्चा गोंयभर चलिल्ली आनी तिका अशें वांकडें मोडण मेळिल्लें. केंद्रांत कॉंग्रेसीचें सरकार आसतना पर्रीकारान घेतिल्ल्या ह्या निर्णयांत कसलेंच राजकी शाणपण नाशिल्लें. तांच्या जाग्यार दुसरो कोणूय आशिल्लो जाल्यार थंडसाणीन विचार करून आपलें सरकार तिगोवन दवरपाचेरूच भर दितलो आशिल्लो. धाडशी आनी अती म्हत्वाकांक्षी निर्णयांचो पर्रीकाराक खुप

फावटीं लाव जाल्लो आसलो तरी ते अडचणीतूय आयल्यात. मॉन्सेरातान संद सादली. आपूण परत वेंचून येतलो म्हणपाची तांका दोनशीं टक्के खात्री आशिल्ली. पांडुरंग मडकंयकार, मिकी पाशेको हांचेंय आपापल्या मतदारसंघांत वजन आशिल्लें. पूण इजिदोर फेर्नांडीसा मुखार मात खर आव्हान आशिल्लें. आमदारांनी राजीनामे दिल्ल्यान भारतीय जनता पक्षाचें विधानसभेंतलें बळगें उणें जावन १७चेर आयिल्लें. पर्रीकाराक तेंको दिवपी माथानी साल्ढाणा हांणी मात कॉंग्रेसी सांगातान वचपाक न्हयकार दिलो. चार आमदारांनी राजीमानो दिल्ल्यान भाजपा कडेन १८ आनी विरोधकांकडेन तितलेच आमदार आशिल्ले. पूण भाजपाचे विश्वास सतरकार सभापती आशिल्ल्यान भाजपाची अडचण जाल्ली. राज्यपाल जमीरान ताचे कडेन कॉंग्रेसीन दिल्लें काम ज्युस्त करून दाखयलें. मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकारान आपलें भोवमत विधानसभेंत सिद्ध करचें असो आदेश ताणें दिलो. वेळ्ळीचे अपक्ष आमदार फिलीप नेरी रॉड्रिक्स खरें म्हळ्यार कॉंग्रेसी वांगडा वचूंक तयार नाशिल्ले. पूण तांचेर चर्च संस्थे वरवीं चेंपण हाडलें आनी तेय नमले. पिलीप नेरी हो म्हजो लागींचो इश्ट. मनोहर पर्रीकारा कडेन इश्टागत आशिल्ल्यान तांच्या सगळ्याच मंत्र्यां कडेनूय म्हजे बरे संबंध आशिल्ले. गोवा न्यूजलायनचो कॅमेरो दरेका मंत्री-आमदारा मेरेन सदांकाळ पावतालो आनी ताकाय लागून आमची घट वळख जाल्ली. भाजपान नाईलाज जावन फिलीप नेरी आड अपात्रतायेचें हत्यार भायर काडलें. तांचे आड अपात्रतायेची याचिका आयल्या आनी तांकां मतदान करपाक मेळचें ना, अशें म्हूण सभापतींन तांका सभाघरा भायर वचूंक सांगलें. पूण सत्ते खातीर कितेंय करपाची तयारी दोनूय वटांतल्या लोकप्रतिनिधींनी दवरिल्ली. राज्यपालानूय केंद्राच्या सुचोवणे प्रमाण सभापतींच्या अहवालाची वाट लेगीत पळय नासतना मनोहर पर्रीकार सरकार बरखास्त करून उडयलें. पर्रीकार सरकार आता वाचना म्हणपाचें आमकां- पत्रकारांक कळिल्लें. २९ जानेर २००५ ह्या दिसा सकाळीं स वरांच्या अदमासाक हांवें मंत्री रामराव देसायाक फोन केलो आनी कितें चल्लां म्हूण विचारलें तेन्ना तांकाय कितें तरीं घडटा म्हणपाची कल्पना निखालस नाशिल्ली. अशा वेळार पर्रीकारा कडेन संपर्क जावप हें नशीबवंताचें लक्षण. रामराव देसायान तांका फोन लायलो आनी हांव विचारतालों अशें सांगून अदमास घेवपाचो यत्न केलो. तेन्नाय पर्रीकार

कांयच घडचें ना म्हूण निर्धास्तपणान सांगताले. आमी कॅमेरो घेवन राजभवनाच्या गेटीर पविल्ले. सुदिन ढवळीकार आनी फिलीप नेरी रॉड्रिक्स राज्यपालांक मेळपाक वतात तेंय आमी पळयताले. मुख्यमंत्र्यांची प्रतिक्रिया जाणून घेवचे खातीर थंय सावनूच फोन लायलो तर तांणी सदांचे वरी आमकांच पिशांत काडलें. अशें घडपाकूच शकना अशें ते नेटान सांगताले. सरकार उमथून उडोवपाची सगळी तयारी पुराय जाल्ली आनी राज्यपालान फकत निमाणें काम करपाचें उरिल्लें. कॉंग्रेस आनी मगोपचे फुडारी राजभवनाचेर एकठांय आयिल्ले. पांडुरंग मडकंयकार मुंबय आशिल्ल्यान तांका येवपाक कळाव जातालो. पर्यटन मंत्री माथानी साल्ढाणाय आपले वटेन येतलो म्हणपाची खात्री कॉंग्रेस-युगोडेपाक दिसताली, पूण ते माकाव गेल्ले आनी तांका परतुपाक कळाव आशिल्लो.

कॉंग्रेसीचे फुडारी आनी आमदारांनी आपलें बिराड राजभवनाक लागींच आशिल्ल्या सिदाद- दी- गोवा हॉटेलांत व्हेलें. आमदारांनी एकठांय रावचें, तांकां कोणेंच फोडचें न्हय म्हूण ही जतनाय घेतिल्ली. फुडारी आनी आमदार हॉटेलाच्या लॉबींत बसून आशिल्ले. राजकीय घडणुकांचो नियाळ घेवचे खातीर हांव आनी गोवा न्यूजलायनची म्हजी टीमूय लॉबींत पाविल्ली. चॅनेला खातीर खबर दिवपाक जाय म्हूण कांय आमदारां कडेन हांव भासाभास करतालों. ढवळीकार, फिलीप नेरी हांच्यो मुलाखती घेवन जाल्ल्यो. इतल्यान म्हज्या एका इश्टाचो फोन आयलो आनी तो राजकी घडामोडीं विशीं म्हाका विचारपाक लागलो. कॉंग्रेसीचे सगळेच आमदार हांगाच सिदाद- दी- गोवाच्या लॉबींत आसात,अशी जाप हांवें ताका दिली. ते बराबर तांणे आपलो इश्ट आनी पयलेच फावटीं आमदार जाल्ल्या बाबू कवळेंकारा कडेन फोन दिवपाची विनवणी म्हाका केली. फोन करतलो बाबू कवळेकाराचो मतदारूय आसा म्हणपाची म्हजी खात्री आशिल्ली. देखून फाटीं फुडें विचार करी नासतना हांव फोन घेवन बाबू कवळेकाराक दिवचे खातीर ताचे लागीं गेलों. कित्याक कोण जाणा, आतां सगळ्या आमदारांच्यो नदरो म्हजेर थिराविल्ल्यो. हांव बाबू कवळेकाराच्या हातांत फोन दिवपाचोच आशिल्लों, इतल्यान कांय आमदारांनी म्हाका थंयच आडायलो. कांय जाण म्हज्या आंगार धांवून आयले आनी हांवें कितें चलयलां असो प्रस्न ताणशेवन विचारीत तांणी

म्हाका फोन बाबू कडेन दिवपा पसून आडावन धरलें. हो कवळेंकारा वयलो अविश्वास काय म्हजे वयलो राग तें मात म्हाका कळ्ळें ना. वातावरण तर सामकेंच तापिल्लें. कॉग्रेसी कडेन त्या खिणाक भोवमत नाशिल्लें. कसलीच जोखीम पत्करपाची तांची तयारीय नाशिल्ली. देखुनच तांणी म्हाका कवळेकारा कडेन फोन दिवपाक मनाय केल्ली आसूंये. हांव पर्रीकाराचो खाशेलो मनीस अशेंच तांका दिसतालें आनी सरकारान फुटिल्ल्या आमदारां कडेन म्हजो संपर्क आसा असोय दुबाव तांका आयिल्लो. तो फोन मनोहर पर्रीकारानूच केला असोय दुबाव तांका आयला आसूं येता. दोगा- तिगा आमदारांनी तर म्हज्या आंगार हातूच घालपाची तयारी केल्ली. ते परिस्थितींत कॉग्रेसी खातीर एकेक आमदार भोव म्हत्वाचो आसलो तरींय फोन कोणाचो हाची चवकशी करची अशें मात कोणाकूच दिसलें ना. मजगतीं, म्हज्या आनी कवळेंकाराच्या त्या इश्टाक कितें घडटा ताचो अदमास आयलो आनी ताणेंय फोन बंद केलो. हांव मात बशिल्ले कडेन चपक्यांत गाविल्लों.

ते उपरांत जे रामायण घडलें तें पुराय गोंय जाणटा. पूण ते घटकेक म्हाका कोणाचो फोन आयिल्लो हें मात आयज मेरेन गुपितूच उरलां. मुखा वयल्या काळांत आरत्याचें परतें जालें, पूण तो फोन कोणाचो आशिल्लो हें जाणून घेवपाचो यत्न कोणेंच करूंक ना; कोणाकूच तशी गरजूय भासली नासत. आतां ते घडणुकेक पंदरा वर्सां जालीं म्हणटकच फोन करपी म्हज्या इश्टाचें नाव उकतें करपाक कोणाचीच हरकत आसची ना. तो फोन मनोहर पर्रीकाराचो निखालस नाशिल्लो. तो फोन बाबू कवळेकार हांच्याच एका मतदाराचो, गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स हे संस्थेचे तेन्नाचे अध्यक्ष, नितीन कुकळकार हांचो आशिल्लो. कालगती पळयात. आयज सगळें चित्रूच बदलून गेलां. बाबू कवळेकाराच्या हातांत फोन दिवपाक गेलों म्हूण खुबून म्हज्या आंगार धांवन आयिल्ले चडशे आमदार आयज भाजपा सरकारांत वेगवेगळ्या पदांचेर आसात आनी खासा बाबू कवळेकारूय त्याच सरकारांत उपमुख्यमंत्री आसात. हाका नियतीचो खेळ म्हणचें न्हय तर कितें?

सिदाद- दी- गोवा रिसॉर्टांतल्या त्या घुस्पागोंदळा उपरांत बाबूश मॉन्सेरातान प्रतापसिंग राणे, इजिदोर फेर्नांडीस, सुदिन ढवळीकार, बाबू कवळेंकार हांचे सयत कॉग्रेसीच्या सगळ्याच आमदारांक ताळगांवच्या

आपल्या घरा व्हेलें. हांव ह्या स्थलांतराचें कारण थारिल्लों. राणे, रवी नायक, सुभाष शिरोडकार, लुइझिन फालेरो, ज्योकीम आलेमांव, बाबू कवळेंकार, सुदिन ढवळीकार अशे सगळेच आमदार बाबुशाचे सोयरे जाल्ले. दुसरे वटेन कॉग्रेसीच्या ह्या कारस्थानाक उकतें उडोवपाच्या आनी राज्यपालांचो निशेध करपाच्या हेतान भाजपान पणजेच्या आझाद मैदानाचेर जाहीर सभा आपयली. हे सभेंत दिगंबर कामतीन कॉग्रेसीचेर घणाघाय घालीत केल्लें भाशण १५ वर्सा जालीं तरीं आयजूय म्हज्या कानात घुमता. दिगंबर कामत आयजूय राजकारणांत आसात, पूण ते तोडींचें तांचें भाशण आयकुपाची संद मात परत मेळ्ळी ना. खासा मनोहर पर्रीकारूय त्या भाशणा मुखार निस्तेज दिसताले. सत्तरीच्या राण्यांचेर आयज बाबूश मॉन्सेराताच्या घरांत लिपून बसपाची वेळ आयल्या अशी टीका दिगंबर कामतीन केली. आमी जाका सत्तरीचो शींव म्हणटाले तो प्रतापसिंह बाबुशाच्या बिळांत तोंड लिपोवन बसला, अशा उतरांनी दिगंबरान राणे हांची लज काडली. सुदिन ढवळीकाराचेरूय ते तुटून पडले. पत्रकारितेंतल्या प्रदीर्घ कारकिर्दीत कितलीशींच सरकारां कोसळटना हांवें पळयलीं, सत्तांतरांय अणभवलीं, पूण २००५ वर्साचें हें सत्तांतर मात सगळ्यां परस वेगळें आशिल्लें. सुमार म्हयनो भर राज्यांत एक वेगळेंच वातावरण आशिल्लें. हेवटेन आझाद मैदानाचेर दिगंबर कामत, मनोहर पर्रीकार हांच्यो तोफो सांजे उसरां मेरेन गडगडटाल्यो. पर्रीकार तर हट्टाकूच पेटिल्ले. माथानी साल्ढाणा मकाव सावन परत आयले पूण तांणी कॉग्रेसी सांगातान वचपाक न्हयकार दिलो. मात मुंबय सावन गोंयांत परत येतकच पांडुरंग मडकंयकार आपल्या गुरूच्या पांयां कडेन पावले. विधानसभेंत भोवमत सिद्ध करचे खातीर आयिल्ल्या मनोहर पर्रीकार सरकाराचें शाणपण आक्रमक जाल्ले कॉग्रेसी मुखार चल्लें ना. फिलीप नेरी हांका अपात्र थारावन सभाघरांतल्यान भायर काडपाचो यत्नूय आंगलट आयलो. राज्यपाल जे. सी. जमीर हांणी तर विधानसभेच्या अहवालाचीय वाट पळय नासतना पर्रीकार सरकार बडतर्फ केलें. फुडली वेवस्था जाय मेरेन अधिकाराचेर रावपाची संदूय तांणी पर्रीकारांक दिवंक नाशिल्ली. उपरांत राज्यपालांक आपली चूक कळ्ळी आनी तांणी रातीं उसरां प्रतापसिंग राणेंक आपोवन तांका मुख्यमंत्रीपदाचो सोपूत दिलो. मजगतीं धा- बारा वरां गोंयांक मुख्यमंत्रीच नाशिल्लो. सत्ते खातीर खेळ मांडटना घटनेकूय

गुठलायिल्लें. राज्यपालान प्रतापसिंग राणेंक भोवमत सिद्ध करचे खातीर न्हय तर आमदार विकते घेवचे खातीर वट्ट एका म्हयन्याची मुदत दिली आनी थंयच भाजपाचो प्रतिकार सोंपलो.

भाजपाच्या आमदारांचो कोणा कडेनूच संपर्क जावचो न्हय, ते फुटचे न्हय आनी तांका फोडपाचो यत्नूय कोणेंच करचो न्हय म्हूण सगळ्या आमदारांक पर्वरेच्या मॅजेस्टीक हॉटेलांत दवरिल्लें. थंय कोणाकूच वचूंक दिनाशिल्ले. पूण गोवा न्यूजलायनचो कॅमेरो आमकां थंय मेरेन घेवन गेलो. आझाद मैदानाचेर जाल्ले सभेंत प्रतापसिंग राणेंक भिजूड कोलो लेखपी दिगंबर कामत एकलेच हॉटेलांत एके कुशीक बशिल्ले आमकां दिसले. आमी तांचे कडेन गेलें. दिगंबर कामत हांचीय म्हजे कडेन दाट इश्टागत. काणकोणांत आमी एकठांय क्रिकेट खेळ्ळयात. दिगंबर कामत टेबल टेनीस आनी बॅडमिंटनूय बेस बरें खेळटाले. क्लब नॅशनलांत अखील गोंय टेबल टेनीस सर्तीत नाझारेथ ग्रासियस हांचे आड पांच सेट लांबिल्ली तांची अंतीम लढत पळोवप्यांत म्हजोय आसपाव आशिल्लो. इश्टागत तर आशिल्लीच. तांचे कडेन उलयलों तेन्ना वट्ट घडणुकांक लागून ते खुबूच निरशेल्ल्याची जाणवीकाय म्हाका जाली. तांणी मन मेकळें करचें म्हूण मातशे यत्न करतकच मात तांणी कॉग्रेसीचेर घुरीच घाली. फाटल्या तीन वर्सांनी आपल्या सरकारान गोंयची जी उदरगत केल्या ती हया सत्तांतराक लागून आडावतली आनी गोंय उणेंच पांच वर्सां फाटीं पडटलें म्हणपाची खंत तांणी उलोवन दाखयली. पूण परिस्थिती बरे तरेन हाताळप शक्य आशिल्लें आनी असो प्रसंगूय येवचो नाशिल्लो अशेंय तांणी आडवळणान सुचयलें. ते कोणा विशीं उलयतात तें वेगळें सांगपाची गरज नाशिल्ली. मनोहर पर्रीकार आनी दिगंबर कामत हांचे संबंध वयलेचाराक जरीं इश्टागतीचे दिसले तरी परिस्थिती वेगळीच आशिल्ली. भाजपाच्या मुळावे समितीचे वांगडी दिगंबर कामतीक आपले मानपाक तयार नाशिल्ले. पूण तांचे पक्षनिश्ठे विशीं कोणाकूच दुबाव दिसपाचेंय कारण नाशिल्लें, हॉटेलांत रावपाच्या नेमांतल्यान आपल्याक मेकळीक दिवची अशें तांणी मागिल्लें तर तें मागणें मान्य जावपाचें. दिगंबर कामतीन प्रतापसिंग राणें सयत कॉग्रेसीच्या समेस्त कॉग्रेस फुडाऱ्यांची आझाद मैदानार काडिल्लीं कुतां आयकतल्यांक तर तांचे निश्ठे विशीं दुबाव येवप कशेंच शक्य नाशिल्लें. सरकारा वयलो विश्वासदरशक ठराव मांडपाक कॉग्रेसीक एका

म्हयन्याची मुदत राज्यपालान दिल्ली. तितलो वेळ आमदारांक सुरक्षीत दवरप गरजेचें आशिल्लें. भाजपा फुडाऱ्यांनी वेळ वगडाय नासताना आपल्या आमदारांक जयपुराक व्हेलें. राजस्थानांत तेन्ना भाजपाची राजवट आशिल्ली आनी आमदारांक कोण वचून मेळपाचीय भिरांत नाशिल्ली. सभापती विश्वास सतरकार आनी मनोहर पर्रीकार हे दोगूच जाण गोंयांत रावले. दिगंबर कामतूय जयपुराक पावले. दोनूय वटेंतल्या आमदारांनी कडेकोट बंदोबस्तांत रावपाची गोंयच्या इतिहासांतली ही पयलीच वेळ आसतली. सगळें वेवस्थीत, मना सारखें जातलें म्हणपाचो विश्वास पर्रीकाराकूय दिसतालो. विधानसभेंत कितें जाता तें पळयातूच, अशेंच ते विचारतल्याक सांगताले. पूण प्रत्यक्षांत तशें कांयच घडलें ना म्हणचे परस राज्यपाल जमीरान तशें कांयच जावंक दिलें ना म्हणप समा जातलें. केंद्रांतली परिस्थिती बदलत आसतना मनोहर पर्रीकारान घेतिल्ले निर्णय चुकले आनी तांका लागुनूच भाजपाचें सरकार कोसळ्ळें; अशीच चर्चा फुडल्या काळांत चलताली.

●●●

अती आत्मविश्वास नडलो

गोंयच्या राजकी नाटकाक वेगवेगळीं मोडणां मेळपाक लागिल्लीं आनी हें नाटक सोंपसर जून म्हयन्याची सात तारीख उजवाडली. ह्या चार म्हयन्यांत घडिल्ल्यो घडणुको हो स्वतंत्र अभ्यासाचो विशय. विश्वास दर्शक ठरवाची वाट पळयत दोनूय पंगड आपापल्या कोटांत सुरक्षीत आसात म्हणपाचें वयलेचाराक तरीं दिसतालें. पूण तो आभासूच आशिल्लो. मडगांव भाजपाचे अध्यक्ष चंदन नायक हांका आपले चलयेचें 'अरंगेत्रम' पळोवपाक दिगंबर कामत हांणी येवचें कशें दिसलें आनी एका दिसा खातीर दिगंबरान गोंयांत येवन वचचें अशी विनवणी तांणी केली. भाजपा फुडारी सुरवेक अनमनले पूण दिगंबर कामतीचे निश्ठेचेर दुबाव

तेन्नाय घेवपाचें कसलेंच कारण नाशिल्लें. मनोहर पर्रीकाराचो तर दिगंबरांचेर उपाट विश्वास आशिल्लो. भाजपांत तांका राम- लक्ष्मणाची जोडी म्हणटाले. दिगंबर कामत ते कार्यावळी खातीर मडगावांत पावले आनी कॉंग्रेसीच्या कळपांतल्यान सुत्रां हालपाक लागलीं. दिगंबराक फितोवपांत एका कॉंग्रेसनिश्ठ उद्देजकाक यश आयलें. मडगावांतल्याच एका सुत्रा कडल्यान तेविशींची खबर म्हाका कळ्ळी आनी मनोहर पर्रीकाराक ताचो सुगावो लागला काय म्हूण अदमास घेवचे खातीर हांवें तांका फोन लायलो. दिगंबर कामत पक्षाचो राजीनामो दितात काय कितें अशें हांवें विचारलें तेन्ना पर्रीकारान म्हाकाच पिशांत काडलो. आपूण आतांच दिगंबरा कडेन उलयलां, अशें हांसत हांसत म्हाका सांगलें. म्हाका दिसता तशें कांयच जावचें ना म्हूण खात्रीय दिली. पूण तितले म्हणसर दिगंबर कामत कॉंग्रेसीक वचून मेळिल्ले आनी तांणी आपले आमदारकेचो राजीनामो दिल्ल्याची खबर सत थारली. पर्रीकार वेळ वगडाय नासतना मडगावां पावले आनी दिगंबर कामती सांगातान तांणी बरोच वेळ चर्चाय केली. पूण दिगंबराचें मत बदललें ना आनी निराश जावन पर्रीकाराक परत पणजे येवचें पडलें. जाय जाल्यार आपूण मुख्यमंत्रीपद सोडटां, दिगंबरानूच ती जापसालदारकी आपल्या भुजार घेवची अशें लेगीत आपणें सांगून पळयलें; अशेंय पर्रीकारान म्हाका सांगलें. दिगंबर अशें करतले म्हूण आपणें केन्नाच चिंतूंक नाशिल्लें आनी तांणी घेतिल्ल्या निर्णयाचें दुख्ख आपूण केन्नाच विसरूंक शकचों ना, अशेंय पर्रीकार सांगताले. भारतीय जनता पक्षाच्या लोकांक जी थोडी भोव आस्त आशिल्ली ती दिगंबर कामतीच्या राजीनाम्यान सोंपली. भाजपाक खर धपको बशिल्लो आनी तातुंतल्यान रोखडेंच सावरपूय कुस्तार जाल्लें. खासा मनोहर पर्रीकार तर खुपूच निराश जाल्ले. पूण दिगंबर कामतीच्या राजीनाम्याक लागून आनीक आक्रमक जाल्ले कॉंग्रेसी कडेन ते पयलींच्याच नेटान झुंजताले.

मजगतीं, दिगंबर कामत हांची समजूत घालपाचो यत्न दोगांयचे इश्ट आशिल्ले कांय जाण करपाक लागले. आमचे इश्ट बाबू केणी हे तांचे मदले एक. दिल्ली सावन प्रमोद महाजनूय आयले आनी ते पणजे नोव्हा गोवा हॉटेलांत रावताले. ते पयलीं अवधूत आंगले, सुभाष वेलींगकार हांणी मडगावांत वचून दिगंबर कामतीची भेट घेतिल्ली. दिगंबर हांची

घरकान्न आशा कामत हांणी तांका आयल्या पावलीं परतून धाडटना आपल्या घरा मुखार भाजपा कार्यकर्त्यांनी दिगंबर कामतीच्या आड घोशणा दीत केल्ल्या तमाशाची याद करून दिली. 'बॅगो व्हरपा खातीर दिगंबर कामती कडेन सदांच येवपी तुमचे खजीनदार आयज कशे आयले नात?' असो प्रस्नूय विचारपाकूय त्यो अनमनल्यो नात. हे भेटींतल्यान कांयच साधलें ना.

मागीर बाबू केणी पणजेंत विनायकबाब लवंदे म्हणजे आशा कामतीच्या बापोलयाच्या मिरामाराक आशिल्ल्या बंगल्यार गेले आनी तांणी दिगंबर तशेंच आशा कामत हांचे कडेन उलोवपाचो यत्न केलो. दिगंबर आतां कांयच उलोवपाक तयार नाशिल्ले, पूण आशाबाय मात नेटार आशिल्ली. आपल्या घोवाचेर अन्याय जाता आनी मुखारूय तो जातलो; पक्षांत तांका फुडार ना,अशेंच तांचें म्हणणें आशिल्लें. पक्षाचे मुळावे समितींत दिगंबर कामतीक स्थान नाशिल्ल्याचोय राग तांणी बाबू केणी हांचेर काडलो. दिगंबर कामत आनी मनोहर पर्रीकाराक एकामेकाच्या सामकार हाडून पीळ सोडोवपाचो आपलो प्रामाणीक यत्न आशिल्लो, अशें तेन्ना बाबू केणी हाणीं म्हाका सांगिल्ल्याची याद आसा. थंय नोव्हा गोवा हॉटेलांत प्रमोद महाजन, श्रीपाद नायक, मनोहर पर्रीकार ठाण मांडून बशिल्ले. बाबू केणी हाणी पर्रीकाराकडेन संपर्क करून जें घडलें ताची कल्पना दिली तेन्ना दिगंबर कामत जर राजीनामो फाटीं घेता आसत तर आपूण मुख्यमंत्रीपदाचो राजीनामो दिवन दिगंबरांक मुख्यमंत्री करतां तशेंच आपूण सादो मंत्री लेगीत रावनासताना पक्ष संघटनेचें काम करतां म्हणपाचो निरोप पर्रीकारान दिगंबर आनी आशाबायक दिलो. सरकार वाटावपा खातीर मुख्यमंत्रीपद सोडून तें दिगंबर कामती कडेन दिवपाची मनाची तयारी मनोहर पर्रीकारान केल्ली हांतुतूच तांचे मोटेंपण दिसून येता. सरकार वाटायतले तर तशेंच करचें पडटलें अशें प्रमोद महाजन हांकाय तेन्ना दिसतालें. पूण आतां वेळ टळून गेल्या अशें सांगून आशाबायन तो प्रस्तावूच भायरायलो. दिगंबर कामत तर कांयच उलय नासतना थंय सावन सटकले आनी बद्द सिदाद- दी- गोवा हॉटेलांत पावले. भाजपाचे सरकार वाटावपाचे यत्न थंयच संपुष्टांत आयले.

मुख्यमंत्री प्रतापसिंग राणे १ मार्च २००५ दिसा विश्वासदर्शक थाराव मांडपाचे आशिल्ले. ते खातीर एका दिसाचें अधिवेशन जावपाचें

आशिल्लें. दिगंबर कामतीन राजीनामो दिल्ल्यान कॉग्रेसीची वाट मेकळी जाल्ले वरी दिसतालें. पूण पर्रीकार हार मानपाचे मनस्थितींत नाशिल्ले. तो तांचो पिंडूच नाशिल्लो. दिगंबर कामतीक सभापती विश्वास सतरकारान आपल्या चेंबरांत आपोवन घेतलो आनी राजीनामो दिवचे खातीर कोणाचें चेंपण बी आयलां काय म्हूण वासपूस केली तेन्ना कॉग्रेसीच्या आमदारांनी सभापतींच्या चैंबरांच्या दारा मेरेन कामत हांचो सांगात दिलो. तांचे मजगतीं ज्योकीम आलेमाव, चर्चील आलेमाव, राधाराव ग्रासीयास हांचे सयत साबार जाण आशिल्ले. दिगंबर कामत सभापतींच्या चेंबरांत वचना फुडें ते सगळे भायर बसून रावले. कव्हरेजी खातीर हांव आनी शमी तेन्ना थंय हाजीर आशिल्लीं. आमकां पळोवन सगळेंच जाण गोवा न्यूजलायन विशीं उलोवपाक लागले. तांचे मदल्या काय जाणांनी, चड करून राधाराव ग्रासियासान उलोवपाक वेगळेंच मोडण दिलें. तो वैयक्तिक पांवड्यार देंवन टीका करूंक लागतकच म्हजेंय पित्त खवळ्ळें आनी हांव ताचे कडेन वाद घालूंक लागलों. सभापतीच्या चेंबरा भायर आशिल्ल्या सुवातेचेरूच हें सगळें चलिल्लें. राधाराव ग्रासियस सकयल्या पांवड्यार देवन बुरशीं उतरां शमी मुखारूच उलयतालो, देखून म्हजी तिडक कपलाक पाविल्ली. इतल्यान चर्चील आनी ज्योकीम मदीं पडले आनी तांणी म्हाका शांत केलो. शमी तर रडपा कडेन पाविल्लें. मनोहर पर्रीकारा वयली तिडक ते आमचेर काडपाचो यत्न करताले. गोवा न्यूजलायन हेंच पर्रीकार बळिश्ट जावपा फाटलें कारण अशेंच तांकां सुचोवपाचें आशिल्लें. आमी विरोधकांकूय स्पेस दिताले, पूण मुख्यमंत्र्यां कडेन तुळा केल्यार तो उणोच आसा, अशें तांका दिसतालें. सरकार पक्षाक प्रसार माध्यमांतल्यान लोकां मुखार येवपाची जितली संद आसता तितली ती विरोधकांक मेळना, हें तांका कोणें समजावन सांगपाचें? विरोधकां कडेन उलोवपाची कळाशी नाशिल्ली आनी मुद्देय नासताले. ताचो दोश दिवपाक आमीं सोपेपणीं मेळिल्लीं. राधाराव आनी तांच्या कांय वांगड्यांचो वितराग तांची निराशा दाखोवन दितालो. हांवें तें प्रकरण चड वाडोवंक ना, दिगंबर कामतीची 'बायट' घेवन हांव मुखार गेलों. दिगंबरान सभापतीची भेट घेवन आपलो राजीनामो राजीखुशीन दिला आनी कोणाचेंच चेंपण आपल्याचेर ना म्हणपाचें सभापतींक सांगिल्ल्यान तो राजीनामो मानून घेवपा बगर

पर्याय नाशिल्लो. अधिवेशनाचे आदले राती कडेन सभापतीन फिलीप नेरी रॉड्रिग्साक अपात्र थारायलो आनी उपरांत सभापतीन तशेंच उपसभापती नरहरी हळदणकारान आपल्या पदांचो राजीनामो दिलो. आतां राणे सरकारा मुखार नवो पेंच उबो जालो. भाजपा आनी मनोहर पर्रीकार खंयचेच परिस्थितींत हार मानपाक तयार नाशिल्ले. नाडेपेन्नां करीत सत्तेक दसून रावपाचे पर्रीकाराचे यत्न खूब जाणांक मानवूंक नाशिल्लें. फिलीप नेरीक पात्र थारायिल्ल्यान दोनूय वटांनी सतरा- सतरा आमदार जाल्ले आनी तांतुतल्यान वाट काडचे खातीर कॉंग्रेसीक वाकडी म्हेड गरजेची जाल्ली. मजगतीं विश्वासदर्शक थाराव मांडप चार दिसांनी फुडें धुकल्लें. फिलीप नेरी रॉड्रिग्स अपात्र थारिल्ल्यान निर्माण जाल्ल्या संकश्टांतल्यान वाट काडटना कॉंग्रेसीन भाजपाची फाटराखण करपी युजीडीपीचो आमदार माथानी साल्ढाणाचो बळी दिवपाचें थारायलें. एका काळार भाजपाचो तेंको घेवन मुख्यमंत्री जाल्ले फ्रान्सीस सार्दीन आतां सभापती जाल्ले आनी तांणी संद घेत भाजपाचे वटेन राविल्ल्या माथानीक अपात्र थारावपाचें काम व्हडा उमेदीन केलें. सरकार वाटावपाची वेवस्था अशे तरेन जाली. एकामेकाच्या पायांत पांय घालपाच्या ह्या खेळाक लोकूय विटिल्लो. विश्वास परगटावपाच्या थारावा वेळार सभाघरांत धुमशेणां जालीं. परिस्थिती अस्थीर जाल्ल्यान राष्ट्रपती राजवट हाडून विधानसभा कांय दिसां खातीर संस्थगीत जाली. मनोहर पर्रीकार आनी भाजपाक थोंडीशी थाकाय मेळिल्ल्यान सरकार गेल्ल्याचें दुख्खूय ल्हव जालें. आतां तांचें लक्ष राजीनामे दिल्ल्या आमदारांच्या मतदारसंघांतल्या पोट वेंचणुकांचेर थिरावलें. दिगंबर कामतीन मारिल्लो घात पर्रीकाराक ओगी बसूंक दिनाशिल्लो. मडगांव मतदारसंघांतल्यान दिगंबर कामतीचो पराभव करप हीच आतां तांचे मुखा वयली मोख जाल्ली. भाजपाचें सरकार परत सत्तेचेर येवपाक जाय जाल्यार उणेच तीन जागे जिखचे पडटाले. मडगाव, पैंगीण आनी कुमारजुव्यांर भाजपान चड नेट लायिल्लो आनी ताळगावांतूय बाबूश मॉन्सेराता मुखार आव्हान उबें करपाचो यत्न केल्लो. मडगावांत दिगंबराक हारोवचे खातीर पर्रीकारान कसलीच कसर सोडूंक नाशिल्ली. प्रमोद महाजनाची सभा घेवन वातावरण बदलपाचो यत्न जालो. महाजन हांणी उलयतना सुरवेकूच थोमणो मारलो, 'बापायन मोगान नाव दवरलें

दिगंबर पूण पूत नावा प्रमाणूच दिगंबर जायत असें तांणे खंय धरिल्लें?' महाजनांक टाळयो खूप मेळ्ळयो. घातक्यांक आड घालचे खातीर जितलें जमलें तितलें भाजपान केलें. पूण अखेरेक पैगीणचो एकूच जागो पक्षाक मेळ्ळो, हेर तीन मतदारसंघांत कॉंग्रेस जैतवंत जाली आनी त्या पक्षाचो सरकार घडोवपाचो मार्ग मेकळो जालो. खर यत्न करून लेगीत मडगावांतल्या दिगंबराक हालोवप भाजपाक जमलें ना. थंय शर्मद रायतुरकार हे पक्षाचे उमेदवार आशिल्ले. ताळगावांत बाबूश मॉन्सेरात आनी कुमारजुव्यां पांडुरंग मडकंयकारान आपलो कोट राखलो. राष्ट्रवादी कॉंग्रेसीच्या तिकेटीचेर पोटवेंचणूक लडोवपी मिकी पाशेकोय जिखून आयले आनी प्रतापसिंग राणेंची सरकार घडोवपाची वाट सोपी जाली.

मुख्यमंत्रीपदाचो सोपूत घेतकच प्रतापसिंग राणेंन पयलें काम खंयचें केलें आसत तर गोवा न्यूजलायनची सरकारी जायरात बंद करपाचें. विश्वास परगटावपी थाराव पास जायसर वाट पळोवची अशेंय तांका दिसूंक ना. माहिती संचालकांक आपोवन आमकां हे मुखार जायराती मेळच्यो नात, म्हूण सांगपाचें काम तांचेर सोपयलें. हाचे वयल्यान त्या काळांतल्या राजकारणांत गोवा न्यूजलायनची कितली पत आशिल्ली, हाचो अदमास येता. गोवा न्यूजलायनची जायरात बंद करूंक नाशिल्ली तर सरकाराचें व्हडलेंशें लुकसाण जावचें नाशिल्लें, पूण पर्रीकार आनी तांच्या भारतीय जनता पक्षाक अवास्तव प्रसिद्धी दिवन गोवा न्यूजलायन चॅनेलान कॉंग्रेसी आड काम केलां अशें थारावनूच राणे सरकारान तो निर्णय घेतिल्लो, हें वेगळें सांगपाची गरज ना.

राणेंचें सरकार सत्तेचेर येतकच दिगंबर कामतीन केल्ल्या घाताचें इनाम तांका मेळ्ळें. वीज आनी कला- संस्कृती ही तांचीं पयलींचींच खातीं तांकां दिलीं. फुडले फावट कॉंग्रेसूच सत्तेचेर येतली अशें गणीत करून तेन्ना मुख्यमंत्रीपद तुमकांच दितले, अशें उतरूय तांकां मेळिल्लें. आपल्या मतदारसंघातल्या एका मुखेल वावुरप्याच्या चलयेच्या अरंगेत्रम नाचाचो आस्वाद घेवचे खातीर गोंयांत आयिल्ले दिगंबर कामत कोणाच्या सपनांत लेगीत नासतना कॉंग्रेसीच्या हांयसाक लागले. कामतीचें नियोजन ताच्या फाटल्यान आशिल्लें अशें म्हणप समा जावचें ना, तशें कांयच घडूंक नाशिल्लें. डॉ. देश प्रभूदेसाय हेच ह्या प्रकरणा फाटले सुत्रधार अशेंय भाजपातल्या कांय जाणांक दिसतालें. ह्या दुबावाचेर

बरोच तेंप चर्वण जालें आनी डॉ. देश प्रभूदेसाय भाजपा पसून पयस वचपाक लागले. दिगंबर कामत हाताक लागचे पयलीं कॉंग्रेसवाले जयपुराक आशिल्ल्या रामराव देसाया कडेन उलवणी करताले. गोयांत वेवसायीक संबंद आशिल्ल्या हरियाणाच्या एका तिख्याच्या उद्देजकान रामरावाक मेळून आमदारकेचो राजीनामो दिशीत तर उपमुख्यमंत्री करता म्हणपाची ऑफर दिल्ली. मागता तितलो पयसो आनी उपपमुख्यमंत्रीपद असो तो प्रस्ताव आशिल्लो. पणजे आशिल्ल्या सोयऱ्या कडेन मागता तितलो पयसो पावयतां, पयसो मेळिल्ल्याची खात्री कर आनी हॉटेलांतल्यान भायर सर; मुखा वयलें आमी पळयतांत, असो बेत तांचे मुखार दवरिल्लो. मात रामराव देसायान ती ऑफर थंयचे थंय भायरायली. दिगंबर कामत हांचो अरंगेत्रम मात्र गोंयच्या राजकारणाक वेगळीच दिशा दिवन गेलो. ते जयपुरांतूच राविल्ले जाल्यार घडये दुसरेंच चित्र दिसपाचें. राजकारणात एकदां गाडी चुकली म्हणटकच खंत करीत बसचें पडटा. मनोहर पर्रीकाराक ताचो फाजील आत्मविश्वास परतून एक फावटीं नडलो. फकत परिस्थितीचेर मात करपाची जिद्द आसली म्हूण यश मेळना आनी नशीबूय सांगात करीना, हाची पुराय जाणवीकाय तांका ह्या अपेशान दिली.

●●●

गणितां चुकलीं, चुकत रावलीं

गोंय राज्याचे विधानसभेंत कितेंय घडूं येता, हेंच २००२ ते २००५ मजगतीं गोंयकारां बराबर पुराय संवसारानूय पळयलें. महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षाची राजवट आशिल्ली तेन्नाय अशाच तरांच्यो घडणुको घडटना आमी पळयिल्ल्यो. मनोहर पर्रीकारान आपलें सरकार घडयिल्ले उपरांत तांका फुडल्या पांच वर्सांत कोणूच आव्हान दीत आनी सरकार घडयत अशें कोणेंच सपनांत लेगीत चितूंक नासतलें. मनोहर पर्रीकाराचे हिकमतीचेर, हुशारेचेर, कठीण परिस्थितींतल्यान प्रशासनाचो गाडो मुखार व्हरपाचे फिशालकायेचेर, गोंयकारांकडल्यान तांका मेळिल्ल्या उपाट मोगाचेर, सामान्य मनशाक मानवल्ल्या तांच्या सादेपणाचेर,

आपल्या मंत्री-आमदारांचेर वचक दवरतनाच तांका भोवमानान वागोवपाचे पद्धतीचेर तसो सगळ्यांचोच भरवंसो आशिल्लो. सरकार स्थापन केले उपरात सगळे बरे तरेन मुखार वचूंक लागिल्लें. पर्रीकाराचें प्रशासनाचेर पुराय नियंत्रण आशिल्लें. प्रशासन आनी अधिकाऱ्यांचेर असो शेक गाजोवपी मुख्यमंत्री ताचे पयलीं गोंयांक मेळूंक नाशिल्लो, अशें म्हळ्यार अतिताय जावची ना. सत्तेंत आसूं वा विरोधी पक्षांत, पर्रीकारान आपल्या राजकी विरोधकांक केन्नाच माथ्यार बसूंक दिवंक ना. ते विरोधी पक्ष फुडारी आसतानाय व्हडले व्हडले अधिकारी तांका भियेवनूच रावताले. तांचे पसून कितेंय लिपयलें जाल्यार आपली धडगत नासतली म्हूण तांका खबर आशिल्लें. सगळो सरकार पक्षूच आपलो विरोधक अशे मानून ते मुख्यमंत्र्यां सयत पुराय सत्ताधाऱ्यांक शिंगार घेताले. कामाचे बाबतीतूय तांचे कडेन सर्त करी सारखो कोणूच नाशिल्लो. विरोधी, पक्षाचो फुडारी म्हूण आसूं वा मुख्यमंत्री, रातचीं बारा वरां जाल्लीं आसतनाय फायलींत तकली मुंगरून बशिल्ले हांवें तांका पळयलां. जाय ते फावटीं रातीं उसरां ते काम करतात आनी हांव मुखार बसून रावलां, अशेंय जालां. गोवा न्यूजलायन खातीर तांचे कडल्यान खाशेली 'बायट' घेवप ही आमची सदची लागणूक जाल्ली. दीस भर ते कामांत पुराय घुस्पल्ले आशिल्ल्यान आमकां मेळप म्हळ्यार सोर्त लागिल्ले वरी दिसतालें. राती कडेन उसरां मेळटकच तांचे कडेन थोडें-भोव उलोवप जातालें. देखुनूच आमी तांच्यो मुलाखती सांजे उसरां वा रातच्यो घेताले. पर्रीकाराच्यो कितल्योश्योच मुलाखती आनी 'बाइट्स' आमी रातीं उसरां वा फातोडेचेरूय घेतल्यात. सकाळी आठ- साडेआठांत ते कार्यालयांत येना फुडें तांका मेळप मातशें सोपें आसतालें. मागीर, दीसभर ते कामाच्या वज्या पोंदा स्वताक गाडून घेताले आनी तांका मेळपय कुस्तार जातालें. दीसभर वाट पळोवनूय खबरांत दिवपा सारखें हातांत कांयच मेळनाशिल्लें. मूड बरो आसल्यार एकाच धपक्यांत तीन-चार विशयां वयले बाइट्स दिवपाकय ते तयार आसताले. ते खातीर तांका खाशेली सुवातूय लागनाशिल्ली. मुख्यमंत्र्याचो चेंबर, विरोधी पक्ष फुडाऱ्याचें कार्यालय, पणजेचो सरकारी गेस्ट हावज, इतलेंच न्हय तर सांतीनेजच्या सरकारी वसणुकेंतल्या आमच्या घराय येवन तांणी बाइट्स दिल्यात. एकाच वेळार चार चार बाइट्स मेळपा फाटलो आमचो लाव

म्हणजे सेगीत चार दीस मुखेल खबर खंयच्यान हाडची, हो हुसको आमकां पडनाशिल्लो. एकेच फावटीं विंगड विंगड कदेलांचेर बसोवन, विंगड विंगड शर्ट घालूंक लावन आनी वेगळ्या अँगलांतल्यान शूट करून आमी ह्यो बाइट्स घेतल्यात. सामान्य लोकांक समजतले आनी पट्टले अशे तरेन मुद्दे मांडप हें पर्रीकाराचें खाशेलेंपण. तांच्या पालवाक लागून जायते फावटीं गोवा न्यूजलायन नेटान भौसां मेरेन पावोवपाच्या आमच्या यत्नांक नेट येतालो. ताकाच लागून आमच्या चॅनेलाचें नाव घराघरांत पावलें. सांजे वेळार साडेसातांच्यो खबरो आयकुपाची उमळशीक गोंयकारांक आसताली. पेडणे म्हालांतले एके अस्तुरेन आमच्या चॅनेला विशीं सांगिल्ली एक गजाल,आयज चॅनेल बंद जावन आठ-णव वर्सां जालीं तरीं ताजी तट्टीत आसा. ते बायलेचें नांव आयज याद जायना. पूण आमकां ती मेळ्ळी तेन्ना आमचे उपकार आठोवपाक लागली. आमी कारण विचारलें तर सांगपाक लागली, 'तुमच्यो साडेसातांच्यो खबरो म्हज्या घरांत सवस्तकाय घेवन आयल्यात!' तिचें कुवाड्यांतलें उलोवप कळ्ळें ना देखून सारकें सांगपाची विनवणी तिचे लागीं केली. तिणें सांगलें, तिचो घोव सांजे स- साडेसंक घरांतल्यान भायर सरतालो आनी मागीर रातीं उसरां बरोच तर्र जावन परततालो. मागीर झगडीं- झुजां पेट्टालीं. आमचें खबरां पत्र प्रसारीत जायत सावन मात ताका घरा भायर रावपाक जाय नाशिल्लें आनी भायर गेलो जाल्यार लेगीत तो रोखडोच परततालो. हो अणभव आमचे खातीर नवोच आशिल्लो. आमकां लागून तिचे जिणेन खोशी आयिल्ल्याचें कळून आंगार कांटो फुललो. आमकां आशिर्वाद दीत ती गेली. आमी करता त्या कामाचें खऱ्यानींच चीज जाता म्हणपाचो तो अणभव! आमच्या आंगार मूठभर मांस चडलें आनी आमी नेटान कामाक लागलीं.

राणे सरकारान सत्तेर येना फुडें आमकां जायरातींच्या रुपान मेळपी सरकारी आदार बंद केलो. पूण साबार बरें मागत्यांचो आदार आमकां मेळटालो आनी तातूंत कॉंग्रेस पक्षांतले आमचे वांगडीय आशिल्ले. दिगंबर कामत पर्रीकाराच्या मंत्रीमंडळांत आशिल्ले तेन्ना पर्रीकाराच्या सांगण्या वयल्यान तांणीय कांय मित्रां वरवीं आमची मदत केल्ली. आयज शांताराम कदम आमचे मजगतीं नात, पूण ते वेळार तांणीय आमकां लोकां मदीं मेळिल्लो तेंको पळोवन कसलीच खळखळ करी

नासतना पालव दिलो आनी ताका लागून मर्यादीत सामग्री आसतनाय गोवा न्यूजलायन आपलें खाशेलेंपण तिगोवन दवरपांत यशस्वी जाल्लो. मनोहर पर्रीकाराची म्हजे कडेन इश्टागत आसा म्हूण तेंच सूत गोवा न्यूजलायनाक लावन आमचेर टीका करतल्यांनी आपलें मत बदलूंक नाशिल्लें तरींय आमकां व्हडलोसो फरक पड नाशिल्लो. आमी तांका मीठ घाली नासतना जें घडटां तेंच लोकां मेरेन पावयताले. गोवा न्यूजलायनीच्या दर्शकांकूय ताचें व्हडलेंशें पडून गेल्लें दिसलें ना. पूण 'पर्रीकाराचो मनीस' हें म्हाका दशिल्लें बिरूद निमाणे मेरेन तशेंच उरलें.
बाबुश मॉन्सेरातांचें नगर नियोजन खातें काडून घेतिल्ल्यान तिडकून ताणें मनोहर पर्रीकाराचें सरकार उडयलें आनी राज्यपाल एस. सी. जमिरान तें बरखास्त केलें म्हूण भाजपा वावुरप्यांनी राजभवनाचेर जो सुमारा भायलो निशेध केलो, ताचे विशींय हांगा सांगचें पडटलें. पर्रीकार सरकार उडयिल्ल्यान भौसां मदीं जें तिडकीचें ल्हार पातळिल्लें ताचें दर्शन आमकां ते दिसा राज भवनाचेर घडलें. गोवा न्यूजलायनचो कॅमेरो हें सगळें नियाळटालो. बायलांनीय ह्या आंदोलनांत वांटो घेतिल्लो. आंदोलकांचेर लाठीहल्लो करून आनी आर्मां जोखून पोलिसांनी आंदोलन म्होडून काडिल्लें. पर्रीकाराचें सरकार बरखास्त करपाची राज्यपालांची करणी लोकांक मानवूंक नाशिल्ली. सरकार सत्तेचेर येतकच पर्रीकार आनी तांच्या सांगातान राविल्ल्यांच्या आड सूड घेवपाचो यत्न सुरू जालो. ताचें दिग्दर्शन कॉंग्रेसीच्यो गोंया खातीरच्यो प्रभारी मार्गारेट आल्वा करताल्यो. इफ्फीच्या काळांत पर्रीकारान कळावा विरयत निर्णय घेवन जी कामां केल्लीं तांचो खर्चूय वाडिल्लो. इफ्फी जैतवंत जाल्लो आसलो तरी ह्या वाडिल्ल्या खर्चाच्या आड रावन पर्रीकाराक अडचणींत हाडूं येता काय कितें हाचेर बरेंच चर्वण जालें. पर्रीकाराक आडायलो ना जाल्यार आत्मघात केल्ले वरी जातलें म्हणपाची जाणविकाय कॉंग्रेसीच्या फुडाऱ्यांक आशिल्ली. जांका पर्रीकारान दुखयिल्लें तांकांच मुखार काडपाचें कॉंग्रेसीन थारायलें. पयलो फारपेट केलो माविन गुदिन्होन. उण्या काळा मजगतीं साधन सुविधा उबारच्यो पडिल्ल्यान खर्च वाडिल्लो आनी ताच्या आड रावन पर्रीकाराक घुसपावपाचे यत्न जाताले. हें सूडनाट्य चल्लां म्हणपाचें पर्रीकारानूच प्रसार माध्यमां वरवीं उकतें केलें. चवकशी, सीबीआय तपास करा वा आनीक कितें, कसलोच

ंय आपल्याक दिसना म्हणपाचें पर्रीकार आमकां सांगताले. माविन ुदिन्हो सांगातान दयानंद नार्वेकारान मुख्यमंत्री राणेंचेर चेंपण ाडिल्ल्यान आनी पर्रीकाराचो दुस्वास करपी मार्गारेट आल्वा हांणीय नेट ायिल्ल्यान निमाणे कडेन प्रकरण सीबीआय कडेन दिलें. तेन्नाय र्रीकाराचेर राजकी सूड घेवपाचोच यत्न चल्ला म्हणपाचें गोंयकारांचे नदरेंतल्यान सुटूंक नाशिल्लें. पर्रीकारान जल्माक घाल्लें गोंय साधन ुविधा उदरगत म्हामंडळ वादाचो केंद्रबिंदू जाल्लें. सीबीआयन फआयआर नोंद करून घेतले उपरांत पर्रीकाराच्या राजकी फुडारा विशींय चर्चा जावंक लागली. पर्रीकाराक चवकशेच्या जाळ्यांत घुसपावन द्वरप आनी मत लेगीत पुरावे हाताक लागले जाल्यार कारवाय करून भाजपाक लज करप होच कॉंग्रेसीचो डाव आशिल्लो. मनोहर पर्रीकाराक अटक जाल्ली जाल्यार ती भाजपा वावुरप्यांक गळसणोवन उडोवपी गजाल थारतली आशिल्ली. पूण स्वता पर्रीकार मात्र निर्धास्त आशिल्ले. आपलें म्हणणें मांडपाची तयारी तांणी केल्ली पूण हे चवकशेंतल्यान कांयच भायर सरचें ना म्हणपाची खात्रीय ते आपल्या लागींच्या वावुरप्यांक आनी पत्रकारांकूय दिताले.

सीबीआयन चवकशे खातीर आपयतकीच पर्रीकारान एकल्यानूच वचपाची तयारी केल्ली. पूण तांचेर जीव दवरून आशिल्ले वावुरपी फाटीं रावपाक कशेच तयार नाशिल्ले. जे दिसा पर्रीकाराक आपयिल्लो ते दिसा सीबीआय कार्यालयाचो वाठार वावुरप्यांनी उपाट भरून गेल्लो. पर्रीकाराचे फिशाल बुद्धीची कसवटी पळेवपी तो खीण आशिल्लो. सीबीआयचे अधिकारी आपल्याक कसले प्रस्न विचारपाक शकतात, हाचो अदमास काडून पर्रीकारान आपल्यो जापोय तयार केल्ल्यो. खासा पर्रीकारानूच उपरांत आमकां हे तयारे विशीं सांगिल्लें. सीबीआयन चवकशी केले उपरांत पर्रीकाराक ताब्यांत तर घेवंक नाच, पूण परतून लेगीत तांका आपोवंक नाशिल्ल्यान ही चवकशी म्हळ्यार दोंगर पोखरून हुंदीर भायर काडपा सारखी जाली. कॉंग्रेस परत एकदां तोंडार आपटली आनी पर्रीकाराची प्रतिमा तेजवंत जावन भौसां मुखार आयली.

मनोहर पर्रीकाराचे वायट दीस चलतात अशी भावना सगळे कडेन फापशिल्ली आसतनाच तांका खर धपको दिवपी आनीक एक घडणूक घडली. तांचे घट इश्ट, गोंयांत भाजपा सत्तेचेर येवपी म्हूण जिवाचें रान

करपी मार्गदर्शक, परिस्थिती प्रतिकूल आसतनाय वावुरप्यांची उमेद वाडोवपी फुडारी आनी पक्षाचे राष्ट्रीय पावंड्या वयले नेते, प्रमोद महाजन संवसाराक अंतरले. तांच्या मरणाचो व्हड धपको पर्रीकाराक बसलो. पर्रीकार आनी महाजन हांका वेगळावंक जावचें ना, अशे तरेन तांची नाळ जुळिल्ली. गोंयच्या राजकारणा पसून महाजनांक वेगळावप शक्य नाशिल्लें. पूण घरच्या वितुश्टांतल्यान तांचोच भाव प्रविणान तांचेर फार पेटयलो. फुडलें सप्तक भर प्रमोद महाजन हॉस्पिटलांत मरणा कडेन झुजताले. पूण निमाणे कडेन सगळे यत्न फुकट गेले. तांच्या वियोगाचें खर दुख्ख पर्रीकाराक जालें. आपलो एक कार्यक्षम सांगाती वगडावपाचें हें दुख्ख! तांचो मार्गदर्शक आनी देशाच्या राजकारणांतलो खडेगाठ फुडारी अचकीत संसाराक अंतरिल्लो. प्रमोद महाजन गेल्ल्याचें दुख्ख बरोच तेंप तांच्या काळजांत रिगून रावलें. मेधाचें भरिल्ल्या संसारांतल्यान मदींच उठून वचप, जाका धाकलो भाव मानलो त्या दिगंबर पर्रीकारान फाटींत सुरो तोंपप आनी भरवशाचो सांगाती आशिल्ल्या प्रमोद महाजनान अचकीत संसाराचो निरोप घेवप ह्या तीन घडणुकां विशीं उलयतना पर्रीकार भावूक जाताले. २००६च्या मे म्हयन्यांत प्रमोद महाजन संसाराक अंतरले. गोंय विधानसभेच्यो वेंचणुको तर वर्सा भितर जावपाच्यो आशिल्ल्यो. तेन्ना प्रमोद महाजन आसचे नात, हे जाणविकायेन गोंयचो भाजपाय बरोच थतर वितर जाल्लो.

सगळ्या वटांनी संकटां येत आसतना पर्रीकार विधानसभा सभाघरांत आनी भायरूय जे तरेन बेडरपणान झूंजले ताचे गवाय आमी साबार पत्रकार आशिल्ले. ह्या काळांत तांणी सरकाराक तकली वयर काडपाची कसलीच संद दिवंक नाशिल्ली. इलेक्ट्रॉनिक प्रसार माध्यमांक विरोधी पक्षाचे आमदार बसतात ताचे फाटले वटेन व्हरून दवरपाचो आपलो निर्णय चुकीचो आशिल्ल्याची जाणविकाय तांका आता जावपाक लागली. आपली चूक जाली म्हणपाचें तांणी मोठ्या मनान मान्यूय केलें. सभापतींच्या आसना सामकार आशिल्ल्या गॅलरींत बसून सगळेच पत्रकार सभाघराच्या कामकाजाचो नियाळ घेताले. तेन्ना सगळेच चॅनेल सिंगल कॅमेरा सेट- अप वापरताले. विरोधी पक्षाचे आमदार चडशे फावटीं सभापतीं कडेन न्हय तर मिडियाचे गॅलरी कडेन पळोवनूच उलयताले आनी सभावीकपणान तांचींच तोंडां टीव्ही वयल्या खबरांतल्यान

दिसतालीं. पर्रीकार मुख्यमंत्री आसतना तांचे नदरेंतल्यान ही गजाल सुटूंक नाशिल्ली. २००२-२००५ मजगतीं केन्ना तरीं तांणी सभापतींच्या आडसान इलेक्ट्रॉनीक मिडियाच्या कॅमेरामन आनी पत्रकारांक विरोधी पक्षाचे आमदार बसतात ताचे फाटले गॅलरींत व्हरून बसयलें. ताका लागून आता विरोधी पक्षाचे आमदार विधानसभेंत उलयताले तेन्ना फकत तांची फाटूच कॅमेऱ्याक दिसताली तर सरकार पक्षाच्या वांगड्यांचीं तोंडां. तो निर्णय म्हाकाय आवडूंक नाशिल्लो आनी हांवें तांका तशें स्पश्ट सांगिल्लेंय ही. पूण विरोधकांचीं तोंडां टिव्हीचेर दिसतात म्हणपाचें तांका चडूच खुपतालें. २००५ वर्सा तांचेर विरोधी बांकाचेर बसपाची पाळी आयली तेन्ना तांचो तो निर्णय कसो चुकीचो आशिल्लो हाची जाणविकाय तांका आमी करून दिली. आपलें चुकलें म्हणपाचें तांणी व्हड मनान मान्य केलें. ते उपरांत परत सरकार घडोवपाची संद मेळ मेरेन पर्रीकार आनी तांच्या सांगात्यांक इलेक्ट्रॉनीक मिडियाच्या कॅमेऱ्यांक फाट करूनूच उलोवचें पडलें. मागीर मल्टी कॅमेरा सेट- अप आयलो आनी वट्ट चित्रूच बदलून गेले. मनोहर पर्रीकारान तो निर्णय घेतना फुडाराक आपल्याचेर विरोधांत बसपाची वेळ येवंक शकता म्हणपाचें चिंतूक नाशिल्लें काय, असो प्रस्न पडटालो. फुडाराक कितें जावं येता हाचो खिणभर लेगीत विचार करीनासतना पर्रीकारान घेतिल्ल्या निर्णयांतलो तो एक आशिल्लो.

२००७ मेरेन प्रतापसिंग राणेंचें सरकार सत्तेर आशिल्लें, पूण ह्या दोन वर्सांनी पर्रीकारान राणे सरकाराक सुखान जियेवंक दिवंक ना. सतरा सांगात्यां सयत ते सरकारा कडेन साबार प्रस्नांचेर झुजत रावले. विरोधी पक्षान विधानसभेंत कशें वावुरपाचें हाचो धडोच तांणी घालून दिल्लो. आपलें सरकार बरखास्त करून आपल्याचेर केल्लो अन्याय, सत्तेचेर आसतना आपणें दिल्लें प्रशासन, समाजातल्या विंगड विंगड घटकां खातीर हाडिल्ल्यो येवजण्यो, लोकांक नित्य दिसपी उदरगत हांच्या म्हालवजाचेर आपूण २००७ वर्सा जावपी वेंचणुके वरवीं परतून सत्तेचेर येतलोंच म्हणपाचो शंबर प्रतिशें विश्वास तांका दिसतालो. संद मेळटाली तेन्ना हो विश्वास ते उलोवनूय दाखयताले. पूण नशिबाचो खेळ म्हणजे तांच्या बऱ्या कामाची कोणेंच नोंद घेतली ना आनी ताची पावतीय तांका दिवंक ना. तांणी चालीक लायिल्ल्यो येवजण्यो, केल्ली उदरगत हांचे

विशीं कोणाकूच पडूंन वचूंक नाशिल्लें. आनीक पांच वर्सां खातीर विरोधी बांकार बसून रावपाचो कौल गोंयच्या मतदारान तांका दिलो. आमचे सारखे कांय पत्रकार आनी आपल्या लागींच्या इश्टां कडेन उलयताना 'पिपल आर मोस्ट अनग्रेटफूल' अशीं उतरां काडपी पर्रीकाराच्या तोंडा वयली निरशेवणी लीप नाशिल्ली. उण्याच २२-२३ जाग्यांचेर जैत मेळटलें म्हणपाचें गणीत तांणी मांडिल्लें. पूण तेंय गणीत चुकलें.

आमदारांचो क्लास

मनोहर पर्रीकाराक गोंय सावन दिल्लीच्या राजकारणांत व्हरपाचो यत्न मजगतींच्या काळांत जाल्लो. ताचे विशीं खुबूच थोड्या लोकांक खबर आसतली. आपूण राज्यांतूच रावतलों आनी राजकारण आपले भोंवतणीच घुंवतलें, हो पर्रीकाराचो हट्ट कांय जाणांक मानूंक नाशिल्लो. म्हाका दिसता, तेन्ना राजीव प्रताप रुडी हे भाजपाचे गोंयां खातीरचे प्रभारी आशिल्ले. कित्याक कोण जाणा, हो मनीस पर्रीकाराक आपले नजरे मुखार असचो न्हय कशें दिसतालें. स्वता पर्रीकारानूच ते फाटलीं एक दोन कारणां म्हाका सांगिल्लीं. रुडी तांचेर कांय गजाली थापूंक सोदताले आनी ताकाच पर्रीकाराचो विरोध आशिल्लो. रुडी

कितें थापूंक सोदताले ते मात पर्रीकाराने केन्नाच सांगूंक नाशिल्लें. आपल्याचेर कोणेंय कितें लादिल्लें पर्रीकाराक आजिबात आवड नाशिल्लें. तो तांचो सभावूच न्हय. एक राजीव प्रताप रुडी सोडले जाल्यार गोंयांत प्रभारी म्हूण येवपी हेर जाणां कडेन तांचे बेस बरें जुळटालें. पर्रीकाराचे राजीव प्रताप रुडी कडेन मतभेद आशिल्ल्याची खबर पर्रीकारा कडेन जांचे पटना अशा कांय आमदारांकूय आशिल्ली आनी ताकाच लागून पर्रीकारा आड सूर लावपाचें धाडस कांय जाणांनी केल्लें. म्हाका दिसता, ताचोच परिणाम म्हूण पर्रीकाराक दिल्लींत पावोवपाचो यत्न राजीव प्रतास रुडीन केल्लो. फुडले फावटीं पर्रीकारान लोकसभा वेंचणूक लडोवची हे खातीर रुडीचे यत्न आशिल्ले, पूण ते फळादीक जावंक नात. दिल्लींतल्या म्हालगड्यां कडेन पर्रीकाराचेय घट संबंध आशिल्ले. घडये ताकाच लागून पर्रीकाराक दिल्लींत व्हरपाच्या रुडी हांच्या यत्नांक यश येवूंक ना. पूण पक्षाच्या दोन थळाव्या फुडाऱ्यांनी रुडी सांगातान बसका घेतिल्ल्याची खबर म्हज्या कानांर पडिल्ली.

आपलें सरकार पडटकच विधानसभा विसर्जीत जावची आनी नव्यान वेंचणुको घेवच्यो म्हूण पर्रीकारान जमता तितले यत्न केल्ले. पूण केंद्रांत कॉंग्रेसीच्या फुडारापणा खाला सरकार आशिल्लें आनी गोंयांत एस. सी. जमीर राज्यपाल आशिल्ले. पर्रीकाराची दाळ शिजूंक ना. राज्यपालांच्या आड पर्रीकारान बरोच बोवाळ केलो, तरींय कांयच साध्य जावंक ना आनी दिगंबर कामतीक मंत्री जाल्लो पळयत पर्रीकाराक विरोधी बांकाचेर बसून दीस काडचे पडले. दिगंबर कामतीन केल्लो विश्वासघात तांच्या जिवाक लागिल्लो आनी ते घाय केन्नाच भरचे नात म्हणपाचें पर्रीकार आमकां सांगताले. भाजपांत आपली 'घुसमट' जाताली, अशें पक्ष सोडटना दिगंबर कामतीन आमकां- पत्रकारांक सांगिल्लें आनी मागीर वर्सभर ह्या 'घुसमट' उतराचें चर्वण जायत आशिल्लें. त्रियात्रिस्तांनीय आपल्या तियात्रांत ही 'घुसमट' वापरून पळयतल्यांक पोट भरून हांसयलें. दिगंबर कामतीची भाजपांत जाताली ती घुसमट तशी समजुपा सारखी आशिल्ली. मनोहर पर्रीकारा कडेन तांचे बरें जुळटा अशें वयले चाराक जरीं दिसतालें तरीं भितरल्यान वेगळेंच चलिल्लें. पर्रीकार आपल्याक सदांच चिड्डून दवरतलो आनी भाजपांत आपल्याक फुडार आसचो ना म्हणपाचो भंय तांका दिसतालो असो दुबाव घेवपाक बरीच सुवात आसा.

देखुनूच जेन्ना मडगांवचो तांचो एक उद्देजक इश्ट आनी एका मिनेरान तांकां पदाचें हांयस दाखयलें तेन्ना तांणी कळाव करूंक ना. तांणी हो निर्णय घेवचो म्हूण तांची घरकान्न आशाताईचोय आग्रो आशिल्लो आनी ते विशीं त्यो उलोवणी करतनाय ठाम राविल्ल्याच्यो यादी ताज्यो आसात. मनोहर पर्रीकार तशे स्वकेंद्रीत सभावाचे आशिल्ले आनी संगात्यां कडेन उलोवन मागीर निर्णय घेवपाची पद्दत तांका व्हडलीशी मान्य नाशिल्ली. कांय आमदारूय आमचे कडेन हेविशीं नाराजी उकतायताले. सुरवातीच्या काळांत मात्र पर्रीकारान आमदार आनी हेर वावुरप्यांक आपल्या सांगातान घेवन तांची आनी भौसांचींय मनां जिखिल्लीं. पूण दुसरे फावटीं सत्ता मेळटकच ते बदलत गेले, वावुरप्यां पसून पयसावंक लागले. आपूण पणजेकारां खातीर दिसाचीं चौवीस वरां हाजीर आसतलों म्हणपी पर्रीकाराक मेळचे खातीर वावुरप्यांक वरांचीं वरां वाट पळोवची पडटाली. आतां पर्रीकाराक पणजे पुरतेंय रावप शक्य नाशिल्लें, पुराय गोंयचो विचार तांचे तकलेंत आसतालो, हेंवूय तितलेंच खरें. पूण ते आपल्याक वेळ दिवंक शकनात अशें म्हूण वायट दिशिल्ले ताचे कांय निश्ठावान वावुरपी ह्या काळांत तांचे पसून पयसावले. 'महालक्ष्मी'चेर मुख्यमंत्र्यांक मेळूंक गेल्ले फावटीं हें चित्र दिसतालेंच. पर्रीकार फकत उतरां आनी आश्वासनांच दितात, अशें तांच्या वावुरप्यांक दिसतालें. तांच्या कांय आमदारांकूय पर्रीकाराची ही पद्दत मान्य नाशिल्ली. तांच्या मंत्रीमंडळांत भलायकी मंत्री आशिल्ले डॉ. सुरेश आमोणकार वा नगर नियोजन मंत्र प्रकाश फडते हांचे कडेनूय पर्रीकाराचें पटनाशिल्लें. २००८चे वेंचणुकेंत डॉ. आमोणकाराक उमेदवारी दिवची न्हय अशेंच पर्रीकाराचें मत आशिल्ल्याची याद म्हाका जाता. डॉ. प्रमोद सावंत हांचें नांव मुखार येऊंक लागिल्लें. डॉ. आमोणकारानूय सुदिन ढवळीकारा कडेन संपर्क सादून आपल्याक म.गो. पक्षाची तिकीट मेळटली म्हणपाची खात्री करून घेतिल्ली. कॉंग्रेसीचे आमदार गुरुदास गांवस संसाराक अंतरिल्ल्यान हांगा पोटवेंचणूक घेवप गरजेचें जाल्लें. डॉ. आमोणकार म.गो. पक्षाकडेन उलोवणी करतात म्हणपाची खबर पर्रीकाराच्या कानार पडटकच तडक साखळे वचून तांणी आमोणकाराच्या घरा तांच्या वावुरप्यांची बसका घेतली आनी तांका उमेदवारीचें उतर दिलें. कठीण पेंचांतल्यान वाट काडपाक पर्रीकार हुशार आशिल्ले तशेच

कठीण पेंच निर्माण करपांतूय तांचो हात धरपी कोणूच नाशिल्लो. डॉ. आमोणकाराक दिल्लें उतर तांणी निमाणे कडेन पाळ्ळें ना आनी डॉ. आमोणकार वेंचणुकेंत अपक्ष म्हूण उबे रावले. सहानुभूतीच्या ल्हाराक लागून कॉंग्रेसीचे प्रतास गावस हे पोटवेंचणुकेंत जैतवंत जाले आनी डॉ. प्रमोद सावंतांचें विधानसभेंत वचप चार वर्सांनी मुखार धुकल्लें. मनोहर पर्रीकाराचें तंत्रूच अशे विचित्र आसतालें आनी ताचे विशीं तांकांय व्हडलेंशें दिस नाशिल्लें.

२००५ वर्सा जाल्ली सरकाराची बरखास्ती पर्रीकाराक पचूंक नाशिल्ली तरी तांणी २००७ वर्सा जावपी वेंचणुके खातीर पक्षाक कामाक लायलें आनी स्वताय पेंगट बांदलें. तीं दोन वर्सां विरोधी पक्ष फुडाऱ्याच्या चेंबरांत रातीं उसरां मेरेन बसून फायली तपासतना हांवें तांका पळयलां. सरकाराच्या तकलेचेर तरसाद कशी हुमकळावन दवरपाची आसता हाचें धडे तांणी तीं दोन वर्सां आनी मागीर २००७ची वेंचणूक हारतकच फुडलीं पांच वर्सां आपल्या सांगाती आमदारांक दिले. सभापती पदाचेर आशिल्लो मनीस कितलोय फिशाल आसलो तरी आपले डावपेच ताका कशेच कळचे नात म्हणपाची जतनाय ते घेताले आनी ऐन वेळार सरकाराक अडचणींत हाडटाले. सरकाराची अडचण करपी प्रस्न चर्चेक येवचो न्ही म्हूण सभापतीन कितलेय यत्न केले जाल्यार लेगीत तोच प्रस्न चर्चेक येवचो अशे तरेचें वेवस्थापन करून सरकाराकूय घुसपायताले. विरोधी पक्ष फुडारी म्हूण पर्रीकारांचे काम गोंय विधानसभेच्या इतिहासांत सदांकाळ देखदिणें उतरलें. सभात्याग करून सभाघरांत मेळपी मोलादीक वेळ वगडावपाची तांची तयारी नासताली. सभात्याग हो फकत नावापुरतो आसचो, सभाघराच्या कामकाजांत ताची नोंद जाली आनी सभात्याग केल्ल्याचें समाधान आपल्याक मेळ्ळें म्हणटकच जालें; अशेंच ते आपल्या सांगात्यांक सांगताले. ज्या प्रस्नाचेर आपल्याक सभात्याग करपाचो आसा तो कामकाज सोंपपाक पाच धां मिण्टां आसतनाच चर्चेक येतलो म्हणपाची जतनाय ते घेताले. सामकें थारायिल्ले प्रमाण पांच- धा मिण्टां खातीरूच तांचो सभात्याग आसतालो. सभात्याग केले उपरात पांच मिण्टां भितर परत सभाघरांत येवन झिरो अवराक कसलो तरी म्हत्वाचो मुद्दो फुडें हाडचो तर तो पर्रीकारानूच. विधासभेंत प्रस्न मांडटना ते कोणें, केन्ना आनी कशे

मुखार हाडपाचें तें आमी पर्रीकारा कडल्यानूच शिकल्यात अशें कांय आमदार आयजूय सांगतात. सभाघराचें कामकाज सुरू जावचे पयलीं ते आमदारांचो क्लास घेताले. कांय प्रस्नांचें गांभिर्य सरकार पक्षाकूय कळचें न्हय इतले सोंपे आसताले. पूण सभाघरांत ते प्रस्न भलतेंच मोडण घेताले आनी मागीर सरकार पक्षाक नाका- पुरो करपाचें काम स्वता पर्रीकार करून दाखयताले. एकाद्र्या प्रस्नाचेर सरकाराक अडचणींत हाडचे खातीर त्या प्रस्नाचो दीसभर विचार करपाची तांची तयारी आसताली. फायलींचो दोंगर खणपाकूय ते अनमन नाशिल्ले. वावुरप्यांचें सगळ्याक पातळिल्लें जाळें आनी तांका जाय ती माहिती दिवपाक एका पांयांर तयार आशिल्ले बरे मागते, हांचोय आदार तांका मेळटालो. विरोधी पक्ष फुडारी म्हूण काम करतना आनी हेरां कडल्यान काम करून घेतनाय तांचे मदले फुडारपणाचे गूण दिसताले. ह्या पदाक खरो न्याय मनोहर पर्रीकारानूच दिलो. डॉ. जॅक सिक्वेरा, रमाकांत खलप, डॉ. काशीनाथ जल्मी हांणीय आपलो अभ्यास आनी आक्रमक उलोवपा वरवीं त्या पदाक न्याय दिल्लो, हेंवूय हांगा सांगपाक जाय. मात त्या सगळ्यां मदीं मनोहर पर्रीकार उजवे. एकाद्र्या प्रकरणाच्या मुळा मेरेन वचपा खातीर जें जें करपाक जाय तें ते करताले. अशा कितल्याश्याच प्रकरणांक उस्तून काडीत तांणी दुसऱ्या दिसाच्या दिसाळ्यांत 'हेडलायनी' मेळयिल्ल्याची याद म्हाका आसा. एकाद्र्या मंत्र्याक उजरावपाचोच अशें थारायलें म्हणटकच ते ताचे विशींची सगळी माहिती एकठांय करताले आनी ती आपल्या वांगड्यांक दिताले. मागीर सगळे मेळून त्या मंत्र्यांक रेवाडो घालून ताच्यो भोयो भोयो करताले. बाबू आजगांवकार, लुइझिन फालेरो, रवी नायक, पाडुरंग मडकंयकार ह्या मंत्र्यांक प्रस्न जापेचें वर येतकच थरथरो सुटचो इतलें तांका मनोहर पर्रीकारान भेकणावन उडयिल्लें. तांचे मदले कांय जाण आयजूय तें मान्य करतात. प्रस्न- जापेच्या वराक आपल्या खात्याचो प्रस्न चर्चेत येवचो न्हय म्हूण ते यत्नूय करताले, पूण पर्रीकाराक घुंवडांवक तांका केन्नाच जमूंक ना.

पर्रीकाराचे काम करपाचे पद्धती विशीं खूप बरोवंक येता. आपल्या मतदारसंघांतल्या मुखेल वावुरप्यांची समिती घडोवन ते समितीच्यो बसका दर मंगळारा घेवपाचो तांचो नेम बरींच वर्सां चलतालो. हे

बसकेंतल्यान तांका विंगड विंगड प्रभागांतले प्रस्न कळटाले. चड लक्ष खंय दवरूंक जाय हेविशींची कल्पना येताली आनी नातालां वा दिवाळे कडेन वेगळें कितें करूं येता, हेविशींचो 'फीडबॅक' मेळटालो. आपले आड उलयतल्यांक थंड करचे खातीरूय ह्या बसकांक ते वापरून घेताले. अशोक नायक वा संजय उसगांवकारागेर ना जाल्यार भाजप कार्यालयांत ह्यो बसका जाताल्यो आनी वावुरप्यांचें मन वळखुपाक तांचो आदारूय मेळटालो. सुरवातीच्या काळांत पर्रीकार दरेके बसकेक मुजरत हाजीर रावताले, पूण उपरांतच्या काळांत मात्र कामांचो व्याप वाडिल्ल्यान तांका नेमान येवप जमानाशिल्लें. पक्षाच्या हेर आमदारांनीय अशे तरेन बसको घेवच्यो असो आग्रो तो धरताले.

●●●

विधानसभेंत अर्थसंकल्प मांडपा खातीर येतना मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकार.

विधानसभेचे सभापती म्हूण वेंचून आयले उपरांत डॉ. प्रमोद सावंत हांकां परबीं भेटयतना मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकार.

फोटो : समीर नार्वेकार

पणजे विधानसभा वेंचणुकेंत पर्रीकारा खातीर स फावटीं सूचक म्हूण सय करपी अरूम नारायणदास हांच्या कार्यालयाच्या उक्तावण सुवाळ्यांत मनोहर पर्रीकार.

पणजेची होळी आतां पयलीं वरीं रंगचीना. मनोहर पर्रीकार उपस्थित रावताले आनी होळी आनीकूय रंगयाळी जाताली.

आपले लागींचे इश्ट संदीप कुंडयकारा कडेन चर्चा करतना मनोहर पर्रीकार.

गोवा न्यूजलायन ह्या गोंयच्या पयल्याच खबरां चॅनेलाच्या उक्तावण सुवाळ्यांत तेन्नाचे येरादारी मंत्री पांडुरंग राऊत, ज्येश्ठ पत्रकार आनी साहित्यिक उदय भेंब्रे, शरद कारखानीस, प्रवेश प्रभू आनी बरोवप्या सांगातान मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकार.

गोवा न्यूजलायन खबरां चॅनेलाच्या पांचव्या वाडदिसाच्या सुवाळ्यांत मनोहर पर्रीकार, मासटेकचे संस्थापक अध्यक्ष आशांक देसाय, ज्येश्ठ पत्रकार शरद कारखानीस आनी जगदीश वाघ.

गोवा न्यूजलायन खबरां चॅनेलाच्या पांचव्या वाडदिसाच्या सुवाळ्यांत उलयतना मनोहर पर्रीकार.

प्रवेश प्रभूच्या लग्नाच्या सुवाळ्यांत वांटेकार जाल्ले मनोहर पर्रीकार आनी लक्ष्मीकांत पार्सेकार.

नातू प्रमेय हांणे तर मनोहर पर्रीकार हांच्या बोल्सांतूच हात घालो.

नात गिरिजाक शुभेत्सा दितना.

मुरगांवचे लोकप्रिय नगरसेवक दाजी साळकारा सांगातान मनोहर पर्रीकार.

दिनार तारकाराचें आव्हान

२००७चे वेंचणुकेंतूय भाजपाचो मुख्यमंत्रीपदाचो उमेदवार पर्रीकारूच आशिल्ले. दुसरे वटेन कॉंग्रेस आनी म.गो. पक्षामदीं मुख्यमंत्री कोण आसचो हेंच थारनाशिल्लें. आपलो भाई परतून मुख्यमंत्री जाल्लो पणजेकारांक पळोवपाचें आशिल्लें आनी ताका लागून भाजपाचे वावुरपी, पर्रीकाराचे बरें मागते आनी संघाच्या स्वयंसेवकांनी पेंगट बांदिल्लें. हे फावटीं पर्रीकारा मुखार पणजेंत आव्हान उबें केल्लें तरणाट्या रगताच्या दिनार तारकारान. पणजेंतल्यान कॉंग्रेसीची उमेदवारी मेळची म्हूण तांणी केल्ले यत्न फळादीक जाल्ले आनी हे फावटीं पर्रीकाराक घरा धाडपाचेंच म्हूण बाबूश मॉन्सेरातानूय तारकाराक तेंको

दिल्लो. ताका लागून पर्रीकाराक ही वेंचणूक पयलीं वरी सोंपी वचची ना, अशे तरेची चर्चा पणजेंत रंगूंक लागिल्ली. दीस गेले तसो दिनार तारकाराच्या तोंडाचेर उपाट आत्मविश्वास दिसपाक लागलो. ताचे फाटलीं कारणांय तशींच आशिल्लीं. भाजपाक विरोध आशिल्लीं आनी कॉंग्रेसी कडेन परंपरेन वतलीं सारस्वतांचीं सगळीं मतां आपल्याकूच मेळटलीं म्हणपाची खात्री तांकां दिसताली. कॉंग्रेसींत सदांच जावपी बंडखोरी हे फावटीं नाशिल्ली आनी मतां फुटपाची भिरांत नाशिल्ली. देखून जायत्या जाणांक दिनार तारकाराचेंच दालें जड दिसतालें. म्हाका याद जाता तेप्रमाण ते ज्या पणजे रोटरी क्लबा खातीर वावुरताले, थंयच्या कांय वांगड्यानींय ते जिखून येवचे म्हूण खूब कश्ट घेतिल्ले. मडगांव आनी गोंयच्या हेर वाठारांतले तारकाराचे इश्टूय तांचे खातीर पणजेंत आयिल्ले. पर्रीकाराची ही तिसरी वेंचणूक आशिल्ल्यान खंयच्या वाठारांत नेट लावपाक जाय तें तांका होलमल्लें. पूण पर्रीकार-तारकार अशें तुल्यबळ झूंज जाल्ल्यान जैताचो अदमास करप भोव कठीण जाल्लें. मनोहर पर्रीकाराच्या लावाची गजाल म्हळ्यार तांचो खंयचोच मुखेल वावुरपी हे फावटीं तांचे पसून पयसांवक नाशिल्लो. तांचे खातीर फाटले वेंचणुके वेळार ॲड. संजय उसगांवकार आनी हेरांनी घडयिल्ल्या एसजीपी म्हळ्यार स्पेशल प्रोपोगांडा ग्रुपानूय हे फावट नेट लावन तांच्या प्रचारांत कसलीच कसर दवरूंक नाशिल्ली. दिनार तारकार हांची मुलाखत घेवपाक हांव गेल्लों तेन्ना तांच्या तोंडार आत्मविश्वासाचें तेज फाकिल्लें. उण्याच देड- दोन हजार मतांनी आपूण वेंचून येतलों म्हूण तांणी खात्री दिली. वेंचून येवचो म्हूण प्रचारा मजगतीं तांणी शक्य आशिल्लें तितलेंय केल्लें. बाबूश मॉन्सेरातूय तांच्या फाटल्यान नेटान उबो आशिल्ल्याचें चित्र सुरवेच्या काळांत तरीं दिसतालें. फाटल्या तीन वेंचणुकांत दिसूंक नाशिल्लो इतलो ताण हे वेळार पणजेंत दिसतालो. कितेंय करून पर्रीकाराक उडोवपाचोच असो निर्धार कॉंग्रेसीन केल्लो. गिरीश चोडणकार तेन्ना दिनार तारकारांचे वेंचणूक एजंट आशिल्ले. पणजेकार गिरिशाक व्हडलेशे वळख नाशिल्ले आनि गिरिशाकूय पणजी नवीच आशिल्ली. तुवें चुकीचो वेंचणूक एजंट नेमला अशेंय तेन्ना साबार जाणांनी दिनार तारकाराक सांगिल्लें. आपलें विधानसभेंतलें काम, मुख्यमंत्री आसतना चालीक लायिल्ल्यो येवजण्यो,

दुर्बळ घटकां खातीर केल्लो वावर आपल्याक जैतवंत करतलो म्हणपाची खात्री मनोहर पर्रीकार बाळगून आशिल्ले. पणजेंत उमेदवारांनी ताचे पयलीं 'धन'शक्ती केन्नाच वापरूंक नाशिल्ली, पूण हे वेंचणुकेंत तिचोय वापर कॉंग्रेसीन केल्लो आनी कांय वाठार भश्टला म्हणपाची चर्चा चलताली. पणजेकारांचो भाई दिल्ली वतकच पणजेचे आमदार जाल्ले सिद्धार्थ कुकळकार हांणीय हेच मजगतीं पणजेच्या राजकारणांत एंट्री घेतली. रमेश सिलिमखाना खातीर काम करपी सुदिन कामती सारखिले वावुरपी हे फावटीं पर्रीकारा खातीर जिवाचें रान करताले. पर्रीकारांचें जैत जावचें म्हूण भाजपाच्या फुडाऱ्यांनी मतदारसंघांत बसकांचो नेट धरलो तर दुसरे वटेन दिनार तारकाराची मेवणी, अभिनेत्री वर्षा उसगांवकार ताच्या प्रचारा खातीर भोंवपाक लागली. आदले मंत्री अच्युत उसगावकारांचे दिनार तारकार जावंय. देखून कांय मतां तांचे वटेन वचप सभावीक आशिल्लें. पणजेंतल्या सारस्वत मतांक फोडपाचें काम एका फामाद उद्देजकाच्या आदारान दिनार तारकारान बेस बरें केल्लें. अटीतटीच्या त्या झुजा मजगतीं बॉक द व्हाक हांगाच्या मतदान केंद्राचेर जाल्ली घडणूक म्हाका आतांय याद जाता. मतदाना खातीर रांकेंत राविल्ल्या दरेकल्याक मत दिवपाक मेळचें म्हूण मतदानाची वेळ वाडयिल्ली. थंयच उबे रावन दिनार तारकार मोबायला वेल्यान फोन करतात आनी संदेश धाडटात म्हणपाचें पर्रीकारान पळयलें आनी ते खुबले. पर्रीकारान दिनाराक जाप विचारतकच तांणेंय परतून उतर दिलें आनी दोगांयचें पेटलें. तुजोच भाव अवधूत जेन्ना फोनाचेर उलयतालो तेन्ना तूं खंय आशिल्लो, असो प्रस्न दिनारान करतकच पर्रीकार कांय वेळ ओग्गी पडले. पूण आतां पर्रीकाराचे वेंचणूक एजंट अंड संजय उसगांवकार मदीं पडले आनी तांणी अवधूत जर तशें करतालो तर तुवें तेन्नाच ताका कित्याक हटकूंक ना असो प्रस्न दिनार तारकारांक केलो. ते बराबर पर्रीकाराक परतून स्फुरण चडलें. कोण तरीं मदीं पडलो आनी तें केस्तांव निस्तरायलें. तरींय दोगांमदलें झूज खडेगाठ म्हणपाचो अदमास आयलोच. आपूण बाराशीं ते तेराशीं मतां चडावत घेवन जिखून येतलो म्हणपाची खात्री पर्रीकाराक आशिल्ली तर दिनार तारकार आपली मार्जीन दोन हजारांची आसतली म्हूण हड्ड्यार हात मारून सांगतालो. निकाल आयलो तेन्ना तारकाराची विकेट पडली आनी

पर्रीकार देड हजार चडावत मतां घेवन जिखले. रमेश सिलमखान हाचे परस चड मतांनी आपली हार जाल्ल्याची खंत दिनार तारकाराक आयजूय दिसता आनी तांचे कांय लागींचे इश्ट तांका ताचे वयल्यान तिडायत आसतात. रमेश सिलिमखान हो आपले परस दुबळो उमेदवार आशिल्लो आनी तो जर फकत बाराशीं मतांनी पडलो तर तो सशीं मतांचो फरक आपूण कांय न्ही करून भरून काडटलों म्हणपाच्या भ्रमांत दिनार तारकार निमाणे मेरेन रावले. रमेश सिलिमखान हांचे परस दिनार तारकार बरेच सरस आशिल्ले. पणजेच्या नामवंत सारस्वत घराब्यांत तांचे येवप- वचप आसतालें आनी मनोहर पर्रीकारा प्रमाण तेवूय आक्रमक सभावाचे आशिल्ले. सिलिमखानाक मेळिल्लीं तीं मतां तर आपल्याक मेळटलींच, पूण आनीक सात- आठशीं चडावत मतां आपूण बशिल्ले कडेन घेतलों अशें तारकाराचें गणीत आशिल्लें. पणजेतल्या सारस्वतांनी हे फावटीं खेरीत विचार करचो म्हण मडगांवचे दत्ता दामोदर नायक हांचे मदतीन तांणी पणजेंत एक चिंतन बसकाय घेतिल्ली. जैत सोपें जालां अशी खात्री तांका आनी तांच्या मुखेल वावुरप्यांकूय दिसपाक लागिल्ली. वेंचणुकेचो निकाल दिनार तारकारांचो आवरो उडोवपीच आशिल्लो. ते उपरांत तांणी पणजेंतल्यान वेंचणूक लडोवपाचें धाडस करूंक ना. पर्रीकाराचो सादो सबाव पणजेकारांक मानवल्लो हें खरेंच, पूण बाबूश मॉन्सेराततातून सदचे वरी हे फावटींय धुर्तपणान पावलां मारिल्लीं. चावी खंयसावन आनी कशी घुंवली हें कोणाकूच खबर ना, पूण रातयांत साबार नगरसेवकांक मॉन्सेराताचे फोन गेले आनी निकालाचेर त्या फोनांचो जावपाक जाय तो परिणाम जालो. तारकार हांणींय तशें घडलें म्हणपाचें मागीर मान्य केलें.

पणजेकारांनी सेगीत चौथे फावटीं पर्रीकाराक वेंचून दिलें खरें, पूण ते मुख्यमंत्री भात जावंक पावले नात. भारतीय जनता पक्ष हेच कडेन बरोच फाटीं पडलो आनी कॉंग्रेसीच्या कपलार मिरयां वाटीत परतून सरकार घडोवपाचें पर्रीकाराचें सपन अर्दकुटेंच उरलें. कॉंग्रेस पक्षाक भाजपा परस दोन जागे चड मेळिल्ले आनी तांणी सरकार घडोवपाक नेट लायलो. तीन आमदार आशिल्ल्या राष्ट्रवादी कॉंग्रेस पक्षान तशेंच दोन आमदार आशिल्ल्या महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षान उदेत्या सुर्याक नमस्कार करपाचें थारायलें आनी परतून एकदां विरोधी पक्षांत बसपाची पाळी

र्रीकाराचेर आयली. धारगळींत बाबू आजगांवकारा आड भाजपाच्या ाठू मोरजकराचें शाणपण खपूंक नाशिल्लें. थिवे अपक्ष राविल्ल्या करण कांदोळकारान भाजपाच्या सदानंद तानावडेच्या झोळयेंत ३२४ तांची हार घाली आनी कॉंग्रेसीचो निळकंठ हळर्णकार परस्पर विधानसभेंत पावलो. सांताक्रुझांत कॉंग्रेस आनी युगोडेपाच्या झुजांत ाजपाचो अनिल होबळे जिखतलो म्हणपाचें पर्रीकाराचें गणीत चुकलें. म्मारजुव्यां भाजपान पांडुरंग मडकंयकारा आड निर्मला सावंत हांकां ंको दिल्लो. थंय खर झूंज जालें तरी अखेरेच मडकंयकारानूच पांचशी मतांनी तड मारली. पाळी मतदारसंघांत डॉ. सुरेश आमोणकाराक नायिल्लें अपेस तर पर्रीकाराच्या जिवाक लागिल्लें. कुडचड्याक रामराव साय आनी केंप्यां प्रकाश वेळपाकूय हार खावची पडिल्ली. उण्याच २३-२४ जाग्यांचेर जैताची आस्त बाळगून आशिल्ल्या पर्रीकाराक मुख्यमंत्री जावपाची संद हे फावटींय मेळ्ळी ना.

कॉंग्रेस जिखतकच दोन वर्सां आदीं भाजपांतल्यान कॉंग्रेसींत गेल्ले दिगंबर कामत सोपेपणी मुख्यमंत्री जातले अशेंच आमकां दिसतालें. पूण तें तितलें सोपें नाशिल्लें. प्रतापसिंग राणे आनी रवी नायका मदीं मुख्यमंत्रीपदा खातीर सर्त सुरू जाली आनी त्या झगड्यांत दिगंबराचो पर्याय मुखार आयलो. प्रदेश कॉंग्रेसीचो मुखेली आशिल्ल्यान रवी नायकाक मुख्यमंत्री जावपाचें आशिल्लें. पूण महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षान आडमेळें हाडलें आनी दिगंबराचें दालें जड जालें. पूण आतां सगळ्याच आमदारांक मंत्रीपदां जाय आशिल्लीं आनी सगळ्यांचेच समाधान करप दिगंबर कामतीक शक्य नाशिल्लें. सांताक्रुझाच्यो आमदार व्हिक्टोरिया फेर्नांडीस हांका मंत्रीपद मेळूंक नाशिल्ल्यान त्यो खुबळिल्ल्यो. कांय मंत्र्यांक मना जोगतीं खातीं मेळूंक नाशिल्ल्यान तेय चाळवल्ले आनी कामत सरकाराक फुडें बरोच तेंप हे तिडकीचो हुलोप बसतालो. पूण दिगंबर कामतीचें नशीब नेटार आशिल्लें. सरकार घडयले उपरांत फकत म्हयन्या- देड म्हयन्या भितर तांचें सरकार अल्पमतांत आयलां अशें म्हणून मनोहर पर्रीकारान राज्यपालां कडेन वचून सरकार स्थापन करपाचो दावो केलो. म.गो. आनी सेव्ह गोवाच्या दरेकी दोन आमदारांबराबर तांका युगोडेपा आनी अपक्ष आमदारान तेंको दिल्लो. तेवटेन व्हिक्टोरिया फेर्नांडीस हांणी आमदारकेचो राजीनामो दिल्ल्यान

कॉंग्रेसीच्या आमदारांची संख्या उणी जाली आनी अस्थिरताय वाडली मनोहर पर्रीकारान तेय परिस्थितींत वीस आमदार राज्यपालां मुखार उ केले आनी उपरांत राज्यपालांच्या आड आवाजूय काडलो. पूण केंद्रांत कॉंग्रेसीचेंच सरकार आशिल्लें आनी गोंयातूय तांचोच राज्यपाल. देखून कामत सरकार वाटावलें. म.गो. पक्षाचे ढवळीकार भाव आनी व्हिक्टोरिया फेर्नांडीस हांचे आड आपात्रताय याचिका दितकच तांचो मतदान करपाचो हक्क सभापतींनी काडून घेतलो म्हूण दिगंबर कामत सरकार वाटावलें. पूण ह्या धपक्या उपरांत मुखा वयलो स- सात म्हयन्यांचो काळ तांचे खातीर भोव कश्टांचो आशिल्लो. आमदार-मंत्र्यांक सांबाळप तांचे खातीर भोवच कुस्तार जाल्लें. तांतुतूच चर्चील आलेमावान परतून कॉंग्रेसींत वचून भौशीक बांदकाम खातें हातासलें आनी आपलो डाव साधलो. ढवळीकार भावांनी कॉंग्रेसीक तेंको दिलो करो, पूण तांचे व्हडलें मोल तांका चुकोवचें पडलें. तांचे आड दाखल केल्ले अपात्रताय याचिकेचेर निवाडो दिनासता तांका भंय दाखोवन सरकार थीर दवरपाची कळाशी कॉंग्रेसी कडेन आशिल्ली. सरकारान नव्या वर्सांत पावल दवरतकच दिगंबर कामती आड परतून एकदां बंड जालें. राष्ट्रवादी कॉंग्रेसीच्या तिनूय आमदारांनी सरकाराचो तेंको काडून घेतलो आनी पर्रीकाराचें सरकार परतून सत्तेचेर येवपाची शक्यताय निर्माण जाली. पूण दिगंबर कामतीचें नशीब हे फावटींय बरें आशिल्लें. पेडण्या जाल्ल्या एका भिराकूळ अपघातान तांका संद दिली आनी तांचें सरकार वाटावलें. विधानसभा अधिवेशन चलतालें आनी तेन्नाच पेडण्या एक अपघात जावन पांच- स जाण संसाराक अंतरले. सभाघरांतल्या मतदानाच्या निमतान सरकार अल्पमतांत आयलां म्हणपाचे दाखोवन सरकार उडोवपाचो विरोधकांचो बेत आशिल्लो आनी दिगंबर कामतीकूय ताची कल्पना आशिल्ली. पेडणेच्या अपघाताचें निमित्त करून सभाघराचें कामकाज एका दिसान फुडें धुकलपाचो प्रस्ताव सरकारा मदल्या एका आमदारान मांडलो आनी सभापती प्रतापसिंग राणेन खीणभर लेगीत कळाव लायनासतना तो मान्य करून सभाघराचें कामकाज एका दिसा खातीर फुडें धुकल्लें. दुसरो दीस उजवाडचे पयलीं परिस्थिती पुराय बदलिल्ली. दिगंबर कामतीक त्या अपघातानूच वाटायलो. आता चर्चील आलेमावाचो सेव्ह गोवा आनी युगोडेपाचो बाबूश मॉन्सेरातूय कॉंग्रेसींत

ायलो आनी मंत्री लेगीत जालो. मनोहर पर्रीकाराक ते उपरांतच्या ाळांत सरकार उडोवपाची संद मेळ्ळी ना पूण तांणी दिगंबर कामतीक ुखान न्हिदपाकूय दिवंक ना. दिगंबर कामत आनी कॉंग्रेस पक्षाचे ाजवटी आड राज्यांत वातावरण तयार करताना मनोहर पर्रीकारान ातीचे दीस करून साबार प्रस्नांची तड लाली. तेच बराबर आपल्याक रतून मुख्यमंत्री पदाच्या कदेलाचेर बसपाचें आशिल्ल्याची मोख दवरून ॅसीनो, बेकायदेशीर खणी, शिक्षणीक अनुदान, जमिनींचे बेकायदेशीर ुपांतर अशे कितलेशेच मुद्दे नेटान मुखार व्हरत सरकाराच्या तोंडाक फेस काडलो. ह्याच काळांत मनोहर पर्रीकारा मदलो झुजारी गोंयकारांच्या मुखार आयलो.

●●●

कसवटेचे दीस

दिगंबर कामत मुख्यमंत्री जाले खरे, पूण आयिल्लो दीस तांची सत्वपरिक्षा पळोवपी आशिल्लो. सुरवातीच्या दिसांनी जाल्ली एक घडणूक याद येता. मंत्रीमंडळ घडोवप आनी मंत्र्यांक खातीं वाटप करताना दिगंबर कामतीक आवा- शिवा जाल्लें. एक आडमेळें पयस जाता थंय आसा, दुसरें आडमेळें मुखार उपरासतालें. बाणावले मतदारसंघांतल्यान वेंचून आयिल्लें राष्ट्रवादी कॉग्रेसीचे आमदार मिकी पाशेको हांची उपद्रव दिवपाची तांक नदरे आड करपा सारखी नाशिल्ली. दिगंबर कामतीकडेन असलो उपद्रव बंद करपाक लागता ती धडाडीय नाशिल्ली आनी तशें कितेंय घडलेंच

जाल्यार ते खमकेपणान परिणामांक तोंड दितले म्हणपाची अपेक्षाय कोणें दवरूंक नाशिल्ली. मुख्यमंत्री जाले उपरांत दिगंबर कामत आनि मिकी पाशेको हांचे मदीं जाल्ल्या वादाचो खर धपको आमकां आनी आमच्या गोवा न्यूजलायन चॅनेलाकूय बशिल्लो. मिकी पाशेको मागतालो तें पर्यटन खातें ताका दिल्लें तरीं ताचें समाधान जावंक नाशिल्लें. मंत्रीमंडळांत आपलो आसपाव जावचो म्हूण सगळ्याच ज्येश्ठ आमदारांचो आग्रो आशिल्लो आनी सगळ्यांचेंच समाधान करप दिगंबर कामतीकूय शक्य नाशिल्लें. माविन गुदिन्हो सारखील्या ज्येश्ठ आमदाराक सरकारा भायर दवरपा बगर तांचे कडेन पर्याय नाशिल्लो. माविनाक भायर दवरलो जाल्यार ताचे वायट परिणाम जावं येतात, म्हणपाचें दिगंबर कामतीक खबर आशिल्लें. पर्यटन उदरगत म्हामंडळाचें अध्यक्षपद माविनाक दिवचें आनी तांकां कांय दिसां खातीर तरीं शांत बसोवचें, अशें दिगंबरान चिंतिल्लें. पूण पर्यटनमंत्री मिकी पाशेकोक हो प्रस्ताव मान्य पडलो ना. आपल्या खात्या सकयल आशिल्लें म्हामंडळ कोणाक दिवचें हें थारावपाचो अधिकारूय आपलोच अशें ताचें म्हणणें. ताणें तशें ताणशेवन मुख्यमंत्र्यांक सांगलें आनी तणाव वाडलो. राष्ट्रवादी कॉंग्रेसीच्या गोंय फांट्याचे अध्यक्ष डॉ. विल्फ्रेड डिसोझा हांच्या मनांत पर्यटन म्हामंडळाचें अध्यक्षपद आपली एक समर्थक आनी आदली आमदार फातीमा डिसा हिका दिवपाचें आशिल्लें आनी मिकीच्या खांद्यार आर्म दवरून तांणी दिगंबर कामतीचेर फार मारिल्लो. ह्या वादावादीं मजगतीं तें प्रकरण घडलें. दिगंबर कामत मनरिझवण सोसायटीचे एके म्हत्वाचे बसकेक गेल्ले. बसका चलता आसतनाच तांका राष्ट्रवादी कॉंग्रेसीचे एक फुडारी प्रफुल्ल पटेल हांचो फोन आयलो. तो फोन घेवचे खातीर उठून ते सभाघरा भायर आयले आनी थंयच आशिल्ले एके माळये कडेन उबे रावन उलोवपाक लागले. आमचो कॅमेरामन समीर नार्वेकार थंयच आशिल्लो. दिगंबर कामतीन ताका पळोवंक नाशिल्लें आनी आपल्या सदांच्या आवाजांत ते पटेलां कडेन उलोवंक लागले. मिका पाशेको हांचे आड ते कागाळ करताले. मिकीन पर्यटन उदरगत म्हामंडळाच्या अध्यक्षपदाचें निमित्त करून आपल्याक कसो आडावन धरला तें सांगून पटेलान मिकी कडेन उलोवन

ताका शांत करचो आनी आपल्याक थाकाय दिवची अशी दिगंबर कामतीची अपेक्षा आशिल्ली. आपणे मिकी आड केल्ली कागाळ गोवा न्यूजलायनच्या कॅमेऱ्यान ज्युस्त रिकॉर्ड केल्ल्याची कल्पनाय दिगंबर कामत हांका नाशिल्ली. समीर नार्वेकारान हें रिकॉर्डींग जेन्ना आमचे मुखार दवरलें तेन्ना एक खबर म्हूण ताचें मोल आमच्या लक्षांत आयलें आनी मात्तूय अनमन नासतना आमी तें न्यूजलायनी वयल्यान वितरायलें. ताचो जावपाचो ते परिणाम जालो आनी मिकी पाशेकोचीं धुमशेणां वाडलीं. दिगंबर कामतीकूय ताणें सोंडूंक ना. आपले आड प्रफुल्ल पटेला कडेन केल्ले कागाळेचें बरेंच भांडवल ताणें केलें. विरोधकांची गत तर हरवें सोदतल्याक भाजिल्लें मेळिल्ले वरी जाल्ली. दिगंबर कामत आमचेर खुपूच खुबळिल्ले. मिकी पाशेकोन आपले आड केल्ले कागाळेची सीडीच दिल्लीक धाडून दिली. मुख्यमंत्रीपदार बसून दिगंबराक चड दीस जावंक नाशिल्ले. सुरवातीकूच लजेक म्हारग जावपाची पाळी तांचेर आयिल्ली. आमी रावतालीं तो सांत इनेजच्या सरकारी वसणुकेंतलो क्वार्टर सोडपाची नोटीस आमकां मेळ्ळी आनी दिगंबर कामतीन आमी वितरायिल्ली खबर बरीच मनाक लावन घेतल्या म्हणपाची जाणविकाय जाली. मनोहर पर्रीकाराचे आमचे कडेन बरे संबंध आसात म्हणपाचें दिगंबर कामतीक खबर आशिल्लें आनी ताकाच लागून आपले बदनामीचें कारस्थान रचलां असो दुबाव तांका आयिल्लो. ती नोटीस धाडपा फाटल्यान आमचो सूड घेवपाचोच सरकाराचो हेतू आशिल्लो. थळाव्या दिसाळ्यांनीय ताची दखल घेतली. आतां जाता तसलें तें स्टिंग ऑपरेशन नाशिल्लें. भौशीक थळाचेर आसतना दिगंबर कामतीचें उलोवप रिकॉर्ड जाल्लें आनी तातूंत 'बातमी' आशिल्ली म्हणपाची कल्पना हांवें दिगंबर कामतीची भेट 'महालक्ष्मी'चेर घेवन दिली. पूण तांचें समाधान जावंक नाशिल्लें. मजगतीं मनोहर पर्रीकारा मेरेन ही खबर पावली. प्रशासनांतल्या साबार मनशां कडेन पर्रीकाराचे घट संबंध आसताले. ह्या इश्टां मदल्या कोणें तरीं तांच्या कानार ही खबर घाली आसूंक जाय. आयरीश रॉड्रिग्साच्या कानारूय ती पावली. म्हाका मेळून तांणीय धीर दिलो. मनोहर पर्रीकारान तर म्हाका आपले गाडयेंत बसयलो आनी महालक्ष्मी ट्रस्टचो रिकामो आशिल्लो जागो

दाखयलो. सरकारी क्वार्टर्स सोडपाची वेळ आयलीच जाल्यार महालक्ष्मी ट्रस्टाचे जाग्यांत वचून आमी काम चालू दवरचें अशें सांगून तांणी आनीक एक फावटीं आमचे खातीर आदाराचो हात मुखार केल्लो. मनोहर पर्रीकारा मदल्या मनीसपणाचें म्हाका परतून एक फावटीं दर्शन जाल्लें. ही खबर मुखार खूप दीस चर्चेंत उरली तरीं मागीर तें प्रकरण मिटलें आनी सरकारी क्वार्टर सोडपाची वेळ आमचेर तेन्ना तरी आयली ना. प्रकरण मिटलें. पूण राजकी फुडाऱ्यांचे शेपडेर पांय दवरीत जाल्यार कितें परिणाम जावं येतात, हाचो कोडू अणभव आमी घेतलो. भौशीक जाग्यार अघळपघळ उलोवपाचें नासता म्हणपाचें दिगंबर कामतीकूय होलमलें. ते घडणुके उपरांतूय मिकी पाशेकोय आपले मागणेचेर अडून रावले आनी पर्यटन उदरगत म्हामंडळाचें अध्यक्षपद दिगंबर कामतीक फातीमा डिसाकूच दिवचें पडलें. दिगंबर कामतीचो मात आमचेर ते उपरांतूय राग आसतालो. गोंयच्या धरणांचेर एक डॉक्युमेंटरी करपाचो आमचो प्रस्ताव आमचे मनोहर पर्रीकारा कडले इश्टागतीक लागुनूच दिगंबर कामतीन कसो आडावन धरिल्लो हेविंशी एका मंत्र्यानूच म्हाका उपरांत सांगिल्लें. मुख्यमंत्री दिगंबर कामतीच्या फुडारपणा खाली घडयिल्लें सरकार भितरल्या धुसफुशीक लागून पयल्याच देड-एक वर्सांत उण्याच तीन फावटीं कोसळपाची शक्यताय उपराशिल्ली. पूण नशीब तांचे वटेन आशिल्लें. दिगंबर कामतीची देवाचेर खूप श्रद्धा. अस्थीरतायेच्या काळखांत धडपडत आसुनूय दिगंबर कामतीन २०१२ मेरेन तड मारलीच. मनोहर पर्रीकारा खातीर मात हो कसवटेचो काळ आशिल्लो. 'हांव परतून येतलों' हीं उतरां आयज आमचे संवकळीचीं जाल्यांत, पूण २००७ वर्सा मुख्यमंत्री जावपाची संद चुकिल्ली तेन्नाच मनोहर पर्रीकारान आपूण परतून गोंयचो मुख्यमंत्री जावन दाखयतलोंच म्हणपाचो वज्रनिर्धार केल्लो आनी ते खातीर ते कामाकूय लागिल्ले.

गोंयच्या मुळाव्या सुविधांचो विकास ही पर्रीकारा मुखा वयली पयली मोख आशिल्ली. आपल्या राज्यांत सगळ्यांत रस्त्यांचें जाळें विणपाचें सपन तांणी पळयिल्लें. तांकां फेरीबोटी कावलांत काडून पूल बांदपाचे आशिल्ले. जाय त्यो साधन सुविधा उबारपाची मोख तांणी दवरिल्ली. गोयांत जाल्ल्या पयल्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या निमतान

तर तांणी पणजेचें मुखामळूच बदलून उडयलें. जंय पुलांची गरज आशिल्ली थंय मुखार सरून तांणी पूल उबारले. कोलवाळचो पूल, आमोणें- खांडोळें जोडपी पूल आनी लोकांनी जाची वर्सांन वर्सां वाट पळयली तो खोर्जुवेंचो पूल, हांका तांणी मुख्यमंत्री जायना फुडें चालना दिली. फकत आपल्या मतदारसंघा पुरतें पळोवपाची मोटवी नदर तांचे कडेन नाशिल्ली तर आपल्या मतदारसंघांतलीं कामां थांबोवन ते हेर कडेन कामां करपाक लागले. ताकाच लागून सांत इनेज खाडयेचे नितळसाणी सारखे तांच्या मनांतले प्रकल्प आकाराक येवंक शकले नात. विधानसभेंत उलयतना विरोधक तांका फेरीबोटी दियात म्हूण सांगताले आनी ते पूल उबारपाचें उतर दिताले. अशा तरेच्या उदरगतीक लागून मतां मेळटात व्हय, अशें एकदां हांवें तांकां विचारलें तेन्ना तांणी 'हय' अशी जाप दिल्ली. पूण ताचेय विपरीत जावं येता म्हणपाचो अणभव उपरांत तांका आयलो. उदरगतीच्या कामांक लागून मतां मेळनात म्हणपाचें तांकाय कळ्ळें. मतदारांची मागणी केन्नाच सोंपना. पाळयेचे आमदार डॉ. सुरेश आमोणकार आनी प्रियोळचे आमदार विस्वास सतरकार हांका भेट म्हूण पर्रीकारान आमोणें- खांडोळेंचो पूल उबारलो. या पुलाचो लाव दोनूय मतदारसंघांतले लोक आयजूय घेतात. लोकांची कितल्याश्याच वर्सांची मागणी पर्रीकारान पुराय केल्ली. दिवचल- साखळेच्यान पणजे, फोंड्यां वा मडगांवचे दिशेन वचपी लोकांक या पुलाचो बरोच लाव जालो. दोनूय मतदारसंघांत भाजपाचे आमदार आशिल्ले आनी पुला खातीर तांणीय पालव दिल्लो. पूण जेन्ना वेंचणूक जाली तेन्ना दोगांय आमदारांक लोकांनी न्हयकारलें. खूप काळ भिजत पडिल्लें पुलाचें काम पुराय केलें म्हूण खरें म्हणजे दोनूय आमदारांच्या फाटल्यान लोकांनी रावपाक जाय आशिल्लें. पूण तशें जालेंच ना. मतदारांक विकासाचें व्हडलेंशें पडिल्लें नासता, हेंच तेवरवीं सिद्ध जालें. फकत उदरगत केली म्हूण मतां मेळनात, हें पर्रीकाराक कळपाक बरोच कळाव लागिल्लो. साबार समाजीक येवजण्यो चालीक लावन पर्रीकार घराघरांत पाविल्ले. सामाजीक सुरक्षा येवजण, गृहआधार येवजण, लाडली लक्ष्मी येवजण, दुबळ्या घटकां खातीर हाडिल्ल्यो हेर येवजण्यो जाहीर करतना पर्रीकाराच्या नदरे सामकार गोंयचो गरीब, सामान्य मनीसूच आशिल्लो. पूण २००७चे वेंचणुकेंत तांच्या पक्षाक गोंयकारांनी

हयकारिल्लो. पयले फावट मुख्यमंत्री जाल्ले तेन्ना तांणी २०२१ वर्सा ोंय कशें आसपाक जाय म्हणपाची मोख दवरून 'व्हिजन गोवा २०२१' ो अहवाल तयार करून घेतिल्लो. ते खातीर गोंयचे पूत आनी 'मास्टेक' ांस्थेचे संस्थापक तशेंच आदले अध्यक्ष आशांक देसाय हांणी फुडारपण तिल्लें. मुंबय आयआयटींचे विद्यार्थी आसले तरी आशांक देसाय नोहर पर्रीकाराक बरेच सिनियर. आयआयटींत आसतना दोगांयची ाठभेट जावंक नाशिल्ली. सादारण २००२ वर्सा पर्रीकार मुख्यमंत्री जाले ्परांत मुंबय जाल्ले एके कार्यावळींत आमी मेळ्ळे, अशी याद आशांक ाडटा. हो आशांक णववे सावन अकरावे मेरेन म्हज्याच वर्गांत शेकतालो. फाटलीं पंचावन्न वर्सां आमची इश्टागत तिगून उरल्या. आमी पोरणे इश्ट अदीमदीं मुंबय मेळटात तेन्ना फाटल्यो यादी काडून ाबार विशयांचेर भासाभास करतांत. आशांकाचो मनोहर पर्रीकारा कडेन १५-१६ वर्सांचो लागींचो संबंद आयलो आनी दोगूय आयआयटीयन्स मेळटाले तेन्ना गोंयांक कशें मुखार व्हरूंक येता हाचेरूच चडशी भासाभास जाताली, अशें आशांक सांगता. पर्रीकारा विशीं उलयतना आशांकाक थकिल्लो हांवें पळोवंक ना. गोंयांक एके वेगळेच तेंगशेर व्हरून दवरपाचें पर्रीकाराचें सपन आशिल्लें आनी सदां तेच घुवळींत ते आसताले, अशेंय आशांक सांगता. आशांकान आपलो 'व्हिजन गोवा २०२१' चो अहवाल पर्रीकाराक भेटयलो तेन्ना हांवूय थंय आशिल्लों. गोवा न्युजलायन खातीर हांवें तेन्ना आशांकाची मुलाखतूय घेतिल्ली आनी गोंयां विशींचीं ताचीं मतांय जाणून घेतिल्लीं. व्हिजन गोवा २०२१ मजगतीं केल्ल्यो सुचोवण्यो, येवजण्यो आनी प्रस्ताव उपरांच्या काळांतली राजकी अस्थिरताय आनी सत्तांतरांक लागून कुलपांतूच उरले. गोंयच्या संदर्भांत आपले कडेन एक येवजण आसा अशें फोना वयल्यान सांगतकच मनोहर पर्रीकार मुंबयत कशे आयले आनी विमानतळा लागीं आशिल्ल्या एका हॉटेलांत बरोच वेळ चर्चा करून जातकच परत गोंयांत कशे गेल्ले हे विशींची यादूय आशांक मेळिल्ले फावटीं सांगता. 'व्हिजन गोवा २०३५' विशींच्योय यादी तो सांगता. आशांकान ह्या अहवालांत 'उद्वेग' ह्या विशयाचेर टिपण बरयलां. पर्रीकार विरोधांत आशिल्ले तेन्नाय म्हणजे २०११च्या सुमाराक आमची भेट जाल्ली आनी व्हिजन गोवाचेर चर्चाय जाल्ली म्हणपाची याद तो

काडटा. 'व्हिजन गोवा २०३५' अहवाल तयार जाय मेरेन आपूण परतू मुख्यमंत्री जातलो असो विश्वास पर्रीकाराक आशिल्लो आनी जालें तशेंच. माहिती तंत्रगिज्ञान मळावयले गिज्ञान-उद्देग, फार्मा, भलायकी पर्यटन, पर्यावरणाक सांबाळून केल्लो खण उद्देग, प्रदुशण करी नाशिल्ल उद्देग हांचे बराबर शिक्षणाच्या मळार गोंयांत कितें करप शक्य आस अशे तरेच्या साबार शिफारशी आशांकान केल्ल्यो. 'निड्स, थिंक अँ क्रिएट' अशीच ताचे फाटली संकल्पना आशिल्ली. मनोहर पर्रीकार आमचे दोगांयचेय इश्ट आशिल्ल्यान आमचे मजगतीं चलिल्ली चर्च सदांच पर्रीकारा भोंवतणी घुंवताली. पर्रीकाराच्या मरणा उपरांतूय आम्ही मेळ्ळे तेन्ना अशीच भासाभास सभावीकपणान जाली. पर्रीकाराच्या आंगांत आशिल्ले साबार गूण तांचे मदल्या दोशांक तकली वर काडूंक दिनात हाचेर आमचें दोगांयचें एकमत जाल्ले. पर्रीकाराच्या सद्गुणांची वळेरी बरीच व्हड आशिल्ली. सादेपणा पसून पुराय वेवसायीक नदर दवरून पिशा वरी काम करपा मेरेनच्या तांच्या गुणांचे आशांकाक अप्रूप दिसतालें. तांचें स्मार्ट व्यक्तीमत्व, भ्रश्टाचारा विशींची तिडक ह्या गुणांचीय तुस्त आशांक करतालो. आपणें एकदां मुंबय आयआयटियन्सांक एकठांय हाडपा खातीर परिशद घडोवन हाडली आनी तिचें निमंत्रण पर्रीकाराक दितकच ते मुजरत हाजीर राविल्ल्याची यादूय आशांक काडटा. हे परिशदे विशींची आशांकान सांगिल्ली एक खबर हांगा मुजरत सांगपाक जाय. हे परिशदे खातीर आपलो एक आयआयटीयन इश्ट खास अमेरिकेंतल्यान आयिल्लो. आपूण, पर्रीकार आनी तो इश्ट एकठांय बसून चर्चा करताले इतल्यान त्या ज्योतीष जाणा आशिल्ल्या इश्टान पर्रीकाराचो हात पळयलो आनी तुका परजळीत फुडार आसा, देशाचो प्रधानमंत्री लेगीत तूं जावंक शकता म्हणपाचें ताका सांगलें. पूण नशिबान पर्रीकाराक चड पिराय दिलीच ना. पर्रीकार दुयेंत पडचे पंदर दिसां पयलीं तांचे कडेन आपणें साबार विशयांचेर मुंबय चर्चा केल्ली अशीय याद आशांक सांगता.

●●●

...भांगराळे दीस

दिगंबर कामत हांच्या फुडारपणा खाली घडयिल्लें कॉंग्रेसीचें सरकार पांच वर्सां तिगलें खरें, पूण तांका विरोधी पक्षान न्हय तर एकट्या मनोहर पर्रीकारान एक्कूय दीस सुखान सुस्कार घेवपाक आनी मुख्यमंत्रीपद भोगपाक दिवंक नाशिल्लें. २०१२ ची वेंचणूक दोळ्या मुखार दवरून नियोजन करतना पर्रीकार लोकां मदीं वचून सरकाराचीं कुतां काडलीं आनी लोक आपल्या फाटल्यान येतले म्हणपाची जतनाय घेतली. २००७ वर्सा जाल्ले वेंचणुकेंतल्या पराभवांतल्यान पर्रीकार बरेंच शिकिल्ले, तांच्या दिश्टीकोनातून फरक पडिल्लो. लोकां कडेन पळोवपाची तांची नदर बदलली. आपल्या वाडदिसाक लोंका पसून

थारावन पयस रावपी ह्या मनशाक तो 'अप्रोच' बदलचो अशें दिसपाक लागलें आनी तांणी तशें केलेंय बी. वाडदिसा ते लोकांक मेळपाक लागले. भाजपाचे गाबो समितींत संजीव देसाय, लक्ष्मीकांत पार्सेकार हांचे सयत जे हेर वांगडी आशिल्ले, तांकांय हो बदल जावपाक जाय, अशें दिसतालें. भाजपाक स्वताच्या नाड्यार सत्तेचेर हाडपाची मोख दवरून पर्रीकारान सुरवातीक पसुनूच वेंचणुके मेरेन पक्षाक व्हरपाचे दिशेचें नियोजन केल्ल्याची गवाय मेळटाली. विरोधी पक्षाचो फुडारी म्हूण तांणी सभाघरांत आनी सभाघरा भायर केल्ल्या कामाक तर तोडूच नाशिल्ली. मुखार आयिल्ले प्रत्येक संदीचो लाव घेत सरकाराक अडचणींत हाडपाची एक लेगीत संद तांणी सोडूंक नाशिल्ली. लक्ष्मीकांत पार्सेकार, दामू नायक, विजय पै खोत, महादेव नायक अशे चार पांच आमदार सोडल्यार सभाघरांत तांका आक्रमक आमदारांचें फाटबळ मेळनाशिल्लें. तेन्ना मिलिंद नायक, दयानंद सोपटे, दयानंद मांद्रेकार, दिलीप परुळेकार, राजेश पाटणेकार, रमेश तवडकार हांकाय तांणी आक्रमक जावपाची दिक्षा दिली. आयज आमचे कडेन जी फिशालकाय आयल्या ती पर्रीकाराक लागुनूच, अशें नमळायेन तांचे मदले कांय आमदार आयज लेगीत सांगतात. बेकायदा खणी, कॅसिनो, इंग्लीश शाळां खातीरचें अनुदान अशा साबार विशयांचे खावडेची तजवीज केल्ल्यान पर्रीकाराचें बळगें दिसान दीस वाडत गेलें. एक वेगळोच पर्रीकार ह्या काळांत लोकां मुखार आयलो. हेच मनोहर पर्रीकाराचे भांगराळे दीस आशिल्ले, अशें म्हाका दिसता. सरकाराक मुळा सावन हालोवचे खातीर पर्रीकारान ह्या काळांत कितें केलें असो प्रस्न विचारतल्याक तांणी कितेंच करपाचें बाकी दवरूंक नाशिल्लें, अशी जाप हांव दिन. विरोधी पक्ष प्रबळ आसलो तरींय ताका सरकार पक्षा आड सदांच वातावरण खुबळायिल्ले अवस्थेंत दवरपाक शक्य जायना. पूण पर्रीकारान दीस- रात एक करून वावुरप्यांच्या नेटार तेंय करून दाखयलें. फुडारी कसो आसचो हाचे धडेच पर्रीकारान त्या दिसांनी दिल्ले. पर्रीकारान एक उलो मारचो आनी गोंयच्या खाची कोनशांतल्यान लोकांनी धावून येवचें, अशें दिसपट्टें जावंक लागलें. पर्रीकाराच्या उतराचेर, तांच्या करणेचेर आनी तांच्या निर्णयाचेर वावुरपी दोळे धापून विश्वास दवरताले. सदांकाळ गोंयांत आंदोलनां जावंक लागिल्लीं.

वेरोधी पक्षांत आसतना मनोहर पर्रीकाराचें कर्तृत्व अदीक तेजिश्ट जाल्लें दिसतालें. दिगंबर कामत सरकारा आड वावुरतना तर तें तेज नामकें दोळ्यांत भरतालें. पर्रीकाराक ह्या काळांत तांच्याच यत्नांनी सुरू जाल्ल्या 'गोवादूत' ह्या दिसाळ्या कडल्यान बरेंच फाटबळ मेळ्ळें. २००५ वर्सा पांच मतदारसंघांत जाल्ले पोटवेंचणुके वेळार गोंयांत प्रचारा खातीर आयिल्ले भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी लालकृष्ण अडवाणी हांचे हस्तुकीं ह्या दिसाळ्याचें प्रकाशन जाल्लें. ते विशींची खबर आमी 'गोवा न्यूजलायन' वयल्यान तेन्ना दिल्ली. आमचे वांगडी पत्रकार ज्योती धोंड, सागर अग्नी आनी राजेंद्र देसाय हांचीय मनोहर पर्रीकारा कडेन बरी इश्टागत जाल्ली आनी तांतुतल्यानूच एक बरें मराठी दिसाळें कित्याक सुरू करचें न्हय, असो विचार मुखार आयलो. पर्रीकाराकूय ही कल्पना मानवली आनी तांच्याच आशिर्वादान तिगूय पत्रकारांनी कश्टाचें दोंगर उपशीत 'गोवादूत' जल्माक घालें. दिसाळ्याचें पालकत्व पर्रीकारा कडेनूच आशिल्लें. सरकारान ह्या दिसाळ्या कडेन भाजपाचें मुखपत्र म्हणुनूच पळयलें. पूण सत वेगळेंच आशिल्लें. आमच्या 'गोव न्यूजलायन' चॅनेलाक 'पर्रीकार न्यूजलायन' म्हूण पाचारपी लोकांक 'गोवादूत' हो पर्रीकाराचोच पेपर अशें दिसतालें. दिसाळ्याचें पालकत्व पर्रीकारा कडेनूच आशिल्ल्यान भितरल्या खबरांनी पर्रीकाराचें दालें जड आसप सभाविकूच आशिल्लें. दिसाळें तेच खातीर तर जल्माक घाल्लें. पूण पर्रीकाराच्या विरोधकांनी तोच न्याय 'गोवादूत' दिसाळ्याक लायलो. 'गोवादूत' हें भाजपाचें मुखपत्र आशिल्लें काय, असो प्रस्न विचारतल्यांक म्हजे कडल्यान तरीं 'ना!' अशीच जाप मेळटली. तें जर विरोधकांक दिसता तशें भाजपाचें मुखपत्र आशिल्लें जाल्यार ताचेर आपल्या अस्तित्वा खातीर झगडपाची वेळ येवची नाशिल्ली. 'गोवादूत'मनोहर पर्रीकारा भोंवतणीच घुसपून राविल्ल्याचो समज भाजपानूय करून घेतला आसूं येता; ना जाल्यार त्या दिसाळ्याक भाजप कॅडरीचो आदार मेळप कुस्तार नाशिल्लें. २००७ वर्सा उपरांत उणींच पांच वर्सा 'गोवादूत' पर्रीकाराच्या फाटल्यान पांय रोमून उबो रावलें आनी ताचो आवाज जालें. आमचो 'गोवा न्यूजलायन' तर पयलीं सावनूय पर्रीकाराच्या यत्नांक फाटबळ दीत आयिल्लो. कॉंग्रेस सरकारान ताकाच लागून आमची गची धरिल्ली. भाजपाच्या बरें मागतल्यां कडल्यान मेळपी जायरातींच्या बळार आमचो

व्याप मुखार वतालो. मजगतीं आनीकूय चॅनेल सुरू जाल्ले आनी ते आपापल्या धोरणा उदेशीं सरकार वा विरोधी पक्षांच्या अर्दान रावताले. ह्या काळांत मनोहर पर्रीकारान कॅसिनो धरून शिक्षण माध्यमा मेरेनच्या साबार प्रस्नांचेर पक्षाच्या वावुरप्यांक रस्त्यार हाडून सरकार पक्षाची घुसमट वाडत रावतली म्हणपाची खबरदारी घेतिल्ली. दिगंबर कामतीचो राग तांका ओगी बसूंक दिनाशिल्लो हेंच ह्या काळांत दिसलें. पक्षाक स्वताच्या बळार सत्तेर हाडपाचेंच असो सोपुतूच तांणी घेतिल्लो जावंये. हाताक आयते मेळिल्ले मुद्दे तांणी वेवस्थीत नियोजना वरवीं वेंचणुके पयलीं तापयले आनी ताचो हुलोप सरकाराक बसपाक लागलो. कॅसिनो आसूं वा शिक्षण माध्यमाचो प्रस्न, पर्रीकार जें सांगताले ते लोकांकूय पट्टालें. खणींचेंय तशेंच जालें. विरोधी पक्ष फुडारी आशिल्ल्यान पर्रीकाराकडेन सार्वजनिक लेखा समितीचें अध्यक्षपद आयिल्लें. ह्या पदाचो वापर करून तांणी राज्यांतल्या खण वाठारांत चलिल्ल्या धुमशेणांचो पंचनामो केलो आनी ताका लागून फुडाराक बरेंच रामायण जालें. खासा पर्रीकाराकूय ताचो हुलोप बसलो. सरकारा आड जितले म्हूण संस्था वा माहिती हक्क वावुरपी काम करताले तांचे संबंध विरोधी पक्ष फुडारी आशिल्ल्या मनोहर पर्रीकारा कडेन आशिल्लें. तांतूंत क्लॉड आल्वारीस, रमेश गांवस, सुदीप ताम्हणकार हांचोय आसपाव जातालो. क्लॉड आल्वारीसाचें गोवा फाउंडेशन तर खण वेवसायांतल्या अनिश्ट करण्यांच्या पाळांमुळां मेरेन पाविल्लें. रमेश गांवस हो हाडाचो समाज वावुरपी ह्या विशयांचो अभ्यासक आशिल्लो. बेकायदा खणींच्या वेवसायाक कायद्याचें बंधन आसचें आनी ते खातीरचो संघर्श जैतवंत जावचो म्हूण ताणें मनोहर पर्रीकाराच्या फुडारपणा खाला आशिल्ल्या सार्वजनिक लेखा समितीक सगळे तरेचो आदार दिल्ल्यानूच पर्रीकार बऱ्योच गजाली उजवाडांत हाडूंक शकले. त्याच बळाचेर तांणी सरकारा आड खर प्रचार करून लोकां मजगतीं दुबाव निर्माण केलो. खणींचे बाबतींत तांणी जें केलें तेंच कॅसिनोंच्या विशयाचेरूय केलें आनी सरकारा विशीं लोकांची मनां विट्टलीं म्हणपाची खात्री करून दवरली. कॅसिनोंक लागून गोंयांत वायट प्रवृत्ती घुसतली आनी गोंयचे तरणाटे व्हांवत वतले अशें सांगून तांणी सरकारा आड गोंयभर तिडकीचें ल्हार हुबयलें. मनोहर पर्रीकार हांच्या ह्या रुपाक ते गोंयभर गेले तेन्ना हुनहुनीत येवकार

ेळ्ळो. कॅसिनोंक गोंयां भायरे करात ही तेन्ना लोकांची मागणी जाल्ली आनी कॅसिनोंची संस्कृताय गोंयांत हाडपी कॉंग्रेसीच्या आड गोंयकारांक पेटोवन घालतना पर्रीकारान कसलीच कसर सोडूंक नाशिल्ली. आतां पर्रीकार पुराय गोंयकारांचे फुडारी जाल्ले आनी तांच्या पक्षाचो लोक-आदार वाडूंक लागलो. सत्तेचेर आसताना तांणी केल्लीं कामां, हाडिल्ल्यो येवजण्यांच्यो यादी लोक काडूंक लागले. बेकायदा खणी वरवीं चलिल्लो भ्रश्टाचार आनी कॅसिनोंक लागून लोक खुबळिल्लो आसतनाच दिगंबर कामत सरकारान इंग्लीश माध्यमांतल्या शाळांक सरकारी अनुदान दिवपाच्या निर्णय घेत उज्यांत तेल ओतलें. २०११ वर्सा दिगंबर कामत सरकारान चर्चसंस्थे वरवीं चलतल्या विद्यालयांक सरकारी अनुदान दिवपाचो जो निर्णय घेतिल्लो तो मांयभाशेच्या हिता आड येतलो अशें म्हणत मायभाशेचे समर्थक रस्त्यार आयले. १९९० वर्सा तेन्नाच्यो शिक्षणमंमत्री शशीकला काकोडकार हांणी फकत मराठी आनी कोंकणी भाशेंतल्यान चलपी मुळाव्या शाळांकूच अनुदान दिवपाचो निर्णय घेतिल्लो. ताचे आड वचपी निर्णय घेवन कॉंग्रेस सरकार मेकळें जाल्लें. हो नवो निर्णय आमी कशेच मानून घेवचे नात अशें सांगत भाजपान राज्यांत आंदोलनाचें होमकण पेटयलें. दिगंबर कामत सरकारांत आशिल्ल्या कांय ख्रिश्चन मंत्री- आमदारांनी चर्च संस्थेच्या चेंपणाक लागून सरकारात तसो निर्णय घेवपाक लायिल्लो. वीस वर्सां आदीं सरकारान घेतिल्ल्या निर्णयाक लागून चर्च संस्थेन आपल्या साबार मुळाव्या शाळांतलें माध्यम बदलून मायभास कोंकणींतल्यान शिकोवपाक सुरवात केल्ली. गोंयभर ह्या निर्णयाक येवकार मेळिल्लो आसतनाय दिगंबर कामत सरकारान तो घुंवडायलो आनी थंयच सरकाराचेंय नशीब घुंवले. विधानसभेच्यो वेंचणुको जाय मेरेन मनोहर पर्रीकारान विद्यार्थी आनी पालकांक घेवन हो विशय तापिल्लो उरतलो आनी लोक खुबळिल्ले उरतले म्हणपाची जतनाय घेतिल्ली. बेकायदा खणीं, कॅसिनो, शिक्षण माध्यम आनी प्रशासना मजगतीं फापशिल्लो भ्रश्टाचार हे विशय घेवन मनोहर पर्रीकार आनी तांचो भारतीय जनता पक्ष विधानसभा वेंचणुकेचो प्रचार करपाक भौसां मजगतीं गेले तेन्ना राज्यांतले वारें तांचेच वटेन घुंवपाक लागिल्लें. सात वर्सां जाल्लीं तरीय आपलो विश्वासघात करपी दिगंबर कामतीक तांणी माफ करूंक

नाशिल्लें. दिगंबर कामतीक बुद्द शिकयतलोंच म्हूण ते वावुरताले. भाजपान तशे खुप लोक आयले आनी उपरांत भायरूय सरले; मनोहर पर्रीकाराक तांचें व्हडलेंशें पडलां, अशें केन्नाच दिसूंक ना. पूण दिगंबर कामतीन जे रितीन घात माल्ला तिका आपूण केन्नाच भोगसूंचो ना, अशेंच ते आमकां सांगताले. ती वेदना तांच्या काळजांत सदांच जिवी आशिल्ली आनी तिकाच लागून सात वर्सां तांणी आपली मोख थारावन काम केल्लें. ह्या पांच वर्सांत पर्रीकारान दिगंबर सरकाराच्यो भोयो भोयो केल्या. उरिल्लें काम विधानसभा वेंचणुके वरवीं करून उडोवपाक ते आतां सज्ज जाल्ले.

●●●

ाबुशा कडेन फिक्सींग?

पणजे मतदारसंघांतल्या पांचवे फावटीं मतदारां मुखार वतना मनोहर पर्रीकाराक आपल्या जैताविशीं मात्तूय दुबाव नाशिल्लो. वातावरण तांका पुरायेन अनुकुल आशिल्लें आनी मनासारखें सगळें जुळून आयिल्ल्यान ते निर्धास्त जावन प्रचाराक लागिल्ले. फकत पणजीच न्हय तर पणजे सयत उणेच एकवीस जागे जिखपाची मोख दवरून ते राज्यांत भोंवपाक लागिल्ले. विरोधी पक्षाचो फुडारी म्हूण ताणी पांच वर्सांत केल्लें काम लोकांच्या नदरेमुखार आशिल्ल्यान तांचेविशींचो मोग खुबूच वाडिल्लो आनी पणजी आपूण सहज जिखतलों म्हणपाचो आत्मविश्वास तांचे ठांय आयिल्लो. हे फावटीं कॉंग्रेसीन यतीन पारेख हांच्या

रुपान नवो उमेदवार पर्रीकारा आड मैदानांत देवयिल्लो. तेन्ना तर पर्रीकाराच्या जैताविशीं आशिल्लो-नाशिल्लो दुबावूय पैस जालो. यतीन पारेखाची तांक पणजेच्या एका प्रभागापुरतीच आशिल्ली. हेर प्रभागांत तांचे खातीर पांय रोवून कोण तरी काम करता अशें चित्रूच दिसनाशिल्लें. फाटल्या वेंचणुकांचे तुळेन ही वेंचणूक आपल्याक सामकी सोपी वतली अशें गणीत पर्रीकारान मांडिल्लें आनी आमच्या सारखिल्या इश्टां कडेन उलयतना ते या गणिताची खोलायेन फोडणीशी करून दाखयताले. यतीन पारेखाचे प्रतिमेची तुळा पर्रीकाराच्या प्रतिमेकडेन जावंकूच शकनाशिल्ली आनी ताच्या फाटल्यान तशींच कारणां आशिल्ली. कांय जाण तांचो संबंध अनधिकृतपणान मटक्या कडेन लायताले. देखुनूच पर्रीकाराक आड प्रबळ प्रतिस्पर्धीच ना, अशेंच चित्र तयार जाल्लें. वेंचणुके पयलीं पणजे मतदारसंघाची रचना बदलिल्ली आनी रायबंदर, भाटलें, मिरामार हो वाठार त्या मतदारसंघांत आयिल्लो देखून भाजपाचें काम आनिकूय सोपें जाल्लें. पर्रीकारान पयले फावटीं पणजेंतल्यान वेंचणूक लढयिल्ली तेन्ना त्या मतदारसंघात फकत बारा- तेरा हजार मतदार आशिल्ले. आतां तो आकडो वीस हजारांचेर पाविल्लो. पर्रीकाराचो प्रचार शिस्तींत चलतालो. पूण आता ते पयलीं वरी ४०-५० वावुरप्यांक सांगाताक घेवन भोवनाशिल्ले तर मेजकेच मुखेल वावुरपी तांच्या सांगातान आसताले. प्रचाराचो चडसो भार तांणी विश्वासान आपल्या वावुरप्यांकडे सोंपयिल्लो. हे फावटीं तांचे सदांचे वेंचणूक एजंट ॲड. संजय उसगांवकार हांचे कडेन सुत्रां नाशिल्लीं तर तांचो जागो सिद्धार्थ कुंकळकारान घेतिल्लो. राज्यांत सगळ्याक भाजपा खातीर अनुकुल अशें वातावरण तयार जाल्लें आनी आमच्या ह्या इश्टाचो पणजेंतलो जय सामको सोपो आशिल्ल्याचें दिसूंक लागिल्लें. पर्रीकारा खातीर पड्ड्या फाटल्यान रावन वावर करपी एसजीपी म्हळ्यार स्पेशल प्रोपोगांडा ग्रुपाचे साबार वांगडी आता उकतेपणी तांचो प्रचार करूंक लागिल्ले. तातूंत बाबू केणी, संतोष केंकरे आनी डॉ. श्याम भांडारी हांचे सारखिल्यांचो आसपाव आशिल्लो. चार फावटीं वेंचणूक लढयिल्ल्यान मनोहर पर्रीकाराक पणजेचे खाची- कोनशे वळखीचे जाल्ले आनी बऱ्याच मतदारां कडेन वैयक्तिक वळखूय जाल्ली. यतीन पारेखाक तर प्रचाराच्या काळांतूच आपल्या फुडाराचो अदमास आयिल्लो.

ल्पसंख्यांक मतदारांकूय तांचे विशीं आपलेंपण दिसनाशिल्लें. यतीन ारेखा कडेन मतदार नीज गोंयकार म्हूण पळय नाशिल्ले, हेंय कारण ासूं येता. पर्रीकाराच्या प्रचारांत हे फावटीं कितल्योश्योच बायलोय ंविल्ल्यो. तांचे मदीं वैदेही नायक, निना नायक, शुभदा धोंड, मिनाक्षी ावंदे, ज्योती मसुरकार अशी कितलीशींच नावां घेवं येतात. णजेकारांनी आपल्या भाईक आनीक एक फावटीं विधानसभेंत धाडपाचें थारायिल्लें आनी वेंचणुकेचो निकालूय तसोच लागलो. पणजे पर्रीकारान ातांशिल्लें जैत स हजार चडावत मतांचें आशिल्लें. कॉंग्रेसीची हांगा दैना जाल्ली. पांच हजार मतां मेळसर यतीन पारेखाच्यो भोयो भोयो जाल्ल्यो. दरेके वेंचणुकेंत मनोहर पर्रीकाराक मेळपीं मतां वाडत आशिल्लीं, पूण हे फावटीं वट्ट स हजार मतां चडावत घेत तांणी पणजेकारां कडेन आपलें जिवाभावाचें नातें जुळ्ळां म्हणपाचें दाखोवन दिलें. फाटले फावटीं पर्रीकारां आड वेंचणूक लडोवपी दिनार तारकारान हे फावटीं म.गो. पक्षाचो उमेदवार म्हूण सांताक्रुझ मतदारसंघांत नशीब पारखून पळयलें, पूण आतांय ताची निराशा जाली. म.गो. पक्षा कडेन युती केल्ल्यान दिनार तारकाराक सांताक्रुझांतल्यान युतीचो उमेदवार म्हूण उबो रावपाची संद कशी मेळ्ळी, हाचीय सुरबूस अशी काणी आसा.

पणजी मतदारसंघांत पर्रीकाराचो विरोधक म्हून वेंचणूक लढोवपी दिनार तारकार उपरांतच्या काळांत भाजपाक बरेच लागीं आयिल्ले. महानगर पालिका वेंचणुकेंत आनी मुखार 'फोग' (FOGG) च्या निमतान तांणी म्हत्वाचो पालव दिल्लो. आपल्याक भाजपाची सांताक्रुझांतली उमेदवारी मेळची म्हूण तांचे यत्न चलताले. तारकार आनी पर्रीकाराचेय इश्ट आशिल्ल्या कांय मनशांच्या फुडाकारान तांचे मजगतीं तीन- चार फावटीं उलोवणींय जाल्लीं. दिनार तारकार पयलीं सांताक्रुझाक रावताले, देखून आपल्याक थंय सावन लोकांचीं मतां मेळटलीं असो अदमास बांदून तांणी पर्रीकारा कडेन उमेदवारीचो प्रस्ताव दवरिल्लो. पर्रीकाराच्या मनांत कितें चलता ताची सुलूस मात तारकाराक निमाणे मेरेन लागूंक नाशिल्ली. मागीर पर्रीकाराच्या अध्यक्षते खाला सार्वजनिक लेखा समितीन जो अहवाल तयार केलो तातूंत बेकायदा खण उद्देगांत दिनार तारकारूय आसूं येता म्हणपाचें मुखार आयलें आनी भाजपाची उमेदवारी मेळोवपाची तांची आस्त संपुष्टांत आयली. पर्रीकारानूच भितरल्यान हें

सगळें घडोवन हाडलें काय वस्तुस्थितीच तशी आशिल्ली, हें कळपाक वाट ना. ते परिस्थितींतल्यान वाट काडचे खातीर मगोचे उमेदवारीचो प्रस्ताव मुखार आयलो. पूण पर्रीकारान थंय लेगीत आंग काडून घेतिल्ले वरी करीत दिनार तारकाराच्या प्रचारांत आपूण वचचो ना म्हणपाचें जाहीर केलें. इतलें जावनूय तारकारान म.गो. पक्षाची उमेदवारी हातासून वेंचणूक लढयलीच, पूण अपेस आयलें. पर्रीकारा वरी श्रीपाद नायकानूय ह्या मतदारसंघांत वचून प्रचार करपाक न्हयकार दिलो.

बाबूस मॉन्सेरातानूय ते वेळार पर्रीकारा कडेन फिक्सिंग करून आपणें सांताक्रुझ मतदारसंघांतल्यान वेंचणूक लढोवपाचो आनी ताळगावांतल्यान आपली घरकान्न जेनीफराक वेंचून हाडपाचो बेत केल्ल्यानूय बरोच वाद उपराशिल्लो. पर्रीकाराक अशोक नायक हांच्या सारखिल्या निश्ठावंत वावुरप्यांनीय त्या वेळार जाप विचारिल्ल्याची याद म्हाका जाता. ह्या प्रकरणाची फाटभूंय म्हळ्यार ताळगांव मतदारसंघांतल्यान भाजपाचे मंडल अध्यक्ष आग्नेल सिल्वेरा हांकांच उमेदवारी मेळपाचें निश्चित जाल्लें. पूण मदींच दत्तप्रसाद नायक हांका उमेदवारी दिवपाचें थारलें आनी वाद उपरासलो. ताळगांवांत भाजपान आग्नेल सिल्वेराक उमेदवारी दिल्ली बाबूश मॉन्सेराताक नाका आशिल्ली. आपले घरकान्नी आड भाजपान दुर्बळ उमेदवार दिवचो आनी ताचे बदला पणजे पर्रीकाराक मॉन्सेरातान भितरल्यान फाटबळ दिवचें अशे तरेचें सेटिंग जाल्ल्याचें लोक उलोवंक लागिल्ले. हांवेय कांय प्रमाणांत विरोध केल्लो. पूण ताचे उपरांतूय बाबूश मॉन्सेराता कडेन म्हजे संबंध इश्टागतीचेच उरले, ते केन्नाच आकसान वागले नात. तांची आयज साप्प बदलिल्ली प्रतिमा खूप किर्ते सांगता. तेन्ना मात ताळगावांत बाबूश मॉन्सेराताचो वचक इतलो, भाजपाच्या बायलो वावुरप्यांत एकट्या- दुकट्यान प्रचारा खातीर वचपाक भंय दिसतालो आनी सगळीं एकठांय जावनूच प्रचाराक वतालीं. अशी परिस्थिती आसतनाय आग्नेल सिल्वेरा, रत्नाकर फातर्पेकार हांणी भाजपाची बुन्याद थंय घट केल्ली. पूण सिल्वेराक फाटीं काडून दत्तप्रसाद नायकाक उमेदवरी दिवपाचें थारता म्हूण कळटकच बरोच व्हडलो वाद उपरासलो आनी वावुरपी मनोहर पर्रीकाराकूच दोश दिवंक लागले. मनोहर पर्रीकाराचें सरकार पडटकच माराणें लावन खोशी मनोवपी

त्तप्रसाद नायकाचें भाजपाच्या कांय निश्ठावंत वावुरप्यां कडेन केन्नाच ट्रूंक नाशिल्लें. पर्रीकार तर कोणाचेंच आयकुपाचे मनस्थितींत नाशिल्ले. तांणी निर्णय घेतिल्लो आनी तांचे कडेन वाद घालूंक नायिल्ल्यांक तांणी धांवडावन घालें. भाजपाचे कांय वावुरपी जेनीफरा ब्रातीर काम करतात म्हणपाचें बगलांटूय उपरांत दत्तप्रसाद नायकान घालें. तांचे मदले कितलेशेच वावुरपी आयज लेगीत पक्षा पसून पयसूच रावल्यात. बाबूश मॉन्सेराता कडेन बरेंपण जोडपाची पर्रीकाराची करणी साबार जाणांक मानवूंक नाशिल्ली. म्हाका याद जाता, पयलेंच फावटीं मुख्यमंत्री जातकच मनोहर पर्रीकारान ताळगांव वाठारांतली गुंडगिरी मोडून काडपाचो निश्चय केल्लो आनी आमचे कडेन उलयताना तशें ते सदांच सांगताले. मॉन्सेराताचो उल्लेख ते 'मोंसराद' असो करताले आनी ह्या मोंसरादाचे गुंडगिरीचे पांयूच म्होडून घालतलों म्हूण सांगताले. पूण मागीर तांणी बाबुशाक सांगाताक घेवन सरकार चलयलें. आतां तर ताळगांवांचेर उदक सोडून तांणी पणजेचो आपलो जागो सुगुर केल्ल्याची चर्चा नेटान चलताली. पणजेचे आदले महापौर अशोक नायकानूय तेच खातीर तांचे कडेन वाद घाल्लो. बाबूश मॉन्सेरात जर खऱ्यानीच भाजपाच्या आड वावरिल्लो तर पणजे भाजपाक सेगीत जैत मेळप कठीण जावपाचें. देखुनूच जावंये, कांय वेंचणुकांनी पर्रीकारान बाबुशा कडेन सूत जुळोवन आपलें जैत सुगूर करून घेतिल्लें. तांका लागींच्यान वळखुपी म्हज्या सारखिल्या मनशाक हें पट नाशिल्लें. ताळगांवच्या सरकारी शाळे भोंवतणी शेर्क घालपाचें काम मॉन्सेरातान आडान दवरिल्लें. थंय लक्ष घालपाची विनवणी हांवें मुख्यमंत्री पर्रीकारा कडेन केल्ली. पूण तांणी ते मनात घेवंक नाशिल्ल्यान म्हज्या मनांत दुबावाची पाल चुकचुकिल्लीच. मनोहर पर्रीकार संसाराक अंतरले उपरांत बाबूश मॉन्सेरातान कॉंग्रेसी कडल्यान उमेदवारी घेवन पणजे जैत हातासलें पूण तळगावांत मात भाजपाचो बावटो आयज मेरेन हुबलो ना. भाजपांतले म्हजे कांय ज्येश्ठ इश्ट ताचो दोश पर्रीकाराकूच दितात.

अपेक्षे प्रमाण मॉन्सेरात घोव- बायलेन सांताक्रुझ आनी ताळगावांत जैत हातासलें. उमेदवारी वेल्यान कॉंग्रेसीन निमाणे मेरेन घोळ घालो आनी ताचोय लाव भाजपाक साबार कडेन जालो, पूण तळगावांत उमेदवार दितना केल्ली चूक भाजपाकूय भुजली. ताचोय दोश पर्रीकाराच्याच

माथ्यार आयलो. दिवचले मतदारसंघांत राजेश पाटणेकारान कॉंग्रेसींत वचपाची चूक केली आनी तिचो लाव नरेश सावळान घेतलो. राजेश पाटणेकार त्यावेळार अर्थीक अडचणींत आयिल्लो म्हणपाची कल्पना म्हाका आशिल्ली. मनोहर पर्रीकारानूच म्हाका तेविशीं सांगिल्लें. तेन्ना राजेशाच्या आदाराक विश्वजीत राणे आयलो. मात त्या गोंदळांत भाजपा आनी कॉंग्रेसीच्या उमेदवाराचीय हार जाली. भाजपाचो हक्काचो मतदारसंघ हातांतल्यान सुटिल्लो. पाटणेकाराचे आवतिकाये कडेन भाजपान तेन्ना सहानुभूतीन पळोवपाक जाय आशिल्लें. पर्वरी मतदारसंघा विशींय पर्रीकाराचो निर्णय आंगलट आयलो. श्रीपाद नायकान हे फावटीं विधानसभेची वेंचणूक लढोवपाचें थारायिल्लें आनी त्या मतदारसंघांत ते कामाकूय लागिल्ले. स्पश्टपणान सांगचें तर श्रीपाद नायक वेंचणुकेंत देंविल्ले पर्रीकाराकूच नाका आशिल्ले. या मुद्द्या वेल्यान पर्रीकार आनी श्रीपाद नायक हांचें मजगतीं केन्ना न्हय अशें देंगण निर्माण जाल्लें हांवें पळयलें. हांव दोगांयकूय तितलोंच लागीं आशिल्लों. श्रीपाद नायकान पर्वरे सावन वेंचणूकेंत देंवचो न्हय म्हूण पर्रीकारान तांचेर साबार वटांनी चेंपण हाडलें, हें न्हयकारपाक जावचें ना. एक दीस पर्रीकारान म्हाका फोन करून आपयलें आनी श्रीपाद नायकान उणेंच हे खेपे तरी विधानसभा वेंचणुकेंत देवचें न्हय म्हूण तांचें मन वळोवपाचो यत्न करचो अशी विनवणी केली. उपरांत श्रीपाद नायकाची भेट घेवन हांवें पर्रीकाराच्या भावना तांचे मेरेन पावयल्यो. आता वादाची कीट पेट्टली, अशेंच दिसूंक लागिल्लें. पूण उपरांत केंद्रीय नेतृत्वानूय श्रीपाद नायकाचेर चेंपण हाडलें आनी तो वाद मिटलो. श्रीपाद नायकान शेवटाक पर्वरे सावन वेंचणूक लडोवपाचे निर्णय फाटीं घेतलो आनी थंयची उमेदवारी तांचे लागींचे इश्ट गोविंद पर्वतकाराक मेळ्ळी. वेंचणुकेंत पर्वतकार अपक्ष उमेदवार रोहन खंवटे हांचे परस सातशीं-साडेसातशीं उणीं मतां घेवन हारले, पूण तांच्या जाग्यार श्रीपाद नायक आशिल्ले तर भाजपाकूच जैत मेळपाचें. मनोहर पर्रीकारान श्रीपाद नायकाक वेंचणूक लढोवंक किद्याक दिवंक ना, हाचेर उपरांत बरीच चर्चा चलताली. सत्तेची दोन केंद्रां एकेच कडेन आसप योग्यूय नाशिल्लें. अशा वेळार श्रीपाद नायकान दोन पावलां फाटीं सरून मनाचें मोटेंपण दाखयिल्लें. लोकांत तांचेंय कौतूक दिसलें. मांद्रे मतदारसंघांतल्यान

भाजपाचे लक्ष्मीकांत पार्सेकार आनी पेडण्या राजेंद्र आर्लेकाराचें जैत स्पश्ट दिसतालें; व्हडा फरकान तांणी कॉंग्रेसीच्या दयानंद सोपटे आनी बाबू आजगावकाराचेर हार घाली. थिवे निळकंठ हळर्णकाराक आपलो मतदारसंघ राखूंक जमलें ना, थंय भाजपाचे किरण कांदोळकार जैतवंत जाले. म्हापशां तर भाजपाच्या फ्रान्सीस डिसोझा मुखार आव्हानूच नाशिल्लें. तांका विक्रमी मताधिक्क्य मेळ्ळें. शिवोले दयानंद मांद्रेकार आनी साळगावांतल्यान दिलीप परुळेकारान आपापले गड राखले. कळंगूट मतदारसंघाचेर भाजपाचें बरेंच लक्ष आशिल्लें. थंय कॉंग्रेसीच्या आग्नेल फेर्नांडिसा आड भाजपाचे मायकल लोबो उबे आशिल्ले. आपल्याचेर पर्रीकारान दाखयिल्लो विश्वास लटको न्हय म्हणपाचें सिद्ध करीत लोबो घसघशीत मतां मेळोवन जैतवंत जाले आनी पयलेच फावटीं तो मतदारसंघ भाजपाचे वटेन आयलो. हळदोण्या भाजपाच्या ग्लेन टिकलोन इतिहास रचतना दयानंद नार्वेकाराची राजकीय इनिंग तात्पुरती तरीं संपुश्टांत हाडली. सांत आंद्रे मतदारसंघांतल्यान विष्णू वाघान फ्रान्सीस सिल्वेराचेर जैत मेळयत तांकां पांच वर्सां खातीर घरा धाडलें. पत्रकार, साहित्यिक, कवी, नाटककार, कलाकार, वक्तो अशा साबार मळांचेर सहजतायेन वावुरपी विष्णू वाघांच्या जैतांक पुराय गोंयांतल्यान येवकार मेळ्ळो. मयां भाजपाच्या अनंत शेटीक आव्हान दिवपाक कॉंग्रेसीचे प्रवीण झांट्ये कमी पडले. साखळेची पोटवेंचणूक हारिल्ल्या डॉ. प्रमोद सावंतान हे फावटीं सहजतायेन जैत हातासलें. सत्तरेंतल्या पर्यें आनी वाळपय मतदारसंघात राणे बापूय- पुताक हे फावटीं भाजपाच्या उमेदवारांनी बरोच घाम काडलो. मजगतीं तर पर्यां भाजपाचे विश्वजीत कृष्णराव राणें प्रतापसिंग राणेंक हारयतलेच, अशे तरेचें चित्र दिसूंक लागिल्लें. पूण निमाणे कडेन जिखले ते सिनियर राणेच. दक्षीण गोंयांतल्यान भाजपाचे महादेव नायक (शिरोडें) मिलिंद नायक (मुरगांव) कार्लूस आल्मेदा (वास्को), माथानी साल्ढाणा (कुठ्ठाळी), राजन नायक (कुकळ्ळी) निलेश काब्राल (कुडचडें) गणेश गांवकार (सावर्डें), सुभाष फळदेसाय (सांगें) आनी रमेश तवडकार (काणकोण) हाणीं मेळून पक्षाक वट्ट णव जागे जिखून दिले आनी मनोहर पर्रीकार जें सपन पळयत पांच वर्सां विडविडलो तें सपन प्रत्यक्षांत आयलें. 'हांव परतून येतलों' म्हूण पर्रीकारान दिल्लें उतर खरें

करून दाखयलें. हातांत सत्ता आसुनूय कॉंग्रेसीक लजेक म्हारग जावचें पडलें. फकत णव आमदार वेंचून आयिल्ल्यान सरकार घडोवपाची तर संदूच नाशिल्ली. सत्तेंत वाटेंकार जावनूय दिगंबर कामत सरकारांत खूप वायट अणभव आयिल्ल्या म. गो. पक्षाचे आमदार सुदिन ढवळीकार, दीपक ढवळीकार आनी लवू मामलेदारान कॉंग्रेसीक केन्नाच भायरायिल्लें. पांच अपक्ष आमदारांनी हे फावटीं विधानसभेंत पावल दवरिल्लें. आलेमांव घराब्याक पुरायेन भायर मारीत मतदारांनी इतिहास घडयलो. घराणेशायेच्या कानसुलाचेरूच मतदारांनी थापट मारिल्लें. नावेले चर्चील आलेमावाचेर आवेर्तान फुर्तादू ह्या आदल्या फुटबॉल खेळगड्यान अपक्ष उमेदवार म्हूण जौत मेळयलें तर कुकळ्ळे ज्योकीं आलेमावांक भाजपान आडवो केलो. ज्योकीन आपल्या पुताक, युरी आलेमावांक सांग्या वयली राष्ट्रवादी कॉंग्रेस पक्षाची तिकीट मेळोवन उबो केल्लो, पूण भाजपाच्या मोडा फुडें ताचोय निभाव लागलो ना. चर्चिलान आपली धूव वालांकाक आपल्या भरवंशाच्या अशा बाणावले मतदारसंघांतल्यान कॉंग्रेसीची तिकीट मेळोवन दिल्ली, पूण थंय तिची दाळ कशीच शिजूंक ना; थंय सावन गोवा विकास पार्टीचे कायतान सिल्वा विधानसभेंत पावले. आलेमाव घराब्यान हे वेंचणुके वरवीं खूप धडे घेतले. चर्चिलाचो कट्टर स्पर्धक आशिल्लो मिकी पाशेको मात नुवें मतदारसंघांतल्यान गोवा विकास पार्टीचो उमेदवार म्हूण जैतवंत जाल्लो.

२०१२चें वर्स मनोहर पर्रीकारा खातीर कितें तरीं वेगळेंच घेवन आयिल्लें आनी लोकांच्या तांचे पसूनच्यो अपेक्षाय वाडिल्ल्यो. वेंचणुकेक दोन म्हयने आसतना मनोहर पर्रीकारान गोंयभर रथयात्रा काडली आनी वेंचणुकेचो निकाल पळयल्यार ही रथयात्राच निर्णायक थारली अशें म्हणचें पडटलें. सत्ते कडेन व्हरपी एक्कूय वाट कॉंग्रेसीक मेळची न्हय म्हूण सगळे तरेची जतनाय घेतिल्ली, हेंच ते नियोजनबद्ध रथयात्रेन सिद्ध केल्लें. उत्तर आनी दक्षीण गोंयांत आमी पर्रीकारा सांगातान भोंवत रथयात्रेंचें वार्तांकन केल्ल्यान तांका लोकां कडल्यान मना काळजांत सावन प्रतिसाद मेळटालो तो आमकांय पळोवपाक मेळ्ळो. वट्ट ३५ मतदारसंघांतल्यान ही यात्रा भोंवली. आयज मेरेनच्या गोंयच्या वेंचणुकांच्या इतिहासा कडेन पळयत जाल्यार अशे तरेची रथयात्रा

ायलीच. सामान्य वावुरप्यांच्या खांद्याचेर हात दवरून तांच्या मनांत ाचून बसप, राती कडेन अशाच खंयच्या तरी वावुरप्याच्या घरांत ुक्काम करप, लोकांचे प्रस्न समजून घेत ते सोडोवपाचें उतर दिवप, आपल्या गोड सभावान सगळ्यांक आपलें करप ही तांची ते वेळा वयली कार्यपद्दत तांका बरोच लाव दिवन गेली. पर्रीकाराची ही रथयात्रा गोंयच्या वेंचणूक इतिहासांतलो एक वेगळोच अध्याय जावन आसा.उत्तर गोंयांत ार पेडण्या आसूं वा दिवचले, बारदेशांत आसूं वा तिसवाडेंत, लोकांनी पर्रीकाराक माथ्यार उखलून घेतलो. यात्रें मजगतीं रस्त्या देगेक आशिल्ल्या ल्हान ल्हान हॉटेलांत तांचे सांगातान च्या पीत केल्ल्यो गजाली आयज लेगीत मनांत ताज्यो तट्टीत आसात.

●●●

चुरचुऱ्यांची एक्झीट

२०१२ वर्सा जाल्ले विधानसभा वेंचणुकेंत भाजपाक पुराय भोवमत मेळिल्लें. २१ जाग्यांचेर जैत जाल्लें तरींय मनोहर पर्रीकार समाधानी नाशिल्ले. तांकां चडाचो ध्यास लागिल्लो. कॉंग्रेस पक्षात तांणी लजेक म्हारग केल्लें पूण आनिकूय तीन-चार जागे मेळपाक जाय अशेंच तांकां दिसतालें. २००४ वर्सा 'मिशन सालसेत' अपेशी थारल्या उपरांत परतून सत्तेचेर येवपाचो ध्यास घेतिल्ल्या मनोहर पर्रीकारान कॉंग्रेस आनी चड करून दिगंबर कामतीक बुद्द शिकोवपा खातीर रचिल्ल्यो चालीच तांच्या पक्षाक म्हारग पडल्यो. फातोर्ड्या दामू नायका सारखिलो पर्रीकाराचो वांगडी हारलो, थंय विजय सरदेसाय जैतवंत जालो. मंत्रीमंडळ

डयतना पर्रीकारा मुखार व्हडलींशीं आडमेळीं नाशिल्लींच. तांचे उतर नेमणें आसतालें. तो आदेशूच कसो आसतालो आनी थंय वितंडवाद जलपाचो प्रस्नूच येनाशिल्लो. अपक्षां मजगतीं आवेर्तान फुर्तादु हांकां मंत्रीपद दिवन तांणी फुडारा खातीर येवजणूय मनातल्या मनांत तयार केल्ली म्हणपाचें मागीर कळून चुकलें. सरकार घडोवन कांय दीस जाले आनी पर्रीकाराक एक व्हड धपको सहन करचो पडलो. विधानसभा वेंचणुकेंत जांच्या यत्नांक लागून ख्रिस्तांव लोक भाजपाक लागीं आयिल्ले ते पर्रीकाराचे इश्ट आनी पर्यटन मंत्री माथानी साल्ढाणा काळजाचो आताक येवन संवसाराक अंतरले. ते शिगम्याचे दीस आशिल्ले. काणकोणा शिगम्यांत वांटेकार जावन पणजे परतता आसतना वाटेर काळजाचो आताक येवन माथानी गेले आनी पर्रीकाराचेर दुख्खाचो दोंगरूच कोसळ्ळे वरी जालें. माथानी आमचेय लागींचे आनी घट इश्ट. गोवा न्यूजलायनचो कॅमेरो घेवन आमी तांच्या सांतइनेजाक आशिल्ल्या घरा जाय तेन्ना वतालीं आनी तांणीय केन्नाच आमची निराशा करूंक नाशिल्ली. दोनेक म्हयन्यां पयलींच ते रावपाक ताळगावां गेल्ले. निमाणो स्वास घेवचे दोन दीस पयलीं पर्यटनमंत्री म्हूण तांणी गोवा न्यूजलायन स्टुडिओंत येवन आमकां दीर्घ अशी मुलाखत दिल्ली. मुलाखती खातीर हांवें तांका फोन करून विनवणी केल्ली आनी येवचे पयलीं आमकां फोनार कळयात अशेंय सांगिल्लें. पूण मनीस इतलो सादो, कसलीच कल्पना दिले बगर तो स्टुडिओंत पावलो. त्या वेळार आमी कोणूच थंय नाशिल्ले. आपूण स्टुडिओंत पावलां म्हणपाचें ताणेंच आमकां फोन करून सांगलें आनी आमी धांवत पळतूच स्टुडिओंत पावले. पर्यटन आनी पर्यावरण ह्या तांचे कडेन आशिल्ल्या दोन खात्यांचेर ते बरेंच उलयले. मंत्री म्हूण आमच्या स्टुडिओंत पयलेच फावटीं आयिल्ल्या माथानींक फुलांचो तुरोय भेटोवपाची संद आमकां मेळूंक नाशिल्ली आनी आता तिसऱ्याच दिसा माथानीन संसाराचो निरोप घेतिल्लो. पर्रीकारा प्रमाण तांकाय सादेपणाचो सोस आशिल्लो. सादें रावप आनी उंचेलो विचार करप. देखून ते जसे लोकांक आवडटाले तशेच पर्रीकाराकूय मानवताले. विधानसभा वेंचणुकेंत माथानीन दिल्लो पालव खूब म्हत्वाचो आशिल्लो. ख्रिस्तांव समाजांतले स आमदार भाजपान जिखून हाडिल्ले आनी माथानी तर भाजपाचो मास्टर स्ट्रोक थारिल्ले.

माथानी गेल्ल्याचें दुख्ख पर्रीकाराच्या जिवाक लागलें. कसवटेच्या वेळार माथानीन तांचो सांगात केल्लो. आपल्या तत्वां पसून ते केन्नाच फाटी सरूंक नाशिल्ले.

विरोधी पक्ष फुडारी म्हूण वावुरतना दिगंबर कामत सरकाराची कुतां काडीत पर्रीकारान गोंयच्या लोकांक साबार आश्वासनां दिल्लीं. आतां, तिसरे फावटीं मुख्यमंत्री जाले उपरांत तीं आश्वासनां पुराय करपाची जापसलदारकी तांचेर येवन पडिल्ली. एक व्हड आव्हान तांच्या मुखार आशिल्लें. वेंचणुकेंत आदार दिवपी दरेका घटकाक आपल्याक खोशी दवरचें पडटलें हें ते जाणून आशिल्ले. एकदां तर आपलें सरकार कॅसिनों वरवीं आयिल्ल्या पयशाक हात लेगीत लावचें ना अशें तांणी सभाघरांत सांगून उडयलें. कॅसिनो ही कॉंग्रेसीन हाडिल्ली संस्कृताय, वायट मार्गान मेळयिल्लो महसूल आपूण केन्नाच भौसाच्या बऱ्या खातीर वापरचोना, तो वेगळ्याच कारणां खातीर वापरपाचें सरकारान थारायलां अशें सांगून हो पयसो शिक्षण मळा खातीर तरीं आपूण निखालस वापरचो ना म्हणपाचें उतर तांणी दिवन उडयलें. निमाणे कडेन कॅसिनोंतल्यान येवपी पैसोच आपल्या सरकाराक तारतलो म्हणपाचें पर्रीकाराक खंय खबर आशिल्लें? आतां सरकाराची गाडी रुळार आयिल्ली, बेस बरी चलपाक लागिल्ली. वेंचणुकेचो प्रचार करतना पर्रीकारान गोंयच्या फुटबॉल खेळाच्या उदरगती खातीर महामंडळ स्थापन करपाची गरज उकतायिल्ली. वेंचून येतकच अशें महामंडळ घडयलें जाल्यार ताचें मुखेलपण दिवचे खातीर एक नांवूय तांणी थारावन दवरिल्लें, डॉ, रुफीन मॉन्तेरो. मुख्यमंत्री जाले उपरांत महामंडळ स्थापन करून तांणी ताची धुरा डॉ. मॉन्तेरो कडेन सोपोवपाक मात्तूय कळाव लावंक ना. एक विशिश्ट असो हेत मनांत दवरून पर्रीकारान महामंडळाक डॉ. मॉन्तेरो कडेन दिल्लें, पूण म्हज्या सयत साबार जाणांक तांचो हो निर्णय पटूंक नाशिल्लो. फुटबॉलाची उदरगत करप म्हळ्यार खेळाचो आनी खेळगड्यांचो पावंडो वाडोवप. तें काम पूराय वेळ दिवपाची तांक आशिल्ल्या एकाद्र्या म्हालगड्या खेळगड्याक वा प्रशिक्षकाक दिवपा सारखें, अशें जाणकारांचें मत आशिल्लें. रुफीन मॉन्तेरो सारखील आपल्या वैजकी वेवसायांत सदांकाळ घुस्पुन आशिल्ले सर्जन हे जापसालदारकेक न्याय कशे दितले म्हणपाचो प्रस्न आशिल्लो. ब्रम्हानंद

शंखवाळकार वा ब्रुनो कुतिन्हो हांचे सारखिल्या अर्जुन पुरस्कार जैतवंतां कडेन ती जापसालदारकी दिवप समा थारतलें, अशें आमकां दिसतालें. पूण मनोहर पर्रीकार एकदां जें थारायतात तें कशेंच बदलना, म्हणपाचो अणभव आनीक एक फावटीं आयलो. गोंय फुटबॉल संघटनेक समांतर अशें हें महामंडळ काम करूंक लागलें. प्रसिद्धी आनी प्रचारा खातीर ह्या महामंडळाचो उपयोग सरकारान करून घेतलो खरो, पूण फुडल्या सात-आठ वर्सांच्या काळांत ह्या महामंडळान केलें तरीं कितें, असो प्रस्न विचारपाची वेळ आयलीच. हें महामंडळ घडयले उपरांत गोंयचे फुटबॉल खेळगडे खेरीत भशेन परजळ्ळे, अशेंय म्हणू नजो. भारताच्या फुटबॉल पंगडांतले अर्द्या परस चड खेळगडे गोंयकार आसपाचो अणभव आमी हे पयलीं घेतिल्लो आनी मुखारूय तीच परंपरा आसची अशें दिसप सभावीक आशिल्लें. पूण तशें कांयच जावंक पावलें ना आनी ताकाच लागून हें महामंडळ सदांच वादाचो विशय थारलें. मनोहर पर्रीकाराक मात ताची केन्नाच खंत दिसूंक नाशिल्ली. महामंडळाचेर जाल्लो कोट्यांनी रुपयांचो खर्च खेरितूच. वट्ट सात वर्सां उपरांत ह्या महामंडळाचे मुखेली म्हूण अर्जून पुरस्कार जैतवंत ब्रम्हानंद शंखवाळकाराक डॉ. प्रमोद सावंत सरकारान नेमलें आनी महांडळाचो वावर खऱ्या अर्थान सुरू जालो. एका समाजाक खोशी करचे खातीर वा त्या समाजाचीं मतां आपले वटेन हाडचे खातीरूच हें महामंडळ घडयिल्लें काय कितें, ह्या प्रस्नाची जाप मात मेळूंक पावली ना.

एकाच वेळार तीन तीन मुद्दयां वयल्यान आपल्याच मनशां कडेन झुंजपाची वेळ ल्हवल्हव मनोहर पर्रीकाराचेर आयलीच. बेकायदा खणींचो प्रस्न सोडोवपाचो आशिल्लो. कॅसिनों संस्कृतायेक मातयेक लावपाचें उतर तांणी दिल्लें आनी कॉग्रेसीचें सरकार आसतना इंग्लीश माध्यमांतल्या मुळाव्या शाळांत सरकारी अनुदान दिवपाचो निर्णय आपूण फाटीं घेतलो म्हणपाचें वेंचणुकेच्या काळांतलें उतर पुराय करपाची वेळ आयिल्ली. तिनूय विशय घुस्पागोंदळाचे आशिल्ले पूण सरकाराक चड काळ ते कुसयत दवरपाक मेळचें ना म्हूण स्पश्ट दिसतालें. मनोहर पर्रीकार हुशार आनी लोकांचो तांचे कर्तबगारेचेर भोव विश्वास आशिल्ल्यान बरोच तेंप ताणी हे विशय थंडायेर दवरले; पूण निमाणे कडेन फोड फुटलोच. सगळ्यांक सदांकाळ खोशी दवरप मनोहर

पर्रीकाराकूय जमलें ना.

गोवा न्यूजलायन चॅनेल आमकां शेकीं बंद करचो पडलो. अर्थिक गणितां जुळनाशिल्लीं. इलेक्ट्रॉनीक मिडियाच्या मळार आतां व्हडले 'प्लेयर्स' देंविल्ले आनी गोव न्यूजलायन ना म्हूण व्हडलो सो फरक पडपा सारखी स्थिती नाशिल्ली. कित्याक कोण जाणा, सुरवेक सावन आमच्या ह्या चॅनेलाची वळख 'पर्रीकार न्यूजलायन' अशीच जाल्ली. पर्रीकाराच्या विरोधकांकूय तशेंच दिसतालें. चॅनेल चालू उरचो म्हूण आमचे परीन आमी यत्न केले. म्हजो एक उद्देजक इश्ट चॅनेलाक आदार दिवपाक आयलो. मनोज काकुले हांचे कडेन हांवें सपर्क केल्लो तो स्टुडिओ खातीर बरीशी सुवात मेळत काय म्हूण विचारपाक. पूण आमच्या चॅनेलाक मेळपी प्रतिसाद आनी आमची उमेद पळोवन तांणी अर्थिक गुंतवणुकूय केली. अर्दे वर खबरो दिवपी चॅनेल चौवीस वरां चलपाक लागलो, पूण येणावळ आनी खर्चाचो मेळ बसयतना नाका- पुरो जावंक लागलें. २०१२ वर्सा मार्च म्हयन्यांत मनोहर पर्रीकाराचें सरकार सत्तेचेर आयलें आनी म्हज्या ह्या इश्टा कडेन चॅनेल चलयतना जातले उलाघाली विशीं उलयलों. पांच वर्सां आदीं चॅनेलाचें हस्तांतरण करपाची वेळ आयिल्ली आनी तेन्ना पर्रीकारानूय आमकां आडायिल्लें, आमची उमेद वाडयिल्ली. आमचो चॅनेल विकत घेवपाक सोदतल्यानी देड कोटींची ऑफर दिल्ली. पूण मनोहर पर्रीकाराचो सल्लो मानलो आनी चॅनेल आमचे कडेनूच उरलो. पूण पर्रीकाराचेंच सरकार सत्तेचेर आसतना 'गोवा न्यूजलायन' बंद पडलो. ताका लागून कांय जाणांनी करून घेतिल्लो गैरसमज पयस जाला आसतलो, अशें म्हाका दिसता. मनोहर पर्रीकारूच तो चॅनेल चलयतालो, चॅनेलाची जापसालदारकी तांणीं घेतिल्ली, अशें म्हणटल्यांक सत कितें तें कळ्ळां आसतलें. इल्क्ट्रॉनीक मिडिया खातीर आमी दिल्लीं बारा- तेरा वर्सां लोंकांचे यादींत मात सदांच उरतलीं. पर्रीकार आनी आमचे इश्ट आशिल्ल्या कांय जाणांनी त्या वेळार चॅनेल बंद पडचो न्हय म्हूण पर्रीकारा कडेन उलोवणी केल्ली म्हणपाचेंय हांव जाणा. पूण ते वेळार पर्रीकाराच्यो 'प्रायोरिटीज' वेगळ्योच आशिल्ल्यो, राज्या खातीर चड म्हत्व आशिल्ल्या प्रस्नांत ते घुस्पल्ले.

गोवा न्यूजलायन चॅनेला खातीर कितें तरीं आदार दिवपाचें पर्रीकाराच्या मनांत आशिल्लें म्हणपाचें चड दीस लिपून रावलें ना. २०१३ वर्साचो

नोव्हेंबर म्हयनो, सकळची वेळ आशिल्ली. मोबायल वाजलो. नंबर वळखीचो आशिल्लो; ९८२२१३१२१३. मातशें अजापूय जालें. खासा पर्रीकारूच उलयताले. मोजकेंच उलोवन विशय कसो सोंपोवपाचो तें पर्रीकारा कडल्यान शिकचें. आतांय तांणी सरळ मुद्द्याकूच हात घालो. जैन टी. व्ही. चो मालक डॉ. जे. के. जैन दिल्ली सावन गोंयांत आयला आनी पणजेच्या व्हिवांता हॉटेलांत रावला; तांचो फोन येतकच चॅनेलाविशीं उलेवन घे, अशें सांगून तांणी फोन बंद केलो. चॅनेल बंद जाल्ल्यान आयिल्ली निर्शेवणी खंयचें खंय पळून गेली. सगळो सेट- अप तयार आशिल्लो आनी अशा वेळार कोणेंय आदार दिलो जाल्यार ताका येवकारुकूच जाय. पर्रीकारान सांगिल्ले प्रमाण रोखडोच डॉ. जैन हांचो फोन आयलो आनी दनपरां व्हिवांतांत लंच घेत आमचो चॅनेल जैन टिव्हीच्या आदारान सुरू करपाचेर उलोवचें अशें थारलें. आमी सुरवातीची उलोवणींय केलीं. म्हजो चलो प्रवेश सचीन तेंडुलकाराची निमाणी मॅच पळोवंक मुंबय गेल्लो. डॉ. जैन हांणी आमचो सेट- अप पळयलो आनी फुडलीं उलोवणीं करचे खातीर आमी दिल्लीक येवचें असो आग्रो धरलो. बंद पडिल्लो चॅनेल परतून सुरू जातलो म्हणपाची उमेद आमकां जाल्ली. पर्रीकार डॉ. जैना कडेन कितें उलयिल्ले आनी कितें ठरिल्लें हाची आमकां कांयच कल्पना नाशिल्ली, पूण गोवा न्यूजलायन दिल्ली सावन 'सॅटेलायट' वरवीं प्रसारीत जातलो म्हणपाचें निश्चीत जाल्लें. उपरांत हांव आनी प्रवेश दिल्लीक गेले आनी थंय डॉ. जैन हांच्या स्टुडिओंत वचून तांचे कडेन तशेंच तांच्या संचालकांकडेन उलयले. आतां जैन टीव्ही न्यूजलायन सुरू करपाचें सारखें थारिल्लें. जैन टीव्ही हो देशांतलो पयलोच सॅटलायट टीव्ही आशिल्लो आनी तांचे बराबर काम करपाक मेळटलें म्हूण आमीय उमेदींत आशिल्ले. डॉ. जैनान कळाव लायनासतना दोना पावला जागो घेतलो आनी प्रसारणूय सुरू जालें. गोवा न्यूजलायनीच्यो कोकणी खबरो जैन टीव्ही वयल्यान प्रसारीत जावंक लागल्यो आनी सेटलायट टीव्हीचें हांवें पळयिल्लें सपन- कांय प्रमाणांत आसूं- पुराय जाल्लें. २०१४चे वेंचणुके उपरांत चार- पांच म्हयने म्हणजे सादारण वर्सभर हो चॅनेल चल्लो. पूण ताका लागून सगळें जाग्यार पडलें अशें म्हणूंक जावचें ना. मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकारांचें डॉ. जैन वा जैन टीव्ही कडेन कितें बिनसलें वा ताचे पयलीं तांचे मजगतीं

कितें ठरिल्लें हेविशीं आमकां कसलीच कल्पना नाशिल्ली. पूण गोंयांतल्यान चॅनेल चलोवप तांका शक्य जालें ना आनी २०१५च्या जानेवारी म्हयन्यांत तांणी प्रसारण बंद केलें. मजगतींच्या काळांत पर्रीकार देशाचे संरक्षणमंत्री जाल्ले. कारणां साबार आसत. मना सारखें उत्पन्न मेळूंक नाशिल्ल्यान जावं वा हेर कारणांक लागून जावं, चॅनेल बंद करपाची वेळ आमचेर आयिल्ली. डॉ. जे. के. जैन आज आमचे मदीं नात. पूण तांच्या सांगातान काम करतना तांचे कडल्यान मेळिल्लो मोग, मार्गदर्शन मात सदांच यादींत उरतलें. मनोहर पर्रीकारान डॉ. जैनाक दिल्लें उतर तांकां राखूंक जमलें ना, असोच निश्कर्श शेवटाक काडूं येता.

●●●

शेणिल्ले पर्रीकार

एकवीस आमदारांचें भोवमत आशिल्ल्यान हे फावटीं पर्रीकाराक उणींच पांच वर्सां राज्य करपाची खात्री आशिल्ली. २०१७चे वेंचणुके मेरेन राज्यांतले सगळे प्रस्न सुटावे करतलों म्हूण तांणी सुरवातूय नेटान केल्ली. पूण बेकायदा मिना खणींच्या प्रस्नाचेर तांका आपल्याच मनशां कडेन वायटपण घेवचें पडलें आनी कॅसीनोंक लागुनूय तांची ओडाताण जाली. इंग्लीश माध्यमांतल्या शाळांचेर तांणी बेगोबेग निर्णय घेवप अपेक्षित आशिल्लें, पूण थंय लेगीत तांणी बरोच कळाव लायलो. बरेंच उसरां सरकारान जो निर्णय घेतलो, ताका लागून कोणाचेंच समाधान जावंक पावलें ना. एका खिणांत मनोहर पर्रीकार नायकाचो खलनायक

जालो. फुडले वेंचणुके मेरेन राज्याच्या मुखा वयले साबार प्रस्न सुटावे करतलो आनी राजकारणातल्यान निवृत्त जावन खासगी जीण जियेंतलो म्हणपाचें ते सदांच सांगताले. शेत-भाट कसवप आपल्याक आवडटलें अशें सांगपी पर्रीकार कदेलाक दसून रावतल्यांतले न्हय, अशेंच आयकतल्याक दिसतालें. आपले राजकी जिणेतले अणभव तांकां लोकां मेरेन पावोवपाचे आशिल्ले. लोकांक सांग सारखें आपले कडेन खूप आसा, अशें तांणी जाय ते फावटीं म्हाका सांगिल्ल्याची याद जाता. आपूण सांगतलों तें लोकांकूय मानवतलें म्हणपाची खात्रीय तांका आशिल्ली. पुस्तक बरोवपाचेंच, असो निश्चय तांणी केल्लो. पर्रीकारान राजकारणांतल्यान कित्याक म्हूण निवृत्त जावप, तसो विचार लेगीत कित्याक करप; असो प्रस्न मनाक पडटालो. लोकांक तर ते जाय आशिल्ले. असो प्रस्न विचारतकच आपल्याक घरच्यां सांगातान दीस सारपाचे आसात, अशी जाप ते दिताले. राजकारण्यान पासष्ट वर्सां उपरांत राजकारणांत रावचें न्हय, अशें तांचें ठाम मत आशिल्लें. आपल्या घराब्यांत घुसपुनूय वेवस्थीत राजकारण करपी लोक सरभोंवतणी आसात, पूण पर्रीकाराक तें जमपाचें न्हय. राजकारणाक आपलो पुराय वेळ दितना तांचे घरा- कुटुंब कडेन दुर्लक्ष जाल्लेंय आमी पळयिल्लें. जाल्ले चुकीची भरपाय करपाचें तांच्या मनांत आसूं येता आनी तशें दिसप समा आशिल्लें. घरा प्रमाण तांचें आपल्या वेवसाया कडेनूय दुर्लक्ष जाल्लें. ताचे विशींय ते उलयताले. एक दीस ते म्हाका गाडयेंत बसोवन आपले फॅक्टरींत घेवन गेले. करासवाड्या वयले ल्हान आनी वेर्णेच्या नवे फॅक्टरींतूय हांव पावलां. वेर्णेचे फॅक्टरींचे काम चलतालें तेन्ना अशेच आमी थंय पाविल्ले कडेन आपल्याक वेवसाया खातीर जाय तो वेळ दिवूंक मेळना म्हूण तांणी खंत उकतायिल्ली. ही फॅक्टरी उबारताले तेन्ना तांचो पूत उत्पल अमेरिकेंत आशिल्लो. ते फॅक्टरींत कितली गुंतवणूक केल्ली आसत अशें विचारीत तांणी म्हाका अदमास उकतावंक सांगलें आनी हांवें एक आकडो ठोकून दिल्लो. तो आकडो गुंतवणुकी परस चड पयस नाशिल्लो म्हूण हांव सुटलों, ना जाल्यार ताचेर आनी बरेंच आयकुचें पडटलें आशिल्लें.

२०१२ उपरांतच्या पर्रीकारांची काम करपाची पद्दत पळयतकच पांच वर्सां भितर मनांतल्यो सगळ्यो येवजण्यो पुराय करूनूच ते स्वास घेतले, अशें

देसतालें. पूण राजकारणांत केन्ना मना सारखें जायना आनी तसे वेचारूय कोणें मनांत हाडूंक जायना, अशें म्हणटात. फुडल्या दोन-अडेच वर्सांनी पर्रीकाराकूय तोच अणभव आयलो. बेकायदा खणींच्या प्रस्नाचो चिखोल जाल्लो आनी कॅसीनों विशींय ते ठाम निर्णय घेवंक शकले नात. शिक्षण माध्यमाच्या प्रस्नाचेरूय भलतेंच घडून घरच्याच मनशां कडेन वाद घालीत संघर्श करपाची वेळ तांचेर आयली. विरोधी पक्षाचो फुडारी आसतना ह्या तिनूय प्रस्नांक लावन धरिल्ल्यान पर्रीकार लोकांमदी पाविल्ले. पूण फुडल्या दोन वर्सांत तांच्या वांट्याक चारीय वटांनी दुशणांच आयलीं. खणींच्या प्रस्नाचेर मनोहर पर्रीकार 'यू टर्न' घेत अशें कोणेंच चिंतूंक नाशिल्लें. क्लॉड आल्वारीस, रमेश गांवस आनी हेर वावुरपी विरोधी पक्ष फुडारी आशिल्ल्या मनोहर पर्रीकाराक जाय ती माहिती मेळोवन दिताले. तांची माहिती आनी आपली बुद्द वापरून पर्रीकारान खणींच्या प्रस्नाचो पुराय अभ्यास केल्लो आनी तो विशय तांका पुरायेन कळिल्लोय बी. पूण सरकार घडयले उपरांत मनांत इत्सा आसुनूय ते कांयच करूंक शकले नात. खणींची भानगड केन्ना तीन हजार कोटींची जाली तर केन्ना वीस हजार कोटींची. शहा कमिशनान तर तिका पस्तीस-छत्तीस हजार कोटींच्या घरांत व्हरून दवरली. रमेस गांवसाची मुलाखत हांवें तीन- चार फावटीं घेतली. ताकाय मनोहर पर्रीकार खलनायक दिसपाक लागिल्ले. २०१३-१४ वर्सा खणबंदी आनी खण घोटाळो बरोच गाजलो. खणी राज्य सरकारान बंद केल्ल्यो काय केंद्र सरकारान हाचेरूय वाद पेटलो. पांच वर्सां बेकायदा चलपी खणीं बंद उडयतना पर्रीकारान मातशी ताकतिकूच केल्ली आनी तीच तांका भुजली. खणी बंद करताना तांका आपलो राजकी दुस्मान दिगंबर कामतीक बुद्द शिकोवपाची आशिल्ली. पूण तेन्ना केंद्रांत कॉंग्रेसीचें सरकार आशिल्ल्याचो तांका विसर पडलो. शहा कमिशनाचो अहवाल आसूं वा स्वतच भौशीक लेखा समितीचो अध्यक्ष म्हूण तयार केल्लो अहवाल आसूं, खण वेवसायातल्या बेकायदा घडणुकां वयल्या ह्या दस्तावेजांच्या आधारान खणी बंद करतना तें शस्त्र आपल्याचेरूय परतूं येता म्हणपाचो विचार पर्रीकारान करूंक नाशिल्लो. थोड्याच दिसांनी आपूण खणी परत सुरू करपाक शकतलों, अशेंच तांकां दिसतालें.

पर्रीकाराचे अशे साबार निर्णय ते पयलींय आंगलट आयिल्ले. राज्यांतल्यो सगळ्योच खणी बंद उडोवपाच्या पर्रीकाराच्या निर्णयाक तितलीच खर जाप दिवपाची आता केंद्रांतल्या कॉग्रेस सरकाराची पाळी आशिल्ली. केंद्राक तर पर्रीकाराक बुद्धूच शिकोवपाची आशिल्ली. केंद्रीय पर्यावरण मंत्री जयंती नटराजन धरून कोणाकूच पर्रीकार हिरो जाल्ले नाका आशिल्ले. जयंती नटराजन हांणी फुडल्या चार पांच दिसांनी सगळ्याच खणींचे पर्यावरण परवानेच रद्द केले आनी पर्रीकाराचो खेळ आंगलट आयलो. खणी केंद्राक लागुनूच बंद पडल्यो अशें उपरांत पर्रीकार सांगताले खरे, पूण वस्तुस्थिती खेरितूच आशिल्ली आनी खणी ज्यो बंद पडल्यो त्या आयज मेरेन बंदूच आसात. सगळ्याच खणचालकांनी नवे पर्यावरणीय परवाने घेवचे असो आदेश सर्वोच्च न्यायालयान दिल्ल्यान तर गोंदळ आनिकूय वाडलो आनी ताचो धपको सरकाराक तशेंच मनोहर पर्रीकाराकूय बसलो. बेकायदा खणींच्या प्रस्नाचेर पर्रीकाराची मदत करपी गोवा फाउंडेशनचे क्लॉड आल्वारीस वा रमेश गांवस हांणी पर्रीकाराकूच व्हिलन केलो. पूण, वस्तुस्थिती वेगळीच आशिल्ली.

दिगंबर काम सरकारान इंग्लीश माध्यमांतल्या शाळांकूय सरकारी अनुदान दिवपाचो निर्णय घेतिल्ल्यान सगळे कडेन असंतोश पातळिल्लो. शशीकला काकोडकार शिक्षणमंत्री आसतना १९९० वर्सा फकत मायभाशेंतल्यान मुळावें शिक्षण दितल्या शाळांकूच अनुदान दिवचें, अशें सरकारान थारायिल्लें. पूण कामत सरकारान तों निर्णय घुंवडायलो. ताका विरोध करपाक हेरां सांगातान मनोहर पर्रीकारूय रस्त्याचेर देवले. ह्या आंदोलनात मुखार आशिल्ले सुभाष वेलींगकार. तांच्या सांगातान आशिल्ले अरविंद भाटीकार,उदय भेंब्रे आनी शशीकला काकोडकारूय पर्रीकारांच्या फाटल्यान उबी रावली. पर्रीकार जे पद्धतीन कामत सरकाराच्या ह्या निर्णयाच्या आड उलयताले ती पळयल्यार सत्तेचेर येनाफुडें सगळ्यात पयलीं तांणी तो घुंवडावपाची गरज आशिल्ली. पूण तशें घडूंक नाशिल्लें. भाजपाचे स ख्रिस्तांव आमदार आनी वट्ट अल्पसंख्यांकांक खोशी करचे खातीर पर्रीकार आपलो निर्णय फुडें धुकलीत रावले. तांणी शिक्षणीक प्राधिकरण घडयलें आनी मुळाव्या शाळांच्या अनुदानाचो प्रस्न सोडोवपाची जापसालदारकी ताचेर धुकल्ली.

ह्या प्राधिकरणाचेर जांका नेमिल्लें तांचे कडल्यान आपल्याक जाय तश्योच शिफारशी येतल्यो म्हणपाची जतनायूय पर्रीकारान घेतिल्ली. ताका लागून सुभाष वेलिंगकाराचोय पर्रीकारा वयलो विश्वास उडलो आनी तांणी संघर्शाक सुरवात केली. निर्णयाची प्रक्रिया लांबणेर पडिल्ल्यानूय लोकांक दुबाव येवपाक लागिल्लो. निमाणे कडेन शिक्षणीक प्राधिकारणाक मुखार काडून पर्रीकार सरकारान दिगंबर कामतीन घेतिल्लो निर्णय तसोच दवरलो आनी मागीर मात पर्रीकाराचो 'यू- टर्न' पळोवन लोकांचो विश्वास उडलो. मनोहर पर्रीकार उतराचो मनीस अशें लोक म्हणटाले, पूण खणी आनी शिक्षण माध्यमाच्या विशयांचेर तांणी घेतिल्लो हो यू-टर्न तांचे कीर्तीक फावो सारखो नाशिल्लो आनी ताचो जावंक जाय आशिल्लो तोच परिणाम जालो. पर्रीकाराचेर चारूय वटांनी टीका जावंक लागली. अल्पसंख्यांक समाजाक खूश दवरचे खातीर तांणी हो निर्णय घेतला म्हणपाचें स्पश्ट दिसतालें. अल्पसंख्यांकांचो आदार आसले बगर गोंयांत भाजपाक फुडार आसपाक शकना असो तर्क करून तांणीं हें पावल उखलिल्लें. लोकांचो आपले वयलो मोग दिशीं माशीं वाडटा म्हणपाचें पर्रीकार मेळिल्ले फावटीं सांगताले, पूण खणीं आनी शिक्षण माध्यम ह्या दोन प्रस्नांनी तांका दिल्लें अपेस वा तांणी घेतिल्ल्या अनपेक्षीत निर्णयांक लागून लोकांचो तांचे वयलो मोग आनी विश्वास आटपाक लागलो. इश्ट म्हूण ते आमचे कडेन ह्या विशयांचेर मेकळेपणी भासाभास करताले. आपूण जावन विशय काडीत आमचीं मतां जाणून घेवपांत तांकां कसलेंच कमीपण केन्ना दिसूंक नाशिल्लें. पूण निमाणे कडेन कितेंय जालें तरीं आपणें घेतिल्ल्या निर्णयाकूच दसून रावताले. इंग्लीश शाळांचें अनुदान चालू दरवपाचो निर्णय हो तातुंतलोच आशिल्लो. ताका लागून तांणी सुभाष वेलिंगकारा कडेनूय संघर्श केलो. ह्या प्रकरणाक मागीर वेगळेंच मोडण मेळ्ळें. मनोहर पर्रीकार विश्वासघातकी आशिल्ल्याचो आरोपूय जालो. ह्या प्रस्नाचेर मनोहर पर्रीकारा सांगातान रावन झुंजिल्ले सगळेच जाण तांच्या विरोधांत गेले. फाटलो- फुडलो विचार करीनासतना आपल्याक जाय तेंच थारावन पर्रीकारान हें संकश्ट आंगार घेतिल्लें.

बेकायदा खणी आनी इंग्लीश माध्यमाच्या शाळांचे अनुदान ह्या दोनूय विशयां वयलो पर्रीकाराचो यू- टर्न गोंयकारांक दिसतालो. तेंच कॅसीनोंचे

बाबतींतूय जालें. सत्तेचेर येना फुडें कॅसीनो खोल दर्यांत व्हरपाचें उतर सरकार पुराय करपाक शकलें ना आनी हेर आश्वासनांय तडीक लागलीं नात. त्या तीन वर्सां मजगतीं पर्रीकारा मदीं जाल्लो बदल आमकांय दिसपाक लागिल्लो. पयलींचे ते तत्वनिश्ठ पर्रीकार खंय तरी शेणूंक लागल्यात म्हणपाची जाणविकाय जावपाक लागिल्ली. पर्रीकाराच्या व्यक्तीमत्वाचीं साबार तांसां आमी फाटल्या २१ वर्सांनी पळयिल्लीं. ताकाच लागून हो नबो बदलूय आमकां जाणवतालो. लोकांच्यो साबार अपेक्षा तांचे कडल्यान आशिल्ल्यो आनी त्यो पुराय जायनाशिल्ल्यो. तांचे लागींचे अशे इश्टूय तांचे पसून पयस वतना आमी ह्याच काळांत पळयले. विरोधी पक्ष फुडारी आसतना लोकांक आनी वावुरप्यांक दिल्लीं आश्वासनां पाळप पर्रीकाराक जमनाशिल्लें देखून लोकांक टाळपाचो यत्न तांचे कडल्यान जावंक लागलो. लोकांक आतां तांचो भाई सोपेंपणी मेळनाशिल्लो. कामाचो व्याप वाडिल्ल्यान आसूये वा हेर कारणाक लागून आसूये, पर्रीकार लोकां पसून पयस वचपाक लागले. आपली लोकप्रियता कितली आसा हें तपासपाची तांची खाशेली अशी पद्दत आशिल्ली आनी म्हजे सयत तांच्या हेर इश्टांनी तांका इश्टागतीचो सल्लो दिलो जाल्यार तांका तो पटनाशिल्लो आनी आपलेंच कशें खरें हें सांगतनाय ते थकनाशिल्ले.

●●●

दिल्लीचें आपोवणें

वर्स २०१३ सोंपता सोंपता लोकसभा वेंचणुकेचे वेध लागले आनी मनोहर पर्रीकार सरकाराक खणी, इंग्लीश माध्यमांतल्या शाळांचें अनुदान, कॅसीनो आनी हेर समस्यांतल्यान तकली वयर काडपाची उसरपत मेळ्ळी. केंद्रांत सत्ताबदल जावन आपल्या पक्षाचें सरकार सत्तेचेर आयल्यार रोखड्योच खणी सुरू करप शक्य जातलें, अशें सांगून गोंयचे दोनूय लोकसभा जागे जिखपाची तयारी पर्रीकारान केली. आत्मविश्वास तर सदांचे वरी शिरंतरांतल्यान व्हांवक लागिल्लो. इंग्लीश माध्यमाच्या शाळांचें अनुदान आडावंक नाशिल्ल्यान चर्चसंस्था खोशी जाल्ली. ताका लागून थोडीं तरीं

ख्रिस्तावांचीं मतां भाजपाक मेळटलीं म्हूण तांका विश्वास आशिल्लो. खणी बंद पडिल्ल्यो आसल्यो तरी खणींचेर निंबून आशिल्ल्यां खातीर साबार येवजण्यो चालीक लागिल्ल्यान ह्या मतदारांचे बाबतींत पर्रीकार निश्चिंत आशिल्ले. देशांत सगळे कडेन 'मोदी ल्हार' व्हांवपाक लागिल्लें आनी गोंयांतल्यान परत एक फावटीं भाजपाचे दोन खासदार दिल्लीक धाडपाचें श्रेय घेवपाक पर्रीकार सज्ज जाल्ले. पंदरा वर्सां पयलीं उत्तर गोंयांतल्यान श्रीपाद नायक आनी दक्षीण गोंयांतल्यान रमाकांत आंगले अशे भाजपाचे दोन खासदार संसदेंत गेल्ले, तोच इतिहास परत एकदां घडोवपाची पर्रीकाराची मोख आशिल्ली. परिस्थिती लावाची नासतनाय तांणी भाजपाच्या जैताची जापसालदारकी आपल्या भुजांचेर जे तरेन घेतिल्ली, तिका तोड ना. कॉंग्रेसीन श्रीपाद नायका आड उत्तर गोंयांत भंडारी कार्ड वापरून रवी नायक हांका उबें केल्ल्यान भाजपा आनी मनोहर पर्रीकाराचेरूय थोडो पेंच आयिल्लो, पूण श्रीपाद नायकांक तसो भंय नाशिल्लो. दक्षीण गोंयांत मात नरेंद्र सावयकाराक जिखून हाडचे खातीर थोडीशी मांडावळ करप गरजेचें जाल्लें. ती मांडावळ चर्चील आलेमाव आनी आम आदमी पार्टेच्यो स्वाती केरकार हांचे उमेदवारीन पुराय जाली. आपली धूव वालंकाक कॉंग्रेसीची उमेदवारी मेळची म्हूण चर्चिलान निमाणें मेरेन खर यत्न केले आनी कॉंग्रेसीन न्हयकार दितकच तांणी तृणमूल कॉंग्रेस गोंयांत हाडून वेंचणूकेची उमेदवारी भरली. सभवीकपणान भाजपाचें काम मातशें सोंपें जालें. ताचे फाटल्यान मनोहर पर्रीकाराचोच हात आशिल्ल्याचो दुबाव जाय त्या जाणांक मारतालो आनी तांचो हात नाशिल्लोच अशें ठामपणान सांगपाकूय येवचें ना. कॉंग्रेसीची उमेदवारी फ्रान्सीस सार्दीनाक दिवपाचें पयली थारिल्लें, पूण आमदार विजय सरदेसाय आनी हेर कांय जाणांनी आपूण सार्दीनाक तेंको दिवचे नात म्हूण सांगतकच तो निर्णय फाटीं घेवन रेजीनाल्ड लॉरॅन्साक तिकीट दिली. ताचोय थोडो भोव लाव नरेंद्र सावयकाराक मेळ्ळो. रेजिनाल्डाक ताच्या कुडतरी विधानसभा मतदारसंघा भायर चडशे लोक वळख नाशिल्ले. कॉंग्रेसीन आपल्या प्रचारा वेळार बंद पडिल्ल्यो खणी, बेकार जाल्ले कामगार आनी कावलाक आयिल्ले अर्थवेवस्थेचो मुद्दो मुखार हाडलो. आपलें सरकार येत जाल्यार बंद

पडिल्ल्यो खणी बेगेबेग परतून सुरू करपाचें उतर दिलें. भाजपाचें म्हणणें, मोदी लाट देशभर आसतना गोंयांतल्यान दोन खासदार वेंचून दिले जाल्यार परिवर्तनाचो व्हडलो लाव ह्या राज्याक मेळटलो आनी खणंबदीचो विशय सोपेपणी सुट्टलो. देशांत तसो गोंयांतून अपेक्षे प्रमाण वेंचणुकेचो निकाल लागलो आनी भाजपाक मेळिल्ल्या दोन तृतियांश खासदारांत गोंयांन दोन खासदार दिले. दक्षीणेंत नरेंद्र सावयकाराक फकत तीस हजार चडावत मतां मेळिल्लीं. चर्चील आलेमांव, स्वाती केरकार आनी गोविंद गावडें हांका मेळिल्ल्या मतांची बेरीज तीस हजारा परस इल्ली चडूच आशिल्ली. 'कॉंग्रेसमुक्त भारत' अशी घोषणा दीत नरेंद्र मोदी वेंचणुकेच्या प्रचारांत देविल्ले. तांच्या पक्षाक भोवमत मेळ्ळें आनी कॉंग्रेसीचें बळ पन्नास परस सकयल आयलें. पर्रीकारान उतर दिल्ले प्रमाण दोन खासदार वेंचून हाडिल्ले. वेंचणुके आदीं जैन- गोवा न्यूजलायन टीव्ही खातीर तांची हांवें घेतिल्ली मुलाखत म्हाका याद जाता. आपणें कॉंग्रेसी सारखी भ्रष्ट, फटींग आनी आत्मकेंद्रीत राजकी संघटन केन्नाच पळोवंक नाशिल्ली अशें म्हणत पर्रीकारान गोंयचे दोनूय मतदारसंघ जिखपाचो संकल्प तडीक व्हरपाची खात्री दिल्ली. केंद्रात भाजपाचें सरकार येतलें आनी गोंय त्या पक्षाक दोन खासदार दितलें म्हणटकच गोंयांक ताचो बरोच लाव जातलो, असो विश्वासूय तांणी उकतायिल्लो. हे फावटीं कॉंग्रेसीक लोक आड घालतले म्हणपाचीय खात्री तांका आशिल्ली. वेंचणूक निकालान तांचो अदमास खरो थारायलो आनी फुडाराक केंद्राच्या आदारान गोंयांत कसले प्रकल्प हाडूं येतात, उदरगतीचो ओघ कसो चालू दवरूं येता, हाचेर ते विचार करूंक लागले. आपल्या येवजण्यांची फाटपुरवण दिल्लींत वचून करीत तांका मान्यताय मेळोवपांत पर्रीकाराचो हात धरपी कोणूय आयजवेर जावंक ना. कॉंग्रेसीची सत्ता आसतना एदुआर्द फालेरो बरींच वर्सां केंद्रीय मंत्रीमंडळांत अर्थ खात्याचे राज्यमंत्री आशिल्ले. उपरांत रमाकांत खलप कांय तेंप कायदो मंत्री जाल्ले. पूण गोंयांत कसलीच उदरगतीची येवजण हाडूंक तांकां जमूंक नाशिल्लें. तेन्नाच्या राज्य सरकारांनीय केन्ना दिल्लींत वचून फावो तशी फाटपुरवण करूक नाशिल्ली आनी तांका दिल्लींत कोणें वालोरूय दिवंक नाशिल्लो, अशें पर्रीकाराचें म्हणणें. तांणी

मात केंद्रांत आपल्या पक्षाची सत्ता आसतना इफ्फी धरून साबार येवजण्यो आनी निधीय हाडलो, हें न्हयकारपाक येवचें ना. तांचे मदलो धोरणी प्रशासक, तांची बुद्ध आनी एकाद्रो निर्णय घेवन तो बेगोबेग चालीक लावपाची तांक लोकांक दिसताली. भाजपाचे दोन खासदार वेंचून येतकच आपली खोशी उकतायतना पर्रीकारान 'आतां पळयतूच रावात,' अशें पत्रकारांक सांगून फुडारांत येवपी उदरगतीच्या येवजण्यांची सुलूस दिल्ली.

लोकसभा वेंचणुकेंत नरेंद्र मोदींचें जैत मनोहर पर्रीकारा खातीर खूप म्हत्त्वाचें आशिल्लें. एक वर्सा पयलीं म्हळ्यार २०१३ च्या जून म्हयन्यांत गोंयांत जाल्ले भारतीय जनता पक्षाचे राष्ट्रीय कार्यकारिणी बसकेंत मनोहर पर्रीकारानूच नरेंद्र मोदींचें नांव प्रधानमंत्री पदा खातीर मुखार केल्लें. तेन्ना नरेंद्र मोदी हांका पक्षांतल्यान विरोध जातालो, तरीय पर्रीकारान तें धाडस केल्लें. ताळगांवच्या कम्युनिटी सभाघरांत ही बसका जाल्ली. पर्रीकारान आपल्या भाषणांत म्हणिल्लें, मोदींचो उल्लेख आपूण गुजरातेचे मुख्यमंत्री म्हूण करीना, कारण सपनां व्हड जातात तेन्ना ल्हानसान गजालींचेर उलोवपाचें नासता. तांच्या ह्या उलोवपाक ते वेळार टाळयांनी येवकार मेळ्ळो. केंद्रांतलें मनमोहन सिंग हांचें सरकार आनी गोंयांतलें दिगंबर कामतीच्या सरकाराचो मेळ घालीत हीं फकत लुटपी सरकारां आशिल्ल्याचो आरोप तांणी केल्लो. नरेंद्र मोदी हांका प्रधानमंत्री करचे खातीर घेतिल्ल्या फुडाकाराक लागून ते आनी मनोहर पर्रीकारामदीं एक वेगळेंच नातें तयार जाल्लें. भाजपाचे राष्ट्रीय कार्यकारिणीचे हे बसकेक एकटे लालकृष्ण अडवाणी सोडले जाल्यार अध्यक्ष राजनाथसिंह, अरूण जेटली, सुषमा स्वराज, अनंत कुमार अशे सगळेच फुडारी हाजीर आशिल्ले आनी प्रत्येकान कार्यकर्त्यां कडेन काळीज उकतायिल्लें. त्या उमेदीच्या वातावरणाचें वृत्तांकन गोवा न्यूजलायन- जैन टिव्ही खातीर करपाची संद म्हाका मेळिल्ली. सादारण धा- अकरा वर्सां उपरांत अशे तरेची बसका घडोवन हाडपा फाटलें कारण आशिल्लें देशभर तयार जाल्ल्या मोदी ल्हाराचो लाव घेवप. नरेंद्र मोदी हांचें नांव गोंयां सारख्या ल्हान राज्यांत प्रधानमंत्री पदा खातीर मुखार आयिल्ल्यान आनी तेंय बी फिशालकायेक लागून जांचें

नांव राश्ट्रीय पांवड्यार पावलां त्या मनोहर पर्रीकारान सुचयिल्ल्यान ही बसका इतिहासीक थारली. बसके मजगतीं मनोहर पर्रीकारा वयलो गोंयकारांचो मोगूय पक्षाच्या फुडाऱ्यांनी पळयलो. उपरांत भाजपाच्या भोवमतांत गोंयांन दोन खासदार दिल्ल्यान नरेंद्र मोदी आनी मनोहर पर्रीकार अदीक लागीं तर आयलेच, पूण मोदीं खातीर पर्रीकार 'खास' मनीस जाले. केंद्रांत सरकार घडयतना मनोहर पर्रीकारा सारख्या नितळ, प्रामाणीक, लोकप्रिय आनी कर्तबगार मनशाची गरज आसा म्हणपाचें मोदींक होलमल्लें आनी तो खातीर योग्य संद येवपाची वाट ते पळोवंक लागले. एप्रिलांत वेंचणूक जाले उपरांत सरकार घडयतना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीनी पर्रीकाराक मंत्रीमंडळांत आसपावन घेवंक नाशिल्लें आनी ताचे फाटलीं कारणांय तशींच आशिल्लीं. वेंचणुके आदीं आपली पयली प्रचार सभा गोंयांत घेवपाक नरेंद्र मोदी हाणीं हयकार दिल्लो. पणजे-मेरशे रस्त्याक तेंकून आशिल्ले मेकळे जागेंत जाल्ली ही मोदींची प्रचार सभा आदींच्या सगळ्या सभांचो उपस्थितीचो विक्रम फाटीं उडोवपी थारली. फुडाराचे प्रधानमंत्री म्हूण मोदींचें नाव लोक घेताले, इतलेंच न्हय तर ते प्रधानमंत्री जालेच अशेंच दिसूंक लागिल्लें. गोंयांतूय तसलेंच भार आयिल्ले वरी वातावरण तयार जाल्लें. सभा जैतवंत करचे खातीर मनोहर पर्रीकारान कसलीच कसर सोडूंक नाशिल्ली. देड लाखांचे हे सभेन मनोहर पर्रीकाराची लोकप्रियताच न्हय तर तांची तांकूय मोदींक दाखोवन दिली. मनोहर पर्रीकारा वयल्या लोकांच्या मोगाक कसलीच मेर शीम उरूंक ना म्हणपाचें मोदींनी ते सभे वरवीं पळयलें. गोंयांत अशे तरेची सभा घडोवन हाडून देड लाख लोकांक जमोवपाची कळाशी ही मनोहर पर्रीकाराचे राजकी कारकिर्दीची तेंगशी म्हणू येता. सभेक आयिल्ली निमाणी व्यक्ती थंय सावन सुरक्षीत भायर पडसर थंयच उबे रावन, गर्दी करूंक नाकात म्हूण लोकांक सुचोवपी, वावुरप्यांक मार्गदर्शन करपी मनोहर पर्रीकाराक आमी पळयलें. तांचे मदीं एक सादो आनी निश्ठावंत वावुरपी वसतालो आनी ताणेंच तांका म्हान केल्लें. हे सभेन तांचें आनी मोदीं मदलें नातें आनिकूय घट जालें, पूण तेंच नातें उपरांत पर्रीकाराक दिल्ली घेवन वतलें आनी तांच्या गोंयां पसून तांका वेगळायतलें म्हूण कोणेंच चिंतूक लेगीत नाशिल्लें. ताचे पयलींय तांकां

दिल्लींत व्हरपाचे यत्न जाल्ले आनी पर्रीकारान तांका दाद दिवंक नाशिल्ली. पूण हे फावटीं मोदी प्रधानमंत्री आशिल्ले. पर्रीकाराक मंमत्रीमंडळांत आसपावन घेवपाची वेळ आयिल्ल्याचें दिसतकच मोदीं हाणीं तांका दिल्लींत आपोवन घेतलें. आपूण सदचे वरी हें निमंत्रणूय निभावन व्हरतलों अशेंच पर्रीकाराक दिसतालें. मंत्रीमंडळांत येवचे खातीर दिल्लींतल्यान स्पश्ट असो संदेश आयलो तेन्ना तांणी तो आमचे कडेन 'शेअर' केलो खरो पूण खंयचेच परिस्थितींत आपूण गोंय सोडचो ना, हे आपले पोरणे भूमिकेक दसून रावप मात तांका शक्य जावंक नाशिल्लें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदींनी विनवणेच्या रुपान दिल्लो आदेश तांकां न्हयकारपाक आयलो ना. म्हाका मेळिल्ले माहिती प्रमाण ती ऑफर फाटीं घेवची म्हूण पर्रीकारान तीन-चार दीस दिल्लींतल्या आपल्या कांय इश्टां वरवीं यत्न केल्ले. पूण तांका मंत्रीमंडळांत आसपावन घेवपा विशीं प्रधानमंत्री ठाम आशिल्ले. तें कळ्ळे उपरांत पर्रीकाराचोय नाइलाज जालो आनी तांणी गोंय सोडून दिल्ली वचपाचो निर्णय घेतलो. मुख्यमंत्रीपदाचो तांचो हो तिसरो डाव दोन- अडेच वर्सां पुराय जातनाच तांकां अर्द्यारूच सोडून दिवचो पडलो. केंद्रांत आनी गोंयांत भाजपाची राजवट आशिल्ल्या कारणान गोंयची चारूय वटांनी उदरगत करपाची सपनां पळोवपी मनोहर पर्रीकाराक केंद्रांत तिसऱ्या क्रमांकांचे संरक्षणमंत्री पद मेळ्ळें तरीं तांची जाल्ली निराशा सगळ्यांक अजाप करून गेली. मुख्यमंत्र्यांच्या 'महालक्ष्मी' बंगल्याचेर हांवें तांची दोन फावटीं भेट घेतली तेन्नाय तांची अस्वस्थता उतरांनी सांगपा सारखी नाशिल्ली. दिल्लींत तर वचपाकूच जाय आशिल्लें आनी वचचे पयलीं हांगां सगळें जाग्यार घालपाची जापसालदारकीय तांचीच आशिल्ली. ते खातीर आपल्याक कांय म्हयन्यांची मुदत दियात म्हूण तांणी केल्ली मागणी मान्य जावंक नाशिल्ली. आपल्या मनांतल्यो कांय येवजण्यो चालीक लावनूच वचपाचो विचार ते करताले. मुख्यमंत्रीपदाचे ते आदींचे दोन डाव अर्द्यारूच सोडपाची वेळ तांचेर आयिल्ली, हे फावटीं तरीं पांच वर्सां राज्य करपाच्या तांच्या हावेसाक कोणूच आडमेळें हाडूंक शकचो ना अशेंच चित्र आशिल्लें. पूण आतां डाव अर्द्यार सोडून वचपाची वेळ आयिल्ली.

मनोहर पर्रीकार मुख्यमंत्रीपद कोणा कडेन दितले, हाचेर आतां चर्चा जावंक लागली. फ्रान्सीस डिसोझा उपमुख्यमंत्री आशिल्ले, लक्ष्मीकांत पार्सेकार आनी राजेंद्र आर्लेकार हांचींय नावां मुखार आयलीं. फ्रान्सीस डिसोझांची भलायकी बरी नासताली देखून तांचे कडेन मुख्यमंत्री पद वचचें ना म्हणपाची खात्री आमकां दिसताली. मनोहर पर्रीकाराक लक्ष्मीकांत पार्सेकार बरेच लागीं आशिल्ले आनी तांचे कडेनूच मुख्यमंत्रीपद दिवन पर्रीकार दिल्ली वतले अशें आमकांय दिसतालें. निमाणे कडेन तशेंच जालें आनी पार्सेकार गोंयचे मुख्यमंत्री जाले. संरक्षण मंत्रीपदाचो नवो डाव सुरू करचे खातीर मनोहर पर्रीकार दिल्लीचे दिशेन गेले तेन्ना मात कितल्याश्याच जाणांच्या गळ्यांत हिमटी दाटून आयली.

तेन्ना गोंयचे खासदार श्रीपाद नायका कडेन केंद्रीय मंत्रीमंडळातलो पर्यटन खात्याचो स्वतंत्र ताबो दिल्लो आनी गोंयचे दिश्टीन तें खातें खूब म्हत्वाचें आशिल्लें. १९९४ वर्सा एकाच वेळार आमदार म्हूण वेंचून आयिल्ले हे जोडयेन आपल्या कर्तृत्वाच्या नाड्यार मळबाक हात तेकयिल्लो. श्रीपाद नायक अटल बिहारी वाजपेयींचे मंत्रीमंडळ आसतनाय केंद्रांत मंत्री जाल्ले तर आतां पर्रीकार मोदी मंत्रीमंडळांतलो तिसऱ्या क्रमांकाचो मंत्री जाल्ले. पर्रीकार केंद्रींत मंत्रीमंडळांत आसपावन घेतकच मंत्रीमंडळाची फेररचणूक करतना श्रीपाद नायकांचें पर्यटन खातें गेलें आनी तशें जातलें म्हूण सगळ्यांकूच खबर आशिल्लें. इल्ल्याश्या गोंयांतल्या दोन खासदारां कडेन म्हत्वाचीं खातीं दिलीं जाल्यार मंत्रीमंडळाची संतुळा इबाडटली म्हूण प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी तसे निर्णय घेतिल्लो आसपाक जाय. पूण पर्रीकाराक लागून श्रीपाद नायकाचेर परतून एक फावटीं अन्याय जाल्ल्याचो साक्षात्कार गोंयांत कांय जाणांक जालोच. स्वता श्रीपाद नायकान मात अशे तरेचे चर्चे कडेन केन्नाच लक्ष दिवूंक ना. ताणी अशे कितलेशेच अन्याय पचयल्यात अशें तांचें बरें मागते सांगतात.

दिल्ली वतना आपूण सप्तकांतल्यान दोन दीस गोंयांत आसतलों अशें पर्रीकारान गोंयकारांक सांगिल्लें आनी ते दर शेवनार आयतार अशे दोन दीस गोंयांत येताले. पूण हे दोन दीस आपल्या कुटूंबा मदीं सारचे बदला ते प्रशासकी कामांतूच घुसपून रावताले. दिल्लींत गेल्ले आसले तरीं

गोंयच्या प्रशासनाचेर मुख्यमंत्र्यां परस तांचेंच चड नियंत्रण आसा, अशेंच दिसतालें. अर्थ खातें तशेंच हेर म्हत्वाच्या खात्यांतल्या अधिकाऱ्यांच्यो बसका ते आपयताले आनी तांका मार्गदर्शन करताले. मुख्यमंत्री लक्ष्मीकांत पार्सेकार 'नाईट वॉचमन' म्हूण तात्पुरतो भार आपल्या खांद्यार घेवन बसल्यात, अशेंच तेन्ना दिसूंक लागिल्लें.

●●●

वडाची सावळी

मनोहर पर्रीकार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या सरकारांत केंद्रीय संरक्षणमंत्री आसले तरी सप्तकांतल्यान दोन दीस ते गोंयचे अनधिकृत मुख्यमंत्री म्हूण वावुरतात म्हणपाचें चित्र आमी देड-दोन वर्सं पळयलें. मुख्यमंत्री लक्ष्मीकांत पार्सेकार तात्पुरती वेवस्था म्हूण क्रिकेटींतल्या 'नायट वॉचमन' वरी आशिल्ले. हांगा लक्ष्मीकांत पार्सेकार हांचो अपमान वा अनादर करपाचो हेतू निखालस ना; पर्रीकारांच्या हाता सकयल वावुरपी पुराय टीम तांच्याय हाता सकयल वावुरताली. ताका लागून फरक असो दिसच नाशिल्लो. तेन्नाची वट्ट परिस्थिती पळयल्यार मंत्रीमंडळ आनी सरकार मनोहर पर्रीकाराच्या मार्गदर्शनाचेर निंबून आशिल्लें

म्हणपाचें न्हयकारूंक जावचें ना. एक घडणूक सांगपा सारखी आसा. दिल्ली वचचे पयलीं स्वता पर्रीकारान कांय जाणांक 'तुमचीं कामां जातलीं पूण ते फायलींचेर म्हजी सय आसची ना, वेगळी सय आसतली,' अशें सांगून थाकाय दिल्ली आनी तेविशींचे जायते जाण साक्षीदार आसात. पर्रीकाराक लागून मुख्यमंत्री पार्सेकाराचे शेनवार आनी आयतार हे दोन दीस खुबूच गडबडीचे आसताले. पर्रीकाराक खूप जाण वडाची उपमा दिताले. पूण पर्रीकाराक तें आवड नाशिल्लें. वडाच्या रुखार कोणूच फातर मारीनात, असो तांचो आक्षेप आसतालो. आपल्याक कोणेंय आंबो म्हणल्यारूय जाता, आंबे मेळटले म्हूण कोण तरीं आपल्याचेर फातोर शेवटीतलो आनी ते फातोर सहन करपाची आपल्या मनाची तयारी आसा, अशेंय ते सांगताले. वडाच्या झाडा तळाक कांयच रुजना अशें म्हणटात आनी तें खरेंय आसा. ते नदरेंन पळयल्यार मनोहर पर्रीकाराक वडाची उपमा दिवस समा जातलें. तांच्या हाता सकयल तांचे इतलो कर्तबगार आनी गोंयचो कारभार तांचे वरीच पळोवंक शकता असो फुडारी तयार जालो ना. दोन दसकां गोंयच्या राजकारणात वावुरपी पर्रीकाराक आपले तोडीचो फुडारी तयार करपांत यश आयलें ना, हें मान्य करचें पडटलें. लक्ष्मीकांत पार्सेकाराचेर 'नायट वॉचमन' जावपाची पाळी त्याच कारणाक लागून आयली आसूं येता. केन्नाय ते विशीं विचारलें जाल्यार फुडारी तयार करपाचो नासता तर तो जल्माक येवचो पडटा, अशी ठरावीक जाप ते दिताले. आपल्याक गोंय सोडून दिल्ली वचचें पडत हाचो विचार तांणी केन्ना करूंक नाशिल्ल्यान आपलो वारस तयार करपाचेंय तांका सुचूंक नाशिल्लें, अशेंय म्हणू येता. लक्ष्मीकांत पार्सेकारन मात मुख्यमंत्री म्हूण जापसालदारकी पेलतना पर्रीकाराची दरेक सुचोवणी उखलून धरली. पर्रीकार सप्तकांतल्यान दोन दिसां खातीर गोंयांत येताले तेन्ना गोंयचो 'वजनदार' लोक तांकाच मेळपाक गर्दी करतालो, तेंवूय आमी पळयताले. आमकां मेळपा खातीर दिल्ली वेळ एक- दोन न्हय तर चार- चार सप्तकां फुडें धुकलताले, ताच्या वयल्यान कितली गर्दी जाताली तें मतींत येतलें. कितलेशेच प्रकल्प अर्दकुटे दवरून पर्रीकाराक दिल्ली वचचें पडिल्लें. दरेका भेटी वेळार ह्या प्रकल्पांचेर चर्चा जातालीच. ते दिल्लीक गेले उपरांत रितो जाल्ल्या तांच्या पणजे मतदारसंघांत पक्षान कोणाक उमेदवारी दिवपाची हेंय पर्रीकारान थारावन दवरिल्लें आनी तांकां लागीं आशिल्ल्यांक हो

उमेदवार कोण तें समजल्लें. पूण कसल्याच भितरल्या विरोधा विरयत सिद्धार्थ कुकळकार पर्रीकाराचो वारस जातलो अशें दिसपा सारखी परिस्थिती नाशिल्ली. ताका लागून उमेदवार थारावपा खातीर भाजपाक एक समिती नेमची पडली. आपूण दिल्लींत चड काळ तिगचो ना, थंय आपली घुसमटमार जातली हें पर्रीकाराक खबर आशिल्लें आनी संद मेळटकच गोंयांत परतुपाची तयारी तांणी मनांतल्या मनांत केल्ली. परतुपाचें ठरलें जाल्यार तांचे खातीर सांगता तेन्ना आमदारकेचो राजीनामो दिवपी मनीस तांकां थंय जाय आशिल्लो. ताकाच लागून चार-पांच वर्सां पर्रीकाराचे ओएसडी म्हूण काम पळोवपी आनी तांचे बराबर सावळे वरी रावपी सिद्धार्थ कुकळकार हांकांच उमेदवारी मेळटली म्हणपाचें थारिल्लें. भाजपाची राज्यांत सत्ता आशिल्ली आनी बाबूश मॉन्सेराता सारखे लोक विधानसभेंत आशिल्ले म्हणटकच पणजेचो मतदारसंघ परतून एक फावटीं जिखप भाजपाक सोपें जाले. जाणी कॉंग्रेसी आड बंड केल्ल्यान १९९४ वर्सा मनोहर पर्रीकार पयले फावटीं विधानसभेंत पाविल्लो तेच सुरेंद्र फुर्तादो हे फावटीं कॉंग्रेसीचे उमेदवार आशिल्ले. पूण फुर्तादोच्या त्या बंडाक २४ वर्सां जाल्लीं. काळ फुडें गेल्लो आनी आतां पणजेंत पर्रीकाराचें नांव जाल्लें. सादारण पांच हजार चडावत मतां घेवन सिद्धार्थ कुकळकार जैतवंत जाले. भाजपाक पणजेंतलें हें जैतूय थंयच्या मतदारांच्या मनोहर पर्रीकारा वयल्या मोगांतल्यान मेळिल्लें. आपलो आमदार देशाचो संरक्षणमंत्री जाल्ल्याचें कवतूक त्या मतदानांत आशिल्लें. हे वेचणुकेंत गोवा न्यूजलायन- जैन टिव्हीचें नासप खूप जाणांक जाणवलें. डॉ. जे. के. जैन हांका मनोहर पर्रीकारान कसलें आश्वासन दिल्लें तें आमी नकळों. दिल्ली वचून आमी संरक्षण मंत्र्यांचीय भेट घेतली, पूण उपयोग जालो ना आनी आपलो गोंयांतलो चॅनेल बंद करपाचो निर्णय डॉ. जैन हांणी घेतलो. आमी कांयच करपाक शकले नात. सॅटलायट टीव्ही कडेन जोडिल्ल्याची आमची खोशी फकत वर्स- देड वर्स तिगली आणि शेवटाक निर्शेवणीच पदरांत पडली. आमच्या चॅनेलांतल्या सुमार पंदरा जाणांचेर बेकार बसपाची पाळी आयली. आमकां जें अर्थीक लुकसाण जाल्लें तेंय खूब व्हडलें आशिल्लें. आमी आवा शिवा करून तातूंतल्यान भायर आयले. खरें म्हळ्यार जांणी आमचें काम स्मरून आमकां आदार दिवंक जाय आशिल्लो तांणी आमचे कडेन पळयलें लेगीत ना.

मुख्यमंत्री म्हूण मनोहर पर्रीकार जे तरेन प्रशासनाक आपले मुठींत धरून काम करताले ती तरा लक्ष्मीकांत पार्सेकाराक केन्नाच जमली ना. पर्रीकाराचो प्रशासनांतलो हस्तक्षेप हें ताचें फाटलें कारण. दिल्ली गेलो तरी ज्येश्ठ प्रशासकी अधिकारी पर्रीकाराक भियेवनूच आसताले. तांचे नदरेक नदर दिवपाची हिंमत एक्काय अधिकाऱ्याक नाशिल्ली. सरकाराच्या अर्थिक परिस्थितीचेर तर पर्रीकाराचें बारकायेन लक्ष आसतालें, ताका लागून पार्सेकारा वयली एक जापसालदारकी उणी जावन मुख्यमंत्री पद सांबाळप सोपें जालें. सरकाराक हेर मळांचेर आयिल्ल्या अपेसाचे मात ते बशिल्ले कडेन धनी जाले. विरोधकांनीय लक्ष्मीकांत पार्सेकाराची अडचण करपाची एक्कूय संद वगडांवक नाशिल्ली.

दिल्लींतली हवा मानवूंक नाशिल्ली तरींय पर्रीकारान थंयच्या राजकारण आनी प्रशासकी वेवस्थेचेर आपलो प्रभाव घालोच. पणजेचे आमदार आनी गोंयचे मुख्यमंत्री आता लखनौचे खासदार आनी देशाचे संरक्षणमंत्री जाल्ले. पूण इतल्या व्हड पदार आसुनूय हो मनीस सादोच रावलो. साध्या कपड्यांनी वावुरपी मनोहर पर्रीकाराच्या रुपान देशाक एक वेवसायीक संरक्षणमंत्री मेळिल्लो. जें केन्नाच जावंक ना तें तांणी पयल्याच वर्सा करून दाखयलें. लस्करा खातीर ९५ हजार कोटी रुपयांची गरजेची सामग्री घेवपाचो तांचो निर्णय मास्टर स्ट्रोक थारलो.

मनोहर पर्रीकार आपलो वाडदीस चडशे मनय नाशिल्ले अशें हे पयलीं सांगलां. तांकां साठ वर्सां पुराय जालीं तेन्ना पणजे एसएजी मैदानाचेर घडोवन हाडिल्ल्या सुवाळ्यांत मात तांका सत्कार मान्य करून घेवचोच पडलो. संरक्षण मंत्री पदा मेरेन पाविल्ल्या या गोंयच्या म्हान पुताचो सत्कार तेन्नाचे गृहमंत्री राजनाथ सिंग हांचे हस्तुकीं जालो. आपल्या मोगाळ भाईचो हो सत्कार पळोवपाक पन्नास हजार गोंयकार पणजे आयिल्ले. एकाद्र्या फुडाऱ्याच्या वाडदिसाक पन्नास हजार लोक जमतात म्हणपाचें आपणें पयलेच फावटीं पळयलें, अशें तेन्ना राजनाथ सिंग हांणी म्हणिल्ल्याची याद म्हाका जाता. ह्या सुवाळ्यान उलयतना एका वक्त्यान पर्रीकाराक परबीं भेटयतना भावनेच्या भरांत ' जब तूम होगे साठ सालके, हम होंगी पचपनकी' ह्यो हिंदी गीताच्यो वळी म्हणल्यो आनी पर्रीकार एकदम भावनावश जाल्ले आमी पळयले. जी त्या वेळार

पंचावन्न वर्सांची आसूंक जाय आशिल्ली ती चाळीस वर्सांची आसतनाच तांचो सांगात सोडून पयस गेली पूण तुमचेर मोग करपी लाखानी गोंयकारांनी ती नाशिल्ल्याची जाणविकाय तुमकां जावंक दिली ना अशें म्हणत त्या वक्त्यान आपलें भाशण सोंपयलें. मनांत कसलीच अपेक्षा दवरी नासतना लोकांची सेवा केली तर ती लोकांच्या मनांत उरता आनी आपलें राजकी भांडवल तेंच, अशें पर्रीकारान तेन्ना म्हणिल्लें. गृहमंत्री राजनाथ सिंह, भूपृश्ठ येरादारी मंत्री नितीन गडकरी, आयुश मंत्री श्रीपाद नायक हांचे हाजेरेंत जाल्लो हो दबाजो सदांच यादींत उरपा सारखो. संरक्षण मंत्री म्हूण पर्रीकारान थोड्याच काळांत नामना कशी जोडली तें सांगतना राजनाथ सिंग ९६ हजार कोटींचे लस्करी सामग्रीचे खरेदी विशींय उलयले.

संतुळा राखून लोककल्याण कशें करूं येता हें पर्रीकारा कडल्यान शिकपाचें. केंद्रांतल्या मंत्र्यांकडले तांच्या घट इश्टागतीक लागून केंद्राचो अर्थिक पालवाचो ओघ गोंयचे दिशेन येत रावलो. नितीन गडकरी तर पर्रीकाराचे जानी दोस्त. हे घट इश्टागतीनूच 'अटल सेतू' ह्या गोंयच्या उदरगतीचो मानबिंदू थारिल्ल्या पुलाच्या बांदकामाक सुरवात जाली. गोंयां खातीर पांच हजार कोटींचें पॅकेज जाहीर करून नितीन गडकरी हांणी पर्रीकाराची दिल्लींत कितली पत आसा, तें लोकांक दाखोवन दिलें. गोंयच्या मुख्यमंत्र्यान दिल्ली वचप आनी एक दोन मंत्र्यांक मेळून परत येवप हें वर्सांन वर्सां चलतालें. पूण पर्रीकारान ती प्रथा बदलून उडयली. ते एक दोन मंत्र्यांचे भेटीन समाधानी जावपी मनीस नाशिल्ले तर जितल्या म्हूण मंत्रालयांत गोंयां विशींचे काम आसा त्या मंत्र्यांच्या चेंबरांत बेधडक भितर वचपा इतलें राजकी वजन तांणी दिल्लींतल्या संरक्षण मंत्री पदाचे कारकिर्दींत हाताशिल्लें. थंय लेगीत ते सदांच नमळायेन वागले. संरक्षण मंत्री म्हूण पर्रीकार दिल्ली वावुरताले देखून गोंय सावन थंय वचपी मंत्र्यांचीं कामां कशीं सोपीं जातालीं, तेंय सांगपी लोक आसात. दिल्ली आनी गोंयांत एकाच वेळार लक्ष दिवन काम करप ही सोपी गजाल न्हय. पूण मनोहर पर्रीकार हाणीं तेंय करून दाखयलें. २०१६ वर्सा मात पाकिस्ताना कडलो संघर्श वाडलो आनी तांका गोंयांक वेळ दिवपा इतली उसरपत मेळ्ळी ना. ताचो थोडो भोव परिणाम गोंयांतूय जालो. २८ सप्टेंबर २०१६ ह्या दिसा भारतीय जवानांनी

पाकिस्तानी शिमे भितर घुसून केल्ल्या सर्जीकल स्ट्रायकाक लागून तर मनोहर पर्रीकाराचें नांव इतिहासांत वज्रालिखणेन बरोवन दवरलें. पर्रीकारान फुडाकार घेवन पाकिस्तानाक बुद्द शिकोवचे खातीर सर्जीकल स्ट्रायक घडोवन हाडलो आनी जे तरेन ताचें नियोजन केल्लें तसोच तो फळादीक जाल्ल्यान पर्रीकाराकूच तें श्रेय वता. तेन्ना पाकिस्तानान बळकायिल्ल्या काश्मिरांत आशिल्लीं आकांतवाद्यांची ठिकाणां ना नपयत जालीं. पर्रीकाराच्या ह्या कर्तुपाची शाबासकी अख्ख्या देशान ताका दिली. ताका लागून गोंयकारांचे हड्डें आनीक एक इंचभर फुगप सभावीक आशिल्लें. संरक्षणाच्या मळार मेक ईन इंडिया, वन रँक- वन पेन्शन ही लेगीत पर्रीकाराचीच भेट. संरक्षण मंत्रालयाची जापसालदारकी घेतले उपरांत दोनूच वर्सांनी पर्रीकारान त्या मंत्रालयाचें मुखामळूच बदलून उडयलें. हें सगळें करतना तांका मना विरुद्द दिल्लींत रावचें पडटालें. दिल्लींतलें राजकारण आपले खातीर न्हय हेविशीं तांची खात्री केन्नाच पटिल्ली. थंयच्या एजंटां पसून पयस रावचे खातीर ते बरेच फावटीं आपल्या घरांत बसून रावताले वा फायलींत तकली रोमून बसताले. गोंयांतल्यान तांका मेळपा खातीर दिल्लींत येवपी कोणेंय जर विचारलें तर येतना विसवणाचीं तळिल्लीं पोस्तां घेवन येयात म्हूण ते मोगान सांगताले.

दिल्लींत ताजें फडफडीत नुस्तें मेळप कुस्तार. पर्रीकाराची अवस्था उदका विणें मासोळी कशी जाल्ली. एकदां गोंयच्या पत्रकारांच्या एका पंगडाचो दिल्ली दौरो संरक्षण मंत्रालयान घडोवन हाडलो. गोवा न्यूजलायन- जैन टीव्हीचो प्रतिनिधी म्हूण म्हजो पूत प्रवेश ह्या दौऱ्याचेर गेल्लो. संरक्षण मंत्रालया खाला येवपी साबार प्रकल्पांक भेट दिले उपरांत हे पत्रकार संरक्षण मंत्री मनोहर पर्रीकाराक मेळपाक गेले तेन्ना प्रवेशाक कुशीक आपोवन तांणी म्हजे खातीर दिल्लो रकाद हो मनीस कितलो 'डाऊन टू अर्थ आशिल्लो तें दाखयता. उपरांत गोंयांत आयिल्ले कडेन आमची भेट जाली तेन्ना प्रवेशा वरवीं धाडिल्ल्या रकादा विशीं तांणी विचारूंक नाशिल्लें जाल्यारूच अजाप दिसपाचें. मजगतींच्या काळांत जैन टीव्ही कडले आमचे संबंध सोपिल्ले आनी ताका लागून मनोहर पर्रीकाराच्या पालकत्वा खाला चलपी 'गोवादूत' ह्या दिसाळ्याचो संपादक म्हूण हांव काम करूंक लागिल्लों. २०१६ वर्साच्या जून म्हयन्यांत हांवें काम सुरू

केलें तेन्ना मनोहर पर्रीकारांक हांव मेळूंक नाशिल्लों आनी तांकां मेळप गरजेचें अशेंय म्हाका दिसूंक नाशिल्लें. गोवादूतच्या वेवस्थापनांन मात म्हाका त्या पदाचेर नेमचे पयलीं पर्रीकारा कडेन चर्चा केल्ली, हें म्हाका उपरांत कळ्ळें. हांवें संपादक जावपाक तांणी कसलीच हरकत घेवंक नाशिल्ली. कित्याक कोण जाणा, आमच्या संबंधांत तेन्ना वेर कशी गेल्ली. गोवादूत दिसाळ्याचो संपादक म्हूण हांवें २०१९च्या फेब्रुवारी म्हयन्या मेरेन काम केलें. मजगतींच्या काळांत पर्रीकाराक मेळ्ळों तो लेगीत वेवसायीक कामा खातीर.

●●●

लस्कराचें रीण फारीक केलें

संरक्षणमंत्री म्हूण दिल्लींत वर्स - देड वर्स सारील्ल्यान पर्रीकाराची हिंदी बरीच सुदारिल्ली. संरक्षण मंत्रालयाचो तांचो अभ्यासूय बरोच जाल्लो. संरक्षणमंत्री म्हूण आपलें काम लस्कर, नौदल आनी हवाई दला पुरतेंच मर्यादित आतसलें अशें दिसतालें, पूण जेन्ना ताबो घेतलो तेन्ना ह्या मंत्रालयाचो विस्तार कळ्ळो, अशेंय ते सांगताले. वयलेचाराक जितलो दिसता तितलो संरक्षण मंत्रालयाचो कारभार मर्यादीत ना, कोस्ट गार्डा पसून डीआरडीओ मेरेन सबार विभागांचो आसपाव ताचे भितर जाता. ह्या सगळ्या विभागांचो व्याप सांबाळप म्हणजे व्हड आव्हान आनी आपणें तें स्वीकारलें, अशेंय पर्रीकार सांगताले.

वर्स २०१६ आसतलें. पर्रीकार संसदेंत ऑगस्टा वेस्टलँड हेलिकॉप्टर खरेदी वयल्यान उपराशिल्ल्या वादाक जाप दिवपाक उबे आशिल्ले. संरक्षणमंत्री लोकसभेंत वा राज्यसभेंत आसतकच त्या सभाघराचें काम लायव्ह पळोवपाची सवंयशी जाल्ली. वेस्टलँड हेलिकॉप्टर विशींच्या वादाक तांणी जे फिशालकायेन जाप दीत सभाघराक थंड केलें आनी जे तरेन कसलींच कागदपत्रां वा नोट्स पळय नासतना वांगड्यांनी विचारिल्ल्या साबार प्रस्नांच्यो जापो सोबीत हिंदींतल्यान उलयत दिल्यो, ताचे वयल्यान खंयच्याय प्रस्नाचो खोलायेन अभ्यास करून सभाघरांत येवपाची तांची सवंय परतून दिसली. आपणें संरक्षणमंत्री जावप म्हणजे लस्कराचें रीण फारीक करचे खातीर नियतीन दिल्ले जबाबदारीक पाळो दिवप अशें ते मानताले. गोंय हो देशांतलो असो वाठार, जाका मुक्त करचे खातीर लस्कर धाडचें पडिल्लें. तें लस्कराचें रीण गोंयचेर आसा आनी तेंच फारीक करपा खातीर संरक्षणमंत्री पद आपले कडेन चलत आयलां; ना जाल्यार गोंयचो लस्करा कडेन तसो व्हडलो सो संबध ना, अशें पर्रीकाराचें म्हणणें आशिल्लें. शिमेचेर वत-पावसांत उबे रावन देशा खातीर लडटल्या आनी आपूण जितोजिवो घरा पावत म्हूण खात्री नासतल्या जवानांची जीण कशी आसता हेंय ते सांगताले. मंत्रालयांतल्या अधिकारी आनी कर्मचाऱ्यांनी शिमेर वचून थंय कांय दीस रावचे आनी थंयचे जिणेचो अणभव घेतचो असो आग्रो तांणी धरिल्लो. पूण रोखडेंच तांका गोंयांत परतुचें पडलें आनी तो प्रयोग ते करूंक शकले नात. शिमे वयली जीण वेगळीच आसता म्हणपाचें आपल्याक मंत्रालयाची जापसालदारकी घेतले उपरांतूच कळ्ळें, अशें ते सांगताले. आकांतवाद आनी भ्रश्टाचाराचो सांगोड घालीत ह्यो दोनूय गजाली पुरायेन ना नपयत जावच्यो नात अशें तांचें म्हणणें आसतालें. भ्रश्टाचाराची तांका मना सावन तिडक येताली. सत्तेंत आसूं वा विरोधांत मुखार बशिल्ल्या मंत्री वा आमदाराचीं लफडीं कशीं सोदून काडप आनी एकाद्र्याच्या मनांतली ते विशींची उलाघाल कशी पारखुवप हें पर्रीकारा कडल्यान शिकचें. २०१३ वा २०१४चें वर्स आसतलें. तेन्ना पांडुरंग मडकंयकार हे कुमारजुवेंचे आमदार विरोधी पक्षांत आशिल्ले. तांणी विचारिल्ल्या प्रस्नाच्या आदारान मुख्यमंत्री पर्रीकारान ताचेंच गुपीत उकत्यार घालें आनी मडकंयकाराक शेळो घाम फुटलो. प्रस्न तसो सादोच आशिल्लो. ओल्ड गोवा पोलीस स्थानका खातीर जागो घेवपा विशीं तांणी

विचारिल्लें. पूण जाप दिवचे बदला पर्रीकारान तांकाच तुमी सत्तेचेर आसतना हाडिल्ल्या पोलीस स्थानका खातीर जागो घेवपाच्या प्रस्तावाचें कितें जालें असो प्रस्न विचारलो. जालें, मडकंयकाराचें गुपीत भर सभाघरांत उकतें पडलें. तो भूखंड सरकार ताब्यांत घेतलें अशी धमकी जमनीच्या मालकाक दीत मडकंयकारान तो सवाय भितर उखल्लो, अशें सभाघराक सांगून आपूण आतां हें प्रकरण भ्रश्टाचार विरोधी विभागा कडेन दितां, अशी जाप पर्रीकारान दिली. कांय वांगडी आपल्या पदाचो कसो गैरफायदो घेतात हेंय तांणी सभाघराक सांगलें. आपूण कितलीशींच वर्सां पोलीस स्थानका खातीर यत्न करीत आयलां, अशी रुजवात मडकंयकार करपाक लागले तेन्ना आठ- धा वर्सां पयलीं ज्या भूखंडाची शिफारस जाल्ली तोच भूखंड उपरांत मडकंयकाराचे मालकीचो कसो जालो, असो प्रस्न करून पर्रीकारान मडकंयकाराक अडचणींत हाडलो. तेन्नाचो गोंदळून गेल्लो मडकंयकार आयजूय दोळयां मुखार येता. अश्यो कितल्याश्योच घडणुको आमी पर्रीकाराचे राजवटींत पळयल्यो. दरेके फायलीची तपासणी करतना पर्रीकाराची नदर त्या वेव्हारांत चुको, गैरवेव्हार आसा काय, भ्रश्टाचार जाला काय म्हूण सोद घेताली आनी कितेंय हाताक मेळ्ळें तर ताचो ज्युस्त वापर खंय आनी कसो करचो हेंवूय तांका खबर आसतालें. प्रशासनातले साबार अधिकारी हेविशीं चुकीचे सल्ले मंत्र्यांक दिताले. पूण पर्रीकारा कडेन उलयतना ते पुरायेन सादूर आसताले. संरक्षणमंत्री आसतनाय तांणी पयलींच्यो फायली तपासून त्या काळांतल्या मंत्र्यांनी केल्ल्यो चुको उजवाडांत हाडल्यो आनी मंत्रालयांचो कारभार कसो चलतालो तें सभाघराक दाखोवन दिलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदींचो तांचेर भोव विस्वास आशिल्ल्यान आनी आपल्या खात्याक न्याय दितना तांणी घेतिल्ल्या निर्णयांक लागून पर्रीकाराचें नांव फुडाराचे प्रधानमंत्री म्हूण मुखार येवंक लागिल्लें. असले चर्चेंत तांकां स्वारस्य नासतालें. आतां तर तांका गोंयांत परतुपाची ओड लागिल्ली. दिल्लींत तांका कशेंच करमनाशिल्लें. दिल्लींत फकत एजंटूच भरल्यात, अशें ते सदांच म्हणटाले. आपल्या घरांतल्यान ते चडशे भायरूय सरनाशिल्ले. इल्लीशी उसरपत मेळ्ळी तर तांचीं पावलां गोंयचे दिशेन वळटालीं. विरोधकांनीय ताचें भांडवल करपाचो यत्न केल्लो. दिल्ली म्हणजे आपल्याक आपल्या मनशां पसून तोडपा खातीर दिल्ली ख्यास्त अशेंच तांका दिसतालें. कामाक ते वाग आशिल्ले तरी लागींचे

इश्ट- मित्र नात, घरचीं मनशां नात, मेकळेपणी कोणा कडेन उलोवपाचीय संद ना आनी आवडीचें नुस्तेंय ना; देखून आपली घुसमट चल्ल्या म्हणपाचें ते लागींच्या इश्टांक सांगताले. संरक्षणमंत्री म्हूण दिल्लींत येवपाचें निमंत्रण प्रधानममंत्री नरेंद्र मोदी हाणीं दिले उपरांत आपल्या फाटल्यान सरकार बेस बरें चलचें आनी ते अस्थीर करपाची संद कोणाकूच मेळची न्हय म्हूण फावो ती जतनाय पर्रीकारान घेतिल्ली. सलग पांच वर्सां गोंयचो मुख्यमंत्री म्हूण रावपाचो तांचो विचार आशिल्लो आनी केंद्रांतल्यानूय ते खातीर हयकार मेळिल्लो. पूण प्रधानमंत्र्यानी निर्णय घेतलो आनी आपूण घुसपलों म्हूण ते सांगताले. गोंयांत कॉंग्रेसीचे आमदार आशिल्ले माविन गुदिन्होक भाजपाचे बाविसावे आमदार म्हूण वळखताले. सुरवाती पसूनच माविनान आपल्या पक्षाच्या फुडाऱ्यां कडेन वाकडेपण घेत आपलें पक्षांत कशेंच जमचें ना म्हणपाचें दाखोवन दिल्लें. माथानी साल्ढणांच्या मरणा उपरांत कुडचडें मतदारसंघांतल्यान तांची घरकान्न एलिना बिनविरोध वेंचून येवप ही कॉंग्रेसी खातीर लजेक म्हारग जावपा सारखी गजाल आशिल्ली. माविनान ह्या प्रकरणांत भाजपाक बरीच मदत केल्ली, हेंय सगळ्यांक खबर आशिल्लें. प्रतापसिंग राणे आनी माविन गुदिन्हो हांची दुस्मानकाय खूब पोरणी. प्रतापसिंग राणेनूच पर्रीकाराक कागदपत्रां दिवन आपले आड केश करूंक लायिल्ली, हेंय माविनाक खबर आशिल्लें. विरोधी पक्ष फुडारी म्हूण प्रतापसिंग राणेंक वेचले उपरांत तर तांचे कडेन जुळोवन घेतना माविनाक खुपूच कुस्तार वतालें. ताका लागून माविन मुख्यमंत्र्यांक चड लागीं वचत रावलो. कॉंग्रेसींतल्या जावपी बकत्छायां कडेन आडनदर करीत ताणे आपूण भाजपा वटेनूच रावतलों म्हणपाचें दाखोवन दिलें. अपात्र जावचो न्हय म्हूण कांय वेळार पक्षान व्हीप काडटकच तांकां सरकाराच्या आड मतदान करचें पडटालें, पूण ते कॉंग्रेसीचे आमदार म्हूण केन्नाच वावुरले नात. संद मेळना फुडें पर्रीकार सरकाराची आनी उपरांत केंद्रांतल्या नरेंद्र मोदी सरकाराची तोंडभर तुस्त ते करताले. राज्यसभेचो गोंयचो वांगडी वेंचपा खातीर जेन्ना वेंचणूक जाली तेन्ना भाजपाचो विनय तेंडुलकार जिखतलो म्हणपाचें सगळ्यांकूच खबर आशिल्लें. पूण कॉंग्रेसचें जे एक मत फुटलें तें कोणाचें, हें समजून घेवप कठीण नाशिल्लें. मनोहर पर्रीकार आनी उपरांत लक्ष्मीकांत पार्सेकारा कडेन बरेंपण जोडिल्ल्यान माविन

गुदिन्होंक आपल्या मतदारसंघांत वावर करतना केन्नाच निधी कमी पडलो ना. माविन गुदिन्होंचे आड केश करपी मनोहर पर्रीकारांक उपरांत यू- टर्न घेवचो पडलो. माविनान कसलोच गुन्याव करूंक ना तर तो करपाचे दिशेन तांचीं पावलां पडिल्लीं, अशी मखलाशी करीत पर्रीकारान माविनाक सांबाळून घेतलें. 'अटॅम्प्ट टू स्कॅम' हें नवें उतर तांणी सोदून काडलें. चार- साडेचार वर्सां भाजपाचो अनधिकृत वांगडी आशिल्ले माविन वेंचणूक जाहीर जाली तेन्ना भाजपाचे दाबोळी मतदारसंघातले उमेदवार जावप सभावीक आशिल्लें.

विधानसभा वेंचणुकेचे वेध गोंयाक लागले तेन्ना मनोहर पर्रीकार संरक्षणमंत्री आशिल्ले आनी दिल्लींत बसून गोंयचे राजकी परिस्थितीचेर नदर दवरून राविल्ले. संरक्षणमंत्री पदाचेर मनोहर पर्रीकाराचें वचप तांच्या पक्षाक गोंयांत नवें जैत मेळोवन दितलें काय कितें, असा प्रस्न उपराशिल्लो. पर्रीकार दिल्ली गेल्ल्यान राज्या मुखा वयले साबार प्रस्न कुसत पडिल्ले. लक्ष्मीकांत पार्सेकाराक मुख्यमंत्री म्हूण गोंयकारांनी स्वीकारूंक नाशिल्लो आनी प्रशासनाचेर पर्रीकाराचोच शेक चलतालो. लक्ष्मीकांत पार्सेकाराक स्वताक सिद्ध करपाक आयलें ना अशें म्हणचे परस मनोहर पर्रीकारान दिल्ले फास्के भायर ते केन्नाच गेले नात, अशें म्हणप समा जातलें. पार्सेकाराची गत हुकमाच्या ताबेदारा वरी जाल्ली आनी तिचो खर धपको तांका वेंचणुकेंत बसलो. गोंयांतल्यो खणी ह्या काळांत बंदूच आशिल्ल्यो. नरेंद्र मोदींचे भाजपा सरकार सत्तेचेर येवनूय खणींचो प्रस्न सोडोवपाक ते अपेशी थारलें. इंग्लीश माध्यमाच्या शाळांत अनुदान दिवपाच्या प्रस्ना वेल्यान तापिल्लें वातावरण थंड जावपाचें नाव घेनाशिल्लें. लक्ष्मीकांत पार्सेकार मुख्यमंत्री आसून लेगीत कांयच करूंक शकनाशिल्ले. दुसरे वटेन सुभाष वेलिंगकारान तांचे एका काळा वयले आवडटे शिश्य मनोहर पर्रीकारा आड झूज सुरू केल्लें. तांचे गोवा सुरक्षा मंच हे संघटनेन तो प्रस्न जिवोच उरतलो म्हणपाची जतनाय घेतिल्ली. मनोहर पर्रीकार ह्या काळांत सदचे वरी दर सप्तकांत गोंयां येताले. गोंयचें वातावरण खूप तापलां म्हणपाचो अदमास तांकांय आयिल्लो. केंद्रा कडल्यान अर्थीक पॅकेज येतलें म्हणपाच्यो घोशणा आत्र्या-पयऱ्यान जाताल्यो तरींय गोंयची अर्थीक परिस्थिती हुसको करपा सारखी जाल्ली. कॅसीनोंचे वेव्हार तर तांचें स्वताचेंच राज्य आशिल्ले

वरी चलताले आनी तो मुद्दो घेवन विरोधकांनी सरकाराच्या आड लोकमत वेंचणुकां मेरेन तापिल्लें दवरपाची जतनाय घेतिल्ली. मजगतीं, केंद्रान एक हजार आनी पाचशीं रुपयांच्यो नोटो चलनातल्यान भायरावपाचो निर्णय घेतलो. निश्चलनीकरणाचो जो परिणाम देशांत जालो तोच गोंयच्या वाट्याकूय आयलो. गोंयकार अस्वस्थ जाले. पर्रीकार जेन्ना गोंयभर भोंवताले तेन्ना लोकांचेर जाल्लो परिणाम तांकांय दिसतालो आनी नोटबंदी कशी गरजेची आशिल्ली तें आपले पद्धतीन ते लोकांक सांगताले.

२०१७ चे वेंचणुकेची तयारी करतना मनोहर पर्रीकारा मुखार २०१२ वर्सा जाल्ली, भाजपाक २१ जागे जिखून दिवपी वेंचणुक आशिल्ली आनी तिचीच पुनरावृत्ती करपाची तयारी तांणी चलयिल्ली म्हणपाचें तांचो वावर आनी तांचें उलोवप सांगतालें. ते हिंदुत्वा पसून पयसावंक लागल्यात म्हणपाचें स्पश्ट दिसतालें. तशें केले बगर आपल्या पक्षाक विधानसभेंत भोवमत मेळूंक शकना म्हणपाचें तांच्या लक्षांत आयिल्लें आनी भाजपाचे उमेदवार थारायतना तांणी आपणायिल्ले पद्दती वेल्यान ही जाणविकाय तांच्या मनांत परायेन रिगल्या म्हूण कळटालें. 'सोशल इंजिनियरिंग' होच तांचे खातीर जैताचो मंत्र जाल्लो. भारतीय जनता पक्षान स ख्रिस्तांव आमदारां सयत सत्तेचेर येवपाची घडणूक पयलेच फावटीं घडिल्ली आनी ही व्हड घडणूक म्हणपाचें दिल्लींत आसतनाय ते सांगताले. फुडले वेंचणुके वेळारूय तोच 'फॉर्म्युला' घेवन मुखार वचपाचें तांणी थारायिल्लें. तांचो हो निर्णय पटनाशिल्लेय भाजपांत आशिल्ले आनी आपसांत ते तशें उलयताले, पूण पर्रीकाराच्या तोंडार तशें स्पश्टपणान उलोवन दाखोवपाचें धाडस तातुंतल्या एक- दोगां कडेनूच आशिल्लें. तांच्या सांगण्यात पर्रीकाराचें मत बदलपाचीय शक्यता नाशिल्ली. भाजपाच्या केंद्रीय फुडाऱ्यांनीय २०१७ची वेंचणूक पर्रीकाराच्या भरवंशाचेर लढोवपाचें थारायिल्लें. पर्रीकाराच्या पंगडां कडल्यान ते जैताचीच आस्त दवरताले. गोंयांत परतून भाजपाचेंच सरकार येतलें म्हणपाची पुराय खात्री पर्रीकाराक आशिल्ली. २०१२चें जैत तर मेळटलेंच, पूण एक- दोन चडावत जागेय मेळटले, असोच वट्ट रागरंग आशिल्लो. कॉंग्रेस, महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्ष, गोवा फॉरवर्ड, आम आदमी पार्टी अशा पक्षांनी गर्दी केल्ल्यान भाजपाचें काम सोंपें जाल्ले

वरी दिसतालें. पक्षाचीं तत्वां कुशीक दवरून मनोहर पर्रीकारान उमेदवार थारायिल्ले आनी तें पक्ष संघटनेंतल्या बऱ्याच फुडाऱ्यांक आवडूंक नाशिल्लें. दोन- अडेच वर्सां सत्तेचेर आशिल्ल्या लक्ष्मीकांत पार्सेकार सरकारान तर गोंयकारांचो अपेक्षा भंगूच केल्लो. साबार प्रस्न हुमकळत उरिल्ले. हे फाटभूंयेर जाल्ले वेंचणुकेचे निकाल आयले तेन्ना मात गोंयकारांकूय जबर धपको बसलो.

●●●

गोंय मुक्तीदिस सुवाळ्या खातीर आयिल्ल्या विद्यार्थ्यां मदीं रमिल्ले मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकार.

गवंडाळे – कुमारजुवें पुलाचें काम पळयतना मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकार.

संरक्षण मंत्री म्हूण कार्यभार घेतले उपरांत एका सुवाळ्यांत मानवंदना घेतना मनोहर पर्रीकार.

फोटे : राजतीलक नायक

गोंयचे मुख्यमंत्री म्हूण चौथे फावटीं सुत्रां हातांत घेतले उपरांत घडोवन हाडिल्ल्या भौमान सुवाळ्यांत भाजपाचे तेन्नाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष अमित शहा हांच्या सांगातान मनोहर पर्रीकार.

पणजे २०१७ वर्सा घडोवन हाडिल्ल्या भौमान सुवाळ्यांत तेन्नाचे केंद्रीय मंत्री सुरेश प्रभू हांचेकडेन उलयतना मनोहर पर्रीकार.

मुख्यमंत्री म्हूण मनोहर पर्रीकार हांची गोंय विधानसभेतली निमाणी हजेरी. दुयेंसा कडेन झुंजत आपलो निमाणो अर्थसंकल्प मांडटना मनोहर पर्रीकार.

फोटे : राजतीलक नायक

पयलेच फावटीं आमदार जाले उपरांत पयलोच जाहीर सुवाळो. पुढारी दिसाळ्याच्या कार्यालयाच्या उक्तावण सुवाळ्यांत येवकारतना शमी प्रभू.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी मनोहर पर्रीकारा मदली इश्टागत.

पुढारी दिसाळ्याच्या नव्या कार्यालयाच्या उक्तावण सुवाळ्यांत तेन्नाचे मुख्यमंत्री प्रतापसिंग राणे, डॉ. विल्फ्रेड डिसोझा हांच्या सांगातान मनोहर पर्रीकार.

गोंयच्या इलेक्ट्रॉनीक पर्वाची सुरवात. गोवा न्यूजलायन खबरां चॅनेलाचें उक्तावण करताना मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकार.

निमाणी यात्रा : गोंय कला अकादमीच्या संकुलांत स. मनोहर पर्रीकार हांची कूड लोकांच्या दर्शना खातीर दवरिल्ली.

फोटो : समीर नार्वेकार

परत जाले मुख्यमंत्री

अल्पसंख्यांक भारतीय जनता पक्षा लागीं येवचे म्हूण पर्रीकारान कसलीच कसर दवरूंक नाशिल्ली. फकत हिंदूंच्या मतांच्या म्हालवजाचेर आपलो पक्ष सत्तेचेर येवपाक शकचो ना म्हणपचो साक्षात्कार पर्रीकाराक २००७ वर्साचे वेंचणुके वेळारूच जाल्लो. उपरांतच्या काळांत तांणी सगळ्यांक आसपावन घेवपाचें धोरण आपणायिल्लें. पक्षाच्या ध्येय-धोरणांचो मान राखतनाच सगळ्याच समाजांक पक्षा मदीं आसपान घेवचे खातीर तांणी उखलिल्ल्या पावलांक लागून कांय जाण खुबळ्ळे आसले तरीं तांच्या तंत्राक २०१२ वर्सा जाल्ले वेंचणुकेंत घसघशीत येस मेळ्ळें. २०१७ वर्सांय ताचीच पुनरावृत्ती

जातली म्हणपाचें स्पश्ट दिसतालें. वेंचणुके वेळार उमेदवार थारायतनाय तेंच सूत्र तांणी आपणायिल्लें. संरक्षणमंत्री म्हूण केंद्रांत वतकच थंय दोन-अडेच वर्सां घुसपून उरिल्ल्यान गोंयच्या राजकारणा पसून ते मातशे पयस गेल्ले खरे, पूण राजकारणा वयलें तांचें नियंत्रण कूसभर लेगीत उणें जावंक नाशिल्लें. केंद्रांत तर तांच्याच पक्षाचें सरकार आशिल्लें. त्या म्हालवजाक लागून आसूं वा हेर कारणांक लागून आसूं, उमेदवार कसलोय आसलो तरीं तो भाजपाच्या तिकिटाचेर खात्रेन जिखतलो म्हणपाचो आत्मविश्वास तांका आशिल्लो. फाटले परस चड, बद्द दोन तृतियांश जागे जिखतले म्हणपाची खात्री ते आमचे कडेन उलयतना दिताले. उलोवचे पयलीं आपले पद्धतीन ते आमचे कडल्यान फीड-बॅक घेताले. भोवमताची आस्त दवरून आशिल्ल्या भाजपाच्या मार्गांत व्हडलींशी आडमेळीं आसतलीं अशें आमकांय दिसूंक नाशिल्लें. पांच वर्सां विरोधी बांकांचेर बसपाची पाळी आयिल्लो कॉग्रेस पक्ष गळसणून गेल्लो आनी पक्षांत बंड माजप तर सदाचेंच जाल्लें. अशे परिस्थितींत तो पक्ष बरी कामगिरी करतलो म्हणपाची आस्त दवरपूय पिशेपणां. महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षा कडेनय युती करपाक भाजपा तयार नाशिल्लो, आपल्याच जिवार भोवमत हातासपाची मोख फुडाऱ्यां मुखार आशिल्ली. मजगतीं कॉग्रेसींतले वादावादीक लागून गोवा फॉरवर्ड पक्ष जल्माक आयिल्लो. आम आदमी पक्षानूय हे वेंचणुकेंत उमेदवार उबे केल्ले. हे फाटभूंयेर कॉग्रेसीचीं मतां वाटून आनी फुटून वतलीं आनी भाजपाक सोंपेपणी भोवमत मेळटलें अशेंच चित्र दिसतालें. पणजे भाजपान परत सिद्धार्थ कुकळकाराक उमेदवारी दिली तर दाबोळे माविन गुदिन्होक. कॉग्रेशींत आशिल्ले पांडुरंग मडकंयकार परतून भाजपांत आयले आनी तांका कुमारजुवेंतल्यान उमेदवारी मेळ्ळी. ह्याच मडकंयकाराक पर्रीकारान मुख्यमंत्री आसतना एका भूखंड प्रकरणांत घुसपावन दवरिल्लें आनी आतां तांका भाजपान पावन करून घेतिल्लें. दाबोळेचे उमेदवारी वयल्यान म.गो. आनी भाजपाचें अदीक पेटलें आनी युती जावपाची शक्यताय सोंपली. म. गो. पक्षाची दाबोळेची मागणी चुकीची नाशिल्ली तरीं माविन गुदिन्होन वेवस्थीत पावलां मारीत भाजपाची उमेदवारी खूप पयलीं थारावन दवरिल्ली. प्रेमानंद नानोसकारा

खातीर भाजपान हो मतदारसंघ सोडचो, असो म.गो. पक्षाचो आग्रो आशिल्लो. वास्को मतदारसंघांतल्यान कृष्णा (दाजी) साळकाराची उमेदवारी पयलींच थारिल्ली पूण पर्रीकाराचे सोशल इंजिनियरंगाचो धपको ताकाय बसलो. मयें मतदारसंघांत प्रविण झांट्ये हांकां उमेदवारी दिवची म्हूण तेन्नाचे केंद्रीय मंत्री आनी गोंयचे जावंय सुरेश प्रभू हांणी केल्ल्या यत्नांक येस आयलें आनी तेन्नाच दाजी साळकाराचें तिकीट गूल जालें. दाजी म्हजो जावंय. तांकांच उमेदवारी दिवपाची म्हूण भाजपाच्या फुडाऱ्यांनी थारायिल्लें. दाजी- शमी बराबर पर्रीकाराचे घटमूट संबंध आशिल्ले. पर्रीकारान वेंचणुके पयलीं दाजीक कांय सुचोवण्योय केल्ल्यो आनी तांचें काम पळोवन मुरगाव नियोजन आनी विकास प्राधिकरणाचें अध्यक्षपदूय ताचे कडेन दिल्लें.थंय दाजीन केल्ल्या कामाची तुस्तूय तांणी केल्ली. काणकोण मतदारसंघांत रमेश तवडकाराक कुशीक दवरून विजय पै खोताक तिकीट दिवपाचें थारायिल्लें. ताका लागून सारस्वत उमेदवारांचो आकडो वाडिल्लो आनी पर्रीकाराच्या सोशल इंजिनियरिंगाच्या गणितांत तो बसनाशिल्लो. देखून दाजीचे बाबतींत तांका कोडू निर्णय घेवचो पडलो. पूण वास्कोचो भाजपाचो उमेदवार कार्लूस आल्मेदाक थंय निवडून येवपाक भोव कश्ट पडले. पणजे मतदारसंघांतल्यान आपूण वेंचणूकेंत देंवतलों अशें म्हणून उमेदवारी अर्ज भरिल्ल्या बाबुश मॉन्सेराता आड सिद्धार्थ कुकळकाराक जैतवंत करपाचें खर आव्हान हे खेपेक पर्रीकारा मुखार आशिल्लें. पणजेचेर केन्ना न्हय इतलें लक्ष तांकां दिवचें पडलें. बाबूश मॉन्सेराता कडेन पर्रीकाराचें सेटींग केन्नाच नाशिल्लें, अशें म्हणूंक जावचें ना. पूण हे फावटीं पणजेंतल्यान पर्रीकार वेंचणूक लढय नाशिल्ले. पणजेंत सिद्धार्थाक हारोवन बाबूश मॉन्सेराताक ताळगांव आनी सांताक्रुझा बराबर पणजीय आपल्याच बोल्सांत आसा म्हणपाचें दाखोवन दिवपाचें आशिल्लें. आम आदमी पक्षाचो उमेदवार उबो आशिल्ल्यान भाजपाचें काम मातशें सोपें जालें, नाजाल्यार २३ वर्सां सांबाळून दवरिल्लो हो मतदारसंघ वगडावपाची वेळ तांचेर आयिल्ली. बाबुश हजार-बाराशीं मतांनी भाजपा परस फाटीं पडलो तरीं आम आदमी पक्षाच्या वाल्मिकी नायकान घेतिल्लीं दोन हजार मतां सिद्धार्थ

कुकळकाराच्या पथ्यार पडलीं. संरक्षणमंत्री जाल्ल्या मनोहर पर्रीकारा खातीर पणजेच्या मतदारसंघांतलें पक्षाचें जैत खोसदिणें थारलें तरीं हेर खात्रेच्या मतदारसंघांत पक्षाची जाल्ली धूळधाण पळोवन तांच्या आता मेरेनच्या परजळीत फुडारपणा विशीं दुबाव उकतावपी मुखार आयले. पणजेंत मतदान केले उपरांत पत्रकारांक मेळिल्ले कडेन पर्रीकारान पक्षाक दोन तृतियांश जागे मेळचे नात, तरीं उणेंच २२-२३ जागे जिखून पक्षाचेंच सरकार सत्तेचेर येतलें म्हणपाची खात्री दिल्ली. तांकां सगळे कडेन भाजपाचें ल्हार आयिल्ले वरी दिसतालें. पूण वेंचणुकेचे निकाल येवपाक लागले तसो भाजपाचो कोट ढासळूंक लागलां म्हणपाचें स्पश्ट जायत गेलें. मांद्रे मतदारसंघांतल्यान मुख्यमंत्री लक्ष्मीकांत पार्सेकाराच्या लजेक घालपी पराभवान बोणी केली आनी पर्रीकार आनी तांच्या भाजपाक एका फाटल्यान एक धपके बसपाक लागले. पर्रीकाराचो तर दारूण असो अपेक्षाभंग जाल्लो. मुख्यमंत्री लक्ष्मीकांत पार्सेकराक अकरा हजारा परच चड मतांनी हार खावची पडिल्ल्यान भाजपांत भूंयकांप जावपाचो उरिल्लो. गोंयच्या विधानसभा वेंचणुकेच्या इतिहासांत मुख्यमंत्र्याचेर असो शेडीक मार खावपाची वेळ केन्नाच येवंक नाशिल्ली. निकालांचो तोच ट्रेंड निमाणे मेरेन उरलो आनी भाजपाची गाडी धुकलत धुकतल कशी तरी तेरा जाग्यां मेरेन पावली. तीग- चौग फुडारी सोडले जाल्यार पक्षाच्या हेर म्हालगड्यांची हार जाल्ली. पेडणे मतदारसंघांत पक्षाचे ज्येश्ट फुडारी राजेंद्र आर्लेकाराकूय अशेच तरेचो लजेक म्हारग करपी पराभव पळोवचो पडलो. बाबू आजगांवकारान निमाण्या खिणाक कॉंग्रेसींतल्यान म.गो. पक्षांत मारिल्ली उडकी तांका जैत दिवन गेल्ली. सुमार साडे स हजार चडावत मतां तांकां मेळ्ळीं. दिवचले राजेश पाटणेकाराक मेळिल्लीं चडावत मतां व्हडलींशीं नाशिल्लीं, पूण फाटले खेपे भाजपा पसून वयस वचून पदरांत घेतिल्ल्या पराभवाची कसर तांणी भरून काडली. थिवे जाल्ल्या खडेगाठ झुजाक लागून भाजपाचे किरण कांदोळकार हारले. म्हापशां फ्रान्सीस डिसोझाचें जैत भाजपाक थाकाय दितलें, हे सगळेच जाणा आशिल्ले, पूण साळगांव, शिवोले आनी थिवे पराभव वांट्याक येतलो अशें मात कोणाकूच दिसूंक नाशिल्लें. कळंगुटे पर्रीकाराचे गांवभाव मायकल लोबो

जैतवंत जाले, पूण उत्तर गोंयचेर पर्रीकाराचो जो भरवंसो आशिल्लो तो प्रत्यक्षांत आयलोच ना. पक्षाक पंदरा तरी जागे मेळटलेच म्हणपाची खात्री पर्रीकाराक आशिल्ली आनी मेळ्ळे ७-८ मतदारसंघ. मयें मतदारसंघांत प्रविण झांट्येक उमेदवारी दिवन पर्रीकारान आपली प्रतिश्ठाच पणाक लायिल्ली. तांचें नशीब म्हणचे थंयचे आमदार आनी उपसभापती अनंक शेटीन बंड करून उमेदवारी भरूक नाशिल्ली वा पक्ष सोडून हेर खंयच्याच उमेदवाराक फाटबळ दिवंक नाशिल्लें. थांका थातारून दवरपाक पक्षाक येस आयिल्लें आनी तांणी प्रवीण झांट्येच्या प्रचारांत वांटोय घेतलो. ताका लागून प्रवीण झांट्येचें जैत सोपें जालें आनी पर्रीकाराचेर जातल्या टिकेची धार मातशी बोथट जाली. साखळेचो कोट जिखतना डॉ. प्रमोद सावंताक व्हडले कश्ट पडूंक नाशिल्ले, पूण पर्वरे मात भाजपाक सेगीत दुसरे फावटींय अपेस आयलें. अपक्ष रोहन खंवटेच्या रुपान खूप खोल मेरेन तोंपिल्लो कांटो काडून उडोवचे खातीर अवधूत आनी मनोहर पर्रीकारान खूप यत्न केले, पूण ते फळादीक जाले नात. ताळगांवांतूय जाची अपेक्षा आशिल्ली तेंच जालें; कॉंग्रेसीचे जेनीफर मॉन्सेराताक भाजपाचो दत्तप्रसाद नायक हो दुर्बळ उमेदवार कसलेंच आव्हान दिवंक शकलो ना. कुमारजुंव्या मात भाजपाच्या पांडुरंग मडकंयकाराचो अभेद्य कोट कॉंग्रेसीच्या किंवाट्याच्या यत्नांक पुरून उरलो. भाजपा आनी म.गो. मजगतीं युती जावंक नाशिल्ल्याची ख्यास्त प्रियोळ आनी शिरोडें मतदारसंघांत दोनूय पक्षांक भोगची पडली. शिरोड्यां भाजपाचे महादेव नायक हारले आनी तो जागो अळंग कॉंग्रेसीच्या सुभाष शिरोडकाराचे वेंगेंत आयलो. प्रियोळा अपक्ष उमेदवार गोविंद गावडेन म.गो.ची शींव निशाणी घेवन वेंचणुकेंत देंविल्ल्या दीपक ढवळीकाराक दावें घालें. मुरगांव म्हालांतले कुठ्ठाळी, मुरगांव, दाबोळी आनी वास्को हे चार मतदारसंघ भाजपा वटेन रावंक नाशिल्ले जाल्यार त्या पक्षाचेर बिटकी कवळपाची वेळ येवपाची. माविन गुदिन्हो, एलिना साल्ढाणा, कार्लूस आल्मेदा या ख्रिस्तांव उमेदवारांनी भाजपाची लज राखली. वास्को मिलिंद नायक पडपाचोच, पूण अवघ्याच मतांनी जैतवंत जालो. कॉंग्रेस आनी राष्ट्रवादी मजगतीं युती जाल्ली जाल्यार थंय भलतेंच चित्र दिसतलें आशिल्लें. वट्ट दक्षीणेंत कुडचडें सोडल्यार खंयच

संरक्षण मंत्र्यांची जादू चलूंक नाशिल्ली. २४ ते २५ जागे मेळटलेच म्हणपी पर्रीकाराचें विमान गोंयकाराना परतून एक फावटीं जमनीर हाडिल्लें. दिल्लींत पक्षांचें सरकार आनी तातूंत स्वता मनोहर पर्रीकार संरक्षण मंत्री! ते भायर राज्यांतूय तांचेंच सरकार; तरींय गोंयांत जाली ती फकत तेरा जाग्यांची जोड. हाचो खर धपको प्रधानमंत्र्यां सयत केंद्रांतल्या हेर फुडाऱ्यांकूय बसलो. कॉंग्रेसीन सतरा जाग्यांचेर झोंपय घेतिल्ली तर विजय सरदेसायाच्या गोवा फॉरवर्ड पक्षान तीन जागे जिखून दिश्ट लाग सारखी बोणी केल्ली. महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षाक तीन जाग्यांचेर समाधानी रावचें पडलें आनी चर्चील आलेमावान जैत मेळयत परतून एक फावटीं राष्ट्रवादी कॉंग्रेसीक विधानसभेंत पावयलें. परिस्थिती इश्टकारी नासतनाय लुइझीन फालेरोच्या फुडारपणा खाली कॉंग्रेसीन तुस्त करपा सारखें जैत मेळयिल्लें. आतां गोवा फॉरवर्ड पक्षाच्या तीन आमदारांचें फाटबळ घेवन सरकार घडोवप तांचें खातीर सोपें आशिल्लें. पक्षाचे फुडारी तेच घुंवळींत आशिल्ले. आमचें सरकार जाल्लें कोणूच आडावंक शकचो ना, अशें म्हूण ते निर्धास्त रावले. तेवटेन पर्रीकार आनी भाजपाचे हेर फुडारी पराभवाचीं कारणां सोदीत बसचे परस तेरा आमदारांक घेवन सरकार कशें घडोवंक जातलें हाचेर विचार करीत पावलां मारूंक लागिल्ले. कॉंग्रेसीन ते पयलीं मुख्यमंत्री जाल्ले पांच फुडारी आशिल्ल्यान नवो मुख्यमंत्री कोणें जावचो, हाचेरूच एकमत जायनाशिल्लें. ह्या गोंदळाचो आनी कळावाचो लाव भाजपान आनी पर्रीकाराचे फिशालकायेन घेवंक नाशिल्लो जाल्यारूच अजाप जावपाचें. निकाल लागतकच फकत धा- बारां वरां भितर सगळेंच जुळोवन हाडीत मनोहर पर्रीकारान सरकार घडोवपाचो दावो केलो तेन्ना कॉंग्रेसीचे फुडारी खडबडून जागे जाले. पूण आतां संद हातांतल्यान सुटिल्ली. कॉंग्रेसी मदलीं झुजां मिटनात आनी आमचेय कडेन तांचें पटना अशें म्हणून विजय सरदेसाय आनी सुदिन ढवळीकारान मनोहर पर्रीकाराच्या फुडापणा खाला सरकार घडोवपाक आपूण तयार आसांत म्हणपाचें जाहीर केलें आनी कॉंग्रेसीची आस्त पालवली. कॉंग्रेसीचे वरिश्ट फुडारी आनी गोंयचे प्रभारी दिग्विजय सिंग ते वेळार पणजेंत ठाण मांडून आशिल्ले, पूण आपलो पक्ष सरकार घडयतलो म्हणपाचें सांगचे खातीर

आमदारांक राजभवनाचेर धाडपाचें तांका सुचूंक नाशिल्ल्यान संद हातांतल्यान निसटिल्ली. ही घोडचूक कॉंग्रेसीक बरीच भुजली. सतरा जागे जिखुनूय सरकार घडोवंक जमना म्हूण विश्वजीत राणेक निर्शेवणी आयली. सरकाराचेर विश्वास परगटावपी ठराव चर्चेक येवचे पयलींच तांणी आमदारकेचो राजीनामो दिलो आनी सत्तेक वेंग मारली. कॉंग्रेसी खातीर हो खर धपको आशिल्लो. तेवटेन संरक्षण मंत्रीपदाचे जापसालदारकेंतल्यान पर्रीकाराक मुक्त करपा पसूनचे हेर सोपस्कार जायत आसतना हेवटेन केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरीन गोंयांतलीं सगळीं समीकरणां जुळयत हाडलीं आनी पर्रीकाराच्या फुडारपणा खाला सरकार घडोवपाचो प्रस्ताव राज्यपाल मृदुला सिन्हां हांचे मेरेन पावलो. महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्ष आनी गोवा फॉरवर्ड पक्ष वेंचणुकेंत भाजपाच्या आड झुंजिल्ले पूण विजय सरदेसाय आनी सुदिन ढवळीकारान हो इतिहास विसरायेर घालीत पर्रीकाराच्या फुडारपणा खाला सरकार घडोवपाक तेंको दिवप आनी कॉंग्रेसीक सुक्यार उडोवप हातूंतूच पर्रीकाराचें व्हडपण कळून येता. तेन्नाचे परिस्थितींतल्यान वाट काडीत फकत मनोहर पर्रीकारूच गोंयांक योग्य दिशेन व्हरपाक शकतलो म्हणपाचो विश्वास ते करणे फाटल्यान आशिल्लो. मनोहर पर्रीकारान ह्या आघाडी सरकाराचें मुखेलपण करपाची तयारी दाखयिल्ल्यान तांका खर टिकेचे धनी जावचें पडलें. आयज मेरेन तांणीं ज्या तत्वांचो पुरस्कार केल्लो, तांचेच आड ते स्वता जावन वचपाक लागिल्ले. तांणी ह्या सरकाराचें फुडारपण करप आमच्या सारखिल्या तांच्या घट इश्टांकूय पट नाशिल्लें आनी रुचय नाशिल्लें. दिल्लींत ते खोशी नाशिल्ले आनी संद मेळटकच गोंयांत येवपाची सगळे तरेची तयारी तांणी केल्ली, हेंवूय लिपून रावूंक नाशिल्लें. पूण संद मेळटा म्हूण आपलीं तत्वां आनी मुल्यां लेगीत गुठलावन दवरपाक ते कशे राजी जाले, हें कळप कुस्तार. पूण मना विरुद्ध दिल्लींत वावुरता आसतनाच गोंयांत परत येवपाची संद मेळ्ळी आनी तिका वेंगावपाक तांणीं मात्तूय कळाव लावूंक ना, हें मात खरें. २०१२ वर्सा सरकार घडयतकच फुडलीं पांच वर्सां विजय सरदेसाय आनी तांच्या वांगड्यांनी पर्रीकार आनी भाजपाक सभाघरांत आनी भायरूय दिल्लो त्रास पळयल्यार त्याच लोकांक ते वेंग मारतले आनी

तांच्या पालवान सरकार घडयतले म्हूण कोणेंच चिंतूक नाशिल्लें. पूण 'गोवा के लोग अजीब है' म्हणपाचो अणभव देशान आनीक एक फावटीं घेतलो. पक्षांतर बंदी कायद्याची विटणूक गोंयच्या राजकारण्यांनी जितली केल्या, तितली ती आनी कोणेंच करूंक ना. गोंयचो दाखलो दिले बगर आयज पक्षांतर बंदी कायद्या विशींची खंयचीच केश न्यायालयांत मुखार वचना. तेचवरीं उणे जागे मेळोवन लेगीत सरकार घडोवपाचें गोंयच्या भाजपाचें कसब पळोवन हे मुखार उणे जागे मेळोवपी पक्ष लेगीत सरकार घडोवंक शकतात, अशें म्हणपाची वेळ आयल्या. मनोहर पर्रीकाराचे कारकिर्दीतली ही घडणूक तांच्या व्हडपणाक खत लावन गेली. आपणे थारायलें तेंच कशें समा आसा म्हणपाची रुजवात तांणी जायते फावटीं केली, पूण मनाक तें कशेंच पटनाशिल्लें. मतदारान आपल्याक आघाडी सरकार जाय असो कौल दिला अशें ते सांगताले. पूण हें सगळें तांणी मना पसून केलां म्हणपाक मन तयार नासतालें. १३चो आकडो आपले खातीर शुभ आसा अशें तांका दिसतालें. तांचो मोबायल वा गाडयेच्या क्रमांकांत १३ आकडो आसतालोच. विधानसभेंत भोवमत मेळूंक नासतनाय तांका सरकार घडोवपाची संद मेळिल्ल्यान ती करामत १३ आकड्याचीच, अशें तांका दिसतालें. पूण ताचे उपरांत दोन अडेच वर्सां तांची ओडाताणूच जायत रावली.

●●●

वेगळेंच सरकार

फाटल्या दारांतल्यान येवन मनोहर पर्रीकाराचें मुख्यमंत्री जावप तांचेर उपाट मोग करतल्या गोंयकारांक निखालस आवडूंक नाशिल्लें. सत्ते खातीर तांणी केल्ले तडजोडीक कोणेंच येवकारूंक नाशिल्लें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदींच्या मंत्रीमंडळांत तिसऱ्या क्रमांकांचें मंत्रीपद आशिल्ल्या पर्रीकारान असल्या कर्तुपांक मान्यता दिवप म्हळ्यार आपलोच वालोर उणो करून घेवप, अशेंच सगळ्यांक दिसतालें. पर्रीकाराक तिसरे खेपे मुख्यमंत्रीपद मेळ्ळें खरें, पूण फाटले फावटीं त्या पदाक जो झेत आशिल्लो तो हे फावटीं ना, अशेंच तांच्या बरें मागप्यांकूय दिसतालें. सत्तेचेर आशिल्ल्याची खोशी पक्षाच्या वावुरप्यांक दिसप सभावीक, पूण

भौसांतल्यान मात वेगळ्योच प्रतिक्रिया येवपाक लागिल्ल्यो. राज्याचो कौल आघाडी सरकारा खातीरूच आसा म्हणपाचो युक्तीवाद ही पळवाट कशी दिसतालो, मनाक तो पटनाशिल्लो. तेराच जागे जरी जिखले आसले तरी भाजपाक ३२ प्रतिशें मतां मेळ्ळयांत आनी कॉंग्रेसीच्या मतांची टक्केवारी २८ प्रतीशेंच आसा, हो पर्रीकाराचो युक्तीवादूय पोकळूच दिसतालो. नैतिकतायेची देख हेरांक दिवपी मनोहर पर्रीकारान स्वता जावन अशा आडमार्गान वचप कोणाकूच पटूंक नाशिल्लें. पर्रीकार मात अशेच युक्तीवाद करून आपणें घडयिल्ल्या आघाडी सरकाराचें समर्थन बरोच तेंप करीत रावले. आपल्याकूय अशे तरेन सत्तेचेर येवपाक नाकाच आशिल्लें, पूण हेर पक्ष आनी केंद्रीय फुडाऱ्यांनी आग्रो केल्ल्यान आपूण ते भरीक पडलों, अशेंय ते सांगताले. त्यावेळार हांव 'गोवादूत' च्या संपादकपदाची जापसालदारकी सांबाळटालो, देखून नव्या सरकाराक तोंडभर येवकारूय दिल्लो. पूण जें घडलां तें मनात कशेंच पटनाशिल्लें. आपणें घेतिल्ल्या निर्णयाचें समर्थन पर्रीकार हेर कांय कारणांय सांगत करताले. कॉंग्रेसीन आपलें सरकार घडोवचे खातीर राज्यपालांकडेन पयलींच वचून दावो करूंक ना, हेंय एक कारण तातूंत आसतालें. कॉंग्रेसीन संद वगडायिल्ल्यान आतां आरोप करपाचो हक्कूय वगडायला, अशेंच तांचें म्हणणें आशिल्लें. मुख्यमंत्री लक्ष्मीकांत पर्सेकाराचो लजेक घालपी पराभव जाल्ल्यान सरकार घडोवपाचो नैतीक हक्क भाजपानूय वगडावंक ना काय, अशें विचारतल्याक दिवचे खातीरूय तांचे कडेन तयार जाप आसताली. जें सरकार घडयलां तें तीन पक्षांनी आनी दोन अपक्षांनी एकठांय येवन, एकल्या भाजपान न्हय; ही तांची जाप. एक मात खरें, ज्यो कांय साबार गजाली करपाच्यो रावन गेल्यात त्यो ह्या तिसऱ्या कार्यकाळांत पुराय करप आनी मागीर सक्रीय राजकारणांतल्यान भायर सरप अशें तांणी मनांतल्या मनांत थारायिल्लें आनी उलयतना तशेच संकेत ते दिताले. जीणेंतलीं निमाणीं कांय वर्सां आपले खातीर, घरच्यां खातीर जियेवपाचीं आसात, म्हूण सांगताले. संरक्षणमंत्री पद न्हयकारून दिल्लींतल्यान गोंयांत येवप आनी आघाडी सरकाराचें फुडारपण करपाची तयारी दाखोवप, हाचे फाटल्यान पर्रीकाराच्या मनांत निश्चीत अशी येवजण आसतली, हेविशीं म्हाका तरीं दुबाव दिस नाशिल्लो. मात आपली नितळ प्रतिमा सांबाळीत आनी राजकारणांत उपाट कश्ट घेवन हांगा मेरेन आयिल्ल्या मनशान अशी

तडजोड करून कदेल मेळोवप कशेंच पट नाशिल्लें. ती आघाडी घडपा फाटलें कारण तेच आशिल्ले हीच तांतुतले तातूंत थाकाय दिवपा सारखी गजाल आशिल्ली. पर्रीकाराच्या राजकी जिणेक मातशें खत लागलें तें ह्याच काळांत, पूण असल्या गजालींची खंत करीत बसाचो तांचो सभाव नाशिल्लो. आदल्या पांच वर्सांचो काळ पर्रीकार आनी लक्ष्मीकांत पार्सेकारा मदीं वांटून गेल्लो. पूण राज्या मुखा वयले साबार प्रस्न तशेच कुसत पडिल्ले. ते सुटावे जावंक जाय जाल्यार आपल्याक आनीक एक संद मेळपाक जाय, अशेंच पर्रीकाराक दिसतालें. संद आयली आनी ताणीं ती कळाव लाय नासतना घेतलीय बी. बेकायदा खणी, कॅसीनो, इंग्लीश माध्यमांच्या शाळांचे अनुदान, अशे प्रस्न तांचीच वाट पळयताले. आपल्या सांगात्यांचो विरोध आसतनाय चर्च संस्थे वरवीं चलतल्या इंग्लीश शाळांक अनुदान दिवपाचो निर्णय खासा पर्रीकारानूच घेतिल्लो. आपल्या निर्णयाच्या परिणामांक बेडर पणान आंगार घेवपाची तांची तयारी आशिल्ली आनी तांणी विरोधकांक आंगार घेतलेंय बी. कॅसीनोंच्या विशया वयल्यान आपल्याचेर टीका करतल्यांक जाप दितना ते सांगताले, पयलींच जर कॅसीनो बंद केल्ले तर आतां ही वेळ येवची नाशिल्ली! कॅसीनो बंद केले जाल्यार थंय काम करपी पांच- स हजार गोंयकाराच्या पोटा- पाणयाचो प्रस्न उपरासतलो, देखून आपूण आतां तसो निर्णय घेवंक शकना, अशेंय ते सांगताले. असले तरेचे वाद घालतना हो मनीस कसोच बें म्हणपी न्हय.

विधानसभेंतलें आपल्या पक्षाचें पुराय बदलून गेल्लें रुपडें पर्रीकाराक कितलें समाधान दितालें, असो प्रस्न आमकां बरेच फावटीं पडटालो. तेरा जाणांचो भाजपा विधीमंडळ पक्ष आनी तातूंत सात जाण ख्रिस्तांव, हें पर्रीकाराचे कालेतीक मानपा सारखें चित्र निखालस न्हय. भारतीय जनता पक्षाचें अस्तित्व ह्या पंगडांत आसा अशें दिसच नाशिल्लें. एक वेगळ्याच रुपड्याचें सरकार चलोवपाची सक्ती नियतीन पर्रीकाराचेर केल्ली आनी ती न्हयकारपाची शक्त तांचे कडेन नाशिल्ली. फ्रान्सीस डिसोझा, मायकल लोबो, ग्लेन टिकलो, माविन गुदिन्हो, कार्लूस आल्मेदा,एलिना साल्ढाणा आनी निलेश काब्रालाच्या जैतानूच तर भाजपाची लज राखिल्ली. मनोहर पर्रीकार गोंयां पसून दोन- अडेच वर्सां पयस राविल्ल्यान (प्रत्यक्षांत ते पयस नाशिल्लेच.) भाजपाचेर ही पाळी

आयली, असो समज जाल्लो वा तसो ते करून दिल्लो. एक खरें, पर्रीकाराक पांच वर्सां मेळिल्लीं जाल्यार घडये भाजपाची अशी अवस्था जावचीय नाशिल्ली. तितली तांची तांक खचितूच आशिल्ली. पूण आतां सगळें फाटीं उडोवन तांणी नव्या सरकाराचें सुकाणू हातांत धरलें तेन्ना केन्नाच केल्यो नात, इतल्यो तडजोडी करपाची वेळ तांचेर आयली. गोवा फॉरवर्डाच्या तीनूय आमदारांक मंत्रीपदां जाय आशिल्लीं.महराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षानूय झोंपय मारपाची संद वगडावंक ना. उमपुख्यमंत्रीपद, भौशीक बांदकाम खातें आनी हेर साबार अटी! पर्रीकाराचेर सगळ्यांचोच भरवंसो आशिल्लो आनी विंगड विंगड विचारांच्या मनशांक एकठांय हाडप कितलें कुस्तार आसता हाचो अणभवूय पर्रीकारान घेतिल्लो. दोनेक दसकां सक्रीय राजकारणांत वावुरतना मुख्यमंत्री, विरोधी पक्ष फुडारी अशा पदांचेर काम करीत तांणी गोंयांक उदरगतीच्या एका पांवड्यार व्हरून दवरिल्लें. आनीक पांच वर्सां मेळ्ळीं जाल्यार अर्दकुटें उरिल्लें काम पुराय करतलों म्हणपाचो हावेस तांचे कडेन आशिल्लो. देखुनूच आसत घडये, आघाडी सरकाराचें फुडारपण तांणी आव्हान म्हूण आंगार घेतिल्लें. गोंयांत तांचो जीव घुस्पल्लो आनी दिल्ली परकी थारिल्ली. उदरगतीची ओडूच तांका गोंयांत घेवन आयिल्ली. पूण गोंयांत येवन तांणी केल्लें कर्तूप तांचेर तत्वभ्रष्ट वृत्तीचें खत लावन गेलें आनी हें खत पुसून काडप तांकांय निमाणे मेरेन जमलें ना. हेर राष्ट्रीय फुडाऱ्यांचे पंक्तीक मनोहर पर्रीकाराक बसयतना तांच्या ह्या निर्णयांचो संदर्भूय सभावीक पणान येतलोच. आपलें रुपडें सगळ्यांक आसपावन घेवपी अशें दाखयतना ताणीं तत्वांक दावें घाल्लें. मात हे निर्णय घेतना पर्रीकारान फुडाराक कितें परिणाम जावं येतात, हाचो विचारूच करूंक नाशिल्लो, अशें मात म्हका दिसना. पूण, हीं खतां आपल्या कर्तृत्वाच्या बळार पुसून उडोवची तांक, इत्साशक्त आनी जिद्द तांचे कडेन आशिल्ली आनी त्या म्हालवजाचेरूच तांणी हें आव्हान आंगार पेलिल्लें. आपल्याक लोकांचो मोग आतां पयलीं वरी मेळचोना, हें मान्य करपाची तांची तयारी नाशिल्ली. देखुनूच नवें सरकार घडोवन लोकां मुखार वतना तांच्या मनांत साबार प्रकल्प आकार घेवपाक लागिल्ले. आपले वाटेंत आडमेळीं येतलीं म्हणपाची कल्पना तांका

आशिल्ली, तशें ते उलोवनूय दाखयताले. विधानसभेची पोटवेंचणूक जिखपाचें पयलें आडमेळें तांचे खातीर व्हडलें शें कुस्तार नाशिल्लें. आपले वयलो पणजेकारांचो मोग आटूंक ना म्हणपाची खात्री तांका आशिल्ली. ते भायर ते मुख्यमंत्रीय जाल्ले. सिद्धार्थ कुंकळकाराचो आमदाराकेचो राजीनामो तयारूच आशिल्लो.आनीकूय एक- दोगा जाणांनी राजीनामो दिवपाची तयारी दाखयिल्ली. पर्रीकारान अपेक्षे प्रमाण पणजेंतल्यानूच पोटवेंचणुकेक मुखार वचपाचें थारायलें.

सरकार घडोवपाची संद हातची गेल्ल्यान कॉंग्रेस खुपूच खुबळिल्ली. सतरा जागे जिखून लेगीत मनोहर पर्रीकारान तांचेर हात चोळीत बसपाची पाळी हाडिल्ली. कितेंय करून पर्रीकाराक वेंचणुकेंत हारोवपाचोच, अशें थारावन ते कामाक लागले आनी नाका आशिल्लो अपप्रचार करपाक लागले. पर्रीकाराच्या आड उबो रावपाक फावो तसे उमेदवार मेळूंक ना म्हूण शेवटाक प्रदेश अध्यक्ष गिरीश चोडणकारान आपल्याच तकलेक बाशींग बांदून घेतलें. पोटवेंचणुकेचो निकाल अपेक्षे प्रमाणूच लागलो.मनोहर पर्रीकारान सहजतायेन गिरीश चोडणकारा आड जैत मेळयलें. पणजेकारानी आनीक एक फावटीं पर्रीकाराचेर विश्वास दाखयिल्लो. नवे उमेदीन पर्रीकार कामाक लागले आनी ताची खोशी हेरां सयत आमकांय जाल्ली. हांव तांचेंच पालकत्व आशिल्ल्या 'गोवादूत' दिसाळ्याचो संपादक आशिल्ल्यान पयलीं वरी नासलो तरी तांचे कडेन संपर्क जातालोच. थळाव्या दिसाळ्यांच्या संपादकां बराबर जाल्ली भेट आसून वा अॅक्रेडिटेशन कमिटीचो वांगडी म्हूण हेर वांगड्यां सांगातान जाल्ली भेट आसूं, तांचे कडेन भासाभास जाल्ले फावटीं आपल्या मुखार कितें एजेंडा आसा, ताची कल्पना ते दिताले. विंगड विंगड विचार आशिल्ल्यांनी एकाच व्हड्यांत बसून राजकी प्रवास करप ही सोपी गजाल न्हय, पूण त्या व्हड्यांचें व्हलें मनोहर पर्रीकार नावाचो अणभवी तांडेल ताणतालो, देखून भाजपांतले हेर फुडारी निर्धास्त आशिल्ले. उदक खवदळिल्लें आसलें तरी पर्रीकार बरे भशेन तडीक पावयतलो म्हणपाची खात्री तांकां दिसताली. दोन दसकांचो तांचो वावर पळयिल्ल्या आमच्या सारखिल्यांकूय ती दिसताली. विधानसभेंत जांणी एकदम सकयल्या पावंड्यार वचून पर्रीकाराचेर चिखोल उडोवपाची एक्कूय संद सोडली ना, तांकांच वांगडाक घेवन आता सरकार चलोवपाची पाळी पर्रीकाराचेर

आयिल्ल्यान लोकांतल्यान तीख प्रतिक्रिया येवप सभावीक आशिल्लें. विजय सरदेसायान पयलीं विधानसभेंत अपक्ष आमदार म्हूण पर्रीकार आनी तांच्या सरकाराक जे तरेन रेवाडो घाल्लो आनी मागीर वेंचणुके वेळार गोवा फॉरवर्ड पक्षान तांची जे तरेन कुतां काडिल्लीं, तांच्यो यादी ना म्हणल्यार तश्यो ताज्योच आशिल्ल्यो. पर्रीकाराक आता त्यो यादी नाका जाल्ल्यो तरीं तांकां मानतल्यांक त्यो विसरूंक जायनाशिल्ल्यो. असल्या लोकांक सांगाताक घेवन पर्रीकारान सरकार घडोवंक जायनाशिल्लें, अशेंच ताच्या दरेका बरें मागत्याक दिसतालें. पूण कोणाचेंच आयक नासतना पर्रीकारान आपल्याक जाय तेंच केलें आनी ताका लागून कितलेशेच जाण दुखावले, तांचे पसून पयसावलेय बी. स्वताच्या नाड्यार भोवमत मेळयता म्हणल्यार घडये खूप कळाव जाल्लो आसतलो, अशेंय तांचें मन तांका सांगतालें आसूये. पूण तांणी निर्णय घेतिल्लो आनी तो निर्णय घुंवडावपाची तयारी निखालस नाशिल्ली. कितलीशींच संकश्टां मुखार आशिल्लीं. सरकार आघाडेचें आशिल्ल्यान हेरांक विचारले बगर खंयचोच निर्णय घेवपाची मेकळीक नाशिल्ली. विजय सरदेसायान कितें तरीं उलोवन वचचें आनी मागीर पर्रीकारान तेंच खरें म्हूण सांगत बसचें, अशेंय जायते फावटीं जालें. तेंच साबार जाणांक आवडूंक नाशिल्लें. पर्रीकाराचें दिल्लींत राजकी वजन आशिल्लें आनी हेरांनी तांच्या फुडारपणा खाला येवपा फाटलें कारणूय तेंच आशिल्लें. फाटल्या पांच वर्सांनी जाल्ल्या विकासाचो ओघ तसोच दवरपाचो आसत तर आनी केंद्रा कडल्यान मजत मेळोवपाची आसत तर पर्रीकाराच्या फुडारपणाक पर्याय नाशिल्लोच. गोंयकारांक हो बदल मानवल्लो काय, असो प्रस्न केल्यार ताची जाप त्या प्रयोगाची सवय लावन घेवप तांकां जमलें ना, अशीच उपरांतच्या काळांतल्यो घडणुको पळोवन दिवची पडटली. तडजोडींचें राजकारण त्या काळांत मनोहर पर्रीकारान करूंक नाशिल्लें. सुरवातीच्या काळांत आपली मोख गाठचे खातीर केल्ल्यो तडजोडी वेगळ्यो. पूण एकदां सुकाळू हातांत येतकच तांणी आपल्या फुडारपणाची प्रत दाखोवन दिल्ली आनी तिणेंच तांकां दिल्लींत पावयिल्लें. दिल्ली पावसर हो भार तिगलो. संरक्षण मंत्री म्हूण एका परस एक अशीं आव्हानां तांचे मुखार दवरपी नियतीन ते परतून गोंयांत येवचे म्हूण अशी विचित्र मांडणी करून दवरिल्ली, हाचेंय तांचेर मना सावन मोग करतल्यांक वायट दिसतालें. राजकारणांत तडजोडी

करप हें नवें न्हय, पूण त्या तडजोडींकूय मेर- शीम आसता. हांगा तर पर्रीकाराचेर सगळेंच गुठलावन दवरून आपल्याचेर सकयल्या पांवड्यां वयले आरोप करपी कट्टर विरोधकां कडेक हात मेळोवपाची वेळ आयिल्ली. इतलें करचे परस तांणी दिल्लींतूच रावन योग्य संद मेळटली म्हूण वाट पळोवप समा थारतलें आशिल्लें, अशें म्हजे सारखिल्या तांच्या बरें मागतल्यांक दिसतालें. पूण तशें कांयच घडूंक नाशिल्ल्यान पर्रीकाराचें एक वेगळेंच रुपडें गोंयकारांक पळोवचें पडलें. जांणी तांचेर चिखोल उडयिल्लो तांकांच घेवन सरकार घडोवपाचें समर्थन पर्रीकार करीत रावले तें कोणाकूच पटलें ना आनी तांच्या सरकारा कडल्यान आशिल्ल्यो अपेक्षाय पुराय जावंक पावल्यो नात. जे विचित्र परिस्थितींत तांणी सरकार घडयिल्लें थंय सगळ्यांचेंच समाधान करपी निर्णय घेवप दिसता तितलें सोपें नाशिल्लें, हेंवूय खरेंच. विजय सरदेसाय, रोहन खंवटे, नरेश सावळ हांणी आदींचे विधानसभेंत पर्रीकाराक जितलो छळिल्लो तितलो त्रास कॉग्रेसीनूय दिवंक नाशिल्लो. कॉग्रेसीचे रेजिनाल्ड लॉरेन्साच्या आदारान सरदेसाय, खंवटे आनी सावळान पर्रीकाराचेर विधानसभेंत घाल्ली घुरी पळयतल्यांक त्याच मनशांक घेवन पर्रीकार सरकार घडयतलो म्हणपाचें सपनांतूय दिसूंक नाशिल्लें. राजकारण हे शेवटाक अशेंच आसता हाचोच अणभव ह्या नव्या अध्यायान आमकां दिलो. आपसांतले मतभेद, पर्रीकाराचें दुयेंस आनी हेर कांय कारणांक लागून हो अध्याय अर्दवट, अपूर्ण उरलो. निमाणे मेरेन पर्रीकाराक आपल्या मना प्रमाण सरकार चलोवप शक्य जालें ना आनी साबार प्रस्न तशेच हुंबकळत उरले. केंद्रांत भाजपाचें सरकार आशिल्लें, केंद्रांतले सगळेच मंत्री पर्रीकाराचे खाशेले इश्ट आशिल्ले. स्वता प्रधानमंत्री मोदी पर्रीकाराचें उतर सकयल पडूंक दिनाशिल्ले. गोंयकारांनी हाचो अणभव घेतिल्लो, पूण खणींचो प्रस्न सुटावो जालोच ना. तसो यत्न जालो, पूण कसलें तरी आडमेळें येतालें आनी खणी बंदूच उरताल्यो. गोंयच्यो खणी खऱ्यानीच कोणें बंद केल्यो असो प्रस्न उपरासतालो तेन्ना पर्रीकार आपल्या पथ्यार पडटा अशे तरेन जाप दितालें. पूण तो प्रस्न तसोच हुमकळत उरलो. मागीर दुयेंसाक लागून तांचेर बंधनां आयलीं आनी निमाणे मेरेन तीं बंधना तोडप तांकाय जमलें ना.

●●●

नशिबाचो खेळ

गोंयचो एक परजळीत सूर्य भाऊसायब बांदोडकाराच्या रुपान अस्तमतना पळोवपाची पाळी म्हजेर आयिल्ली. भाऊसायबान निमाणो स्वास घेवचे तीन- साडेतीन वरां पयलीं हांव तांच्या सांगातान आशिल्लों. पणजे जिमखान्याचेर टेबल टेनीस खेळगड्यांक इनामां दिवपाचो सुवाळो आशिल्लो तो. ताचे उपरांत अडेच-तीन वरां भितर तांची प्राणज्योत पालवल्ली. तेन्ना म्हाका बशिल्लो धपको आयजूय दोळ्यां सामकार येता. साडेचार दसकां उपरांत तेच तोडीचो गोमंत सूर्य मनोहर पर्रीकार हांच्या रुपान अस्तमतना लागींच्यान पळोवपाची वेळ म्हजेर आयली. ह्या गोमंत सूर्याचो गोंयच्या समाजीक जिणेच्या मळबांतलो प्रवास हांवें

लागींच्यान नियाळिल्लो. पंचवीस- सव्वीस वर्सांचे आमचे संबंध खुपूच लागींचे जाल्ले. मुख्यमंत्री बांदोडकार गेले तेन्ना पत्रकारितेंत येवन म्हाका चार- एक वर्सां जाल्लीं. पूण त्या मनशाचें मोठेंपण कळचें न्हय इतलोय हांव पत्रकारितेंत नवखो नाशिल्लों. पर्रीकाराचो राजकी प्रवास पळोवपी लागींचो साक्षीदार आशिल्ल्यान तर तांचें अर्द्यारूच उठून वचप जिवाक चडूच झोंबलें. कांक्राच्या असाध्य अशा दुयेंसान तांचेर घुरी घाल्या म्हणपाचें कळना फुडें वर्स- देड वर्स ते झुंजले ते फकत असामान्य अशी इत्साशक्त आनी जिद्दीच्या बळार. स्वादुपिंडाचो कांक्र जाल्ल्याचे त्या मळा वयल्या तज्ज्ञ दोतोरांनी सांगतकच धीरान तें सत्य पचोवप सोपें न्हय. ते खातीर शिवांचें काळीज जाय पडटा. वर्सभर ते जे तरेन ह्या दुयेंसा कडेन झुजलें ती पळयकतच ते दुयेंसाचेर जैत मेळयले बगर रावचे नात, अशेंच दिसतालें. पूण तशें जावपाचें नाशिल्लें. चवदा म्हयन्या भितर सगळेंच सोपलें. मजगतीं प्रगत अशे उपचार करून घेवचे खातीर तांणी मुंबय, दिल्ली आनी न्यू यॉर्काच्या नामवंत हॉस्पिटलांचीय वारी केली, पूण आंतरराष्ट्रीय किर्तीच्या ह्या गोमंत सूर्याचो अस्त टळ्ळो ना. पुराय गोंय जांचेर उपाट मोग करतालें, तांचे पसून दुयेंस पयस वच्चें, तांका नवी जीण मेळची म्हूण देव मानी नाशिल्ल्या नास्तिकांनीय देवा मुखार दिमी मोडलीं आनी आंगवणी केल्यो. २००५ वर्सा पर्रीकाराचें सरकार बडतर्फ जाल्लें तेन्ना ते संकश्टांतल्यान भायर सरचे आनी तांची वाट निश्कंटक जावची म्हूण तांचे वावुरपी आनी बरें मागत्यां सयत समेस्त गोंयकारांनी देवा कडेन आंगवणी करतना कसलीच कसर दवरूंक नाशिल्ली. तांच्या मोगाळ भाईचो उजवो हात तेन्ना गंडे आनी दोऱ्यांनी भरिल्लो. मडगांवचे एक नामनेचे उद्देजक- जे आयज आमचे मदीं नात- पर्रीकाराच्या मनाची तयारी नासतनाय तांका आपल्या सांगातान एका जागृत देवस्थानांत घेवन गेले आनी थंय प्रसाद लावन तांणी तांचे खातीर मागणें मागिल्लें. लोक आपले परीन आपल्या देवाक होरायत तांचे खातीर, तांचे भलायके खातीर मागताले. देवान हे खेपे तरी मनीस कुळयेचें आयकूचें आनी असाध्य अशा त्या दुयेंसांतल्यान ते मुक्त जावचे अशीच तांका मानतल्या आनी मानी नाशिल्ल्याय गोंयकाराची भावना आशिल्ली. घरकान्न मेधाक अशेंच अर्द्या संवसारांतल्यान कांक्राच्या दुयेंसान ओडून व्हेल्लें. त्या धपक्यांतल्यान सादूर जायत ते

थिरावता आसतनाच तांचेरूय कांक्रांची वायट सावळी पडिल्ली. तांचें वायट तांच्या कट्टर राजकी विरोधकांकूय दिसतालें. मनोहर पर्रीकारा कडली राजकी दुस्मानकाय अशे तरेन सोंपची न्हय, अशीच सगळ्यांची इत्सा आशिल्ली आनी तांचे खातीर तेवूय देवा कडेन मागताले. लोकां मदीं सहजायेन विरघळून वचपी पर्रीकार आमी पळयिल्ले. सुरक्षा रक्षकांक कुशीक दवरून 'महालक्ष्मी' बंगल्याचेर आक्रमक जावन आयिल्ल्या आंदोलकांमदीं वतनाय आमीं तांकां पळयिल्लें. दुयेंसाच्या दोळ्यांतूय तांणी अशाच निर्भीडपणान दोळो घाल्लो, हेविशीं खात्री आमकां आशिल्ली. मुंबयच्या लिलावती हॉस्पिटलांतल्या दोतोरांनी तांच्या दुयेंसां विशीं सांगले उपरांतूय मात्तूय भिये नासतना मुख्यमंत्री म्हूण आपलें सगळें कामकाज हॉस्पिटलांत साकुनूच मुखार व्हरपी पर्रीकार दुयेंसा मुखार बागवचे नात, अशें कोणाकूय दिसप सभावीक. १९९४ वर्सा आमदार जाले उपरांतच्या काळांत- मागीर ते विरोधी पक्ष फुडाऱ्याचे मुख्यमंत्री आनी केंद्रीय संरक्षणमंत्रीय जाले- जिवाक बरें दिसना म्हूण ते केन्ना कार्यालयांत आयले नात, अशें जावंक नाशिल्लें. आडवाद फकत मजगतीं तांका काळजाचो आताक आयलो तेन्नाचे. २००७-०८ वर्साची घडणूक ती. कला अकादमीच्या नाट्यघरांत 'भास्कर भूषण' पुरस्कार भेटवण सुवाळो चलतालो. मुख्यमंत्री दगंबर कामत सुवाळ्याक हाजीर आशिल्ले. सुवाळो चलतालो तेन्नाच मनोहर पर्रीकाराक काळजाचो आताक आयिल्ल्याची खबर मोबायलाचेर आयली. त्या आताकांतल्यान बरे जातकच इश्ट आनी लोकांच्या चेंपणाक मान दीत ते कांय दीस सुशेग घेवचे खातीर घरा रावले आनी मागीर नवे उमेदीन कामाकूय लागले. तेन्ना सावन तांका सुशेग म्हणटात तो खबर नाशिल्लो. वरांचीं वरां काम करपाचो त्रास तांका जातालो आनी लागींच्या इश्टां पसून तो त्रास लिपोवपूय कुस्तार जातालें. पूण तो त्रास ह्या दुयेंसाक घेवन येतलो म्हणपाची कल्पना सुद्दां कोणें केल्ली नासतली. तांचे आपले जिबेचेर नियंत्रण आशिल्लें. रक्तांतली साखर वाडची न्हय म्हूण ते फावो ती जतनाय घेताले. भलायकेच्यो हेर कसल्योच कागाळी नाशिल्ल्यो. फकत उठसूट दोतोरा कडेन वचून तपासून घेवपाची मात तांची तयारी नासताली. अशा वेळार आमच्या सारखिल्या सामान्य मनशा भशेनूच तांचें चिंतप आसतालें. वैजकी

तपासणी केली आनी कसलें तरीं बारीक सारीक दुयेंस आसा म्हूण कळ्ळें म्हणटकच मागीर कटकट फाटल्यान लागता; ते परस नाकाच ती तपासणी, अशेंच सामान्य मनशाक दिसता. मनोहर पर्रीकार आमच्या सारख्या सामान्य मनशाचेंच मन घेवन जियेताले, देखुनूच स्वादूपिंडाच्या कांक्रान तांचे कुडींत केन्ना घर केलें तेंय तांका कळ्ळें ना. वेदना जावपाक लागल्यो आनी जेन्ना त्यो सोंसूं नजो जाल्यो तेन्नाच ते दोतोरा कडेन गेले. पूण ते म्हणसर खुपूच कळाव जाल्लो. सुरवातीक तांणी गोंय वैजकी महाविद्यालयांत तपासणे खातीर वचपाक न्हयकारूच दिल्लो. घडये आवरो उडोवपी अशें दुयेंस मुखार येत म्हणपाचो हुसकोय आसूं येता. जालेंय तशेंच; तज्ज्ञ दोतोरांनी जें सांगलें तें आयकून सगळ्यांकूच शेळो घाम सुटलो. ते उपरांत तांचे मुंबयच्या लिलावती हॉस्पिटलांत वचप,उपरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीन थंय वचून तांची भेट घेवप, हाका लागून तांचें दुयेंस खर आसा म्हणपाची कल्पना येवंक लागली. स्वादूपिंडाक सूज आयल्या इतलेंच तांच्या कार्यालयांतल्यान सांगिल्लें तरीं तांचें दुयेंस कसलें तें सगळ्यांक कळिल्लें. आता तांचो हुसको दिसपाक लागलो.

उपचारां खातीर तांका अमेरिकेंत व्हरपाचें अशें घरच्यांनी थारायलें, पूण पर्रीकाराक मात विधानसभेंत अर्थसंकल्प मांडपाचो आशिल्लो. प्रशासनातल्या ज्येश्ठ अधिकाऱ्यां सांगातान तांणी चार- पांच दीस आपल्या हॉस्पिटलांतल्या खाटीर न्हिदुनूच चर्चा केली. अर्थसंकल्प विधानसभेंत वेवस्थीत मांडचो, ताचे विशीं एकाद्र्या मंत्री वा आमदाराक दुबाव आसत तर ताच्या आनी पत्रकारांच्याय दुबावाचें निरसन करचें तर तें पर्रीकारानूच. अर्थसंकल्प तयार करचे खातीरची तांची प्रक्रिया तर देखदिणीच आसताली. दरेका खात्यांतल्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांच्यो बसका घेवप, समाजांतले साबार मनीस वा संस्थांकडेन तशेंच व्यापारी संघटनां सांगातान भासाभास करप, गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स आनी ते संस्थेच्या वांगड्या कडेन चर्चा करप अशें म्हयनो भर तरीं चलतालें आनी मागीरूच ते अर्थसंकल्प तयार करूंक बसताले. २०१८ वर्साच्या फेब्रुवारी म्हयन्यांत तांच्या त्या दुयेंसान आपलें आंग दाखयलें तरींय अर्थसंकल्प मांडटलोंच म्हणपाची जिद्द तांचे कडेन आशिल्ली. पर्रीकार हॉस्पिटलांत आसात आनी अर्थसंकल्प मांडपा खातीर येवपाची शक्यताय ना, अशें

सगळ्यांकूच दिसतालें. पूण हॉस्पिटलांतल्यान आपली सुटका करून घेत ते विमानान गोंयांत पावले तेन्ना मात सगळ्यांकूच अजापाचो धपकोच बसलो. पर्रीकारांचे बाबतींत कितेंय घडूंक शकता हें तांणी हातरुणार पडिल्ले आसतनाय दाखोवन दिल्लें. भाव अवधूत, पुत उत्पल आनी अभिजात हांणी विरोध केल्लो तरीय आपल्या इश्टां कडेन संपर्क साधून ते हॉस्पिटल्यांतल्यान भायर सरले ते पळोवन दुयेंसा कडेन ते कशे झुजले आसतले, हाची कल्पना येतली. तांचेर दुयेंसाक लागून आयिल्ल्या बंधनांनी तांका मना सारखो अर्थसंकल्प तयार करपाची संद दिवंक नाशिल्ली, पूण तो अर्थसंकल्प विधानसभेंत मांडपाची जिद्द मात तांणीं तडीक व्हेल्ली. आपलें अर्थसंकल्पाचें भाशण पुरायेन वाचप तांका जमलें ना, तीस चाळीस मिण्टांच ते विधानसभेंत रावले. पूण आपूण बरो जातलों आनी परत येतलों म्हणपाची थाकाय तांणी सभाघराक आनी गोंयांकय दिल्ली. आपले खातीर देवा कडेन मागतल्यांचें उपकार तांणी मानले. गंभीर अशा दुयेंसान चपको मारिल्लो आसतनाच धिरोदात्त अशा पर्रीकाराचें एक वेगळेंच रूप गोंयकारांनी पळयलें. मनोहर पर्रीकारा भोवतणचे वलयूच अशें, आपलो राजकी विरोध विसरून विरोधकांनीय ते बेगीन बरे जावचे आनी आपले मदीं येवचे म्हूण मना काळजा सावन मागलें. आपूण दुयेंसाचेर जैत मेळयतलोंच ह्या आत्मविश्वासान पर्रीकारन मुखा वयले कांय दीस घराच रावन सरकारी कामकाज पळयलें. पूण, आतां दुयेंस खर जाल्लें. तें तांचे कुडीचेर परिणाम करूंक लागलें आनी उपचारा खातीर तांका न्यू यॉर्काक व्हरपाचेर घरच्यांचें एकमत जालें. तीन- साडेतीन चक्रांच्या गाडये वयल्यान मुख्यमंत्री पर्रीकार सरकार मुखार व्हरताले देखून खंयच्याय एका मंत्र्या कडेन सरकाराची जापसालदारक दिवपूय शक्य नाशिल्लें. ते खातीर सगळ्यांची मान्यताय मेळची नाशिल्ली. मुख्यमंत्र्यांच्या ह्या दुयेंसाक लागून सरकारा मुखार महासंकश्ट उबें राविल्लें. तांतुतल्यान वाट काडटना भाजपा सयत तिनूय मुखेल पक्षांची मेळून तीन वांगडी आशिल्ली समिती नेमची आनी तिचे कडेन आपूण नासतना सरकारी कामकाज सांबाळपाची जापसालदारकी दिवची, अशें पर्रीकारान थारायलें. घटनेंत अशे तरेची तजवीज ना म्हूण विरोधकांनी ह्या निर्णयाक हरकत घेतली, पूण सरकारान ताचे कडेन आडनदर केली. मुख्यमंत्र्यांचे विशेश

सचीव पी. कृष्णमूर्ती हेच सरकार चलयतात म्हणपाचोय आरोप जालो. फुडले तीन- चार म्हयने पर्रीकाराचे भलायकी विशीं खऱ्यो- फट खबरो उफेताल्यो आनी अपंगूळ जाल्ल्या राज्य सरकाराच्या कामाक दिशाय मेळनाशिल्ली. तीन म्हयन्यां उपरांत मनोहर पर्रीकार अमेरिकेंतल्यान परतले खरे, पूण तांका मेळपूय कुस्तार जाल्लें. प्रबळ इत्साशक्त आनी प्रखर जिद्दीच्या नाड्यार ते दुयेंसा कडेन झुजताले. ते दुयेंसांतल्यान उठ्ठले म्हणपाची आशा हेर कोणाकूच दिसनाशिल्ली, पूण तांका स्वताक मात तितलो आत्मविश्वास आशिल्लो. ते निमाणे मेरेन आशावादी रावले. देखूनूच तांणी निमाणे मेरेन मुख्यमंत्री पदाचे जापसालदारकेंतल्यान मेकळो जावपाचो निर्णय घेवंक नाशिल्लो, अशें म्हज्या सारखिल्या, तांका वळखुपी मनशांक दिसतालें. हातरुणार पडुनूय तांणी मुख्यमंत्र्यांच्या पदावयलो मोह दवरचो हें तांका मानतल्या साबार जाणांक आवडूंक नाशिल्लें. ते जापसालदारकेंतल्यान तांणी बेगोबेग भायर सरचें,अशेंच सगळ्यांचें म्हणणें आशिल्लें. पूण वट्ट राजकी परिस्थिती खुबूच नाजूक आशिल्ली आनी तीच तांका राजीनाम्या पसून पयस दवरताली. भाजपाच्या मुळावे समितींतल्या कांय जाणांक आतां सरकाराचो फुडारी बदलपाची गरज होलमूंक लागली आनी कांय जाण तशें स्पश्टपणान सांगपाकूय अनमनले नात. आमचे इश्ट श्रीपाद नायक हे तांचे मदले एक आशिल्ले. सरकार तिगून रावचे खातीर पर्रीकारानूच मुख्यमंत्री आसप भोव गरजेचें जाल्लें. अशे परिस्थितींत सरकार तांडेल नाशिल्ल्या तारवा वरी भरकटत रावलें. मजगतीं, उपचारां खातीर पर्रीकाराक परतून एक फावटीं न्यू यॉर्क वचचें पडलें. पूण भलायकी सुदारूंक नाशिल्ली. चवथीच्या दिसांनी तांका कांदोळेच्या हॉस्पिटलांत दवरचें पडलें. म्हाका मेळिल्ले माहिती प्रमाण ह्याच दिसांनी तांका राजीनामो दिवचो,अशें दिसूंक लागिल्लें. हॉस्पिटलांतल्यानूच तांणी गृहमंत्री अमित शहा हांचे कडेन संपर्क सादून राजीनामो दिवपाची इत्सा परगटायली, पूण शहान न्हयकार दिलो. मनोहर पर्रीकारान देशा खातीर आनी गोंया खातीर केल्लें कार्य, केल्ले सेवेचो भौमान जावचो, पदाचेर आसतनाच तांका मरण येवचें आनी तांच्या राजीनाम्याक लागून सरकारूय अस्थीर जावचें न्हय असो विचार करून केंद्रीय फुडाऱ्यांनी तसो निर्णय घेतिल्लो आसपाक जाय. पर्रीकारान राजीनाम्याची तयारी

केल्ली, अशी गवाय दिवपी खूप जाण आसात. सप्टेंबर म्हयन्यांत तांका परतून एक फावटीं दिल्लींत, 'एम्स' हॉस्पिटलांत व्हेलें. २३ सप्टेंबर २०१८ हो दीस म्हाका आतांय याद जाता. आमी कांय पत्रकार दिल्ली गेल्ले. हांव आनी म्हजे सहकारी संपादक राजू नायक तांका मेळचे खातीर 'एम्स' हॉस्पिटलांत पावले. कोणें तरी दिल्ले माहितीच्या आदारान ते उपचार घेताले तेच कुडी भायर आमी पावले. मागीर कांय जाणांनी आमकां भायले कुडींत व्हेलें आनी आमची विचारपूस केली. तेन्ना रुपेश कामत पर्रीकाराच्या सांगातान तांचे कुडींत आशिल्ले. तांणीं भायर येवन आमकां पर्रीकाराचे भलायके विशीं खबर दिली. पर्रीकाराची भलायकी सुदारता म्हूण तांणी आमकां सांगलें. आतांच केमोथेरपी घेतिल्ल्यान तांकां रोखडेंच मेळप शक्य जावचें ना, अशें रुपेश कामत हांणीं सांगिल्ल्यान आमची भेट जावंक पावली ना. ते उपरांत आशा आनी निर्शेवणीचो खेळ म्हयनो भर चल्लो. पर्रीकार घरांत रावनूय सरकार चलयताले. ताणीं जाचें सपन पळयिल्लें तो मांडवी न्हयें वयलो अटल सेतू उकतावण करपा इतलो तयार जाल्लो. हें उकतावण प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे हस्तुकीं जातलें अशें पर्रीकार सांगताले. केंद्रीय मंत्री आनी पर्रीकाराचे लागींचे इश्ट नितीन गडकरी हांणी पर्रीकाराच्या सपनांतलो हो पूल प्रत्यक्षांत येवचे खातीर मोलाचो आदार दिल्लो. नितीन गडकरी आनी मनोहर पर्रीकाराचे हाजेरींत अटल सेतूचें उकतावण जालें आनी तोच पर्रीकाराचे जिणेंतलो निमाणो भौशीक सुवाळो थारलो. तो दीस आशिल्लो २७ जानेर २०१९, पर्रीकारान आपले मदलो 'जोश' दाखोवपाचो यत्न केलो, पूण तो आडेचो आशिल्लो. त्याच म्हयन्यांत ते विधानसभेंत गेले, पूण पालवचे पयलीं ज्योत मोठी जाता, तशेंच कितें शें दिसतालें. त्या उपरांत देड म्हयन्या भितर, १७ मार्चाक मनोहर पर्रीकार अगणीत यादींचे लखलखीत दिवे लोकांच्या काळजांत पेट्टे दवरून भवसागर हुपून गेले. आनीक एका गोमंत सुर्यान आमचो निरोप घेतलो.

मनोहर पर्रीकार संसाराक अंतरले, फकत तांच्या घरच्यांचेरूच न्हय तर पुराय गोंयचेर हो व्हड आघात आशिल्लो. ह्या मनशाचेर नियतीन सदांच अन्याय केल्ल्याची, तांचेर निर्दय घाव घाल्ल्याची भावना त्या खिणाक तांचेर उपाट मोग करतल्या दरेकल्याच्या मनात हिमट्यो हाडटाली. आपल्या घरच्यां सयत थोडे वेळ हांसत- खेळत पासार करपाचें भाग्य

तांकां केन्नाच लाभलें ना. राजकारणांतल्यान भायर सरून घरच्यां सयत उरिल्ली जीण सुखा- समाधानान घालोवपाचें तांणी थारायिल्लें खरें, पूण नियतीन तीय संद तांका दिवंक नाशिल्ली. तांचे पयली तांची घरकान्न मेधा भरिल्ल्या संसारांतल्यान अर्द्यारूच उठून गेली. उपरांत १७-१८ वर्सां पुराय दीस आनी राती राजकारणाक दितना ते आपल्या पोटच्या भुरग्यां पसून आनी हेर घरच्यां पसून पयसूच उरले. उत्पल, अभिजाताचें लग्न तांणी दबाजान केलें, पूण घरांत रावपा खातीर जाय ती सवड अशी मेळ्ळीच ना. चले, सुनो आनी नातरां सयत घालोवपा सारखो वेळ मेळटलो अशें दिसूंक लागलें, तेन्नाच तांकां दिल्ली वचचें पडलें आनी परत वणवण सुरू जाली. गोंयांत परतले आनी घरच्यांचे जावचे आदींच दुयेंसान तांचेर घुरी घाली. नियतीन तांचेर असो निष्ठूर अन्याय करपाचो न्हय, अश्योच भावना तांचेर मना- काळजा सावन मोग करतल्यांच्या मनांत आयज लेगीत वसतात.

●●●

सादो मनीस

मनोहर पर्रीकाराक हांव लागींच्यान वळखतालों. ते गेले उपरांत तांचे विशीं जाणून घेवचे खातीर जायत्या जाणांनी म्हजे कडेन संपर्क सादलो. तांचे सादेपण, तांची आवड- निवड, तांचे इश्ट- मित्र, तांचे खावप- जेवप हेविशीं जितलें म्हाका खबर आशिल्लें तितलें हांवें सांगून उडयलें. निमाणीं दोन वर्सां सोडलीं जाल्यार आमचे संबंध सदांच इश्टागतीचेच उरले. त्या संबंधांक वेर वचपा सारखो प्रसंगूय केन्नाच येवंक नाशिल्लो. निमाणे मेरेन आमी एकामेकाक आरे - तुरे करूनूच पाचारताले. सुरवातीक जाल्ले भेटी उपरांत आमची इश्टागत जाली आनी ती दिशींमाशीं दाट जायत गेली. म्हज्या यत्नांक लागून महाराष्ट्रवादी

गोमंतक पक्षा कडेन तांच्या भाजपाची युती जाली आनी त्या निमतान ते आमच्या घरा येवपाक लागले. मागीर कितलीशींच वर्सां तांची भेट आसताली. ९८२२१३१२१३ ह्या तांच्या मोबायलाचेर फोन करना फुडें, 'सांग रे,' अशें म्हणत ते उलोवपाक लागताले. ते उपरांत ते कामांत व्यस्त उरपाक लागले आनी संपर्क उणो जालो. पूण वेळ मेळना फुडें ते रिटर्न कॉल करतालेच. तांचे सुरवाती सावन लागींचे इश्ट म्हणजे संजीव देसाय, आत्माराम नाडकर्णी, संदीप कुंडयकार, संजय वालावलकार हांणी निमाण्या खिणा मेरेन तांका सांगात दिलो. प्रत्येका कडली इश्टागत ही वैयक्तिक पांवड्या वयली आशिल्ली. संजीव देसाय हे प्रदेश भाजपाचे कोशाध्यक्ष, देखून पक्ष पांवड्यारूय तांचें कडलें नातें घट आशिल्लें. आमच्या पर्वरेच्या घरा पर्रीकार जाय ते फावटीं आयल्यात. म्हजे आवयचे हातचें हुमण तांका आवडटालें आनी त्या हुमणान आपले आवयच्या हातच्या हुमणाची याद आयली,अशेंय तांणी सांगिल्लें. रातच्या वेळार म्हापशां परततना तांचो ड्रायव्हर तांकां आमचे बिल्डिंगे सकयल सोडून वतालो. आमी मागीर तांका घरा व्हरून सोडटालीं. म्हज्या घरच्या सगळ्यांक ते नावान उलो करताले. २००५ वर्सा म्हजी घरकान्न विलासाचो राष्ट्रीय शिक्षक पुरस्कारान भौमान जालो. तेन्नाय राती कडेन मुजरत येवन तांणी परबीं भेटयलीं. आपल्या वाडदिसांचें अप्रूप तांका आसा म्हणपाचें केन्नाच दिसूंक ना, तांकां तेविशीं पडिल्लेंय नासतालें. पूण आपल्या इश्ट- मित्रांतल्या कोणाचोय वाडदीस आसा म्हूण कळटकच मात ते विसर नासतना तांका परबीं दिताले. एकदां, म्हज्या वाडदिसाक हांव दिल्लींत आशिल्लों. गोवा सदनांत आसतना पर्रीकार थंय आयले आनी तांणी यादीन म्हाका परबीं भेटयलीं.

सुरवेक सावन पर्रीकाराच्या राजकी प्रवासाक लागींच्यान पळयिल्ल्यान तांची मोख कितें हेविशीं आमच्या मनांत तरी दुबाव नाशिल्लो. आपणाक खंय वचपाचें आसा तें थारावनूच ते मुखार वतात म्हणपाचें उतरा पावलाक जाणवतालें. तांचें राजकारणांत येवपूच एके म्हत्वाकांक्षेतल्यान घडलां,अशेंच म्हाका सुरवेक सावन दिसतालें आनी तांचो राजकी प्रवास जसो मुखार वचूंक लागलो तशी तांची म्हत्वाकांक्षाय नितळ जावन मुखार आयली. समाजकारणा खातीर ते राजकारणांत आयल्यात म्हणपाचें रोखडेंच होलमतालें. पयले फावट आमी मेळिल्ले तेन्नाचें तांचे

रावप- करप आनी तीन फावटीं मुख्यमंत्री जाले उपरांतचें रावप हातूंत कांयच फरक पडिल्लो म्हाका दिसलो ना. मुख्यमंत्री आसून लेगीत मुख्यमंत्र्याच्या अधिकृत बंगल्याचेर एक रात लेगीत राव नासप हें फकत मनोहर पर्रीकाराकूच जमपाचें. आपल्या भुरग्यांकूय तांणी 'महालक्ष्मी'चेर चडशें येवंक दिवंक ना. एकदां एका पत्रकाराचे नदरेक 'महालक्ष्मी'च्या लॉनाचेर बॅडमिंटन खेळपी अभिजात पडलो आनी ताणें ताचेर खबर बरयली. तिका लागून खूब पिकार जाल्ल्या पर्रीकारान फुडाराक आपले चले थंय दिसचे नात म्हणपाची जतनाय घेतली. आमी तांका अदीमदीं ते विशीं विचारप, पूण ते आपल्या निर्णयाक दसून रावले. रातच्या दोन वरांचेर 'महालक्ष्मी' सोडून म्हापशां वतना आमी तांका पळयलां. म्हापशां अलंकार थेटरा लागीं आशिल्लो बाप्पाचो गाडो तांचे आवडीचो. राती कडेन देड- दोन वरांचेर लेगीत ते थंय मेळटाले. केन्नाय हांवें मेळपाक जाय अशें म्हणून वेळ मागतकच रातीं अमूक वरांचेर अलंकार थेटरा कडेन गाड्यार मेळुया, अशी जाप ते दिताले. केन्ना केन्ना थारावन लेगीत दिसाचें तांका मेळप जमलें नासत तर रातीं खात्रेन ते म्हापशां आसतले हें खबर आशिल्ल्यान आमी थंय वचून तांकां मेळ्ळयात. कांय वेळार भेट जायनाशिल्ली. आमच्या घरच्या दरेका सुवाळ्याक ते हाजीर रावल्यात, इतली दाटी आशिल्ली. प्रभू घराबो आमच्याच घराब्याचो एक वांटो अशेंच तें आपल्या लागींच्या मनशांक सांगताले. आमी केन्नाय अडचलीं जाल्यार तुमी पर्रीकाराक फोन करून कित्याक सांगीनात, अशें आमचे वळखीचे राजकी मळा वयले लोक विचारताले. आमी आमची अडचण सांगली आनी तांणी बेगोबेग आमचें काम केलें, अशे मात केन्नाच जावंक ना. ज्यो गजाली आपल्या मनाक पटनात तेविशीं मुखा वयल्या मनशाक ताच्या तोंडारूच सांगपाक ते अनमन नाशिल्ले. ताका लागून तांचे लागींचे इश्ट तांचे पसून पयस गेले. स्पश्ट उलोपवाची सवंय आशिल्ल्यान तांकां सगळ्यांच जाणांक खोशी दवरपाक जमलें ना, अशेंय म्हणू येता. लागींच्या अशा कांय वावुरप्यांक 'महालक्ष्मी'चेर येवन तांचे कडेन झगडटनाय आमी पळयल्यात. आपूण सादो आशिल्ल्याची प्रतिमा तांणी थारावन तयार केली काय ते पयलीं सावनूच तशे आशिल्ले, असो प्रस्नूय कांय जाण विचारताले. हांव तांकां

पयले फावटीं मेळ्ळों आनी आमची वळख जाली तेन्ना सावन पळयिल्ल्या पर्रीकारा विशीं सांगचें जालें जाल्यार आपलें सादेंपण लोकांक मानवता म्हूण ते पुराय जाणविकायेन सादेच रावले आनी सादेच जियेले, अशेंच हांव म्हणटलो. अटल बिहारी वाजपेयींक ते आपले गुरू मानताले. देखुनूच सादेपणान रावप हो तांचे जिणेचो वांटो जालो आनी लोकांकूय तें सादेंपण आवडटालें. पँट, बुशकोट आनी चप्पल हे प्रतिमेंतल्यान ते निमाणे मेरेन भायर आयलेच नात. आचार सादो आसलो तरी तांचे विचार सादे नाशिल्ले, हेंवूय हांगा सांगूंक जाय. वयल्या पावंड्या वयलें चिंतप हें तांचें खाशेलेंपण. आपले कार्यावळींत मनोहर पर्रीकाराक मुखेल सोयरो म्हूण आपयलें जाल्यार कार्यावळीक अदीक सोबा येतली, अशें लोकांक दिसतालें आनी ते खरेंय आशिल्लें. मनोहर पर्रीकार येता म्हूण कळटकच तांचे विचार आयकुपाक लोकूय गर्दी करताले. कार्यावळ कितलीय म्हत्वाची आनी उंचेल्या पावंड्या वयली आसली तरी पर्रीकार मात आपलो ट्रेडमार्क बुशकोट, पँट आनी चप्पल घालुनूच थंय वताले. एकदां एका सुवाळ्याचे निमंत्रण दिवचे खातीर कांय वरिश्ठ अधिकारी आयिल्ले कडेन आपूण पायांत बूट बीट घालून कसोच येवचो ना, अशें आपणें तांका शिटकायलें, अशी याद ते सदांच सांगताले. संरक्षण मंत्री म्हूण दिल्लींत वतकच मात तांका आपल्या सदांच्या भेसांत एक-दोन फावटीं बदल करचो पडलो. प्रजासत्ताक दिसा निमतान मुखेल सोयरे आशिल्ले अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष बराक ओबामा हांका येवकारतना पर्रीकाराक गळाबंद सुटांत पळोवपाचें भाग्य आमकां लाभलें. ते उपरांत एक- दोन फावटीं तोच भेस घालपाची पाळी तांचेर आयली. तो भेस घालतकच तांची जाताली ती घुसमट पळयतल्याच्याय लक्षांत येताली. आपणें नाइलाजानूच तो भेस कसो घालो, हेविशींच्यो खबरोय ते लागींच्या लोकांक सांगताले. लग्न, येवकार सुवाळो- मागीर तो एकाद्र्या गिरेस्ता घरचो आसू वा सामान्य वावुरप्याच्या घरचो- पर्रीकाराचो भेस बदलला म्हणपाचें आमकां केन्नाच दिसलें ना. तांकांय तेविशीं व्हडलें पडिल्लें नासतालें.

एक मात खरें, मनोहर पर्रीकाराक इतलें लागीं सावन पळोवन लेगीत तांकां हांव पुरायेन वळखल्लों, अशें म्हज्यान म्हणूंक जावचें ना.

राजकारणी म्हूण ते हेरां परस खेरीत आशिल्ले. म्हजे पन्नास वर्सांचे पत्रकारितेंत अशे तरेचो राजकारणी हांवें पळोवंक ना. रातीं दोन वरां मेरेन फायलींनी तकली रोमून राविल्लो राजकारणी मेळचोय ना. एकाद्र्या प्रकरणाची पाळां मुळां सोदून काडपाचें थारायतकच पर्रीकाराक रातीच्यो राती जागून फायलींचो अभ्यास करतना आमी पळयला. इफ्फीच्या वेळार ताचो अणभव आमकां आयलो. पणजी रेसीडन्सीच्या रस्त्या देगेक न्हंये वटेन आशिल्ली कॅप्टन ऑफ पोर्ट्स इमारत थंयच्यान केन्ना ना जाली तें कोणाकूच कळ्ळें ना. रस्तो रूंद करतले जाल्यार ती इमारत म्होडप गरजेचें आशिल्लें. नव्या विधानसभा संकुलांत सुरवातीच्या काळांत पर्रीकार आपल्याक अशेच कामाक बांदून घेताले. म्हजें घर तेन्ना संकुला पसून सात- आठशीं मीटरांचेर आशिल्लें. पर्रीकार म्हाका मुजरत आपयताले आनी मागीत साबार विशयांचेर आमी उलयताले. म्हजे कडेन उलयतना एकाद्र्या निर्णया विशीं लोकांक कितें दिसता तें जाणून घेवपाचो तांचो यत्न आसतालो. तांच्या सादेपणाचो चुकीचो अर्थ काडटल्यांची मात निराशा जाली. तांका सादे समजून लागीं आयिल्लीं मनशां रोखडींच पयसावतनाय हांवें पळयल्यांत. वांगडी आमदारांचे तांकीचो अभ्यास ते करताले आनी खंयचो आमदार कितें करूंक शकतलो हें वळखून तेंच काम ताचे कडेन दिताले. स्वतावयलो घटमूट आत्मविश्वास हेंच पर्रीकाराचें खरें शस्त्र म्हणू येता. ह्याच आत्मविश्वासाच्या नाड्यार तांणी साबार राजकी झुजां जिखल्यांत. पणजेचो मतदारसंघ तर उमेदवारी मेळचे पयलींच तांणी अर्द्या वयर जिखिल्लो. पणजेची उमेदवारी मेळचे खातीर मगो पक्षा कडेन युती जावप गरजेचें हें तांका होलमल्लें. पूण एकदां हो जागो मेळटकच फुडलीं २०-२२वर्सां तांणीं फाटीं वळून पळोवंक ना. पयले फावटीं म्हाका वेंचून हाडात, मागीर तुमीच म्हाका वेंचणूकेंत रावपाचो आग्रो करतले आनी वेंचुनूय हाडटले, अशें तांणीं मतदारांक सांगिल्लें. उपरांत मतदारांची विनवणी करपाची गरज उपरासलीच ना. राजकारणांत तिगून रावपाचें आसत जाल्यार स्वताची वेगळी वळख निर्माण करपाची गरज आसता म्हूण ते अटल बिहारी वाजपेयींची देख दिवन सांगताले. स्वताची खाशेली प्रतिमा निर्माण करतना तांणी आपलें सादें रावप, गोड उलोवप, लोकांक आपलें करपाची कळाशी हांचो जाणविकायेन वापर केलो. आपूण हेरां

परस वेगळो म्हूण लोकांच्या मनांत रिगतलों म्हणपाची जतनाय तांणी राजकी जिणेंत घेतली, अशें म्हणप चड समा जातलें. पन्नास वर्सांत हांवें कितलेशेच राजकारणी पळयले, पूण मुख्यमंत्री आसू वा संरक्षणमंत्री, रांगेंत रावन मतदान करपी फुडारी एकलोच- पर्रीकार! तांचो जनसंपर्क अफाट आशिल्लो, वाचनाची खूप आवड. काणकोणा सावन पेडण्यां मेरेन खंयच्याय गावांत ते पावल्यात म्हूण कळटकच खिणा भितर शंभर- देडशीं लोकांचों चोंबो जमतालो. ह्या जनसंपर्काक लागुनूच पर्रीकार सगळ्यांक आपले घरचेच कशे दिसताले आनी लग्ना सारखिल्या घराव्या सुवाळ्यांत तांणी येवपाकूच जाय असो वावुरप्यांचो आग्रोय आसतालो. हो आग्रो मोडप कुस्तार जातालें. येवकार सुवाळ्यांक ते वताले आनी आपूण मुख्यमंत्री आशिल्ल्याचें विसरून रांकेंत रावन न्हवऱ्या- व्हकलेक मेळटाले. फाटीं- फुडें उबे आशिल्ल्यां कडेन उलयत मुखार वचपांत आगळीच खोशी आपल्याक मेळटा म्हूण ते आमकां सांगताले. लोकांकूय तांचें अशें वागप खूब आवडटालें. हेर राजकारण्यां परस पर्रीकाराक लोकांनी खेरीत मानपा फाटलें कारण तें हेंच. तांच्या सांगातान हांव खूप भोंवलों. केन्ना पत्रकार म्हूण तर केन्ना इश्ट म्हूण. साबार विशयांचो खोलायेन अभ्यास तांणी केल्लो. ताका लागून खंयच्याच विशयाचेर ते अधिकारान उलयताले. अर्थीक विषयाची तर चडूच गोडी. राज्याची अर्थीक जापसालदारकी सांबाळटना सदांच लेखा संचालकां कडेन उलोवन महसुल एकठांय करपाचेर मार्गदर्शन करपी ते एकलेच मुख्यमंत्री आसतले. उदक, वीज, अशा गरजेच्या विशयांचेर ताणीं उलोवपाक सुरवात करतकच जाय ती माहिती मेळटाली. वीज खातें दिगंबर कामत हांचे कडेन दितना त्या खात्या विशींची बारीक सारीक माहिती पर्रीकारानूच तांका दिल्ली. मंत्र्यां कडेन आशिल्ल्या खात्यां विशींचो तांचो स्वताचो अभ्यास कांय वेळार त्या मंत्र्या परसूच चडावत आसतालो. ताका लागून विधानसभेंत जापो दितना मंत्र्याची गाडी अडली जाल्यार पर्रीकार तांका सांबाळून व्हरताले. विधानसभेंत एकाद्रो मंत्री आयिल्लो नासत आनी ताच्या खात्या विशीं प्रस्न उपराशिल्लो आसत तर परस्पर त्या मंत्र्याचे वतीन जाप दिवन विरोधकांचीं तोंडां बंद करतना आमी पर्रीकाराक पळयलां. खंयचोय विशय तांचे तकलेंत फट्ट करून रिगतालो. ते बाबतींत तांकां कोणूच

लागनाशिल्लो. कितलोय कठीण विशय ते तितलेच सहजतायेन हेरांकूय समजायताले.
विधानसभेंत विरोधकांक आडवे घातलना आसूं वा भौशीक सभा- बसका- कार्यावळींनी आसूं, मनोहर पर्रीकार आपल्या भाशणांत पुराणीक आनी इतिहासीक काणयो अळंग पेरताले आनी आपले मुद्दे आयकतल्यांक पटोवन दिताले. आपली आई ल्हानपणांत अशें सांगताली, अशी सुरवात करीत आयकुप्यांक विश्वासांत घेवन आपलें म्हणणें पटोवन दिवपाची कळाशी तांचे कडेन आशिल्ली. अशो कितल्योश्योच गजाली आमच्या काना वयल्यान गेल्यात. आयआयटींतल्या शाबुदाण्याच्या खिचडेक लागून आपूण मुख्यमंत्री पदा मेरेन पावलों अशें म्हणून ते सांगताले ती गजालूय खुपूच गाजिल्ली. शाबुदाण्याची खिचडी भौसां मेरेन पावोवपाचे श्रेय पर्रीकाराक दिवपाकूच जाय. मुंबयचे आयआयटींत आसतना आपल्याकूच लागून खिचडी भायर पडली; ताकाच लागून आपल्याक मेसचो सेक्रेटरी म्हूण नेमलो आनी फुडें मुख्यमंत्री पदा मेरेन वचपाक तेच लढायेचो आदार जालो, अशें पर्रीकार सांगताले. आपले आवय-बापायच्यो यादी जागयत कांय गजाली नेमक्या जाग्यार ते सांगतालेच. आईचो हांव 'टेस्टर' आशिल्लों, खंयचो जिन्नस कसो जाला, हें आपूण रोखडोंच तिका सांगतालों आनी सर्टीफिकेटूय दितालों. ते कळाशेक लागून आपूण घरचों सर्टीफायर जाल्लों, ही खबर तर तांचे कडल्यान आमी साबार फावटीं आयकल्या. 'राग मारी आपल्याला, संतोष मारी दुसऱ्याला', 'तुजें म्हजें हीत, चिंचेच्या पानार न्हीद' ह्यो आवय कडल्यान आयकल्ल्यो म्हणी ते आयकुप्यांक सांगताले आनी आपलें भाशण रंगयताले. देखुनूच तांचे उलोवप आयकुपाक लोकांची गर्दी जाताली.
शिवाजी महाराज हें मनोहर पर्रीकाराचें दैवत. तांच्या चेंबरांतलो तलवार उबारिल्ल्या छत्रपतींचो पुतळो नजरेंत भरतालो. नेमांक हुपून काम करपाची कोणेंय विनवणी करतकच तशें केल्यार फाटल्यान आपल्याचेर तलवार बसतली म्हूण पुतळ्या कडेन बोट दाखयत सांगतनाय तांकां आमी पळयलां. श्रीराम आनी श्रीकृष्णाचोय खोलायेन अभ्यास तांणी केल्लो. शिवाजी महाराजांच्या गुणांचेर ते जशे घसघशा वरी उलयताले तशेंच राम आमी कृष्णा मदलो फरकूय पटोवन दिताले. श्रीकृष्ण सदांच समाजा खातीर वावुरलो, पूण श्रीरामाची गजाल वेगळीच अशें म्हूण ते

आपलो मुद्दो मुखा वयल्याक ज्युस्त पटोवन दिताले.

मनोहर पर्रीकाराचीं शक्तीस्थळां साबार. तांची स्मरणशक्ती अजाप करपा सारखी आशिल्ली. विधानसभेंत आसूं वा भौशीक सभेंत, तारखो वा आकडे अचूकपणान आयकुप्यां मुखार दवरचे तर पर्रीकारानूच. तांका कात्रेंत धरपाचो यत्न कोण्ण करी नाशिल्लो. विरोधी पक्ष फुडारी म्हूण आपलें काम एका उंचेल्या पावंड्यार व्हरून दवरपी मनोहर पर्रीकाराची कारकीर्द अभ्यास करपा सारखीच आसा. अभ्यास करपाची आवड, सामान्य मनशाचो कळवळो आनी हुसको, राजकी जिणेंत जितले मोव तितलेच कठोर, कोणेंय विरघळून वचचें अशे तरेचें मनीसपणाचें वागप, वाकडे म्हेडीक वाकडेंच नेंम काडपी अशीं तांच्या सभावाचीं कितलींशींच तासां.

मनोहर पर्रीकाराच्या सादेपणां विशीं तर कितलेंशेंच सांगूं येता. दिल्लींत संरक्षण मंत्री जाले उपरांत लेगीत तांचे पांय जमनीरूच उरले. सुरक्षा जवान येतना वतना करताले तो सलाम तांका नाका जातालो. सामकोच ओव्हरडोस जालो तेन्ना अधिकाऱ्यांक आपोवन आपणें सलाम मारपाचें प्रमाण उणें करपाक सांगलें आनी तें उणें जालें उपरांत आपल्याक कशें स्सूऽऽ जालें, हाचें वर्णन तांणी गोंयांत सावन दिल्ली गेल्ल्या पत्रकारांचे पंगडा मुखार केल्लें. म्हजो चलो प्रवेश जैन टीव्ही-गोवा न्यूजलायनचो प्रतिनिधी म्हूण त्या पंगडांत आशिल्लो. आपूण सकाळीं येतकच तुमचो शिश्टाचार म्हूण फकत एक फावटीं सलाम करात, दीसभर सलाम करपाची निखालस गरज ना; अशें तांणी आपल्या सुरक्षा कर्मचाऱ्यांकूय सांगिल्लें. मुख्यमंत्री आसतना साद्याच भेसांत एका सुवाळ्या खातीर मुंबय आयिल्ले पर्रीकार तांची वाट पळोवपी सुरक्षा रक्षकांच्या रेवाड्यांतल्यान कशे अळंग कुशीक सरले आनी रिक्षा करून कशे सुवाळ्याक पावले हें तर सगळ्यांकूच खबर आसा.

मुख्यमंत्री आसतना पयल्याच इफ्फींत केंद्रीय राखीव दळांतल्या जवानांनी तांका कशें आडयिल्लें ताची ही सुरबूस काणी; पयल्याच इफ्फींत व्हीआयपी सोयरे येवपाचे आशिल्ल्यान सुरक्षे खातीर केंद्रीय राखीव दळांतल्या जवानांक नेमिल्लें. रातीं उसरां मनोहर पर्रीकार एका इश्टाचे गाडयेंत बसून वेवस्थेची पळोवणी करचे खातीर थंय पावले तेन्ना जवानांनी तांका भितर सोडी नासतना तांच्या वळख पत्राची मागणी

केली. ते गोंयचे मुख्यमंत्री म्हूण सांगून वळख पटोवपाचो यत्न तांच्या इश्टान केलो, पूण इतलो सादो मनीस मुख्यमंत्री आसता, हाचेर त्या जवानांचो तरीं विश्वास कसो बसतलो? तांकां कशेच भितर सोडचे नात म्हूण ते सांगपाक लागले. इतल्यान ही खबर भितर आशिल्ल्यांक कळ्ळी आनी 'मुख्यमंत्र्यांक' भितर घेवचे खातीर ते लोक धांवत भायर आयले. पर्रीकाराक आपल्याक आडायलां म्हणपाचें मात्तूय वायट दिसूंक नाशिल्लें. तांचे कर्तव्य ते करतात, अशें म्हणून तांणी जवानांचे कवतुकूच केलें. वावुरप्यांचे बसकेंत उलयतना ते आपूण मुख्यमंत्री आशिल्ल्याचें विसरून वावुरप्यां वरीच उलयताले. वताचो त्रास जाता आसत तर स्वता वचून पड्डो सारखो करपांत वा कदेल दुसरे कडेन व्हरपांत कमीपण आसा अशें तांका केन्नाच दिसलें ना.

'पब्लिक पर्सेप्शन' मनोहर पर्रीकारा खातीर खूप म्हत्वाचें आशिल्लें. आपल्याक एक मर्सीडीज कार घेवंक जाय अशें तें सदांच म्हणटाले. तशी गाडी घेवपाक अडचण अशी कसलीच नाशिल्ली. पूण लोकां मदीं आपली जी प्रतिमा आसा, तिका वेर वचूंक जायना, अशेंय तांकां दिसतालें. देखून मनांत इत्सा आसुनूय मर्सीडीज कार घेवपाचो यत्नूय तांणी करूंक नाशिल्लो. आपूण मर्सीडीज घेवन भोंवलो जाल्यार लोक कितें म्हणटले, ह्या विचारातून तांका फाटीं ओडलें. सुरवातीच्या काळांत विधानसभेचें काम सोंपले म्हणटकच हेर आमदार मर्सीडीज, हमर अशा सुपर लक्झरी गाडयांनी बसून वताले तेन्ना मदींच मनोहर पर्रीकाराची 'एस्टीम' तांकां व्हरपा खातीर थंय येताली. तेन्नाय तांचें सादेंपण नदरेंत भरतालें. तांच्या एका आदल्या वांगड्यान रेल्वे प्रवासांतली एक याद सांगिल्ली. १९९५-९६ वर्स आसतलें. सरकार घडोवन जाल्लें आनी राज्याचो महसुल कसो वाडोवचो हाचेर पर्रीकार आपल्या वांगड्यां कडेन भासाभास करताले. आकडेमोड तर नेटान चलताली. ती पळोवन एका प्रवाश्यान ते 'कर' अधिकारी काय म्हूण चवकशी केली. तेन्ना पर्रीकारान जाप दिली, 'हांव आमदार, पूण राजकारणी मात न्हय!'

विमानांतल्यान प्रवास करताना तांणी मुख्यमंत्री आसतनाय बिझनेस वा फर्स्ट क्लास केन्नाच मागली ना. विमान कंपन्यांनी तांका फ्लाइट पॉइंट्स म्हूण एक पैसो चडावत दी नासतना फर्स्ट क्लासांतल्यान वचपाची ऑफर दिल्ली. पूण तो प्रस्तावूय पर्रीकारान बेगोबेग

भायरायलो. आपली सादेपणाची प्रतिमा इबाडची न्हय, होच त्या न्हयकरा फाटलो हेतू आशिल्लो. आपल्याक विमान कंपन्यो चडावत पैशे घेनासतना फर्स्ट क्लासांतल्यान वचपाची सवलत जरी दिवपाक राजी आसल्यो तरीं मुदलांत आपूण लोकांच्या पैशांच्या खुस्तार विमानान भोंवता, त्या सगळ्या लोंकांक सवलती विशीं कशें कळटलें, अशें ते विचारताले. परीकारांनी जीवापाड सांबाळून दवरिल्लें सादेंपण अशें मन भुलोवणें आशिल्लें.

●●●

विकासपुरुश

मनोहर पर्रीकार पयलेच फावटीं सत्तेचेर आयले तेन्ना सावन तांचे मदीं लिपिल्लो उदरगतीचो अश्टांगी विचार करपी विकासपुरूश आमकां दिसतालो. उदरगतीच्या नावान मतां मागपाचो वेव्हार पर्रीकारान केन्नाच करूंक नासलो तरी केल्ले उदरगतीचें पानवळ मतदारा कडल्यान मेकळ्या मनान मेळना हें कोडू सत तांका होलमल्लें. फकत आपल्या मतदारसंघाची उदरगत हीच आयच्या आमदार, मंत्रा वा मुख्यमंत्र्याची मोख आसता आनी फाटलीं कांय वर्सां गोंयकार ह्या अल्पसंतोशी वृत्तीचो अणभव घेत आयल्यात. मनोहर पर्रीकार मात हाका आडवाद आशिल्ले. उदरगतीचे बाबतींत

गोंयांक वेगळ्याच उंचायेर व्हरपा खातीर ते सदांच कश्टले. राज्यांत आयज चडशा न्हंयांचेर पूल उबे जाल्ले दिसतात. शिक्षण, भलायकी अशा साबार मळांचेर आर्विल्ल्यो सुविधा दिसतात, तांचें श्रेय फकत मनोहर पर्रीकाराक दिवपाक जाय. कितलेशेच पूल, इमारती, स्टेडियम, बस स्थानकां तशेंच हेर साधन सुविधा राज्यांत विंगड विंगड थळांचेर पळोवंक मेळटात. भाऊसायब बांदोडकारा उपरांत गोंयचो खरो विकासपुरुश मनोहर पर्रीकारूच. पेडणे सावन काणकोणा मेरेन आनी मोलें सावन वास्को मेरेन फाटल्या वीस वर्सांनी जाल्ली उदरगत म्हळयार पयसुल्लें पळोवपाची तांक आशिल्ल्या मनोहर पर्रीकाराच्या कल्पकतायेचें फळ. पर्रीकार सत्तेचेर येवचे पयलीं उदरगत तिसवाडी आनी बारदेश म्हाला भायर गेल्ली कोणेंच पळोवंक नाशिल्ली. भाऊसायबांचे राजवटींत गावागावांत उब्यो जाल्ल्यो शाळा आनी तांचे उपरांतच्या काळांत मांडवी न्हंयेचेर उबे जाल्ले दोन पूल, जुवारी न्हंयें वयलो पूल आनी कदंब महामंडळ सोडल्यार गोंयांन व्हडलीशी उदरगत पळोवंक नाशिल्ली. पयलीं केंद्रशासीत प्रदेश आशिल्ल्यान उदरगतीचेर मर्यादा आयिल्ली आनी मागीर उदरगती कडेन जांचें देणें घेणेंच नाशिल्लें अशा, आपले पुरतेंच पळोवपी मनशांकडेन सत्ता गेल्ल्यान वर्स २००० मेरेन- म्हणजे पर्रीकार मुख्यमंत्री म्हूण सत्तेचेर येवच्या वर्सा मेरेन- गोंय उदरगतीचे बाबतींत बरेंच फाटीं पडिल्लें. मनोहर पर्रीकाराक मात दिस- रात उदगरती खातीर वावुरतना आमी पळयत आयले. खंयचोय प्रकल्प गणयत दवरप तांका केन्नाच पटनाशिल्लें. दिल्लें वेळेंत प्रकल्प पुराय जावंकूच जाय, असो तांचो आग्रो आसतालो. प्रकल्प पुराय जावंक कळाव लागलो, ताचे वाटेंत आडमेळीं आयलीं म्हणजे थंय भ्रश्टाचारान तकली वयर काडलीच, अशें तांचें म्हणणें आशिल्लें. खंयचोय प्रकल्प दिल्ले वेळेंत कसो पुराय करपाचो, हाचें नियोजन केले उपरांतूच त्या प्रकल्पाक हात घालप हें पर्रीकाराचें खाशेलेंपण. काणकोण बस स्थानकाच्या बुन्यादीचो फातोर बसोवपाच्या सुवाळ्या वेळार घडिल्ली घडणूक म्हजे यादींत आयजूय आसा. आपल्या मुख्यमंत्रीपदाच्या पयलेच खेपे तांणी काणकोणकारांक बस स्थानक दिलें. बुन्यादी फातोर बसोवपाच्या सुवाळ्याक आमी सगळेच गेल्ले. जे सुवातेर तो प्रकल्प उबो

करपाचें थारायिल्लें ते सुवाते मुखारूच एका निवासी वा वेपारी प्रकल्पाचें काम चलतालें. ताचे कडेन बोट दाखोवन पर्रीकारान आत्मविश्वासन आमकां सांगलें, हो प्रकल्प पुराय जावचे पयलीं बस स्थानक उबें जातलें. अजापाची गजाल म्हळ्यार तांचीं ती उतरां सत जालीं आनी बस स्थानक दिल्ले वेळेंत पुराय जालें. फकत बुन्यादी फातोर बसयलो आनी नावांचे तकटे उबे केले म्हूण तांचें समाधान जायनाशिल्लें. आदल्या राजवटींत बसयिल्ल्या बुन्यादी फातरांची देख दिवन ते सगळे फातोर एकठांय केल्यार एक व्हडलो प्रकल्प पुराय जातलो, अशें तें विनोदान म्हणटाले. पर्रीकाराचे राजवटींत एकाद्रो प्रकल्प रखडलो अशें दिसलेंच ना. सत्तेचेर येतकच गोंय राज्य साधन सुविधा उदरगत महामंडळाची थापणूक तांणी केल्ली ती प्रकल्पांचें काम दिल्ले वेळेंत पुराय करचे खातीरूच. चडशे प्रकल्प वेळेंत पूराय जाले, तांचें कामूय उंचेल्या पावंड्याचें आसतालें. भौशीक बांदकाम खात्याक समांतर अशें खातें सुरू केलां म्हूण तांचेर टीका जाली, आरोपूय जाले. पूण तांचे कडेन आडनदर करीत तांणी उदरगतीची व्हांवती राज्यांत सगळे कडेन पावयली. सरकारी पांवड्यार प्रकल्प उबारतना जीं आडमेळीं येतात, तांचेर उपाय म्हूण, तशेंच बेगोबेग निर्णय घेवन ते चालीक लावप शक्य जावचें म्हूण गोंय राज्य साधन सुविधा उदरगत मंडळ घडयिल्लें. म्हजे यादी प्रमाण, सत्तेचेर येना फुडें सगळ्यांत पयलीं पर्रीकारान कोलवाळेचो पूल बंदपाक घेतलो. कितलीशींच वर्सां कुसत पडिल्ल्या ह्या पुलाचे फकत दोन खांबे उबे जाल्ले. पणजेचे आमदार सिद्धार्थ कुकळकर ह्या पुला विशीं एक गजाल सांगतात. मनशाचो बळी दिले बगर पुलाचें काम मुखार वचचें ना म्हणपाची वावडी सगळी कडेन पातळिल्ली. मुख्यमंत्री पर्रीकारान मुखेल अभियंत्याक आपोवन घेतलें आनी दोन वर्सां भिरत पुला वयल्यान येरादारी चालू जावंपाकूच जाय म्हूण ताकीद दिली. तशें जर जालें ना तर तुमचोच 'बळी' म्हाका दिवचो पडटलो अशेंय त्या अभियंत्याक सांगलें. मागीर पुलाचें काम नेटान सुरू जालें आनी कितलिंशींच वर्सां रखडून पडिल्लो तो पूल दोन वर्सां भितर पुराय जालो. पेडणे म्हाल पणजेक अदिक लागीं आयलो. पणजेचो मार्केट प्रकल्प तर पर्रीकाराक लागुनूच उबो जालो. न्हंयांक लागून पयसाविल्लीं गावां आनी शारां पूल उबारून

जोडिल्ल्यान आयज हुस्क्या विणे गोंय भर भोंवप सोपें जालां. पूल उबारप हें पर्रीकाराच्या मनांतल्या उदरगतींचें पयलें पावल आशिल्लें आनी २००४ मेरेनच्या चारेक वर्सांच्या काळांत तांणी अशा तेरा- चौदा पुलांचें काम पुराय केलें. आपूण उलयतां तें करतां म्हणपाचें तांणी दाखोवन दिलें. फकत आपल्या पणजे मतदारसंघा पुरतें पळय नासतना राज्य भरांतल्या भौसांच्यो गरजो पारखून त्यो भागोवपाक ते झटले. हो विकास लोकांचे नदरेक पडटालो. आमोणें- खांडोळें पुलाक लागून साखळी- सत्तरी पणजे- मडगावांक वीसेक किलोमिटरांनी लागीं आयली. सुरवातीच्या काळांत मनोहर पर्रीकारान पुराय केल्ल्या उदरगतीच्या प्रकल्पांचीं वळेरी दिवपाची जाल्यार इफ्फीच्या निमतान पणजेच्या दयानंद बांदोडकार मार्गाचें रुंदीकरण आनी नव्या पाटो पुलाचो उल्लेख करचोच पडटलो. झटपट निर्णय घेवन आनी बेगोबेग कामां हातांत घेवन उंचेल्या दरजाचे प्रकल्प लोकां खातीर उबे करूं येतात म्हूण दाखयतना तांणी इफ्फीच्या निमतान पणजेचें मुखामळूच बदलून उडयलें. पणजेच्या गोंय वैजकी महाविद्यालयाच्या पोरणे इमारतींत आशिल्ले विभाग दुसरे कडेन व्हरतना इफ्फीचें मुख्यालय थंय हाडीत उबारिल्लें मल्टीप्लेक्स थेटरूय पर्रीकाराच्या पयसुल्लें पळोवपाचें तांकीचो पुरावो दिता. मनोहर पर्रीकाराक सिनेमा पळोवपाची आवड म्हूण तांणी इफ्फी गोंयांत हाडूंक नाशिल्लो तर या महोत्सवाक लागून दर वर्सा पणजेच्या सोबीतकायेंत भर पडटली म्हणपाची जतनाय तांणी घेतिल्ली, अशेंय खूब जाणांक दिसता. हो महोत्सव दर वर्सा जाता देखुनूच पणजे सावन मिरामार मेरेनचो वाठार चकचकीत उरता; ताची अवस्था पर्वरेच्या चोगम रस्त्या वरी जायना. इफ्फीचें आयोजन पयले फावटीं जालें तेन्ना समारोपाची मुख्यमंत्र्यांची मेजवानी तांणी हळदोणें- खोरजुवें मजगतींच्या नव्या पुलाचेर दिली. तिच्यो यादी आयज लेगीत साबार लोकांच्या मनांत जिव्यो आसतल्यो. देशांतलो हो पयलोच केबल स्टे पूल पर्रीकाराक लागुनूच वेळेंत पुराय जाल्लो. हो वाठार पर्यटन थळ म्हूण नावाजचो हे खातीरूय तांणी यत्न केले. खोरजुवें आनी पैरा गावांक जोडपी दुसरो पूल उबारपाक न्हंयेतल्यान बार्जी वतात म्हूण बंदर कप्तान परवानगी न्हयारिल्ली. ताचेर उपाय काडटना पर्रीकारान

'रोटेटींग' पुलाची संकल्पना चालीक लायली. पूण मुखा वयल्या काळांत त्या पुला कडेन कोणेंच लक्ष दिलें ना. हो पूल 'रोटेट' जाता म्हणजे लंडन पुला वरी जाय तेन्ना दोनूय वटांनी उकतो करून मदल्यान बार्जीक वचपाक वाट दिवं येता, हें खूपशा लोकांक खबर ना. ह्या पुलाच्या खाशेलेपणाच्या आदारान ह्या वाठाराचो पर्यटन विकास करप शक्य आसा.

चार वर्सां मुख्यमंत्री जाले तरीं पर्रीकाराक सेगीत पांच वर्सांचो कार्यकाळ केन्नाच मेळूंक ना. पूण मेळिल्ले संदीचे तांणी भांगर केलें. उदरगत होच जर मतदान करतनाचो निकश अशिल्लो जाल्यार पर्रीकाराचेर विरोधी बांकांर बसपाची वेळ केन्नाच येवची नाशिल्ली. पूण तशें मात जालें ना. पणजे येरादारीची कोंडी जावपाक लागली तेन्ना पर्रीकारान बांबोळेच्या गोंय वैजकी महाविद्यालया सावन दोना पावला मेरेन गेल्ल्या विद्यापीठ रस्त्याचें चार पदरीकरण पुराय करून घेतलें आनी पणजे शारांत येवपाक नवो मार्ग मेळ्ळो. मांडवी न्हंयेचेर अटल सेतू उबारिल्ल्यान पणजेच्या तोंडार जाताली ती येरादारीची कोंडी गूल जाली. हो अटल सेतू आयज गोंयचे उदरगतीचो मानबिंदू जाला आनी ताचें श्रेय फकत पर्रीकाराकूच वता. तांचे हयातींत उबारिल्ले कितलेशेच पूत तांची याद गोंयांक सदांच दीत रावतले. काणकोणच्या तळपण- गालजीबाग पुलाची मागणी तर खुबूच वर्सांची पूण तो साकार करपाक पर्रीकारूच जाय पडलो. राष्ट्रीय महामार्ग प्रकल्पा मजगतीं पोळें सावन पत्रादेवी मेरेनचें जें काम सध्या चलता ताचेंय श्रेय पर्रीकाराचें. राज्यांत अशे साबार प्रकल्प उबे रावतना भौसांनी आपल्याक फकत मोग आनी पालव दिवचो, इतलीच पर्रीकाराची अपेक्षा आशिल्ली; पूण तांच्या पदरांत निराशाच आयली. ही खंत ते उलोवनूय दाखयताले. गोंयचो विचार करतना तांचें पणजे मतदारसंघा कडेन दुर्लक्ष जाता, अशीय टीका जाताली. ते टीकेक फावो तशी जाप दिवपाची कळाशी तांचे कडेन आशिल्ली. मनात हाडिल्लें जाल्यार पणजे खातीर उदरगतीचे आनीक कांय प्रकल्प उबे करप तांचे खातीर अशक्य नाशिल्लें. सांतीनेज खाडयेची सोबीतकाय वाडोवपाचो प्रकल्प तशेंच हेर कांय गजाली आपूण जाग्यार घालूंक पावलो ना म्हणपाची खंत तांच्या मनांत सदांच

आसताली. फकत आपल्यात मतदारसंघाचो विचार करपा इतलो तांचो सुवार्थी सभाव नाशिल्लो तर उगरतीचीं फळां पुराय राज्यांतल्या लोकां मेरेन पावपाक जाय अशे विचार तांणी सदांच केळयले. सगळ्याच मळार उदरगत जाली जाल्यार भौसांची जीण उंचेल्या पांवड्यार सभावीकपणान वतली, अशें तांकां दिसतालें. देखून्च तांची उदरगतीची संकल्पना फकत पूल आनी रस्त्यां पुरतीच मर्यादीत नाशिल्ली तर शिक्षण, भलायकी, खेळाच्या मळारूय आयज जो विकास आमकां दिसता, ताचेंय श्रेय पर्रीकाराकूच दिवंक जाय. पणजे मतदारसंघांतल्या सांतीनेजचे खाडयेची नीतळसाण आनी सोबीतकाये विशींची येवजण कागदाचेर दिसता तितली सादी न्हय. हांवूय तांका अदींमदीं ते विशीं दिल्ल्या आश्वासनाची याद करून दितालों तेन्ना योग्य वेळार योग्य तें जातलें अशी मोघम जाप ते दिताले. वयलेचारा पुरते उपाय करून ही समस्या सुटावी जावंक शकना म्हणपाची कल्पना तांकां आशिल्ली. हे खाडयेंत भरतेच्या उदकाचो सैमिक प्रवाह हाडपाची तांची येवजण आशिल्ली आनी ती निमाणी कागदारूच उरली. मळा वाठारांतल्या तळ्याचे बाबतींतूय तशेंच जालें, पूण कांय प्रमाणांत थंय पावसांत येवपी पुरा पसून थळाव्या लोकांक थाकाय दिवपांत ते येशस्वी जाले. मळ्यांतल्या लोकांक तांची याद आयजूय येता. ह्या तळ्याचे सोबीतकायेची तांची येवजण न्यायालयांत घुस्पून रावली आनी पुराय जावंक शकली ना. मळ्यांत रावतल्या लोकां खातीर ती खूप म्हत्वाची आशिल्ली. कांपालाच्या परेड मैदानाचेर मिनी फुटबॉल स्टेडियम उबारतना कांय अडचणी आयल्यो आनी ती येवजणूय रखडली. परेड मैदानाचे जमनीत आशिल्ल्या एका ल्हानशा भूखंडाचे मालकी वेल्यान उपराशिल्ल्या वादाक लागून आयज लेगीत तो प्रकल्प कुसला. मनोहर पर्रीकाराच्या मनात आशिल्लो आनी आयज मेरेन अपूर्ण उरिल्लो आनीक एक प्रकल्प म्हणजे 'मायनींग कॉरीडोर'. हो बगल मार्ग जाल्लो जाल्यार खण वाठारांतल्या लोकांचे हाल बरेच उणे जावपाचे. पूण ती येवजण काय प्रत्यक्षांत येवंक शकली ना. राजकी इत्साशक्त आसत जाल्यार अशे तरेच्यो येवजण्यो प्रत्यक्षांत येतात. पर्रीकाराक आनीक इल्लें आयुश्य मेळिल्लें जाल्यार घडये ह्यो येवजण्यो साकार जातल्यो आशिल्ल्यो. काम करपाची तांची जिद्द, हेरां

कडल्यान काम करून घेवपाची कळाशी, दरेकल्याच्या कामार आशिल्ली बारीकसाणेची नदर, कंत्राटदारांच्या खांद्यार हात दवरून काम करून घेवपाची पद्दत, अशे तरेचे गूण राजकारण्यां मदीं सोपेंपणी दिसनात. पर्रीकार ह्या नेमांक आडवाद आशिल्ले. राज्या खातीर प्रकल्प चालीक लायतना तांणी विरोधकांक विश्वासांत घेतलें आनी गरज पडल्यार शिंगारूय घेवपाक फाटीं- फुडें पळोवंक ना.

शिक्षणाच्या मळा वयली 'कुजिरा स्कूल कॉम्प्लेक्स' ही येवजण पर्रीकाराचेच फिशाल तकलेंतली. आयज थंयच्या साबार विद्यालयांनी शिक्षण घेवपी विद्यार्थ्यांक तांच्यो यादी स्फूर्ती दितल्यो. केंद्र सरकारा कडेन उलोवन राती भितर थंय ओव्हरब्रीज उबारप फकत पर्रीकाराक जमलें. मडगावांत तशेंच हेर शारांनीय अशाच तरेचे विद्यालयीन चोंबे उबारपाची तांची इत्सा आशिल्ली. भाऊसायब बांदोडकार हांणी गावागावांत उबारिल्ल्या शाळांची आवतीकाय पळेवन तांचो उद्धार केलो तोय पर्रीकारान. मुळावें शिक्षण उंचेल्या दर्जाचें आसचें असो आग्रो ते धरताले. ८०० शाळांतल्या सुमार ६०० शाळांक तांणी सोबीतकाय आनी घटसाण दिली. अश्यो गजाली जाग्यार पडचे खातीर राजकी इत्साशक्त गरजेची आसता आनी पर्रीकारा कडेन ती उपाट आशिल्ली. भलायकेच्या मळारूय पर्रीकाराचें काम दिश्ट लागपा सारखें आशिल्लें. बांबोळे गोंय वैजकी महाविद्यालयांत उबो जाल्लो सुपर स्पेशालिटी ब्लॉक ही पर्रीकाराचीच देणगी. आयज गोंयकारांक बऱ्यो भलायकी सुवीधा सोदीत खासगी हॉस्पिटलांनी धावपाची गरज पडना. साबार भलायकीं केंद्रांय पर्रीकारान उबारलीं. हे सगळे प्रकल्प तांच्या यादींक फुडल्या पिळग्यां मेरेन खात्रेन पावयतले

पर्रीकाराचे कारकिर्दीत पणजेचो कायापालट जाल्लो दिसता तरीं शारांतल्या हिंदू स्मशानभूंयेची आवताकीय पयस करप तांकां जमूंक ना, हेंवूय खरेंच. पणजेचो आमदार मुख्यमंत्री आसतनाय हे मसंडभूंयेची आवतीकाय कशी जाली, कामां कशीं कुसून उरलीं असो प्रस्न खूप जाण विचारतात. जिल्लोधिकारी कार्यालयाक तेंकून आशिल्ल्या लश्कराचे इमारतीचो ताबो घेवन त्या थळाचेर पार्कींग प्लाझा उबारपाच्यो गजाली पर्रीकार खुप फावटीं करताले. पूण अडेच वर्सां संरक्षण मंत्री पदार आसून

लेगीत तांका ते इमारतीक हात लावपाक मेळ्ळो ना, होय विरोधकांचे टीकेचो मुद्दो. अशें आसुनूय गोंयचे उदरगतीचेर आशिल्ली पर्रीकाराच्या यत्नांची म्होर न्हयकारूंक जावची ना. राजकारणी म्हूण तांचीं दोन रुपां गोंयांक दिसली आसत, विकासपुरूश म्हूण तांका गोंय कशेंच विसरूंक शकचें ना.

●●●

साम्य- दोन मनशांतलें

राजकारण आनी समाजकारणातूच व्यग्र आसपी मनोहर पर्रीकाराचो क्रिकेटी वयलो मोग लिपून रावपा सारखो न्हय. तांणी क्रिकेट खेळिल्लें नासत घडये; कॉलेजींत आसतना फुटबॉल मैदानाचेर ते देंविल्ले अशें तांचे इश्ट सांगतात आनी तशी नोंदूय आसा. पूण, क्रिकेट हो खेळूच असो, खेळपाक येनाशिल्ल्यांकूय तो पिशें लायता. मनोहर पर्रीकारांचेरूय ह्या खेळाचो मोनेळ पडिल्लो. कसोटी आसूं, एका दिसाचो सामनो आसूं वा ट्वेंटी- ट्वेंटी, टीव्ही वयलें प्रक्षेपण आमचे वरी भान विसरून पळोवपाची तांची कालेत नाशिल्ली. ते परस ते टीव्ही म्यूट करून चालू दवरताले आनी आपलें काम करीत रावताले. मास्टर ब्लास्टर सचिन तेंडुलकार

तांका आवडटालो. सचित खेळटा आसत तर पर्रीकाराचें लक्ष टीव्हीचेर आसतालेंच. ताचो खेळ पळोवंक जमलें नासत तर ते हेरांक विचारून ते विशीं जाणून घेताले. क्रिकेटी विशींचें तांचें गिज्ञान सामकेंच अर्दें-अर्दकुटें म्हणपा सारखेंय नाशिल्लें. तशे ते संवसारांतल्या खंयच्याय विशयाचेर उलोवपी. कामांतल्यान मातशी उसरपत मेळ्ळी आनी त्याच वेळार टीव्ही वयल्यान क्रिकेट सामन्याचें प्रक्षेपण चालू आशिल्लें दिसलें जाल्यार मुजरत खेळांचेर चर्चा करताले. गोंयांत फुटबॉलाची सुवात क्रिकेटीन घेतल्या, अशें ते सदांच सांगताले. फुटबॉलाचेर तांचो चड जीव. मुख्यमंत्री जाले उपरांत फुटबॉलाची उदरगत मतींत दवरून तांणी गोंय फुटबॉल उदरगत महामंडळ घडयिल्लें.

म्हजो पूत, प्रवेश पत्रकारतेंत आयलो तो अपघातानूच. धूव- शमी कडेन कॅमेरो आसतालो. एकदां परिक्षा दिवपाक तें भायल्या गावांत गेल्लें. ज्युस्त तेन्नाच एक म्हत्वाची राजकी घडणूक घडली आनी तिचे विशींचें चित्रीकरण करचे खातीर म्हाका प्रवेशाच्या हातांत कॅमेरा दिवन ताका भायर धाडचें पडलें. पणजे सावन सत्तरी मेरेन वचून चित्रीकरण करपाचें आशिल्लें आनी ताणेंय तें बेस बरें केलें. मागीर तो गोवा न्यूजलायनचो मुखेल घटकूच जालो. ती घडणूक २००० वर्साची, पर्रीकाराचें राजकारण नेटांत आसतनाची. सभावीकपणान तोय पर्रीकाराक चड लागींचो जालो. दोगांय मदीं केन्ना केन्ना क्रिकेटीचेर चर्चा जावंक लागली. आमच्या घरांत तर क्रिकेट आनी राजकारणा वयली चर्चा सदांच चलताली. १९९४ वर्सा भाजप आनी म.गो. मदीं युतीचेर उलोवणीं चलतालीं तेन्ना मनोहर पर्रीकार, श्रीपाद नायक आमच्या घरा येताले. प्रवेश तेन्ना १२-१३ वर्सांचो आशिल्लो. राजकारण आनी क्रिकेटींतली रुच ताका सभावीकपणान म्हजेच उदेंशी लागिल्ली. हांव क्लब क्रिकेट खेळटालों आनी ताचे वरवीं गोंय क्रिकेट संघटनेच्या कार्यकरी मंडळाचेरूय पाविल्लों. क्रिकेट आनी राजकारणा वयली चर्चा आयकतूच प्रवेश व्हड जालो. क्रिकेटींत सचिन तेंडुलकार तर राजकारणांत मनोहर पर्रीकार हे ताचे 'हिरो'. पर्रीकाराची राजकारणांतली कारकीर्द आनी सचिन तेंडुलकाराची क्रिकेटींतली कारकीर्द ताच्या दोळ्यां सामकारूच आकाराक आयिल्ली आनी सोंपिल्लीय बी. देखुनूच आसत घडये, तो घरांत उलयतना त्या दोगांयचे

मदीं बरेंच साम्य आसा, अशें सांगतालो. कांय 'फॅक्ट्स लेगीत कशें जुळटात, हेविशींय उलयतालो. भुरगो आशिल्ल्यान तो पर्रीकार आनी सचिना मदीं जी तुळा करतालो, तो म्हाका ताच्या भुरगेपणाचोच एक भाग कशें दिसतालें. पूण आपलें म्हणणें म्हाका पटोवन दिवपाचो यत्न मात ताणें सोडूंक ना. २००० वर्सा उपरांत हांवें पर्रीकाराक चड लागींच्यान पळयलो आनी ताच्या वावरा विशीं म्हजीं स्वताचीं मतां तयार जालीं तेन्ना मात म्हाकाय ते आनी सचिना मदीं आशिल्लें साम्य जाणवपाक लागलें. मनोहर पर्रीकार सचिन तेंडुलकाराक कशे 'फोलो' करताले तेंय प्रवेशान पळयिल्लें आनी ताचो निश्कर्श त्या निरिक्षणातल्यानूच उपराशिल्लो. एकदां, मनोहर पर्रीकार आनी सचिन तेंडुलकाराचे जिणेंतले 'अप्स अँड डाउन्स' प्रवेशान म्हजे मुखार दवरले तेन्नाच्यान मात दोगांयचे कारकिर्दींत बरेंच साम्य आसा म्हणपाचें म्हाकाय दिसपाक लागलें. योगायोग म्हळ्यार दोगूय जाण आपले कारकिर्दीच्या शेवटाक भारतीय लोकशाहींचें सर्वोच्च मंदीर म्हणपा सारख्या संसदेच्या वरिश्ठ सभाघराचे- राज्यसभेचे- वांगडी जाल्ले. पर्रीकार आनी सचिन तेंडुलकाराच्या 'करिअर ग्राफा' विशीं प्रवेशान केल्लो अभ्यास आनी ताचे वयल्यान जाल्लें ताचें मत कोणायकूय पटपा सारखें. सुमार दोन दसकांचे दोगांयचे कारकीर्दींत कशें साम्य आसा हें मुखा वयल्याक पटोवन दितना प्रवेशाक केन्नाच पुरो जायना आनी घरांत तर आमी ह्या विशयांचेर जायते फावटीं उलयत आयल्यात. १९८९ वर्सा सचिन तेंडुलकार भारतीय क्रिकेटीच्या मळार उदेलो आनी सादारण त्याच वर्सा मनोहर पर्रीकार राजकी मळाचेर देंवलो, हें तर मान्य करपाकूच जाय. १९९४ वर्सा सचिन तेंडुलकार भारतीय पंगडांत एका दिसाच्या आंतरराष्ट्रीय सामन्यांत सलामीचो खेळगडो म्हूण खेळूंक लागलो आनी त्याच वर्सा मनोहर पर्रीकारान गोंयचे विधानसभेंत पावल दवरलें. पर्रीकारा मदलें गूण भाजपाच्या राष्ट्रीय फुडाऱ्यांक बरे तरेन होलमले ते ह्याच काळांत आनी गोंयच्या राजकारणाची दिशा बदलपाक लागली. ते वटेन, १९९४ सावन सचिन तेंडुलकारान तडाखेबंद खेळ करून क्रिकेटीच्या विश्वांतल्या म्हालगड्यांक आपली दखल घेवपाक लायली म्हणपाचेंय प्रवेश सांगता. ताचे मुखा वयलीं दोन- तीन वर्सां पर्रीकार

आनी तेंडुलकाराची आपापल्या कार्यक्षेत्रांतली कामगिरी सगळ्यांच्याच कवतुकाचो विशय जाल्ली. १९९८ हें वर्स सचिना खातीर 'ब्रेक थ्रू' थारलें जाल्यार ह्याच काळांत मनोहर पर्रीकारान सरकाराक उजरावन काडीत सगळ्यांचे लक्ष आपले कडेन कशें वेधून घेतलें, हेंय प्रवेश सांगता. २००० ते २००४ ह्या चार वर्सांच्या काळांतल्या मनोहर पर्रीकार आनी सचिन तेंडुलकाराच्या कर्तुत्वाची प्रवेशान केल्ली तुळा त्या दोगां मदल्या साम्याचेर अदीक उजवाड घालता. ह्याच काळांत सचिन तेंडुलकारान एक दिसाचे सामने आनी कसोटी क्रिकेटींत एका फाटोफाट एक विक्रम करीत खेळा वयलें आपलें वर्चस्व दाखोवन दिलें, पूण २००३ वर्सा आपल्या देशाक विश्वचशक मेळोवन दिवप काय तका जमलें ना. मनोहर पर्रीकारूय ह्या काळांत गोंयच्या राजकारणांत परजळत रावले, दोन फावटीं मुख्यमंत्रीय जाले पूण भाजपाक स्वताच्या नाड्यार आपलें सरकार घडोवंक मात आयलें ना. एक फिशाल प्रशासक म्हूण नांव जाल्ल्या पर्रीकाराक आपल्या पक्षाक एकवीस आमदार दिवन सरकार घडोवपाक जमलें ना. पर्रीकार आनी तेंडुलकारा मदलें साम्य दाखयतना प्रवेश हांगांच थांबना तर २००५ वर्स सचिन तेंडुलकारा खातीर कशें वायटाचें आशिल्लें आनी त्या मुखा वयल्या दोन वर्सांनी ताच्या खेळाची पत कशी देंवत सकयल आयली हेविशीं सांगतनाच मनोहर पर्रीकारा खातीरूय तोच तेंप कसो निराशेचो आशिल्लो, हें तो देखीं सयत पटोवन दिता. सचिनाचें 'टेनीस एल्बो'चें दुयेंस, ताका लागून ताच्या खेळाचेर जाल्लो अनिश्ट परिणाम, २००७ वर्साचे विश्वचशक सर्तींतल्यान भारतीय पंगडाचें पयलेच फेरयेंतलें भायर पडप ह्या घडणुकांची तुळा प्रवेश ह्याच काळांत मनोहर पर्रीकारा मुखार उपराशिल्ल्या राजकी आव्हानां कडेन करता. २००५ वर्सा पर्रीकाराचें सरकार बडतर्फ केलें आनी तांचेर परतून विरोधी बांकार बसपाची वेळ आयली. २००७ वर्सा जाल्ले विधानसभा वेंचणुकेंत तांच्या पक्षाक खर अपेसाचें धनी जावचें पडलें ह्याच. काळांत तांकां काळजाचो आताक आयलो आनी शस्त्रक्रिया करची पडली. मुखा वयल्या दोन- तीन वर्सांच्या काळांत सचिनाचो खेळ सुदारूंक लागलो तर ह्याच काळांत मनोहर पर्रीकारान विरोधी पक्षाचो फुडारी म्हूण दोळे दिपकावपी कामगिरी करीत आपूण नवो खेळ

खेळपाक सज्ज जालां म्हणपाचें दाखोवन दिलें, अशी तुळा प्रवेश करता.

२०१० हें वर्स सचिन तेंडुलकारा खातीर तेंगशे वयले कामगिरीचें वर्स थारलें. एका दिसाच्या सामन्यांत पयलो दोट्टी शेकडो ताणें मारलो आनी कसवटी सामन्यांत खोऱ्यांनी धांवड्यो काडीत सचिन तेंडुलकार म्हणजें कितें तें संवसाराक दाखोवन दिलें. भारता खातीर विश्वचशक जिखपाचें इतलीं वर्सां ताणें पळयिल्लें सपनूय ताच्या फुडल्या वर्सा प्रत्यक्षांत आयलें. मनोहर पर्रीकारा खातीरूय २०१० आनी २०११ ही दोन वर्सां उपाट येसाचीं थारलीं. ह्या काळांत सरकाराक तांणी सदांच धारेचेर धरलें, ताचीं कुतां काडीत रावले आनी २०१२ वर्सा स्वताच्या म्हालवजाचेर सरकार घडोवपाचें सपन साकार करून दाखयलें. त्या फुडल्या काळांतूय दोगांयच्या करियर ग्राफांत खुबूच साम्य आसा. विश्वचशक जिखले उपरांत सचिनाक तर परतून मुख्यमंत्री जाले उपरांत पर्रीकाराक फुडलीं दोनेक वर्सां आपापल्या मळार खेरितपणान परजळपाक जमूंक नाशिल्लें. सचिना कडल्यान मना सारखो खेळ जायनाशिल्लो तर केंद्रांत भाजपाचें सरकार आसून लेगीत पर्रीकारा मुखार आशिल्ले प्रस्न सुटावे जाय नाशिल्ले. वेंचणुके वेळार दिल्ल्या उतरांक पाळो दिवपांत ते अपेशी थारले. खणी बंद पडिल्ल्यान कितल्याश्याच जाणांचो राग तांच्या वांट्याक आयलो.

सचिन तेंडुलकार आनी मनोहर पर्रीकार हे प्रवेशाचे भुरगेपणांतले हिरो. सचिन तेंडुलकाराचेर आशिल्लो उपाट मोग प्रवेशाक २०१३ वर्सा मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमाचेर जाल्ल्या तेंडुलकाराच्या निरोपाच्या सामन्या खातीर ओडून घेवन गेलो. दोन वर्सां उपरांत म्हळयार २०१६ वर्सा आपल्या दोनूय हिरोंक राज्यसभेंत बशिल्ले पळोवपाचें भाग्य लाभलें. सचिन तेंडुलकार आसूं वा मनोहर पर्रीकार, दोगांयच्या मना विरुद्ध तांचेर राज्यसभेचें वांगडीपण लादिल्लें, हेंय दोगां मदलें आनीक एक साम्य. मनांत नासतना पर्रीकाराक राज्यसभेंत वचचें पडिल्लें. सचिनाची खेळातली फिशालकाय ताका राज्यसभेंत घेवन गेल्ली तर पर्रीकाराचें राजकी मळावयलें काम पळोवन प्रधानमंत्र्यांनी तांकां दिल्लींत आपोवन व्हेल्लें. सचिन राज्यसभेंत वचून व्हडलेंशें कांयच करूंक पावलो ना, होच तांचे मदलो फरक. मनोहर पर्रीकारान संरक्षण मंत्री म्हूण केल्लो वावर तांकां दिल्लीच्या राजकारणांत प्रतिश्ठा दिवन

गेलो. सचिना कडेन निवडीचे अधिकार दिल्ले जाल्यार तो 'बील' पास करच्या जाग्यार पांच- स खेळगड्यां मदल्यान 'बॉल' पास करपाचेर चड भर दिवपाचो. मनोहर पर्रीकारान दिल्लींत व्हड कामगिरी केल्ली आसली तरीं तांचें मन गोंयां भोवतणींच घुस्पून उरिल्लें. संद मेळटकच तांणी फाटीं - फुडें पळय नासतना दिल्ली सोडली आनी ते गोंयांत आयले. राज्यसभेंत आडखळत हिंदींतल्यान उलोवचे परस गोंयचे विधानसभेंत येवन आपले आवयभाशेंतल्यान आपल्या लोकां मुखार उलोवप तांणी पसंत केल्लें.

●●●

PRATHISTAN (R) * KONKANI ... ANI SANSKRITI

8631
L-H-> Deb
VAM



पुस्तकात सारं काही खुल्लम खुल्ला आहे. त्या काळात भाजपचे सरकार वाचवण्याचे प्रयत्न कसे झाले, कसे फसत गेले, त्यासाठी कोण कोण जबाबदार होते त्याची अगदी नांवासह भांडाफोड या पुस्तकात करण्यात आलेली आहे. आज अनेकांचे सौहार्दाचे संबंध असतील. तर त्या काळात कसे विळ्या-भोपळ्याचे सख्य होते याचे चित्रण मार्मिकपणे पुस्तकात करण्यात आले आहे. हे सारे करताना लेखकाने कोणाला दुखावलेले नाही, कुठेही लेखक म्हणून असलेल्या स्वातंत्र्याची मर्यादा ओलांडलेली नाही. जसे जसे प्रसंग घडले तसे तसे त्यानी वाचकांसमोर मांडले आहेत. गोवा न्यूजलाईन या आपल्या वृत्तवाहिनीसंदर्भात जी काही मध्यंतरी चर्चा सुरु झाली होती त्या साऱ्याची पोलखोल करण्याची संधीही या निमित्ताने लेखकाने सोडलेली नाही. सध्या भाजपकडून बाबुश मोंसेरात यांची पाठराखण केली जाते. त्याची सुरुवात कशी झाली होती, ती का झाली, त्यावेळी भाजपसमोर कोणते प्रश्न होते, पणजी मतदारसंघातील राजकीय समीकरणे कशी होती या साऱ्याचा लेखाजोखा जाणून घ्यायचा असेल तर हे पुस्तक केवळ हातात धरुन चालणार नाही तर त्याचे पान अन पान वाचावे लागेल.

– गोमन्तक दिसाळ्यातल्यान

मोल रु. २५०/-